

मुक्तमन

नमन धावस्कर सावंत

3686
Articles Dev
NAM

मुक्तमन

संवेदना आनी सामाजिक

जाणिवेचें लेखन

नमन धावस्कर सावंत

अमन प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
0036P6-JI
L:B02-P10(Rev. JI)

मुक्तमन
(लेखसंग्रह)
नमन धावस्कर सावंत

पयली उजवाडावणी : 2010

© दिनेश सावंत

उजवाडावपी
अमन प्रकाशन
कोपाड्डे, वाळपय.
सत्तरी - गोंय.

मुखचित्र :
निलेश महाले

छापपी :
सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम
खोर्ली गोंय.

मोल : रू. 120/-

Muktamann
(Collection of articles)
by **Naman Dhawasker Sawant**

First Edition : 2010

© Dinesh Sawant

Publisher :
Aman Prakashan
Kaparde, Valpoi,
Sattari - Goa.

Cover :
Nilesh Mahale

Printer:
Sahyadri Offset System,
Corlim, Goa.

Price : Rs. 120/-

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
3686
Articles
NAM

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पयलो चंवर अर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां.

मुक्त आनी बंदिस्त मनांतलो
दर एक खीण म्हाज्या वांगडा
जगपी म्हाज्या सांगात्याक
दिनेशाक...

प्रस्तावना

नमन सावंत (आदलें धावस्कार) हे चलयेची थोडी भोव बरपावळ नेमाळ्यांतल्यान वाचिल्ली. तें बरप लक्ष ओडून घेवपी आसलें. बाय नमनाची प्रत्यक्ष आनी खरी वळख घडली ती 2009 वर्सा, जानेवारीच्या निमण्या सप्तकांत, वळवय आमच्या घराच्या आंगणांत भरिल्ल्या, 'चित्रंगी' ह्या बायलांच्या मेळाव्यांत. शालेय बालिका, महाविद्यालयीन कुमारिका, जाणकार, बायलो अशा विविध पिराय गटांतल्यो अस्तुऱ्यो त्या मेळाव्यांत सहभागी जाल्ल्यो आनी तांचेमुखार बाय नमन आपणालें कालच्या आनी आयच्या अवतिकायेंतल्या बायलांचें चित्रण धीरगंभीरतायेन करतालें. आयकुपी कान दिवन आयकताले. आयकुप्यांमदें घराचे पडवेर बसून आशिल्ले पद्‌भूषण भौ. रवीन्द्रबाब केळेकार हांचोय आस्पाव आसलो. बाय नमनाल्या उलोवपा उपरांत रवीन्द्रबाबानी लागीं बसोवन तागेलें खास कवतुक केलें. खऱ्या अर्थान तो दीस बाय नमनाचो आसलो. आपणाल्या विचारांसयत ताणें सगळ्यांक आपणाली वळख घडयली. सत्तरीच्या वाठारांतलें स्वताच्या रूपगुणांनी पूर्ण विकसीत जाल्लें हें निजी रानफूल 'चित्रंगी'च्या माटवांत परमळटा तें पळोवन खूब खोस भोगली.

सत्तरी म्हालाक स्वताची अशी एक वळख आसा. एक वैचारिक बसका आसा. स्वातंत्र्य सेनानी आनी आतांच्यो समाज वावुरपी श्रीमती प्रेमा पुरव (आदल्यो तेंडुलकार) स्वताच्या कर्तुत्वान महाराष्ट्रांत तशेंच देशांत लौकिकाक पावल्या. त्याच घराब्यांतलीं स. शांती – सदानंद उर्फ भाई – सुहासिनी हीं सामाजिक मळार आपली कुरू रेखून गेल्यांत. नवोदित लेखक स. शाबा कुडतरकार आपणाले सामाजिक जाणिवेखातीर नदरेंत भरतालो. श्री. राजेंद्र केरकार, प्रा. प्रकाश पर्येकार हे लेखक आनी कार्यकर्ते सामाजिक विचार-धारेचें प्रतिनिधीत्व करतात. आतां तांच्याच खांदाक खांद लावन बाय नमन सावंत पावली मारता.

'मुक्तमन' नांवान आपणाल्या पस्तीस लेखांचो संग्रह घेवन तें आयज कोंकणी साहित्याच्या मळार देंवता. सत्तरीची देवराय जशी सैमीक रितीन चंवरता, सत्तरीच्या दोंगर-घळींतल्यान जशें पावसाचें उदक घसघसून व्हांवता, तशें बाय नमनाचें लेखन. सभाविक तशेंच निजाचें.

निबंद हो सृजनशील साहित्याचो एक प्रकार. कोंकणींत रवीन्द्र केळेकार, दत्ताराम सुखठणकार, चंद्रकांत केणी, दत्ता दा. नायक पासून तें मुकेश थळी मेरेनच्या निबंदकारांनी तो साहित्यप्रकार समृध्द केला. आमच्या प्रादेशीक तशेंच परदेशी भाशांनीय ताची गिरेस्त अशी परंपरा आसा. निबंदांत चिंतनाचो भाग अधीक येता. बरोवपी बहुश्रुत आसचो पडटा. एखाद्या विशयाचें ताका सर्वंगी ज्ञान आसचें पडटा. अणभव घेवन पचोवपाचीय ताची तांक आनी कुवत जाय. अशें म्हणटात, निबंद म्हणल्यार रांदनीवयल्या आदनाक आयिल्लो ओतो! ओतो तेन्नाच येता जेन्ना भितरलें भरिल्लें आसता, आनी शिजिल्लें आसता. बाय नमनान बरयिल्लें हें लेखन वैचारीक लेखांच्या स्वरूपाचें जालां. केन्ना केन्ना ताका वैचारिक निबंदाचोय तोंडावडो लाबला. तागेलें लेखन वाचतकूच सगळ्यान पयलीं एक गजाल लक्षांत उरता ती म्हणल्यार तागेली जागृत अशी सामाजिक जाणीव. दुसरी गजाल म्हणल्यार ताणें स्विकारिल्लें पूर्वसंचित. परंपरा, दायज हाचेविशीं ताका अभिमान. पूण हो अभिमान कुड्डो न्हय. कसलोय विचार, प्रथा, विधी तें बेस बरो वेंचून, आसडून घेता. मनीसपणाचे कसवटेर तिजून घेता!

तिसरी गजाल नदरेंत भरता ती म्हणल्यार आपणाल्या गुरूजनांविशीं, मार्गदर्शकांविशीं ताका आशिल्लो आदर आनी अभिमान.

बाय नमन मुक्त मनान विचार करता पूण हें मन उथळ न्हय, स्वैराचारी तर न्हयच. तें खूब संयमी, पूण भिजूड न्हय. सामाजिक विशमताय, वेगळेचार, शोशण हांचेविशीं बरयताना तें चार शिट्टी समाजाचेर मारता आसताना तातुंतल्यो दोन आपणाचेरूय मारून घेता.

बाय नमन एक भोव संस्कारी मनीस. सत्तरीच्या वाठारांत भौसाच्या घरांत दळिद्राचीच वसती म्हणल्यार अतिताय जावं नये. पूण असले गरिबींत लेगीत ताणें भुरगेपणांत आपलें मन खिन्नउपाक दिलें ना. जें कितें आपल्या वांट्याक आयलें तें सोसलें, भोगलें. गरीबीतलेंय सूख आपणायलें. काळखांतूय उजवाडाचीं किर्णां पोशांत सांबाळ्ळी आनी आपणाक घडयलें.

नमन जें आयज एक लेखिका पूण, एक नवोदीत चिंतक म्हण आमचे मुखार उबें आसा, तें ताणें भुरगेपणांत आनी जुवानपणांत केल्ल्या पुस्तकांच्या वाचनांतल्यान घडलां. त्याच प्रमाण ताका लाबिल्ल्या सद्‌वर्तनी आनी सदाचारी गुरूच्या मार्गदर्शनांतल्यान तशेंच भोंवतणचे परिस्थितींतल्यान तयार जालां.

Accn No: 003686

भाशेचे नदरेन तागेलें वाचन मर्यादीत. म्हणजे एव
आसूंक जाय. पूण जें वाचलां तें वेंचून काडून. सावित्री
आनंदीबाई जोशी ह्यो बायलो तागेल्यो आदर्श. वेदकाळांत नामना लाबिल्ल्यो मैत्रीयी, गार्गी, ऋषिका तशेंच इतिहास काळांतल्यो राणी लक्ष्मीबाई, रझिया हांचेविशीं ताका आदर तसो अभिमान. महात्मा गांधी, ज्योतिबा फुले, बाबासाहेब आंबेडकर, साने गुरूजी, डॉ. राम मनोहर लोहिया, बाबा आमटे हांगेल्या कर्तुत्वान आनी विचारान बाय नमन प्रभावीत जालां. तांगेल्या विचारांचो ताणें मुक्तपणान आपणाले बरपावळींत वापर केला. व्हडल्या मनशांचेर बरयता आसतनाच ताणें आपल्या गुरूक रमेश गांवस हांकाय मानवंदना दिल्या. गांवस सर : अहिंसा आनी क्रांतीचो दुर्मीळ समेळ. एका शिश्यान गुरूक दिल्ली ही गुरूदक्षिणाच म्हणपाक जाय. आयच्या काळांत आमचे मुखार कोण कसले आदर्श आसात? म्हणून कपाळ बडोवन घेवन आपलीच फसगत करून घेवप्यांनी बाय नमनाची मुजरत देख घेवंची.

बाय नमनाचे कांय लेख महान व्यक्तिंच्या विचारांची खावड घेवन येता, जाल्यार कांय लेख समाजांतल्यो सण-परबो-उत्सवांचो संदर्भ घेवन येता. शिगमो, चवथ, दिवाळी ह्या परबां आनी उत्सवाविशीं बरयताना तें आदलो उत्सवांचो अर्थ शेणला आनी तांकां विद्रूपपण लाबलां अशें दाखल्यांसयत दाखोवन दिता. रमजानाचो भावपणाचो संदेश सगळ्यांनी आपणावंचो अशेंय सुचयता. पूण त्याच बराबर मुक्षीम नदरेन तें तुळशीच्या लग्नाचे आख्यायिकेकडेन पळयता आनी एके 'अनिश्ट प्रथेक' 'सणाचे पदवेक' पावयल्या म्हूण आपणालो निश्चवूय प्रगट करता. (तुळशीचें लग्न कोणा बराबर?) देवी लईराईचे जात्रेवयल्या लेखांत (शिरगांवचे लईराईक गरज देवराईची) तें, ते जात्रेक नवो अर्थ दिवपाक आंवडेता. मिनाच्या खणींनी उध्वस्त जाल्ल्या शिरगांवच्या वाठाराक तें पांचवे 'देवराय' चें रूप येवंचे अशी आस्त बाळगिता. परंपरा आनी प्रथेच्या नांवाखाला होमखणांत जळपी लाकडां पळोवन ताचें काळीज चरचरता. तागेल्या संवेदनशील मनाचें तें आक्रंदन आसा पूण हे बाबतींत तें एकलें कांयच करूंक शकना. हें उक्तें सत्य आसा. कारण समाजाचे अंधश्रध्देची वीण सुटूंक शकना इतली घट आसा.

गांवांत गरीबाचे रोटयेक तूप लागना पूण त्याच गांवांत जी देवस्पणाच्या नांवार होमहवनां जातात तातूंत तूप जाळून वडयताना कोणांक चुरको बसना.

ज्या गांवांत झाडांच ना, त्या गांवांतल्या लोकांक लाकडां जाळपाचो कसलो नैतिक अधिकार फाव जाता? हाचो विचार कोणाचे तकलेंतूय येवपाचो ना. ‘चिखलकालो’ करपाक पावस नासल्यार टँकरांनी उदक हाडून चिखलकालो करपी आमी नव्या काळांतले भावीक! म्हणून म्हणचें पडटा, नमनाच्या आक्रदनांत आमी फक्त वांटेकार आसात. बस्स इतलेंच!

बाय नमन पुराणकथांविशीं बरयताना खूब जागृतपणान बरयता. आमचीं पुराणां म्हणून तीं कुड्डेपणान माथ्यार घेवपाचीं न्हय. हाची ताका बेस बरी जाण आसा. तें सांगता परकी रावणान सीतेक उबारून व्हेली खरी पूण ती ताका वश जालीना म्हणून रावणान तिचेर कसली आगळीक केलीना. तिच्या घोवान रामान मात तिच्या मनाची आनी गुरवारपणाचे स्थितीची पर्वा करिनासतना तिका रानांत सोडली. नमन मुखार बरयता, दादल्यांनी रचलां म्हणून रामायण जावपाक पावलां, तें कोणा बायलेन वो बायलांनी रचिल्लें जाल्यार ‘सीतायण’ जावपाचें. (धर्म राजकारणांतले अपप्रवृत्तीचे गुंडे वेचचेच पडटले.)

चवथीचो संदर्भ घेवन बरयिल्ल्या लेखांत परिणामकारक आपणाल्या भुरगेपणांतली याद तें भोव पध्दतीन मांडटा. ज्या गणपतीकडेन भुरगीं आपणालें दुख्ख पोटांत घालचें म्हण मागता त्या गणपतीच्या मुर्तिच्या पोटांत कागदांचे गुठले आसा म्हणपाचें तागेल्या बालमनाक कळटकूच ताच्या मनाची खर निराशा जाता.

बाय नमनाक गरीबांविशीं खूब आपलेंपण कारण तांगेल्यो व्यथा-वेदना ताणें खूब लागसून पळयल्या. स्वता अणभवल्या. मूठभर खावन सूपभर भायर वडोवपी गिरेस्तांचे वृत्तीचो ताका राग येता. ह्या देशांत कुबेरांचे पूत आनी फकिरांची प्रजा रावता अशे तरचें काव्यमय आनी अर्थमय विधान तें करता.

लेखिका पावला कणकणी वायट, अभद्र, अन्यायी, अशीश्ट, अमानवी, प्रदुशणकारी गजालींचो निशेध करता. तांचेविशीं नापसंती प्रगट करता. पूण ताका फक्त वायट तितलेंच दिसता अशें न्हय. समाजांतल्या सद्‌गुणांचोय लेखिका पाखो घेता.

सत्तरी गांवातलो एकलो मनीस बेंगळूर शारांत बायपास सर्जरी करपाक गेल्लेकडेन मरता. ताचें मडें गांवांत येवपाचें आसता. आनी मडें पावनाफुडें चवदा हजार फारीक करपाचे आसतात. अशा वेळार गांवांतले लोक एकठांय जावन

एके रातीन चवदां हजार कशे उबे करतात तो प्रसंग बाय नमन आपल्या लेखांतल्यान (काळजाचीं दारां उगडपाक कोण तरी दारांत मरपाकूच जाय?) उबो करता आनी गांवच्या मनीसपणांक होरायता. अपंगूळ भुरग्यांचे धांवपाचे सर्तितलो प्रसंग म्हणल्यार पाशाणांक लेगीत पाजर फोडपी! मोटे संवेदनशिलतेन बाय नमन तो चितारता. समाजांत शरीराची काळजी घेवपी जशीं 'ब्युटी पार्लरां' आसात तशीं मनाची काळजी घेवपी 'हार्ट पार्लरां' आसपाक जाय अशें तें सुचयता. (ब्युटी पार्लरां न्हय, काळीज सुंदर करपी हार्ट पार्लरां जाय). त्याच बरोबर वायट परिस्थितींत सांपडिल्ल्या बायलांखातीर नव्या तंत्रज्ञानाच्या आदारान 'हेल्प लायन' आसपाचे गरजेचेर भर दिता. (मनांतलें सांगू येत अशी खात्रेची 'हेल्पलायन' जाय)

सामाजिक विशयाचेर बरोवपी बाय नमन आनी नमनासारख्या हेर बरोवप्यांनी एक गजाल मतींत धरपाक जाय, ती म्हणल्यार फक्त समाजांतल्या धोंगा-पोंगाचेर बरोवन काम भागना. जेदेवेळार समाजांत शोशण, प्रदुशण, विषमता, अन्याय हांचे संबंदांत भासाभास जाता तातूंत ताणीं वांटो घेवपाक जाय. इतलेंच न्हय तर जेन्ना अशा प्रकारच्याआड जनआंदोलनां जातात त्या आंदोलनांत तांचोय आवाज आसपाक जाय. फक्त आवाजूच न्हय, प्रत्यक्ष सक्रिय सहभाग लेगीत. लेखक फकत भाश्यकार न्हय हें बरोवप्यांनी लक्षांत दवरपाक जाय.

नमनाक एक मनीस म्हण, एक गोंयकार म्हणून गोंयच्या इबाडपी फुडाराचो हुस्को जाता. कारण ताका गोंयचो, आपले मांयभूंयेचो मनापासून मोग आसा. जाका हो मोग आसा तोच मनीस असो कळवळटलो. बाकीचे 'ठेवले अनंते तैसिचे रहावे' म्हणून वगी रावतले वो नवे परिस्थितीक हात कांबरून शरण वतले.

गोंयांतल्या कोंकणी साहित्याक हेर भाशां सारखी चड व्हडली परंपरा ना. पूण कोंकणी साहित्याक पुरोगामी विचारांची एक बरबरी बसका लाबल्या. घडये 1946 वर्सा सावन, म्हणजे डॉ. राम मनोहर लोहिया गोंयांत येवन मुक्ती स्वातंत्र्याचो उद्‌घोश करीत पासून पुरोगामी विचारधारा आमकां लाबल्या आसत. राष्ट्रीय थरार हे पुरोगामी विचारांचें कवतूक जाता. त्या कवतुकांत भर घालपी अशें लेखन बाय नमनान केलां ही म्हज्या सारखिल्ल्या लेखकाक चड अभिमानाची गजाल.

बाय नमन सावंताच्या 'मुक्तमना'क प्रस्तावनेच्या रूपान, हें 'नमनाक घडोभर तेल' जावं येता. पूण हें बरोवप गरजेचें दिसलें देखून आनंदान बरयलां.

बाय नमनाक एक उदेती लेखिका म्हणून आनी फायची एक 'चिंतक' म्हणून हांव उपाट यश आवंडेतां.

– पुंडलीक ना. नायक

वळवय - गोंय
12.2.2010

मनोगत

दादल्याक निर्शेणी आयली, ताण वाडलो तो बार्रांत वता. केन्ना केन्ना आपली निर्शेणी, तिडक तो बायलेचेर काडटा. बायल निर्शेली जाल्यार खंय वता? बार्राचो पर्याय तिचे लागीं ना. म्हाका सदांच हे गजालीचें कवतूक दिसता – बायल इतल्या दुख्खांत, कश्टांत झिजली तरी लेगीत आपल्या संवसारांत सदांच आनंद सोदता. सर्जनशील सूख ती दिता. भायर कितलींय वादळां आयलीं, हुंवार आयले, दुकळ पडले तरी लेगीत भितर खोलायेंत खंय तरी एक कंवळी पालवी तिचे भितर आंकुरिल्ली आसता. हातूंत म्हाका बायलेचें सामर्थ्य दिसून येता. रुढी, परंपरा, बंदनां, समाजीक विशमताय हातूंत ती कितलीय बंदिस्त आसली तरी भितर खंय तरी तिका एक मुक्त मन आसता. ताच्याच बळग्याचेर ती स्वताचें जग सावरता. 'घर दोघांचं असतं. एकान पसरविलं तर दुसऱ्यानं आवरायचं असतं' अशें ल्हानपणांत वाचिल्लें. पूण पातळावप हो ताचोच हक्क आनी आवरप हें तिचेंच कर्तव्य जावन बसलां. दरेके बायले भितर खंय तरी आशिल्ले कंवळे पालवेची ताकाच लागून जाणविकाय जाली.

दिवचलच्यान लग्न जावन वाळपय आयले उपरांत खूब गजाली नव्यान मुखार आयल्यो. राष्ट्र सेवा दलाचे संस्कार शालेय जिणेंत जाल्ल्यान प्रबोधनाचें बाळकोडू थोडें चाखिल्ल्यान समाजीक विशमताय, अन्याय, अत्याचाराचीं स्वरूपां कळपाक लागिल्लीं. ताका लागून कांय गजाली मना पासून खटकपाक लागल्यो. त्यो उक्तावपाक मार्ग नाशिल्लो.

आदीं समाजीक विशयांचेर घरा भांवडां बराबर चर्चा-संवाद करपाची संवय आशिल्ली. एखाद्रे घडणुकेक वेगळ्या दिश्टीकोणांतल्यान तपासून पळोवपाची संवंय लागिल्ली. सर रमेश गांवस हांच्या खंबीर फाटबळाक लागून संतुलीत दिश्टीकोण रूजत गेलो.

सुनापरान्ताचे आदले संपादक संदेश प्रभूदेसाय आनी जवाहर बर्वे हांच्या आगऱ्या खातीर हांवें सुनापरान्तात स्वताक उक्तावपाक सुरवात केली. कोंकणी वाचकांच्या उपाट मोगाक लागून म्हजी उर्जा वाडतच गेली. धालो गे बाये धालो ह्या सदरा खाला हांवें वट्ट पन्नास लेख बरयले. वाचप्यांनीच ते म्हजे कडल्यान

बरोवन घेतले. ह्या सगळ्या चोखंदळ वाचप्यांक म्हजें अभिवादन. तातूंतल्याच वेंचीक पस्तीस लेखांचो हो संग्रह हांव साहित्यसेवेक दितां.

'पयलो चंवर' हे येवजणे अंतर्गत गोवा कोंकणी अकादेमीच्या अर्थीक सहकार्यान हें पुस्तक छापलां. अकादेमीचे अध्यक्ष एन्. शिवदास हांची हांव उपकारी आसां. म्हज्या ओबडधोबड विचारांक आनी उतरांक सुंदर आकार दिवन संपादकीय पानार सुवात दिवपी बाबनी नायक सराचे आनी जवाहर बर्वेचें हांव मनापासून उपकार मानतां.

सर पुंडलीक नायक हांणी प्रस्तावना बरोवन म्हज्या खडबडीत विचारांक वजन मेळोवन दिलें. साहित्यीक, नाटककार समाजाक आपल्या साहित्याच्या हारशांतल्यान तांचो चेरो दाखयता. तशें करतना जायते खेपे जायते जाण स्वता समाजीक समस्यां पासून वेगळे रावतात, पयस रावतात. पुंडलीक नायकसर हे समाजीक प्रस्नांक सरळ वचून भिडपी साहित्यिकां मदले एक. फकत 'रायटर' न्हय तर खऱ्या अर्थान 'फायटर'. जें मनांत तेंच भायर आनी जें भायर तेंच मनांत अशें व्यक्तिमत्व आशिल्ल्या पुंडलीक नायक सरानच म्हज्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवंची अशें म्हणुनूच म्हाका आनी म्हज्या इश्टांक दिसलें. तांणी स्वता जावन पुस्तकाचें पालकत्व स्विकारलें. मोलादीक सुचोवण्यो केल्यो. उतरान उतर जोखीत प्रूफ तपासलें. म्हजे सारकिल्या नव्या नावाड्याक साहित्याच्या दर्यांत विहार करपाचें बळगें ताका लागुनूच आयलें. तांचे उपकार मानपाक उतरां उणीं पडटात!

जाय तें मार्गदर्शन वेळावेळार करपी, हांव करपाक शकतां हो आत्मविश्वास दिवपी आनी पुस्तकांतलें उतरान उतर स्वताच्या प्राध्यापकी नदरे सकयल्यान घालपी प्रकाश पर्येकाराचें रीण फारीक न जावपा सारकेंच.

ऐनवेळार सांगुनूय सोबीत-सुंदर मुखपृश्ठ करपी निलेश महाले आनी अल्प काळांत दिर्घ काळाची इश्टिण जाल्ल्या पुराय टायपसॅटींग करपी ज्योती गांवकार ह्या दोगांचेंय अनमोल योगदान हांव विसरपाक ना.

वेळा वेळार मोलादीक सुचोवण्यो करून सेगीत सहकार्याचे तयारेंत आशिल्लो म्हजो इश्ट परिवार - पंक्ती जोग, प्रदीप काकोडकार, राजीव हेदे, प्रल्हाद नायक, प्रशांती तळपणकार, प्रतिभा बापट, अन्वेषा सिंगबाळ ह्या

सगळ्यांचें हांव उपकारी आसां.

म्हज्या दोनूय घरच्या मंडळींनी म्हाका सदांच उर्बा दिल्या. तांकां लागून तर हें कठीण बरप आनीक सोपें जालें. पयशां परस शिक्षणाचें म्हत्व पटोवन दिवपी संस्कार आई-बाबान घडयिल्ले. म्हजे बरोबरीन सगळ्यो संवेदना समजुपी, अणभवपी म्हजो जिवनसांगाती दिनेश सावंत, जायत्या लेखांतल्या विचारांक स्फूर्त दिवपी म्हजो चलो अमन आनी योग्य विचार लोकां मेरेन वचचे हे खातीर सदांच सादूर रावपाचो आग्रो करपी राष्ट्र सेवा दल साथी देवेंद्र कांदोळकार सर हांच्या रिणांत रावपूच म्हाका आवडटलें.

– नमन धावस्कर-सावंत
कोपार्डे-वाळपय.

मांडावळ

1. जायराती! वस्तूंच्यो काय बायलांच्यो? 1
2. व्हय, म्हाका सावित्री गावली 5
3. आयज साने गुरूजी फक्त पांच मार्कांचो! 11
4. चित्रंगी वांगडा फुलतना 16
5. आतां दुकळ, हुंवार, पावस, वादळ, वारें, बर्फ सगलेंच 'मेड इन चायना!' 22
6. संस्कारांच्या शेतांत रोवंया बाबांच्या विचारांचीं बियां 27
7. अस्तुरीच दितली धर्मकोल्ल्यांचे विकृत संस्कृतायेक सती! 32
8. सण-उत्सवांक धर्म-संस्कृतायेचे रंग नाकात 38
9. आमी तिका पोसतात! 43
10. पुर्वग्रही जावन नव्या विचारांचे कोंब आमी खुडत रावतले? 48
11. लोहियांचें स्मरण करून आमीय सक्रीय सज्जन जावंया! 53
12. मन आनी कूड पवित्र करपी रमजान 58
13. मरण: एक निश्चीत सैमीक सत 63
14. धर्म-राजकारणांतले अपप्रवृत्तीचे गुंडे वेंचचेच पडटले 68
15. मनीसपणाच्या मळबा पोंदा भरता देवेंद्र सरांची सागरशाळा 73
16. मनांतलें सांगूं येत अशी खात्रेची, 'हॅल्पलायन' जाय 78
17. शिरगांवचे लईराईक गरज देवराईची 83
18. देशामुखावयलो सेझ संग्राम 88

19. समाजांतय कांय 'रित्यो बाजू' आसात! 92
20. काळजार्ची दारां उगडपाक
कोण तरी दारांत मरपाकूच जाय? 97
21. 'गर्व से' कहो 'भारत हम बचायेंगे'! 102
22. 'लढ' म्हणपी शिक्षक जाय 106
23. बुद्धीवाद आपणावपाची बुद्ध
दी रे बुद्दीच्या देवा! 111
24. मोबायल : गरज, चैन काय
जिवावयलो खेळ! 117
25. काळखा वांगडा झगडूंक
पण्ट्यो दवरुंया सांबाळून! 122
26. हिंदू जनजागृती समिती
काट्यांतलीं फुलां फुलयत? 126
27. तुळशीचें लग्न कोणा बराबर? 131
28. 'आचार संहिता' सगळ्यांखातीर
कित्याक आसची न्हय? 136
29. भाविकांचे श्रद्धा कडेन खेळचें न्हय 142
30. आमी मनीस म्हूण जगचेंच नांत? 148
31. पांचव्या भगव्या आकांतवादाचो
ऑक्टोपस ना करपाकूच जाय! 151
32. गांवस सर: अहिंसा आनी क्रांतीचो
दुर्मीळ सुमेळ 157
33. गोंय ना करपाक आकांतवादी
घुरयेची गरज आसा? 163
34. २००७ वर्साक निरोप दितना... 168
35. 'ब्युटी पार्लरां' न्हय, काळीज सुंदर करपी
'हार्ट पार्लरां' जाय! 173

हालींसराक सगळ्याच प्रसार माध्यमांनी एक युक्ती काडल्या. कसलीय जायरात करतना बायलांचो जाय तसो वापर करून घेतात. कसल्याय उत्पादनांची जायरात आसूं, कुशीक एक सुंदर बायल उबी केले बगर तें उत्पादन तांकां सुंदर दिसचना. कसलेय गाडयेची जायरात आसूं, ती गाडी ती बायल चलोवं वा ना चलोवं, पूण कुशीक तिका हाडून उबी केली, भितर बसयली काय गाडयेची सुंदरताय वाडली. गाडी विकती घेतना फकत गाडीच मेळटा ती बायल मेळना

1. जायराती! वस्तूंच्यो काय बायलांच्यो?

हें खुबशे लोक जायरात मन लावन पळयतना विसरतात.

चल्यांच्या कपड्यांची शेवींग क्रिमीची, शेवींग ब्लेडीची, हॅर डायची, घडयाळींची, बुटांची, अंडरवॅरींची कसलीय जायरात आसूं, ती चलये बगर पुराय जायच ना. काळो सावळो चलो म्हूण ताचे कडेन पळोवंकय तयार नाशिल्ली चली क्रीम लावन चलो गोरो जातकच ताचेर फिदा जाता. चडश्यो जायराती ह्यो अश्योच आसतात. आपलो प्रॉडक्ट बरो. ताचो परिणाम बरो जाता हें दाखोवपाक लागून अश्यो जायराती येतात. कोणूय म्हणत हातूंत वायट ना. पूण वाडटे पिरायेचे भुरगे ह्यो जायराती पळोवन भुलतात तेन्ना भायल्या सौंदर्याचेर भर दिवपाक जाय अशें ताका दिसता. देखून चडशे तरणाटे चले, चलयो ह्या सौंदर्यप्रसाधनांचे भकीक पडटात. एकाद दुसरो काळो सावळो बुटको वा काळी सावळी मोटवी चली-चलो न्युनगंडाची शिकार जाता. ह्या चकचकीत जगांत आपल्या सारकीं सावळीं कांय कामाचीं नात अशें तांकां

दिसता. तांचो आत्मविश्वास उणो जाता आनी तांची प्रगती खुट्टा.

'पॉकेट मनी' ची बचत करून वा घरांतल्यान चड पयशे घेवन कॉलेजींत वचपी भुरगीं हीं सौंदर्यप्रसाधनां घेतात. कोण जॅल लावन केंस वांकडे तिकडे करतात. कोण जीन पॅण्ट अर्दीं कापून उडयता तर कोण मदीं मदीं बुराक मारतात. आतां आनीक शंबर शेंपड्यो लोंबिल्ल्यो जिनपॅण्टी चले-चलयो घालतात. पॉकेट मनीची बचत करून कोण आयज पुस्तक गॅलरींत वचून बरें पुस्तक विकतें हाडिनात. घडये तशी इत्सा आसल्यार आवय-बापूय चड पयशे दितले. पूण तीं बरीं पुस्तकां वाचून आपली वैचारीक समृद्धी वाडोवपाच्या, असल्या फालतू गजालीं खातीर आयज 'नो टायम'.

टीव्ही वयली एक एक जायरात पळयल्यार विचित्रूच दिसता. 'बीजलीऽऽ...हा! आ!' म्हूण एक बार बाला नाचता. सरभोंवतणी तिचे इश्टूच नाचतात. नाचतां नाचतां ती घुंवळ येवन पडटा. 'आरे कोई बिजली को बचाओ' म्हूण तिचे भोंवतणी नाचपी काचाबूल जातात. हेवल्सचो कोण तरी बटण दामता आनी बिजली ही बारबाला उठटा. 'बिजली बच गयी' म्हूण जल्लोश जाता. हातूंत विजेक वाचयात काय बारबालाक वाचयात हेंच कळना.

एका नळाची जायरात पळयतना तर पयलीं दोन फावटीं ही जायरात कितें म्हणपाचें कळ्ळेंच ना. एक व्हंकल लग्न जावन वयता. फाटल्यान आवय-बापूय रडटात पूण व्हंकल हांसता तें पळोवन न्हवरो व्हंकलेच्या हाता कडेन हॅण्डल ओडिल्ले भाशेन करता. ती सोमतीच रडपाक लागता. परतता आनी परत हांसता. तिचो धाकटो भाव दिदी म्हूण उलो मारून फाटल्यान येता तेन्ना हांसपी व्हंकलेच्या हाताकडेन न्हवरो परत हॅण्डल ओडटा. ती परती रडपाक लागता. जायरात कसली तर नळाची. हॅण्डल वयर करतकच नळ ओतता. सकयल करतकच बंद जाता. बायलांचो हो पद्दतशीरपणान जाल्लो वापर मनाक झिणझिणे हाडटा. दिसता बायलांक रडोवप वा हांसोवप दादल्यांच्याच हातांत आसता.

२०-ट्वेंटी क्रिकेट खेळ सुरू जाला थंयच्यान एक नवेंच फॅड खूब

गाजलां. 'चीयर गर्ल्स'. स्टेडियमाचेर सगळ्यांक दिसता अशे उंच माचयेचेर तांकां उबी करून चौको, सको मारलो काय हांणीं आंग हालोवपाचें. तांकां चियर्स करपाचें. आदीं चौको, सको मारलो काय परती परती रिप्ले दाखयताले, आतां 'रिप्ले' उणी आनी हांचो नाच चड पळोवचो पडटा. मदींच नाका जाल्ल्यो जायराती. मेडोना सारकी पॉपसिंगर जाता तितले उणे आनी पारदर्शक कपडे घालून आपल्या नव्या आल्बमाची जायरात करता तेन्ना क्रिकेटीची आवड आसूनय सगळ्यां मदीं हॉलांत बसून क्रिकेट पळोवपाकूच लज दिसता.

ह्या सगळ्या वयल्यान बायलांचो एक वस्तू म्हूण वापर करतात हें स्पश्ट दिसता. तिका जाय तेन्ना हासोवं येता, जाय तेन्ना रडोवं येता. खामसुत्री कशी नाचोवं येता. तिच्या सौंदर्याचो तिच्या आंगापांगाचो जाय तसो वापर करूं येता. आपलो धंदो, आपलो फायदो, करपा खातीर बायलो वापरतात.

पयशांक लागून बायलो ह्यो जायराती करतात आनी आमकां मात पयशे दिवन हे विकृती कडेन झुकपी संस्कृतायेची वाटचाल ओग्गी रावन पळोवची पडटा. बटबटीत दोळ्यांनी.

टिव्हीवाल्यांनी, चॅनलवाल्यांनी तर कहरच केला. पूण दिसाळींय हांचे पास्सून पयस नात हें हालींच सुरू जाल्ल्या नव्या दिसाळ्यान दाखोवन दिलें. नामनेचें खबरांपत्र, गोंयांत पयलेंच पावल दवरता म्हूण वर्साची वर्गणी दिली. पयलोच अंक घेवन ऑफिसांत वचून मदल्या वेळांत पेपर उगडलो जाल्यार खासा गोंयची म्हूण काडिल्ली पुरवणी नदर घालपा सारकी नासली. पेपर वाचुंकूच लज दिसताली; तसोच पर्सींत कोंबलो. घरा हाडून दवरतकच दोन पानां सोडून सगळ्यांनी सगळो पेपर परतिलो. गोंयांत खूब पेपर आसात. पूण इतले अश्लील फोटे आनी खंयच्याच पेपरांत येयनांत. स्टार डस्ट, फिल्मी ह्या मॅगझिनांचेर जें आसता तेंच ह्या पेपरांत दिश्टी पडटा. दर दिसा एक तरी उगडे नागडे बायलेचो फोटो ह्या पेपरार दिश्टी पडटाच. असलो पेपर भौशीक जाग्यार, बशींत, हॉटेलांत, ऑफिसांत, स्कुलांत, वाचपाघरांत कसो वाचपाचो? वाचप्याकूय लज आनी पळोवप्याकूय लज. पयल्याच दिसा पेपराचें नांवूच बायलांचे उगडे फाटीचेर बरोवन पेपरवाले कितें स्पश्ट करूंक सोदतात? हीच

गोंयची संस्कृती म्हूण दाखोवंक सोदतात? आतां सदांच ह्या पेपराचेर अशेंच मचमचीत, मसालेदार खाण मेळटलें, म्हूण सागूंक सोदतात. काय बायलांचे उगडे फाटीचेर आपलें नांव बरोवन हीच ह्या दिसाळ्याची बुन्याद आसा हें दाखोवपाक तिचो वापर करून घेतात.

शेजारचो कोणूय दोन अडेच वर्सांचो भुरगो नागडोच घरा खेळपाक येत जाल्यार आमचो भुरगो ताका हांसता. 'शीऽऽ नागोऽऽ शी' म्हूण चाळयता. तेन्ना कोणूय म्हणटा चल तुजे कपडे ताका हाडून दी. हो घरांतय वता आनी आपली चड्डी हाडून ताका घालता. दोगूय खेळपाक लागतात.

पयर अशेंच सारण मारतना टिपॉयचेर आशिल्ल्या पेपराचेर बेठेच कपडे पातळावन दवरल्यात म्हूण उखलपाक वच जाल्यार चलो धांवत आयलो आनी म्हणटा 'ते कपडे काडूं नाका गे. पेपरावयलें हें दिदी नागेंऽऽ आसा म्हणून हांवें म्हजे कपडे हाडून ताका घाल्यात.' पळयत जाल्यार हाणें ताचें तोंड तितलें वयर दवरून वेतभर फोटवाचेर हातभर शर्ट आनी पॅण्ट दवरल्या आनी ताका सारके घातिल्ले भाशेन केलां.

कपडे तशेच दवरून हांव चिंतेंत पडलें. जें ह्या माणकुल्या तीन वर्सांच्या भुरग्यांक कळटा तें आमकां व्हडांक केन्ना कळटलें?

❖❖❖

'सुनापरान्ता'ची '४ जानेवारी' ची 'आयतार' पुरवणी आनी पेपर घेवन बशींत चडलें. सीट मेळटकच पेपर उगडलो. पयल्याच पानार फोटो-दोग जाण्ट्यो गरीब बायलो भीक मागपाक बसल्यात आनी मुखावयल्यान जीन्स घाल्ल्यो कांय चलयो नेटान वतात असो तो फोटो. वयर बरयिल्लें - 'स्त्री मुक्ती दिसाय...?' त्या दिसाची आनी जिणेची विसंगती दाखोवपी हो कल्पक फोटो! उपरांत पुरवणी काडून वाचपाक लागलें. धुवो आमी सावित्रीच्यो ही ते

2. व्हय, म्हाका सावित्री गावली

पुरवणेची खाशेली स्टोरी आशिल्ली.

कुशिकच जीन्स पँट-टिशर्ट घातिल्ली, कॉलेज विद्यार्थिनी बशिल्ली. तिवूय पेपर तेळटाली, पुरवणेचें मुखेल पान पळोवन म्हणपाक लागली, 'सरभोंवतणचीं बायलां कोण तीं कळ्ळीं, पूण ही मदली बायल कोण?' हांवें 'सावित्रीच्यो धुवो' ह्या उतरांतल्यान सावित्रीच्या नांवार बोट दवरून म्हणलें 'सावित्री'. 'कोण सावित्री?' तिचो प्रतिप्रस्न. 'सत्यवानाली?' 'न्हय! यमा कडल्यान आपल्या एकल्या घोवाचे प्राण हाडपी सावित्री न्हय. ही सावित्रीबाई फुले. जिणें यमा कडल्यान कोंचून हाडली बायलांची अस्मिताय. जिणें यमाच्या रुपांतल्या पुरूशप्रधान संस्कृतीच्या चपक्यांतल्यान सोडयलीं कितल्याश्याच बायलांक. जिका लागून तूं, हांव, हीं सगळीं बायलां आयज घराच्या चार वण्टींच्या भायर सरून शिकून, काम करून आपल्या पांयांर उबीं रावूंक शकलीं ती. जिणें आमकां जल्माक घालूंक नासत, पूण दिले आमकां स्वताचे सर्जनशील

हात आनी सांगलें, मागपाक न्हय, मारपाक न्हय, आनी धर्मीक कार्यांत फकत मम म्हणपाकूय न्हय, हात वापरूंया नवनिर्माणांत!; जिणें दिले आमकां आमचे पांय आनी सांगलें – गरज ना घोवान माड्डुयिल्ले म्हेळे वाटेवयल्यान वचपाची, तुमीच निर्माण करात तुमची नवी वाट! जिणें दिले आमकां आमचे स्वताचे दोळे आनी स्वताची नदर; जिणें फुंकणी घेवन मारली फूक आमच्या मेंदवांतल्या कोळशांचेर आनी पेटयले इंगळे रखरखीत आनी दवरलें आदन क्रांतीकारी विचारांचें! तीच ही आवय आनी तूं हे आवयक वळखना?'

म्हजो स्टॉप आयलो. हातांतली पुरवणी ताकाच दिवन 'ही पुरवणी घे आनी वाच. हांव दुसरी घेतां. ही स्टोरी वाचले उपरांत वळखतलें तूं सावित्रीबाईक' म्हणलें आनी हांव देंवलें.

गीयर घालून बस वेगान गेली. म्हजें मन ताचे परस कितल्याश्याच नेटान धांवत फाटीं फाटीं गेलें, आनी अचकीत हांवें मनाक ब्रेक लायलो. पूण मनूच तें. थाऱ्यार उरता? परतें ब्रेक मारिल्ल्या जाग्यार हाडचें पडलें. अचकीत म्हजी नदर मोडणा वेल्या झाडापोंदा गेली. मोडूंक पाविल्ले एके खोंपींत एक म्हातारी बायल म्हेळकें, पिंजकें कापड न्हेशिल्ली, मिणमिणटे पणटेच्या उजवाडांत भाकरी भाजताली. फुड्यांत भाकऱ्यांची ही ऽऽ रास जाल्ली. 'आवयऽऽ आवय कितें करता गे तूं ह्या काळख्या रानांत? कोण तूं? एकलीच हांगा कशी?'

'हांव, हांव भाकरी भाजतां!' थरथरत्या हातान हाडांचो सांपळो जाल्ल्या बोटांनी भाकरी परतीत तिणें जाप दिली. 'कोणाक गे ह्यो इतल्यो भाकऱ्यो?' 'इतल्यो भाकऱ्यो? ह्यो पावतात? आनीकूय जाय. दुकळ आयला न्हय? प्लेगान सगळे कडेन सांवार केला. जायते लोक वाठार सोडून गेले. प्लेग जाल्ले, पूण अजून कुडींत जीव आशिल्ले भुरगे, जाण्टे खूब जाण हांगा उपाशीं आसात. तांकांच ह्यो भाकऱ्यो भाजतां.'

'आगे पूण तूं कोण? हांगा कशी?' 'हांव सावित्रीबाई!' हाडकुटे पांय आनीक पोंटा कडेन घेत तिणें जाप दिली. आंगा वयल्या कापडा परस चड जीर्ण तिची कूड जाल्ली, पूण खंबीर अशें तिचें मन आनी मनगट भाकरी

भाजपांत गुल्ल आशिल्लें.

'कोण? सावित्रीबाई? जिणें स्त्रिशिक्षणाची बुन्याद रचली ती? ज्योतीबा फुलेची घरकान्न?' हांवें बोटव्यांतलें कागद आनी पेन काडलें. 'व्हय! हांव तीच सावित्री. पूण ज्योतिबांची घरकान्न घडये जावंची ना, कारण तांचें घर व्हड, कुटूंब व्हड, खूब लोकांनी गजबजिल्लें, भुरग्यांनी किलबिलपी, बायलांच्या गटागटांच्या कामांनी भरिल्लें, सत्यशोधक समाजाच्या कार्यकर्त्यांच्या कर्तृत्वांत चमकुपी. वैचारीक खाद्यान परिपूर्ण भरिल्लें, जात-पात, गरीब-गिरेस्त, बायल-दादलो. ह्या सगळ्या भेदां पसून पयस आशिल्लें कुटूंब. हांव त्या घराचो एक वांसो. कुटुंबाचो एक घटक. तांचे फाटल्यान म्हज्यान जाता ते मेरेन तांचें कार्य फुडें व्हरपाचो प्रामाणीक यत्न करपी हांव तांची सखी.'

त्या यादिंनी तांचे दोळे विलक्षण चकचकताले. काळखे रातीक ते आनीकच स्पश्ट जाणवताले. हाडकुटे हात मात थांबनासतना आविरत भाकऱ्यो भाजताले. इतल्यांत धांवत, पळत, आपटत-धोपटत एक बायल सावित्रीच्या फुड्यांत आयली. पिरायेन चड जाण्टी दिसनाशिल्ली, पन्नाशीचे लागीं आसली. पूण कश्टान, गरिबान, दुख्खान ग्रासिल्ली. आंगा वयली साडी पिंजून तिस्त्यो वादऱ्यो जाल्ल्यो. सगळीं बोंदरां लागीं करत ती धडपडटाली. हातांतलो वाडगो केन्नाच पडिल्लो. कुशीच्या फातरार बसोवन तिका मातशी सावचीत केली. 'कितें जालें? तूं कोण? आनी हे रातची अशी?' भियेत भियेत आडखळत तिणें गंभीर आवाजांत जाप दिली, 'हांव 'लोकशाय'. भाकरी घेवन गेल्ली म्हज्या भुरग्यांक, पूण भाकरेच्या वाडग्यार कोलसुण्यावरी घालून घेतलें सगळ्यांनी आनी तांचे मर्दीं म्हजी ही अशी फरफट जाली. तांणीं म्हाकाच भिकारीण केली!'

'कोणें? आनी खंय आसात ती?'

'म्हज्याच भुरग्यांनी. थंय त्या 'शिक्षण विकास संकुलांत' आसात. स्वताची उदरगत करपांत गुल्ल आसात तीं. चल दाखयता तुका.' आपले म्हेळके कडकडपी हात म्हज्या धव्या चुडीदाराक लावन ओडीत तिणें म्हणलें. हांव तिचे फाटल्यान चलपाक लागलें.

दोळे दिपकावन उडोवपी ती सात माळयांची इमारत पळोवन हांव अजापीत जालें. भारताची शिक्षणीक उदरगत पळोवन मन भरून आयलें. चकचकीत त्या आवारांत भितर सरतना वांगडा आशिल्ले म्हेळे हळदुवे लोकशायेची लज दिसताली. जंय थंय टाय सूट घाल्ले लोक वावुरताले. पूण आमचे कडेन कोणाचें लक्षूच नाशिल्लें. व्हडा व्हडा स्क्रीनां मुखार बसोवन लोक टकाटका करताले. दोळ्यांनीय आनी बोटांनीय. लोकशाय म्हणटालीं 'हें आयटी सॅक्शन. चाल्स बॅबेज कोनशाक बसून इ-बूक वाचपांत गर्क आशिल्लो. ही लायब्ररी' अशें म्हणून लोकशायेन म्हाका एक मोबायला येदें पुस्तक दिलें जाका पानां नासलीं तर वेगवेगळीं कार्डां आसलीं. बेठेच चाळून हांवें पळयलें खंय वि. स. खांडेकार, बा. भ. बोरकार, ना. सी. फडके बी दिसतात काय म्हूण, पूण कोण म्हाका दिसलो ना. वायरी आनी सर्किटां भरून ती लायब्ररी चीप चेप जाल्ली.

लोकशायेन परतो म्हजो धवो फुल्ल झब्बो ओडलो. हांव वडत गेलें. विज्ञानीक विकास संकुलाच्या दालनांत. धडा धडा माकनाचो आवाज कान फोडटालो. बॉयलर्स, फॅक्टऱ्यो, गाडयो मोटरींची रंवरंव. कुशीक न्युक्लीयर बॉम तयार करपांत मशगूल जाल्ले पिशांवरी दिसपी विज्ञानीक दिसताले तर दुसरे वटेन टी. व्ही. म्हऱ्यांत नाचपी भुरगीं. संबंद दालनांत थंड एसीचें ल्हार कुडीक थाकाय दितालें.

म्हजो झब्बो परत ओडलो. आतां मात हिका सांगचें शें दिसलें- 'म्हजे कपडे लोळय नाका हां!' हांव म्हणटलें इतल्यान नाका-तोंडांत घाण वास भरसलो. पर्यावरणांतले उदरगतीच्या संकुला कडल्यान आमी वतालीं. पांय सगळे धुल्लान तांबडेच जाल्लें. कोयराच्यो ओंकारी येवपी घाणी असह्य जाल्यो आनी भूक भूऽ क अशीं उतरां कानार पडलीं. हड्ड्याचो सांगाडो जाल्ले शेतकारभाव झाडांक गोळ घेताले. सकयल आक्रोश चलिल्लो. धुल्लांत-रेब्यांत भुरगीं भूऽऽक भूऽऽक म्हूण वळवळटालीं. म्हजो झब्बो ओडचे पयलींच हांव थंयच्यान निसटलें. फुड्यांत राजनितीक विकास संकूल उबें आसलें.

राजनितीक विकास संकुलांत सगळे धवेच कपडे घातिल्ले, गांधी तोपयो

घातिल्ले तांबडेगूंज उजवाडांत बशिल्ले. खुर्च्यांचेर हजार पांचश्यांच्यो नोटी लायिल्ल्यो दिसताल्यो. हाची रेट कितें रे? LDC कितले रे? UDC कितले, सात लाख? RTO कितले, वीस लाख? अशीं उतरां कानार पडटालीं. एके वटेन भूऽऽक भूऽऽक आनी हांगा फेस आयिल्ल्या पेल्यांत नोटींचो सोरो पळोवन मन विशण्ण जालें. तशेंच जड काळजान हांव फुडें वचत रावलें. वयलीं उतरां वाचून मन धादोसलें – 'महिला विकास संकूल.' व्हडा उमेदीन भितर सरलें.

थंय चकचकीत शिंवासनार बशिल्ली दिसली मायावती. पीएमच्या कदेलार दिसली इंदिरा गांधी, on your mark च्या पोझान पी.टी. उषा, सुनिता विल्लीयम्स चडटाली अंतरिक्षाचीं सोंपणां. अरूंधती रॉय करताली माणकुलो क्रिसमसाचो गोठो, तर ताका बांद घालपाक मजत करताली मेधा पाटकर. तस्लिमा आसली हातांत क्रांतीचें पेन घेवन, तर किरण बेदी तयारेंत आसली हातांत बडी घेवन.

दुसरे वटेन पळयल्यो मिनी मिनी स्कर्टी घातिल्ल्यो तरणाट्यो चलयो.

टायट पँट, वयल्यान तायट टी-शर्ट घाल्ल्यो मॉड गर्ल्स. तांच्या कानाक आसले हेडफोन्स, हातांत मोबायल, बियरी आनी हय, घुंवळीं वखदांय बी. पांयांत रॉक म्युजिकाचो ताल. कांय जाणां अर्दनग्न. कुशीकच कांय नशेंत तर्र जावन लोळटालीं.

तिसरे वटेन नदर गेली. माथ्यार जड वजें घेवन हांडीर धाकट्या भावाक घेवन रस्त्या कुशीक खणपाचें काम करपी कामगाराची चली. थंयच कुशीक सासुमांय आपले सुनेक हुंड्याक लागून पॅट्रॉल ओतून लासता, तर फुडें कितलेशेंच कोलसुणें एके नशेंत घुंवळिल्ले चलयेक चाबतात...!

म्हजें तन आनी मन भेरेवन गेलें तो देखाव पळोवन. लोकशायेचो म्हाका विसर पडलो. तें सगळें पळोवन म्हाका सोंसपाक जायना जालें आनी हांवें धांव मारली. संकुलाचे भायर एक दादलो महिला शिक्षणीक विकासाचो रिमोट कंट्रोल घेवन आशिल्लो. ताका हांव आदळ्ळें. ताणें दोळेमोटे केले. हांव भियेलें. सगळे कोलसुणे म्हजेच फाटीक लागिल्लेवरी दिसले. शिक्षणीक विकास

WORLD KONKANI CENT... LIBRARY

संकुलाच्या मुखेल दारा भायर हांवें धांव मारली आनी व्हड अशा फातराक आदळून म्हजो कपाळमोक्ष जालो. नितिमुल्ल्याच्या फातराक आदळून आखाणो फुटलो. दोळ्यां मुखार नखेत्रां लिकलिकलीं. धवो फुल्ल झब्बो तांबडो गूंज जालो. खोल खोल घळींत हांव कोसळटां अशें म्हाका दिसलें. दोळे म्हजे प्रयत्न करून उक्ते रावनांत. ते धांपतां धांपतां फातरां वयलीं अक्षरां म्हजे नदरेक पडलीं. 'विज्ञानीक दृश्टीकोण'. शिक्षणीक विकासा पासून कितलेशेच किलो मिटर पयस हो बुन्यादिचो मुखेल फातर कसो कितें पावलो? म्हण्टा म्हणसर हांव बेशुद्ध जालें. घाव तकलेक जाल्लो, पूण काळिजूय दुखपाक लागलें. अचकीत हात वयर बंद दोळ्यांचेर आयले.

'बाय, पेपराची पुरवणी सकयल पडली, उखलता न्हय?' पेपरवाल्या भाऊन म्हाका शिटकायलें. शॉक लागिल्ले वरीं हांवें दोळे उगडले. दुसरी पुरवणी घेतली तरिकूय हांव विचारांच्या भोंवऱ्यांत भिरभिरतालें. हांव बावगलें आनी पुरवणी उखल्ली. पयल्या पाना वयली सावित्री जशी कितें म्हजेच कडेन पळयताली आनी प्रसन्न चेहऱ्यान हांसताली.

❖❖❖

संवसारांतलें सगळ्यांत सोबीत उतर खंयचें म्हूण कोणेंय विचारलें जाल्यार ताका जाप एकूच -'प्रेम, मोग'. आनी प्रेमाचो, मांगल्याचो, करुणेचो, देशभक्तीचो झरो कोण म्हूण विचारलें जाल्यार ताकाय एकूच जाप मेळटा. ती म्हणल्यार 'साने गुरूजी'.

संवसारांत मोग करपाक कोणाकूच शिकोंवचें पडना. जाल्ल्या भुरग्यां मेरेन ते कीड, मूंय, झाड, पेड, पान, मनीस, जनावरां, सवणीं सगळेच मोग

3. आयज साने गुरूजी फक्त पांच मार्कांचो !

करतात. आवय, बापूय, भुरगें, भाव, घोव, बायल, इश्ट, काका, काकी, मामा, मामी, आजो, आजी, आतें हीं सगळीं नातीं प्रेमाच्या अदृश्य धाग्यान बांदिल्लीं आसतात. कोण कोणाक सांगना, कोण मागिना, कोण दिना, कोण घेना, पूण प्रेम हें सर्वव्यापी. तातुंतल्यानच 'कुटुंब' जी देशाचे बुन्यादीची संस्था आसा ती बांदिल्ली उरता. मातशें मन व्हड केलें जाल्यार कुटुंबाचें समाजा कडेन, समाजाचें देशा कडेन आनी पर्यायान व्यक्तीचें देशा कडेन हें प्रेमाच्याच धाग्यांनी बांदिल्लें नातें आसा.

सामाजीक कर्तव्य आसाच, पूण कर्तव्याक जर प्रेमाची झालर लायत जाल्यार कर्तव्याची कठोरताय वचून थंय प्रेमाची ओलसाण, गोडी आनी सहजताय येता.

कुटुंबा कडल्यान आनी समाजा कडल्यान देशा कडेन वतना आमच्या प्रेमाक खूब फांटे फुट्टटात. जातीचे, धर्मांचे, राज्याचे, समाजाचे, वर्णाचे,

वर्गाचे आनी हेर. हे सगळे फांटे निमुळटे जायत वतात. सगळ्या प्रेमाच्या फांट्यांचें मिलन हें देशा कडेन जावंक जाय, पूण कांय फांटे इतले निमुळटे जातात की ते देशा कडेन पावचे पयलींच थांबतात. ही उणाक, मोटवी प्रेमाची वाट स्वार्थ, इर्श्या आनी संकुचीत वृत्ती रुजयता.

ह्या सगळ्या फांट्यांतल्यान कुटुंबाच्यो, नात्याच्यो, जातीच्यो, धर्माच्यो, देशाच्यो सगळ्यो शिमो चिरून, फोडून मुखार वता तो महामार्ग म्हणल्यार मानवतेच्या धर्माचो, मानवतेच्या प्रेमाचो. आपल्या ल्हानश्या आयुश्यांत अशा महामार्गाचेर आपलीं पावलां उदेवपी, फुडल्या कितल्याश्याच पिळग्यांक हो महामार्ग दाखोवपाचें काम करपी ती व्यक्ती म्हणल्यार साने गुरूजी.

पांडुरंग सदाशीव साने, धवो सदरो, धवी तोपी, गबाळ अजागळ अवतार. आयचे पिळगेक आकर्शीत करपी अशें कसलेंच खाशेलेपण नाशिल्लो असो हो मनीस. पूण आख्खी पिळगी आनी तेय फाटल्यो कितल्योश्योच पिळग्यो घडोवपाची उपाट उर्जा आशिल्ली अशी ही विभुती. महाराष्ट्रांत घरा घरांत फोटवाच्या, 'श्यामची आई' पुस्तकाच्या आनी विचारांच्या रुपान पावपी एक स्निग्ध जिवनधारा, अविनाशी विचारधारा.

गुरूजी ल्हानपणा सावन संवेनशील. टीप कागदा सारके. हुशार, निर्भींड, मोव अंतस्करणाचे. दुसऱ्यांच्या दोळ्यांतलें दूख पळोवन अस्वस्थ आनी दुखी जावपी न्हय. तर तें दूख नानपयत करपाचो प्राणांतीक यत्न करपी अशे.

'श्यामची आई' सिनेमा जायत्या जाणांनी पळयला आसतलो. एक एक प्रसंग दादल्यांचे दोळे आनी बायलांचे पदर ओले करपी. 'पांयांक घाण लागूंक जायना म्हूण पांयांक जपता तशी मनाक घाण लागूंक जायना म्हूण मन जप रे बाबा' अशें श्यामाक सांगपी ताची आई आनी आयुश्यभर निर्मळ जीण जगपी वाटकुळ्याच तेजस्वी दोळ्यांचो श्याम आमच्या मनांत सिनेमा सोंपलो तरीय उरता.

साने गुरूजी हे फकत गुरूजीच न्हय, तर तळमळीचे हाडाचे कार्यकर्ते, सुसंस्कारांची दिका दिवपी साहित्यीक, द्रश्टे पत्रकार आनी सच्चे देशभक्त.

'विद्यार्थी', 'छात्रालय', 'काँग्रेस', 'प्रदीप', 'कर्तव्य', 'साधना', 'भारत' सारकीं कितलीशींच दिसाळीं, सातोळीं, म्हयन्याळीं तांणीं काडलीं. तांचें

कसलेंच काम वैयक्तीक नासलें. तांची दरेक कृती, दरेक उक्ती ही देशहीत, समाजहीत, मनीसहीत हाचोच संदेश दिताली. तांचें व्यक्तीमत्व जिवनाभिमूख आसलें. ते सदांच म्हणटाले, 'आपूण जिविताचो एक नम्र उपासक. सरभोंवतणचो सगळो संवसार सुखी, समृद्ध जावंचो, ज्ञान-विज्ञानमय, संपन्न आनी प्रेममय जावंचो हीच एक म्हाका तळमळ. म्हजें बरोवप वा उलोवप, म्हजे विचार वा प्रार्थना ह्या एकाच ध्येया खातीर आसतात...'

स्वातंत्र्य झुजांतलीं भाशणां दितना गुरूजींचे जिबे वयल्यान भारताचो सगळो इतिहास आनी स्वातंत्र्य लढो पाझळूंक लाग. तांचीं उतरां आयकुप्यांच्या काळजाचो थाव घेतालीं. स्वातंत्र्य लढ्यांत मजतीचें आवाहन गुरूजींनी केलें तेन्ना पयशांचो लोट आयलो. कोणें बोटांतल्यो मुदयो दिल्यो. कोणें भुरग्यांच्या हातांतलीं कांकणां दिलीं. बायलांनी तोडे, काकणां दिलीं. इतलो प्रभाव गुरूजींच्या भाशणाचो आसतालो. तांचीं उतरां काळजांतल्यान येवन काळजाक भिडटालीं. हरशीं संकोची वृत्तीचे, फाटीं फाटीं रावपी, गुठली करून बसपी, पूण एकदां उलोवपाक लागले म्हणजे डरकाळ्योच फोडटाले. गरज तेन्ना धारदार, गरज तेन्ना मोव, भाशणाचो विलक्षण मेळ तांचे भितरूच दिसतालो. मनीसपणाच्या उमाळ्यान भरिल्ली तांची वाणी आसताली.

कसलेंय काम करपाक गुरूजींक केन्ना उणेपण दिसलें ना. जे तन्मयतेन ते वर्गांत शिकयताले, तेच आत्मीयतेन आनी मायेन भुरग्यां खातीर जेवण करताले. तांचीं हाथरुणां काडटाले. संडास नितळ करताले. आपल्या हाताक सेवेची, घाण निवळ करपाची, कोणाचीं दुखां पुसपाची भूक आसा अशे ते म्हणटाले.

कितलीशीच उच्च दर्जाची साहित्य संपदा तांणीं विद्यार्थ्यांक, तरणाट्यांक, सामान्य मनशाक दिली. दुसऱ्या भासांनी जें कितें बरें आसा तें बोली भाशेंत हाडून जनसामान्यां मेरेन पावोवपाचें काम केलें. कथा, काणयो, कादंबऱ्यो, कविता, निबंद बरयले. अणकार केले. पूण स्वताक केन्ना साहित्यीक म्हणून घेतलें ना. तांकां लिखणे इतलेंच सारणीचें म्हत्व दिसतालें. साहित्य मेळाव्यांत गेले नात, संमेलनांनी वांटो घेवंक ना. तांची साहित्या विशीं वेगळीच स्वतंत्र भुमीका आसली. 'जांकां कलेचो विकास करपाचो आसा तांणीं पयलीं स्वताचो

विकास करप. तुमी जितले मनान, विचारान, काळजान, कल्पनेन मोटे जातले तितलीच तुमची कलाकृती मोटी जातली. दुसऱ्यांच्या सुखदुख्खां वांगडा एकरूप जाता तोच बरें चित्र काडूंक शकता. अमर कविता, अमर वाङमय बरोवंक शकता.' अशें ते म्हणटाले. 'आपलें वाङमय कशेंय आसलें तरी आपणें तातूंत रगत ओतलां. प्राण ओतल्यात.' अशें तांचें म्हणणें. हाचे वयल्यान साने गुरूजी म्हणचे महात्मा गांधी आनी रवीन्द्रनाथ टागोर, सेवावृत्ती आनी काव्यशक्ती हांचें मिलन आशिल्लें हें कळटा.

गुरूजी साहित्य मेळाव्यां पासून चडशे पयसूच रावताले. पूण पुण्याच्या मराठी साहित्य संमेलनांत वांटो घेतिल्लो. थंय तांणीं 'आंतरभारती' चो थाराव मांडलो. मागीर 'आंतरभारती' चे कल्पनेक खूब प्रसिद्धी मेळ्ळी. 'आंतरभारती' हें साने गुरूजीन आपल्या काळजाच्या एका निर्मळ कोनश्याक बाळगिल्लें अखंड भारताचें सपन. सगळ्या वाठारांनी भारतीय जावप आनी सगळ्या भारतान अदीक भारतीय जावप अशी ही संकल्पना. भारतांतल्यो सगळ्यो भाशा, संस्कृती, साहित्य एकेच कडेन हाडपाची. जंय भारताचो एकचार शिकयतले, अणभवतले अशी संस्था काडपाचो गुरूजींचो हावेस आसलो.

आयज स्वतंत्र्याच्या साठ वर्सां उपरांतूय ह्या कामाची गरज खूब वाडत चल्ल्या. प्रांता -प्रांता मदीं झगडीं. भाशा, साहित्य, कला, जात, धर्म, वर्ण अश्या सगळ्या वाठारांनी आमी फुटूंक लागल्यात. भारताचे अखंडतायेक सगळे विसरत चल्ल्यात. गुरूजींचें द्रश्टेपण हें हांतूंतच येता. आयज आमी झगडपाकूच उरलीं आनी तांचें सपन सपनूच उरलें.

'भारतीय संस्कृती' ची मक्तेदारी आयज कांय गट घेवन बसल्यात ते संस्कृती विशींचे गुरूजींचे विचार तांच्या कानाक लागून लेगीत गेल्ले नासतले. गुरूजी म्हणटात ''भारतीय संस्कृती म्हणजे शेवटा कडल्यान अनंता कडेन वचप. काळखा कडल्यान उजवाडा कडेन वचप. भेदा कडल्यान अभेदा कडेन वचप. चिखलांतल्यान कमळा कडेन वचप. विरोधांतल्यान विकासा कडेन वचप. विकारांतल्यान विवेका कडेन वचप. गोंदळांतल्यान वेवस्थे कडेन वचप. बोवाळांतल्यान संगीता कडेन वचप. भारती संस्कृती म्हणजे सगळ्या धर्माचो, सगळ्या जातीचो, ज्ञान-विज्ञानाचो, सगळ्या काळांचो मेळ

घडोवन हाडपी सगळ्या मानवकुळाचो महामेळ. मनशाक मांगल्या कडेन घेवन वचपी भारतीय संस्कृती. तिचोच ल्हानसो जरी आपूण उपासक जालो तरी खूब जालें. दुसरी कसली इत्सा ना.''

देवाची भक्ती करप्यान आदीं सरभोंवतणच्या जिवां वांगडा एकरूप जावपाची गरज आसा. कारण सरभोंवतणचे जीव हे देवाचींच रुपां. अशें आसुनय क्रिस्ताक खुरसार चडोवपी, देव मानपी आमीच. तुकारामाची गाथा इंद्रायणींत बुडोवपी धर्माचरणी आमीच. ज्ञानदेवाचो छळ करपी पापभिरू आमीच. आनी 'खरा तो एकची धर्म जगाला प्रेम अर्पावे' अशी शिकवण दिवप्याक विठ्ठलाचें देऊळ दलितां खातीर उक्तें करपाक लागून आमरण उपासाक बसोवपीय आमीच.

आयज आमच्यो संवेदना बोथट जायत चल्ल्यात. आमकां अर्धांगवायू जाला. आमच्या मनाक, आमच्या कानाक, आमच्या दोळ्यांक कांय कळना. कांय आयकूंक येना. कांय दिसना. जग लागीं आयलें, पूण शेजारी पयस पावले. 'देशभक्ती' नांवाचें बाळकडू हें ल्हान आसतना शाळे पुरतेंच. तेंवूय फकत प्रार्थना म्हणपा पुरतें, फुडें देशाक आनी देशभक्तीक कोण खाता?

आयज म. गांधी आसलेय जाल्यार धा मार्कांचे आनी साने गुरूजी जाल्यार पांच मार्कांचे. ते भायर तांच्या आचार विचारां कडेन आमचो संबंद ना. हांगा नित्य नेमान धर्मदुस्वास, जातदुस्वास, प्रांतदुस्वास, भाशादुस्वास हांचें रोपण जायत आसा. वेगवेगळ्यो संस्था ताका सारें उदक घालीत आसात.

आयच्या दिसा आमी कितें शिकूं, ना शिकूं. पूण गरीब, गरजू, अडिल्लो, नडिल्लो दिसलो जाल्यार ताका मजत नाका. निदान ताचे खातीर सहानुभुतीचें, सहवेदनेचें एक दूक जरी आमच्या दोळ्यांत आयलें जाल्यार ती गुरूजींक आदरांजली थारतली. संवसारांतली सगळी अपुर्णताय ना करून तिका पुर्णतायेच्या दारांत पावोवपाची तांक एका दुकांत आसता. म्हूण 'सारे काही नेई धन सूख मान परे हे लोचन राखी ओले.'

❖❖❖

पयलींच ‘चित्रंगी’ हें नांव आयकतकच म्हाका बरें दिसलें. दाऽऽट बाऽऽरीक पानांची पांचवीचार वाल फुड्यांत आयली. आनी तितलींच दाट तांबडींच फुलां, फुनेलां कशीं. तिचेर वाऱ्यान धोलपाक, हांसपाक, खिदळपाक लागलीं.

ल्हान आसतना गांवांतल्या खुबश्या दारांदारांनी गोंयड्याचेर दोनूय वटानी वयर येवन उरफाटें इंग्लिश कॅपिटल यू करून येवप्या वचप्याक येवकार दिवपी

4. चित्रंगी वांगडा फुलतना

हो चित्रंगीचो माटोव. चित्रंगीचीं सुकिल्लीं फळां आमी भुरगीं गोंयड्यार चडून, काडून फोडटालीं. तातुंतल्यो बियो तश्योच दवरतालीं. दुसऱ्या पावसाक रोवपाक. पूण त्यो खंय शेणटाल्यो आनी पयलो पावस पडलो काय आपलीं बारीक बारीक केंस कशीं पानां घेवन चित्रंगी परती आमकां खुणायताली. ती हाडून परती आमी गोंयड्याचेर लायतालीं. आतां ते गोयंडेय उरूंक नांत आनी ते चित्रंगीचे माटवूय नांत. आतां आसा कॉंक्रिटाचे खांबे आनी मोल्डेड आयर्नांच्यो गेटी. दोनूय वाटानी तांच्या झेतान उबे आसतात दोन लायटी दिवे. पूण त्या दिव्यांच्या झगमगाटाच्या उजवाडांत लेगीत सोदून म्हाका चित्रंगी मेळ्ळी ना. ह्या कॉंक्रिटाच्या जंगलांत खंय खंय सोदतलें नाजूकशे चित्रंगीक? म्हूण मदीं हांवें तो नाद सोडलो.

अचकीत कोंकणीच्या मळार ‘चित्रंगी’ म्हूण आयकुपाक, वाचपाक मेळ्ळें तेन्ना पयलोच पावस पडून टवटवीत जाल्ले वरीं म्हाका तरतरी आयली.

सोदीत सोदीत विचारीत गेलें जाल्यार पांचवेचार झाडींत पुंडलीक नायक सराल्या दारांत पावलें. 'चित्रंगी'चे पांचवेचार वेलीर फकत तांबडीच न्हय, तर रंगरंगयाळीं फुलां नाचतात, खिंदळटात, धोलतात, हांसतात तें पळोवन मनाक खोस भोगली.

हांव थंय पावलें तेन्ना पिळग्यां पिळग्यां मदल्या संघर्शाचेर भासाभास चालू आसली. आदरणीय रजनी भेंब्रे मॅडम उलयताली. मातशें 'अॅडजस्ट' जावपाक म्हाका कळाव लागलो. इतले दीस 'सुनापरान्तातल्यान सगल्यां कडेन उलयतां. मनाचो मना वांगडा संवाद सादतां. स्वगत सांगत वतां. पूण पयलेच फावट तशें कोंकणी माचयेर आयल्लें. मन मातशें दुबावीत आसलें आनी रोखडेंच म्हाका सगलें म्हजेंच अशें दिसलें, ल्हान व्हड सगलीं म्हज्याच मनांतलें उलयतात अशें दिसलें. ह्या प्रस्नाचेर हें उलोवंक जाय आसलें असो म्हजोच म्हज्या मनाक सल्लो. परतें मन म्हणटा. 'आतां आयलांच, मातशें आयक' असो ती भासाभास आयकतना म्हजोच म्हज्या मना वांगडा चलिल्लो संघर्श. हांव मनाचें आयकतां, मन म्हजें आयकता म्हणसर फुड्यांतलो पिळग्यां पिळग्यां मदलो संघर्श सोंपून फुडली कार्यावळ सुरू जाल्ली. चर्चा बरी रंगली आनी वेळाच्या उणावाक लागून सोंपोवची पडली. चित्रंगींतल्यान परततना कांय प्रस्नांनी म्हजी फाट सोडली ना. म्हजें मन तांचे फाटल्यान धांवतना हांव म्हजेच कडेन उलोवंक लागलें.

एका धा-इक्रा वर्सांचे चलयेन म्हणिल्लें, 'रातचें बारा जायसर हांव टिव्ही पळयतां. तिनसांजे टिव्हीच्यो कार्यावळी आनी चॅनल घरांतल्या हेर मनशां खातीर 'बूक' जाल्लें आसतात. रातच्या बारांक पप्पा येता आनी म्हाका विचारता, 'अजून कित्याक गो तूं जागें?'

'आरे! तूं आतां येता घरांत आनी परतो म्हाका तापयता?

एका बापायन आपली अडचण सांगिल्ली. 'म्हजो चलो म्हाका विचारता, पप्पा हांव बारांत वचूं? तेन्ना हांवें कितें सांगचें? हांवूय पियेतां, आनी म्हजी 'लिमिट' म्हाका खबर आसा. लिमिटान केल्ली खंयचीच गजाल हांव वायट मानिना.'

एक तर चलो अशें विचारता, हातूंत खूब कितें कळटा. हाचो अर्थ तो पयलेच फावट घडये वचपाक भायर सरला. तो 'हांव इश्टा वांगडा भोंवपाक वचूं? हांव खेळूंक वचूं? हांव लायब्ररींत वचूं? हांव गार्डनांत वचूं?' असले प्रस्न विचारिना म्हणजे ह्या प्रस्नाची जाप ५०-५० आसूंक शकता. घडये ही गजाल वायट हें तो जाणा म्हणून तो हो प्रस्न करता. ताणें न्हयकारी जापेची अपेक्षा धरल्या.

बरें! बारांत वचपी भुरगो सोडा पियोवन भायर येतलो ही शक्यताय उणी. जे संगतीक लागून वाडटे पिरायेचो भुरगो हें विचारता ती संगत ताका ताची लिमीट खबर आसुनूय ती थारावपाक दिवंची ना. म्हणचे चलो भरकटपाची शक्यताय ना म्हणूं नज. एकदां बापायन हय म्हणलें जाल्यार बापूय फटवपाची शक्यताय आसा. पावलां फाटीं घेवंचीं पडत म्हूण तीं दुसरे वटेन वळयत जाल्यार बापायचें काम सोपें. समाधान मोटें. मन रिजवणेच्यो हेर गजाली भुरग्यांक उक्त्यो दवरच्यो. खेळ, वाचन, प्रॉजॅक्ट आनी हेर. ह्या दोनूय प्रस्नांक पळोवन एका महात्म्याचो एक किस्सो याद जाता.

एकदां एका महात्म्याकडेन एक आवय आपल्या ल्हान चल्याक घेवन थंय येता. 'म्हज्या चल्याक खूब साकर खावपाची सवंय आसा. हांव सांगून सांगून थकलीं. तो सोडिना. तुमी मातशें ताका समजायात.' महात्मा ते आवयक परती धाडटात आनी सांगतात, 'आयज ना आनीक आठ दिसांनी यो.' आवय चल्याक घेवन वयता. परती आठ दिसांनी येता. महात्मा त्या चल्याक सांगता, 'पुता साकर चड खावंक जायना. भलायकेक चड साकर माल पडटा, तेन्ना ती खावपाची सवंय वायट. ती सोडून दी.' चलो 'हां' म्हणटा. आवय विचारता 'महात्मा आठ दिसां पयलीं हांव आयिल्लीं तेन्ना कित्याक तुमी सागूंक ना? परती आयज कित्याक आमकां आपयल्यांत?' तेन्ना महात्मा सांगता. 'आठ दिसां पयलीं म्हाकाय साकर खावपाची सवंय आसली. ह्या आठ दिसांमदीं हांवें म्हजी सवंय सोडली आनी आयज हांवें तुज्या चल्याक सवंय सोडूंक सांगली!'

करप आनी सांगप हाचे मदली दरी तोडपी हो किस्सो वयल्या दोनूय

प्रस्नांची जाप सोदपाक अंतर्मूख करतलो.

एके आवयन म्हणलें, 'पयलीं जेन्ना हांव आवयक विचारतालें, 'आवय हांव चुडीदार घालूं?' तेन्ना कांऽऽकू करीत ती घाल म्हणटाली. आयज जेन्ना म्हजी चली म्हाका विचारता, 'मम्मा हांव मिनीस्कर्ट घालूं?' तेन्ना म्हाका म्हणचें पडटा. 'घाल गे सायबिणी कितेंय, पूण एकदांचें कितें तरी घाल'. हें 'कितें तरी घाल' म्हणपाची पाळी आवयचेर कित्याक येता? हाचो विचार 'चित्रंगी'तल्या माटवांतच न्हय, तर सगल्या चलयांनी करपाक जाय.

हाचे पयलीं एकदां स्वगतांत म्हणिल्लें, 'भायले सुंदरतायेक भुलपाची तिका तोखेवपाचो, आमची संस्कृती जाल्या.'

'जग हे सारे सुंदर आहे, आपण सुंदर होऊया
नकोच दिसणे केवळ सुंदर, अंगी बाणवा गुण ही सुंदर
ह्याच गुणाचे कौतूक होते, चुला सदगुणी होऊया
आपण सुंदर होऊया.'

अशी माने गुरूजींची एक सुंदर कविता आसा. झाडां, पेडां, वारो, पक्षी सगल्यांची देख घेवन सद्‌गूण आपणावन आमी सोबीत जावया अशी देख हे कवितेंत आसा. ल्हान व्हडां कडल्यान बरे विचार, बरे गूण आपणावन, पुस्तकां, नाटकां, हेर माध्यमांतल्यान विवेकी विचार आपणावन प्रामाणीकपणान आमी कितले सोबीत जावपाचो यत्न करतात? नव्या विचारांची संगती धरप. आधुनीक जावप. पोरणें तें मोडून दिवप ही आमची प्रगती व्हय? पोरण्यांतलें वायट तें सोडप. नव्यांतलें बरें तें घेवप ही प्रगती. सुंदर जावप. पूण विचारांनी, गुणांनी टिव्ही चॅनल, हॉलीवूड, बॉलिवूड, पर्यटनाच्या मौज मजेच्या नांवान घातिल्लो धुडगूस, सरभोंवतणच्या लखलखीत मिडिया वल्डाचो आमचेर इतलो परिणाम जाता की हातांत पन्नास रुपया आसल्यार वचून पेपर वा बरें पुस्तक हाडपा बदला आमी सौंदर्य प्रसाधना घेतात. वेवस्थीत रावपाचेर भर दिनासतना आमी सुंदर रावपाचेर भर दितात. चल्यांचे मानसिकतायेचेर एकदां वाचिल्लें याद जाता.

चल्यांक चडशे फावट मॉड चलयो ह्यो फकत इश्टीणी म्हूण आवडटात.

टायम पासाक म्हणल्यार जाता. पूण तेच इश्टिणी वांगडा लग्न करपाचो प्रस्न येत जाल्यार चलो तयार जायना. लग्ना खातीर चल्यांक चडशी सादी, सरळ, वेवस्थीत उलोवपी, सभावान शांत अशीच चली आवडटा. तेन्ना ज्या चल्यांचें लक्ष केंद्रीत करपाक आमी उण्यांत उणे कपडे घालतात वा मॉड जातात तांकां फकत आमी टायमपासाच्यो गजाली दिसतात. निखळ इश्टागत लेगीत पयस वता. हें आमी लक्षांत घेवया.

आतांचे पिळगेंतले एके कॉलेज विद्यार्थीनीन सांगलें, कॉलेजींत गेल्ले कडेन 'हांव पिक्चराक वचूं?' म्हूण विचारलें जाल्यार आवय नाका म्हणटा. ते परस पिक्चर पळोवन येवन हांव पिक्चराक गेल्लें म्हूण सांगतां.

भुरग्यांक पिक्चराक वचन दिसता जाल्यार कामाक वचपी आवय बापायनी दर आयतार भुरग्यां खातीर राखून दवरल्यार बरें जातलें. एकदां पिक्चर. एकदां नॅचरल पार्क. एकदां दर्या वेळेर. एकदा सांस्कृतीक कार्यावळीक. नाटकाक, पुस्तक प्रदर्शनाक, विज्ञान भवनांत, आकाशदर्शनाक, साळावले, हणजुण्यां, बोंडला अशा विंगड विंगड सुवातांचेर मनरिजवणे बराबर ज्ञान मेळोवपाचीं दारां उक्तीं जातलीं. केन्ना केन्ना चित्रंगी, विचारवेध संमेलनां, व्याख्यानां, साहित्य संमेलनां अशा प्रबोधनाच्याय कार्यावळींक हजेरी लावची. तातुंतल्यान ज्ञान मेळोवपा बराबर भुरगीं भरकटपाची शक्यतायूय उणी जातली. वेळाचें म्हत्व आनी हेर गजालींचें म्हत्व भुरग्यांच्या-जाणट्यांच्या मनार बिंबत जाल्यार लॅक्चर बंक करून पिक्चराक वचपाचो हावेस भुरग्यां मदीं उरचो ना.

सहजतायेन जें घरा मेळना तें भुरगीं भायर घेवपाक सोदतात. मागीर ती मनरिजवण आसूं, आवडट्या मनशांचो सहवास आसूं, मोग आसूं वा आनीक कितेंय. ताका लागून चडश्या भुरग्यांच्यो गरजो ह्यो घरा कडेन पुराय करपाचो यत्न आवय बापूय करतात आनी करचें.

आनी कॉलेजीक वचपी भुरग्यान कॉलेजीच्या वेळार कॉलेजूच केल्यार बरें जातलें. फ्री लॅक्चर आसल्यार खुशाल लायब्ररींत वचून वाचत बसचें. फ्री लॅक्चर आसताना भायर वचत जाल्यार मागीर लॅक्चर बंक मारुन भायर वचपाची चटक लागता. प्रायोरिटिज बदलतात. सुजाण भुरग्यान आपल्यो

प्रायोरिटिज आपणें थारावन इश्टांकूय तश्यो आपणावंक लायल्यार बरें जतलें.

एका शिक्षकान खंत उक्तायली, 'भुरगीं फट मारतात आनी तांकां वाटावपाक तांचे पालक फट मारतात'. हें फटोवप आनी फटप ह्यो दोनूय गजाली चुकिच्यो. सत्याचे धडे दिवपी हें शिक्षण. सुसंस्कारांचें बीं रोवपी शिक्षणीक मळ. ह्या मळार भुरगीं फट मारतात? भुरग्यां बराबर तांचे पालकूय फट मारतात हें आयकून वायट दिसलें. Short term भुरग्यांक वाटावप म्हणचे long term भुरग्यांकच फटोवप हे घडये पालकांक खबर नासुये.

शिक्षकाचे जापसालदारके विशीं उलयताना त्याच दिसा सांजवेळा सर रमेश गांवस हाणीं सांगिल्लें, 'विवेकाधिश्ठीत, सुसंस्कारीत, आदर्श समाज निर्माण करपा खातीर शिक्षक हो आपल्याक निमणो आशेचो दिवो दिसता. तें करतना ताणें केन्नाच हारूंक फावना. शिक्षक हारलो जाल्यार एक पराभूत पिळगी निर्माण करपाचें पाप ताच्या हातांतल्यान घडटलें.'

सुविचार आपणावन, विधायक गजाली करपी सुंदर मनशां समाजांत खूब आसात. पूण ह्या सुंदर मनशांची वळेरी कोण प्रसिद्ध करता? मीस इंडिया, मीस वर्ल्ड, मीस युनिव्हर्स आनी मिस्टर सगले...अश्यो साबार सर्ती जातात. तोंड रंगोवन नटून थटून सुंदर दिसपी हे लोक ब्युटिपार्लराची घरांतच स्थापणूक करून वावुरतात. ते प्रकाश झोतात आनी पिरायभर जग सुंदर करपा खातीर हार्टपार्लर उगडून सुसंस्कार दिवपी चेरं काळखांत. चित्रंगी बरी पालेल्या. तिका आनीक फांटे फुटूं. तिणें आनीक फांकारून गोयंड्याचेरूच न्हय, तर गोंयांतलीं घरांघरां तिणें व्यापचीं. आपलें विचारमंथन, विचार पेरणी सगल्याक शिंवरची आनी सुंदर जग निर्माण करपाक तिचो हातभार लागचो हीच सदित्सा.

❖❖❖

चीनान फाटल्या पन्नास वर्सांतलो व्हड दुकळ पळयलो, फाटल्या शंबर दिसां मदीं एक लेगीत थेंब उदक पडूंक ना. हाचो परिणाम म्हूण सात आठ राज्यांतलें गवांचें पीक करपून गेलें. उत्तर चिनात आकांत जालो. ४.३७ दशलक्ष लोक दुकळपिडीत जाले. साडेतीन दशलक्ष लोकांक पियेवपाक उदक लेगीत मेळना जालें. तेन्ना चिनाच्या सरकारान उदकाच्या वापरा पासत कांय पावलां उखल्लीं. ६०% वापर दर एका युनिटाचेर देंवोवपाचें येवजिलें. व्हड

5. आतां दुकळ, हुंवार, पावस, वादळ, वारें, बर्फ सगलेंच 'मेड इन चायना!'

प्रकल्पांनी लेगीत उदकाचो वापर देंवयलो आनी चीनाच्या हवामान विशेशज्ञांनी चमत्कार घडयलो, एक सप्तक भर पावस आनी बर्फ चीनाच्या उत्तर वाठारांत पडत आसा. हेबे, हेनन, शेल्डोंग अशा बिजिंग भोंवतणच्या साबार राज्यांनी हो बर्फ पडलो. संवसारांतल्या सात अजापा मदलें एक अजाप आशिल्ले चीनाचे व्हड वणटीचेरूय बर्फ पडलो.

चीनाच्या हवामान तज्ञांच्या माता प्रमाण गिमाळ्यांत आनी शिंयाच्या दिसांनी कुपांनी उदक आसता. पूण गॅसाच्या रुपान तातूंत बर्फ जाता. अशें कांय कण घाले जाल्यार ताचे बराबर उदकाचो गॅस बर्फ वा उदक जावंक शकता.

बर्फाचे भितरले संरचने सारकीच सिल्वर आयोडायड ह्या रसायनाची संरचना आसता. तशीच संरचना आशिल्ल्यान उदक ताका आबंध जाता आनी जड जावन तो सकयल पडटा. हें सिल्वर आयोडायड वयर कुपांनी

सोडपाक लागून २८ लॉन्चिंग स्टेशनां केल्लीं. त्या स्टेशनांतल्यान पांचशे परस चड सिल्वर आयोडायड (AGI)चे सिगारेटी येदे कुडके कुपांनी फायर केले. हाचो परिणाम म्हणल्यार इतलो बर्फ पडलो की बिंजिगांच्यो लागच्यो धा-बारा हायवे बंद पडल्यो. मागीर ७५०० कामगार आनी २२११ गाडयो बर्फ काडपाच्या कामाक लायल्यो आनी रस्त्यावेली येरादारी निवळायली. कितलेशेच लोक, टुरिस्ट हो बर्फ पळोवपाक भायर सरले. एक ते स मिलिमिटर इतलो पावसूय ह्या चार दिसां भितर नोंद जालो. ह्या चमत्काराक लागून दुकळांत सांपडिल्ल्या चीनी लोकांक मातशी थाकाय मेळ्ळी. झाडांपेडांक थंडाय मेळ्ळी आनी उदकाचो प्रस्न सुटावो जालो.

उदक म्हणल्यार जीण. ताचे बगर चिंतूंकूच जायना. गोंयांत हालींसराक केन्ना दुकळ आयिल्लो आयकूंक ना. पूण एप्रील मायाची गरमी जेन्ना सोंसूं नज जाता तेन्ना आमी पावसाक आशेतात. मिर्गार पावस पडलो ना जाल्यार ताका खेंपतात. शेतां-भाटां बावपाक लागलीं जाल्यार रडटात. खंयच्याय वाठारांत पावस पडलो ना जाल्यार, दुकळ आयलो जाल्यार ताची पयली शिकार आसता तो शेतकार. गरमी वाडली जाल्यार रस्त्यार काम करपी गरमेचे धगीन मरतात. पूण ही गरमी, हो दुकळ, ही बाविल्ली सृश्ट, हे गरम चटके एसींत चलपी, एसींत न्हिदपी, एसींत हांसपी, एसींत जेवपी आनी एसींतूच मरपी आमकां खंय दिसतले? कशे कळटले? सरकाराक केन्ना कळटा? जेन्ना हजारांनी गोमट्यो शेतामळार झाडांक हुमळटात तेन्ना. तेन्नाच सरकार जागें जाता आनी सांगता : शेतकार (मतांचेर दोळो दवरून) भावांनो आनी भयणांनो, तुमी घेतिल्लें रीण सरकार माफ करता'. तरीय गोमट्यो सोंपनात. घरदार विकून, कायद्याच्या कचाट्यांतल्यान सुटपाक लागून फारीक केल्लें रीण आतां फुकट गेलें आनी चडश्या शेतकारांच्यो जमिनी कसपी लोकांच्या नांवार नांत, देखून गोमट्यो कश्योच सोंपनात.

भारतांत पावस येवंक ना जाल्यार साबार उपाय आसात. समाजांतले जापसालदार मनीस उपाय सुचयतात. सामुहीक प्रार्थना 'अल्ला नीर दे, पानी दे, छाया दे रे, अल्ला नीर दे'. सगळ्यांत रामबाण उपाय म्हणल्यार महायज्ञ.

भारतभर सुशिक्षीत जनता वरूण राजाच्या नांवाचो जप करतात. उलो मारतात. हजारांनी भटा-ब्राह्मण्याच्या भटपणांत सगलो परिसर घणघणून वता. कितल्याश्याच यज्ञांतलो धुंवर सगळ्यांच्या दोळ्यांनी दुकां हाडीत वयर धुंवराची कुंपा करता, पूण उदकाचो थेंब पडना. धर्तरेक पडिल्ल्यो भेगो, फटी आनीक रूंद जातात. गिन्यांनाच्या साबार आरामदायी वस्तूंचो आस्वाद घेत पावलांक आमी पुराणकाळाची, अंधश्रद्धेची वाट दाखयतात.

चीनी सरकारान घाल्लें पावल कोट्यांनी पयसो खर्च करून उबें आसा. आमचे कडेन हेर सगल्यां कामां खातीर पयसो आसा, पूण विज्ञानीक सोद लावपाक आनी त्या सोदाची येद्या व्हड मळार प्रात्यक्षीक करपाची कापाझदाद आमचे कडेन ना. एक अणू कबलात सय करपाक सरकाराक आपली गोमटी गोळफांसांत घालची पडली. संवसारांतली व्हडली लोकसंख्या आशिल्ल्या ह्या देशांत आनी सरकारांत केन्ना केन्ना मनशां न्हय तर कुल्ल्यो रावतात अशें म्हाका दिसता. एकामेकाचे पांय ओडपांत आमी तरबेज. तेंच आमचें सांसणाचें काम. पोटोबा पोटोबा आनी फकत पोटोबा. दुसऱ्याचें पडिल्लें ना. देशाचें तर केन्नाच ना.

चीनाच्या हवामान विशेशतज्ञांनी हो चमत्कार घडयलो ताचे बरे वायट परिणाम घडये आसूं येतात. सैमाचो असो इतलो गैरवापर करप कितलें योग्य? पूण मनीस अश्मयुगा सावन सैमा वांगडा खेळत आसा. ज्या दिसा उज्याचो सोद लागून इंधनां जळपाक लागलीं त्या दिसा सावन सैमा वांगडा खेळपाक, ताका वापरून घेवपाक सगले मनीसकुळयेन सुरवात केल्या. तेन्ना हेर साबार प्रदुशणकारी घटक दर सेंकदाक सेगीत हवेंत उदकांत सोडीत रावपा परस खूब सौम्य. ३२०० लोकांचे कामगिरीन घडिल्ल्या चमत्काराक सरकारान तेंको आनी पयसो दिवन सुकिल्ल्या शेतमळाक उदक आनी रांपिल्ल्या शेतकार भावांच्या तोंडार उदकाचो शिंवर दिवन जे आशिर्वाद चीनी जनतेचे घेतले ते कितल्याश्याच कोटींचें रीण माफ करून भारत सरकार घेवंक पावूंक नात. हाचें कारण लोकांचे समस्येचें निरसन हें तांच्या उपचारांत नासता, तर तें समस्येच्या मुळांत वचून ती समस्याच ना करपाचे शक्तिंत आसता.

पयशांच्या उणावाक लागून हांगा कितलेशेच प्रकल्प रखडतात. पियेवपाच्या उदकाचे प्रकल्प रखडटात. कसल्यो कृती येवजण्यो रखडटात. फकत पयसो ना. केन्ना तरी सी. बी. आय धाड घालून बेहिशोबी मालमत्ता जप्त करता तेन्ना सरकार दरबारांत हजर आशिल्ल्यांच्या बोल्सांची खोलाय उक्ताडार येता.

'दामोदर' न्हंय आपलो चडसो प्रवास सपाट प्रदेशांतल्यान करता. देखून दर वर्सा; बिहारांत हुंवार येता. दामोदर न्हंयक आमी River of Sorrows म्हूण नांव दिलें. पूण लांबचे लांब तटरक्षक वणत कित्याक बांदिनांत? दोनूय वांटांनी बंगालच्या उपसागरा मेरेन हो बंदोबस्त करूं येता. आमी हुंवार आडावपाचें मूळ सोदिनांत. हुंवार आयले उपरांत देशभर निधी लागीं करून बिहार हुंवार पिडेस्तांक धाडून दितात. तें जावंकूच जायना हाचेर केन्ना पावलां उखलतले?

गोंयचे म्हादय बचाव आंदोलन फाटलीं कितलींशीच वर्सां चालू आसा तरी अजून ठोस कृती जावंक ना. गोंयांत सरासरी १२० इंच पावस पडटा. ताची जतनाय खंय जाता? सगलें उदक व्हांवून अरबी दर्यांत वता. झाडां नात, मुळां नात, मिनां भरल्यांत. उदक धरतलो कोण? ८६% गोंयचो लोक ओपा आनी माळावलेंच्या उदकाचेर निंबून आसा. हे दोनूय वाठार मिनांनी भरल्यात. गोंय सरकार ते वाटावपा बदला तिळारीचें काम बेगोबेग सुरू करून सोंपोवंक सोदता. म्हणजे आतां आमचो १२० इंच पावस वगडावन पियेवपाच्या उदका खातीरय शेजारी राज्यांचेर निंबून रावुंया?

निर्णय क्षमता, निर्णय प्रक्रिया ताचें सुलभीकरण आनी घेतिल्ले निर्णय प्रत्यक्षांत राबोवप ही कृती जर सरकारांत आसत जाल्यार थोड्या तरी प्रस्नांच्या मुळां मेरेन पावंक जातलें.

विज्ञानीक मळार दुसऱ्या देशाचें अनुकरण करपा बदला नवें कितें तरी सोदीत रावंक जाय. गरीब मनशांची दीसपटी जीण सोंपी, सुलभ करपा खातीर सोद जाय. 'सायन्स जर्नला' सारक्या नामनेच्या जर्नलांत क्वचीतच भारतीय शास्त्रज्ञांची नांवां दिसतात. हें सगलें अडटा कित्याक? भारतांत बुद्धीमता ना?

आय क्यू ना? नाशिल्लो जाल्यार रस्त्याच्या दिव्याच्या उजवाडांत अभ्यास करपी सी. एस. आय. आराच्या डायरेक्टराच्या कदेलार पावचो नासलो डॉ. रघुनाथ माशेलकार. इकरावी शिकिल्लो ऑस्कर जिखून जगाचो मुकुटमणी जावंचो नासलो ए. आर. रेहमान. गरज आसा ती फकत हुशारी आनी येस हांचे मदल्या दिकेच्या उजवाडाची. ते दिकेन आशिल्ले साबार स्पीडब्रेकर्स ना करपाची आनी प्रखर जिद्दीची, हावेसाची, देशभक्तीची.

१९४० व्या वर्सा बर्नाड वोनेगट ह्या शास्त्रज्ञान नकली बर्फ तयार केल्लो. तोच प्रयोग प्रयोगशाळेंत सुदारून वाडोवन आयज देशाक भेकडावपी व्हड राकेसांचो अंत चीनाच्या शास्त्रज्ञांनी केला.

बिजिंग ऑलिम्पिकाच्या उक्तावण सुवाळ्याक जेन्ना पावस पडपाक आयलो, कुपां दाटून आयलीं तेन्ना अशाच रसायनाचो मारो करून तीं कुपां विस्कळींत केल्लीं. भारतांत अशाच सुवाळ्याक जर पावस येता असो दिशिल्लो जाल्यार व्हड कारपेट ओडपाक मैदानार लोक धांवतले आशिल्ले! होच फरक.

नकली, सवाय माल तयार करून चीनान जगाची विकसनशील देशांतली बाजारपेठ काबीज केल्या. भारत हाका आडवाद ना. दर घरांत सगल्या वस्तूंचेर Made in China अशें आमी वाचतात. आतां सुफळ, दुकळ, हुंवार, पावस, वादळ, वारें, बर्फ सगलेंच Made in China.

❖❖❖

सकाळीं च्या, चपाती घेवन टीव्ही म्हऱ्यांत बसलें आनी सहज 'न्यूज चॅनल' लायलो. पयलीच बातमी आयली. 'थोर समाज सेवक बाबा आमटे अंतरले'. हातांतलो घांस हातांतूच उरलो. सबंद तनमनाक झिणझिण्यो आयल्यो. सर्र करून टीव्हींत फिल्मा पड्डो सरकता तश्यो बाबा विशींच्यो सगल्यो यादी, सगले विचार सरकले. फुडल्या बातम्यांचेर लक्ष दिलें ना. रोखडोच डीडी न्यूज लायलो. जाल्यार 'आनंदवन' दिश्टी पडलें. गालावयल्यान दुकां गळ्ळीं.

6. संस्कारांच्या शेतांत रोवंया बाबांच्या विचारांचीं बियां

आनी मुखार काश्ठशिल्प निर्मुपांत तल्लीन आशिल्लो लांकडाचो हात बसयिल्लो एक कुश्ठरोगी दिसलो. उदका घोंट घेतलो आनी आंवडो गिळ्ळो.

श्रृंखला पायी असू दे / मी गतीचे गीत गाईन

दु:ख उधळावयास आतां / आसवाना वेळ नाही.

धडधड धडधड 'महाराष्ट्र एॅक्सप्रॅस' धांवली, वर्स २०००. मे चो मध्य आनी विद्र्भांतले ४०-४२ डि. सें. तापमान. गरम गरम हवा आंगाक झोंबताली. डब्यांतले लोक कान-तोंड बांदून बशिल्ले. नागपूर वरोरा काडून आनंदवनांत पावलीं. तिळसांजेचो वगत. 'आनंदवन' बरयिल्ल्या व्हड आर्का पोंदसून वतना आपूण एका सपनांतल्या गांवांत वताशें दिसलें. ल्हान भुरग्यांक चॉकलेटीच्या बंगल्यांत वतना जशी खोस भोगता तशेंच म्हजेंय जालें. पूण रात जाल्ल्यान कांय दिश्टी पडनाशिल्लें. रावपाची सोय जाली. सकाळीं उठून एका कार्यकर्त्याक वांगडा घेवन आनंदवनाची भोंवडी केली. चडशे लोक 'सोमनाथ'

हांगा शिबीर थळार गेल्ले. मेजकेच लोक आसले.

हातांचीं पांयांचीं बोटां नाशिल्ले पूण पुरायेन बरे जाल्ले थंय नवनिर्माणाच्या कामाक लागिल्ले. कोण चरख्यार सूत कांततालो, कोण विणटालो, मोटीं मोटीं जाजमां, शेंदऱ्यो, गादयो तयार जातात्यो. पन्नास पन्नास वळीन दवरिल्लीं शिंवपाचीं मशीनां कपडे शिंवतालीं. वर्कशॉपांत गेल्यार थंय नांगर, पिकास, पावर ट्रिलर, हीं शेतकामाचीं आवतां आकार घेतालीं. दुसरे कडेन लांकडाचे हात, पांय, बोटां, कुबड्यो, खुर्च्यो आकार घेतात्यो. तर कुशिकूच गोशाळा, मुक-बधीर विद्यालय, अपंगुळांची शाळा, उच्च माध्यमिक विद्यालय, महाविद्यालय...कितें पळोवं आनी कितें सोडूं अशें जालें.

सोमनाथ हांगा शिबीर थळार वचपाक जाय म्हूण त्या कार्यकर्त्या वांगडा आमकां बेगीन बेगीन वचचें पडटालें, पूण तें सगळें पळोवन मन भरनाशिल्लें. सारयिल्ल्या आंगणांत एक बायल आपल्या मनगटान सुंदर रांगोळी काडटाली. सगळें कशें परिकथेंतल्या वाठारावरीं दिसतालें. हें खरें आसचें ना अशें शाळेंत सर आनंदवना विशीं सांगतना दिसतालें, पूण शुन्या पासून हें जग निर्माण करप हें सत्य हांगा दिश्टी पडटालें.

दनपरां सोमनाथ वचपाक भायर सरलीं. थंय पावलीं तेन्ना शिबिराचो उक्तावण सुवाळो सोपूंक पाविल्लो. एक दोगांचेंय उलोवप आयकुपाक मेळ्ळें. तातुंतल्यान इतलें कळ्ळें की फाटलीं इकरां वर्सां बाबा नर्मदा बचाव आंदोलनाक तेंको दिवपाक नर्मदा देगेर वचून राविल्ले, ते आतां आपल्या दुयेंसाक लागून परत आनंदवनांत आयल्यात. तेन्ना आमकां तांचे विचार आयकुपाक मेळटले म्हूण हांव बोमाड्यावरीं खोशेन फुगिल्लें.

खूब वर्सांचें म्हजें सपन सफळ जाल्लें आनी फाटलीं धा-इकरा वर्सां हांगा आयिल्ल्या तरणाट्यांक जें भाग्य लाबूंक नासलें तें बाबांचे विचार आयकुपाचें भाग्य म्हाका लाबलें. हो दूद-साकर योगूच म्हणपाचो. घडये अशेंच थंय बशिल्ल्या ५००-६०० तरणाट्यांच्याय मनांत आयलें आसतलें. म्हूण 'जोडो भारत जोडो' च्या घोशणांनी सभाघर घुमलें. आख्ख्या सभाघरांत कोणाच मनशाचें, देवांचे वा फुडाऱ्यांचे फोटे नाशिल्ले. माचयेर फाटल्यान

फकत एक हातांचे मुठीचें व्हड चित्र आसलें. म्हणल्यार 'आनंदवन' हें फकत 'श्रम' हेच बुनियादिचेर उबें आसा हें कळ्ळें. देखून ह्या शिबिराचें नांव 'श्रमसंस्कार शिबीर' आशिल्लें.

सात दीस शिबिरांत श्रमसंस्कारा बराबर मनसंस्कारय जाले. वेगवेगळ्या विशयांचेर अनेक मानेस्तांनी मार्गदर्शन केलें. तातूंत २१ व्या शेंकड्यांतलीं तरणाट्यां मुखावयलीं आव्हानां, समता, संदी आनी विकास, प्लास्टिक हटाव-पर्यावरण बचाव, प्लास्टिकाचे उपेग, आनंदवनाची वाटचाल, अशा विवीध विशयांचेर चर्चा प्रस्नोत्तरां जालीं.

'आप आनेही मैं अपना बुढापा भूल गया' अशें म्हणून आपली प्रकृती सारकी नासतानाय बाबा आमच्या वांगडा उलोवपाक उमेदीन खाटी वयल्यान उठले. 'नवी कल्पना सुचली काय आपूण आपलो कॅन्सर, आपलीं ऑपरेशनां सगळें विसरतां'. युवा शक्ती इतलो विस्वास आनी कित्याचेरूच ते दवरिनांत. तांकां तरणाटो होच आशावाद दिसता. ते म्हणटात 'फाटलीं ४० वर्सां हांगां कितलेशेच हजार भुरगे आयले. तातुंतले फकत वीस लेगीत बदल्ले जाल्यार म्हाका खोस भोगतली. हांव सदांच 'व्हड' न्हय तर 'बरो' जावपाचो यत्न करतां म्हणून तुमी 'हम सब एक है' वांगडा 'हम सब नेक है' असोय नारो लायात. इश्टांनो, समाजाच्या रिणाचेर आमी जगतात. पूण दान नादान करता. म्हणून काम करून तें रीण परत फारीक करात. त्या रिणा खाला दामून वचूं नाकात. अस्वस्थ जायात. पेटून उठात. जो अस्वस्थ जायना तो युवक न्हय. म्हजी आस्त तुमचेर आसा. म्हाका निराश करनाकात.'

एके व्हंकलेची छेड काडपी गोऱ्या अधिकाऱ्याक बाबान शिटकायल्लो. बाबान म्हणिल्लें – 'I wont allow you to touch my sister till my nostrills breath'. हें आयकून चलयेक पळोवन शिळोवणी घालताना आयच्या चल्याक लज दिसपाक जाय.

बाबांचें दर एक उतर आयकून 'करंट' लागिल्ले वरीं जाता. तना मनांत नवी उबारी येता. झेमेल्ल्यो संवेदना जित्यो जातात. आपणें कितें तरी बरें करपाक जाय म्हूण मन अस्वस्थ जाता. आयज लेगीत आठ वर्सां उपरांत ते

WORLD KONKANI CENTRE

खीण याद करतना निराश जाल्ल्या म्हज्या मनाक नवी उबारी येता. बाबांचे जिबेर आनी हातांत चळवळ घडोवपाची तांक आसली.

१५ मे ते २२ मे दर वर्सा सोमनाथ हांगां श्रमसंस्कार शिबीर जाता. सदांचे जिणेंत 'डिस्चार्ज' जाल्ल्या तरणाट्यांनी, जाण्टयांनी, भुरग्यांनी, आनंदवनांत वचून 'रिचार्ज' जावन येवंचें. पूण वतना आपलें संवेदनशील मन व्हरपाक विसरचें न्हय.

शिबिराचे राती मनरिजवणेच्या कार्यावळींनी केल्लो मुकबधीर विद्यालयाचो ऑर्केस्ट्रा तर तोंडांत बोटां घालपाक लायतालो. तांतूंत केल्लो दिश्टीहिनांचो चोंबो नाच आनी आयकुपाक येनाशिल्ल्या ९-१० वर्सांच्या चलयांनी केल्लो रिकॉर्ड डान्स 'नाच रे मोरा नाच' पळोवन आमकां पंचेंद्रियां आसून आमी ताचो कितलो फायदो करून घेतात आनी एका इंद्रीयाचीं पंचेंद्रीयां तीं कशीं करतात तें पळोवपाक मेळ्ळें. सगळेंच सपनांतलें कशें.

हें सगळें पळोवन दिसलें बाबा आमटेन समाजान भायर उडयिल्ल्या मनशांचो मोलादीक असो आत्मसन्मान तांकां परत मेळोवन दिलो. तांकां स्वावलंबी केले आनी आयज हींच भुरगीं महाराष्ट्रांतल्या आत्महत्या केल्ल्या शेतकऱ्यांच्या कुटुंबां खातीर निधी जमा करतात. आपली कला वापरून. ही सदविचारांची पण्टी तांकां बाबा आमटे ह्या प्रकाशान दिली. सगळ्यांत कठीण आनी गरजेचें काम!

बाबा आमटे ह्या व्हड मनशा विशीं बरोवपा इतली म्हजी लिखणी समृद्ध ना. पूण निमाण्या दिसा समारोपाचे कार्यावळींत म्हाका जेन्ना मनोगत उक्तावपाक लायलें तेन्ना बाबांच्या पांयांसरीं रावन हांवें सांगिल्लें, 'एकदां गौतम बुद्धान मूठ मूठ भर भाताचे दाणे तीन मनशांक दिले. गौतम बुद्धा सारक्या देवमनशान ते दिल्यात म्हूण पयलो मनीस देवघरांत दवरून सदां तांची पुजा करपाक लागलो. दुसऱ्यान ते शिजोवन प्रसाद म्हूण भक्षण केले आनी तिसऱ्यान ते रुजोवन शेतजमनीचेर शिंपडिल्ले. ताचें लवलवतें शेत जालें आनी मूठभर दाण्यांच्यो गोणयोच गोणयो तयार जाल्यो.'

हांगा शिबिराक येवन मेळिल्लें हें विचारधन हांव म्हज्यान जाता तशें

रुजोवपाचो शिंपडपाचो यत्न करतलें. सद्विचारांचे, संवेदनशीलतायेचे, सृजनशिलतायेचे आनी नवनिर्माणाचे लवलवते रूख तयार जावचे, देखून यत्न करतलें.'

मनशाचें व्यक्तीमत्व भावना आनी विचार हांच्या संतुलनाचेर आदारिल्ले आसता. अशी 'बॅलन्स्ड' व्यक्तीमत्वां हालींच्या काळांत दुर्मीळ जायत चल्ल्यांत. आयच्या झगझगत्या, चकचकत्या रुक्ष युगांत आनी कृत्रीम जगांत भावनेचे ओलसारपण दिवपी बाबांचे मानवतावादी विचारच अशीं संतुलीत व्यक्तीमत्वां तयार करपाक शकतात हाचेर म्हजो तरी विस्वास आसा.

❖❖❖

आमचो समाज पुरूशप्रधान आशिल्ल्यान पयलीं सावन समाजान बायलेक सदांच उदकांतूच पळयल्या. मागीर ती बायल ब्राह्मण आसूं, क्षत्रीय, वैश्य वा शुद्र. वर्णभेदाचे, जातीभेदाचे, पोटजाती भेदाचे संस्कृतायेंत वाडिल्ल्या ह्या समाजान बायलेक केन्नाच मनीस म्हूण वागयली ना. देडशें वर्सां पयलींची परिस्थिती फकत वाचून जाणून घेवन आमच्या आंगार कांटो उबो रावता. पूण तेन्ना त्या अस्तुऱ्यांनी कसो सोंसलो आसतलो तो अन्याय?

7. अस्तुरीच दितली धर्मकोल्ल्यांचे विकृत संस्कृतायेक सती!

मासीक पाळयेंत घरांतल्यान भायर सरप ना. उदक, कपडे हीं घरा भायलीं कामां सरभोंवतणचें जग जागें जावंचे पयलीं करपाचीं. आवाज करप ना. उलोवप ना. हांसप ना. (देवाक रजस्वला बायलेचो आवाज आयकूंक आयलो जाल्यार व्हडलें पाप!) कोणा मुखार येवप ना आनी तकले वयलो पदर सकयल घेवप ना. शिक्षण ना. निर्णय प्रक्रियेंत वांटो घेवप ना. परतो प्रस्न विचारप ना. सगळें कितें अस्तुरेचे बाबतींत. दादल्यांक सगळें माफ. अशा वेळार कोणाचेच तकलेंत प्रस्न येनात – घोव मेल्यार बायलांच्या आंगावेल्यो वस्ती काडप. दादल्यांच्या कित्याक ना? बायलांक कुरूप करप. दादल्यांक कित्याक ना? बायलांक फुलां माळप. केंसांत कुकूम भरप. दादल्यांच्या तोंडांत तांचे आवडीचीं खाणां कित्याक कोंबप ना? दादल्यांचीं कितलींय लग्नां करप. बायलांनी न्हय! कोण विचारतलो हे प्रस्न आनी केन्ना?

सतीप्रथे इतली क्रूर कल्पना जाचे कोणाचे तकलेंत आयली तो मनीस

न्हय, दैत्यच म्हणपाचो. घोव मेले उपरांत बायलेन स्वताक लासून घेवप. आपली कांयच चूक नासतना भुरग्या बाळांक सोडून जिवेपणी उज्यांत उडी मारप. कितली क्रुरताय!

शीत वाळटना चुकून हातार उब आयली जाल्यार वा चटको लागलो जाल्यार आमकां कितलें दुखता आनी ह्यो अस्तुऱ्यो स्वताक लासून कश्यो कितें घेताल्यो? आंगार धगधगत्यो ज्वाळो चडल्यो काय ह्योच अस्तुऱ्यो जिवाच्या आकांतान उठून धांवताल्यो. सरण सोडून पळपाचो यत्न करताल्यो तेन्ना संस्कृतीचे राखणे, धर्माचे अभिमानी आनी पुरूशप्रधान समाजाचे प्रतिनिधी सरभोंवतणच्यान कोंड्यांनी हे अस्तुरेक (सतीक) परती सरणाच्या उज्यांत धोंगशिताले! त्यो हुयेली मारताल्यो, आड्डताल्यो. कोणाक मजतीक आपयताल्यो. वेदनेन हुलपताल्यो पूण तांचें रडें भायर फुटूंक जायना म्हूण हे 'संस्कृती रक्षक' व्हडल्या व्हडल्यान धोल वाजयताले. तांचो आवाज, तांची वेदना सगळें ह्या वाद्यांनी धांपून खिणांत जित्यो जागत्या मनशाचो गोबर जातालो. असो तिचो निर्घ्रृण खून केले उपरांत 'सती देवी' म्हूण पाचारून तिका 'देवपण' दिताले. हाका लागून ही प्रथा समाजांत घट्ट पांय रोंवपाक मजत जाताली. राजाराम मोहन रॉय सारक्या द्रश्ट्या समाज सुधारकांक लागून ही प्रथा बंद जाली. पूण घोव मेले उपरांत विधवा बायलेची विटंबणां बंद जाली ना. आयजूय सनातनी संस्कृतायेचे राखणदार सती प्रथेचें समर्थन करतात.

विधवा बायलेन एक कापड न्हेसप, तकलेवयल्यान पांयां मेरेन. चोळी घालप ना. केंस कापताले. न्हय, तासताले. दर पंदरा दिसांनी केंस काडपाक म्हाल्या फुड्यांत बसप. जाता तितली तिका विद्रूप करून सोडप. अळंकार आंगार दवरप ना. सगळें कितें प्रथा परंपरेच्या नांवान. पूण एके बायलेची खरी सैमीक सोबीतकाय केंसांचेर आसता तेंच बराबर हेरून ही केंस काडपाची प्रथा सुरू जाली. कांय मांय-मांव विधवा सुनेच्या तोंडाक दाग दिताली. तिच्या विद्रूप रुपाक लागून कोण परपुरूश तिचे कडेन आकर्शीत जावंक जायना देखून संस्कृती राखणदार दादल्यांनी केल्ली ही 'संस्कृतीक सोय'.

पूण चड्शे फावटीं ह्यो तरणाट्यो विधवा म्हाल्यांच्या, पुरयतांच्या देवळांच्या

म्हाजनांच्या, समाजांतल्या वासनेन भरिल्ल्या दादल्यांचे वासनेचे भकीक पडटाल्यो. आनी जेन्ना तांचें पाप भायर येतालें तेन्ना ह्या विधवांक मरणाक वेंग मारची पडटाली. नाजाल्यार पोटाक फातर बांदून घरांतलींच तिका बांयंत धुकलून दितालीं. आयजूय चलयेन भायर खंय तरी शेण खालें म्हणून तिका बांयंत धुकलून दिवपी पालक उणे नांत. पूण हें शेण खावोवपी आपल्या 'बाब्या'क कवतुकान आनीक दोन घांस भरयतात!

सावित्रीबाई फुले, ज्योतिबा फुले, आगरकर ह्या म्हान समाज सुधारकांक लागून ही विधवेची विटंबणां उणी जाली. शिक्षणाचीं, ज्ञानाचीं कवाडां उगडलीं. चल्यां बराबर चलयो शाळेंत वचपाक लागल्यो, ल्हवू ल्हवू समाजीक थळार प्रगती जावंक लागली. ज्या जनावरां सारके जिणेक लागून विधवा आत्महत्या करताल्यो, सती वताल्यो तीं कारणां उणीं जालीं. विधवांचें पुनरविवाह जावंक लागले. विधवांचीं भुरगीं सावित्रीबाईंच्या आंगणांत व्हड जावपाक लागलीं. देडशे वर्सां उपरांत आयज बायलांनी खूब मळां काबीज केलीं. अर्थार्जनाच्यो सुविधा तयार जाल्यो. बायल अर्थीक नदरेन स्वावलंबी जाली. पूण आयज लेगीत समाजाच्या मनांत विधवा बायले बद्दल आशिल्ली अढी समूळ नश्ट जावंक ना.

आयज लेगीत घोव मेले उपरांत बायलेचेर मळब कोसळटा. फुलपांख्यावरी हेवटेन तेवटेन नाचपी, कोणाच्या लग्नाक, बारशाक वावुरपी, धालांक गावपी, फुगडेक नाचपी, सगळे कडेन भिरभिरपी ती अस्तुरी खिणांत कोणा पांखां कापिल्ल्या पांख्या भाशेन तडफडटा. वेदनेन आनी परत केन्ना उडपाक शकची ना हे जाणीवेन तळमळटा. लोक तिका कुकूम लायतात, फांतयो माळटात, केंस सारके करतात, हातपांय गळसणावन ती बसता कोनशाक. पसरिल्ल्या पांयां मदीं निऱ्यांचेर कोण नाल उडयतात, कोण तांदूळ घालतात. निमणी म्हूण व्हंटी भरतात. हें सगळें कित्याक तर हाचे फुडें केन्नाच कुकूम लावंक मेळचो ना. देखून फुडल्या सगळ्या वर्सांचो कुकूम वांगडाच लायतात. आनी ह्या भिरांकूळ वास्तवाची तिका ठसठशीतपणान जाणविकाय करून दितात. हेवटेन तिच्या घोवाचें किरवड बांदतात. सोयरीं धायरूं गेले उपरांत

तिका निमणें दर्शन दिवपाक साकर, कुकूम घालपाक हाडटात. आपलेच आशीकुशीक रावपी हो आपलो काळजाचो कुडको निपचीत पडिल्लो पळोवन ती आक्रंदता. एक दीस लेगीत दोळ्यां आड करूंक नाशिल्लो तो सांगाती आयज ना परतुपाचे वाटेक लागला. शेजारच्यी विधवा बायलां तिच्यीं कांकणां फोडटात. कांय वेळा पयलीं सोयऱ्या-धायऱ्यांनी रंगयल्ले तिचें कपल चरचरीत पुसून धवें फटफटीत करून सोडटात. माथ्यांत माळिल्ल्यो सुवासीक फांतयो पिसडून काडून उडयतात त्या मड्यार... विधवा बायलांचें तिका आपल्या कळपांत ओडपाक शिवशिविल्ले हात तिच्या आंगा खांद्यार भोंवूंक लागतात. तिचें मंगळसुत्र काडटात. कांकणां, पाटल्यो, वस्ती, दावल, मणी, वेडी, फुलां सगळें सगळें अक्षरशा पिसडटात. कित्याक...? कित्याक ही इतली अवहेलना? कित्याक हें जनावरांचें जिणें?

तातूत त्या विधवा बायलांची तरी कसली चूक? तिचें रडें तांकां आयकूंक येना अशें न्हय. तांचीं काळजां हालनांत अशें न्हय. पूण तिंवूय तांतुतल्यान गेल्लीं आसतात. तांकांय अशेंय केन्ना तरी ह्या समाजान तांचेय रडें आयकनासतना अशेंच पिसुडिल्लें आसता. तांचोय तीं वचपो घेतात. काल म्हाका आयज तुका. मांय कशी सुनेक आपले मांयन आपल्याक जाच केलो म्हूण आपूण तुका दुख्ख दितां अशें चिंतून जाच करतात. लागीं लागीं तशीच ही समाजाची वायट चाल. असली विटंबना अवहेलना सोंसपा परस मेल्लीं बरीं अशें कितल्याश्याच बायलांक दिसता आसतलें. पूण...

देडशें वर्सां पयलींची बायलांची मानसीक स्थिती आतां उरूंक ना, आतां मळब मेकळें आसा. आकांक्षांचीं पांखां फाटीक फुटिल्लीं आसात. शिक्षण घेवन प्रगती करप, उंच उंच उडप. स्वातंत्र्याचें वारें पियेवन मस्त मजेंत जगप. आपणें सुखी जावन दुसऱ्यांकय सुखी करप हें बायलेचें ध्येय जालां. सगळ्या क्षेत्रांतली तिची प्रगती वाडल्या. वैचारीक परिपक्कताय आयल्या.

संवसार चित्याचे चपळायेन आनी शहामृगाचे गतीन प्रगती करीत आसा. पूण विधवा प्रस्नांवेले समाजीक बदल हे गोगलगायेचे शंबर पटीन सवकास जातात. केशवपना पसून सुटका करून नीटनेटके कपडे घालपाक आमकां

शंबर वर्सां लागलीं. आतां घोव मेले उपरांत आदले वरीं फुलां माळून, तिकली लावन, मंगळसूत्र घालून पयलींचे सारकी मानाची जीण जगपाक विधवांक आनीक कितले शेंकडे लागतले? संस्कारांच्या नांवान केल्ल्यो ह्यो अंधश्रद्धा, ही अवहेलना आतां बायलेच्या मनाक सोंसना. मानसीक, बौद्धीक पांवडो एके उंचायेर पावले उपरांत ह्यो सगळ्यो गजाली पचोवप तिका कठीण जातात. तातुंतल्यान ती आनीक गळसणटा.

शंबर वर्सां पयलीं ज्योतिबा फुले, राजाराम मोहन रॉय हांच्या सारकिल्यांनी जें धाडस काळाभायऱ्या, अन्याय अशा धर्ममतांच्या धर्मआज्ञांच्या विरोधांत दाखयलें. त्या विशयाचेर उलोवपाक आयज भंय दिसपाक लागला. ताचें कारण कथीत धर्म संघटनांच्या नांवान मातिल्लो दहशदवाद. भारता बराबर गोंयांतय ताचो प्रत्यय येवंक लागला. भगव्या संस्कृती रक्षकांनी गोंयांत धुमाकूळ घालपाक सुरवात केल्या. धर्माचो उदो उदो चल्ला. स्वधर्मरक्षणार्थ हेर धर्मियांच्यो तकल्यो फोडपाच्यो गजाली, कायदो हातांत घेवपा सारकीं विधानां उत्तेपणान करपाक लागल्यात. आतां तर संस्कृती रक्षक दिसा उजवाडा बॉम्बस्फोट घडोवन दहशत पातळावंक लागल्यात आनी सरकार हातांत कांकणां भरून वग्गी हो तमाशा पळयत बसला.

हेच ते संस्कृतीचे राखणे जांणीं स्त्री शिक्षणाक विरोध करतना सावित्रीबाईच्या आंगार शेण मारिल्लें. पूण आयज तांचेच वंशज आपल्या धुवांक परदेशी इंग्लिश भास शिकयतात, उच्च शिक्षणाक फॉरेनाक धाडटात. दुसऱ्यांचो प्रस्न आयलो की हांकां धर्म, संस्कृताय येवजता. आयज धर्म-संस्कृतायेच्या नांवान हे कायदो हातांत घेवंक लागल्यात. फाल्यां धर्म हातांत घेतले आनी आतांच खंय मेकळो स्वास घेवंक लागिल्ल्या, स्वतंत्रतायेचें थंडगार वारें अणभवपी अस्तुऱ्यांक परतून कर्मठतायेच्या कोंड्यांनी धोंगसून धोंगसून घराच्या चार वण्टीं भितर घालतले. दुख्खाची गजाल म्हटल्यार यंव बचाव त्यंव बचाव म्हणपी, क्रांतीकारी कविता रचपी कवी, स्वताक टिळक-हेगडे देसायाचे वारसदार मानपी पत्रकार, समाजांतल्या वास्तवाचेर भाश्य करपी साहित्य रचलां म्हणून सांगून पुरस्कार मेळोवपी आनी साहित्यसभा

गाजोवपी साहित्यीक रथी-महारथी अस्तुरेच्या स्वातंत्र्याचें वस्त्रहरण जातना भिश्म, धृतराश्ट्र, विदूर आनी कर्णा सारखे अगतीक जावन वग्गी रावून तमाशा पळयतात. कारण धर्माच्या विशयाचेर उलोवप ना अशें सगळ्याच प्रतिश्ठितांनी थारायलां!

पूण सगळींच बायलां अगतीक नात. संस्कृताये म्हऱ्यांत बागवल्ल्या दादल्यांचो आदार नासत. बदलत्या काळाचो तांकां आदार आसा. आनी ह्याच आदारान एकादवेळ एकाद्री अस्तुरी हाचे फुडें तांकां धगधगत्या सरणांत धुकलपी दादल्यांच्या हातांतले दांडे हिसकावन घेवन त्याच दांड्यांचें सरण करून अडेंच्या सनातनी विकृतायांक 'सती' दिवपाक फुडें सरतली. आनी तो खीण पयस ना...

❖❖❖

कश्टकरी समाजाचें फळ म्हटल्यार घामांतल्यान किल्लून आयिल्लें धन-धान्य. तें आयज घराघरांत पावलां. कश्टकऱ्यांच्या कश्टाचें चीज जालां. आंबो, पणस, काजी, आंबाडो, नवो चंवर घेवन धोलतात. सुरंगां ओवळांचो परमळ सगळे कडेन पातळ्ळा. काम करून खिणां पडिल्ल्या हातांनी चार पयशे घोळूंक लागल्यात. आतां मातसो विसव घेवंया. कामाची दगदग फाफडून उडोवंया आनी उमेदीन नाचुंया, गावया, धोल-ताशे वाजोवया, तालार मांडार

8. सण-उत्सवांक धर्म-संस्कृतायेचे रंग नाकात

धोलया, शिगमो खेळुया. शारिरीक कश्ट केले उपरांत मनाक थाकाय मेळची, दोन घटकांची मनरिजवण जावंची. कशें कमयलें. कशें मेळयलें. कितें मेळयलें हें व्हडा उमेदीन एकामेकांक सांगपाचो खोशयेचो खीण म्हणल्यारच उत्सव न्हय? शिगमोय तातूंतलोच. पाशाण युगांत मनीस जगपा खातीर धडपडटालो. शिकारेक वचून आपलें पोट भरपाच्या हेतान सुकणीं सावदां मारून हाडटालो. केन्ना केन्ना रानटी हिंस्त्र जनावरां बराबर झुजतालो आनी हें सगळें येवन आपल्या समाजांतल्या मनशांक सांगतालो. हो पराक्रम हो संघर्श थारावीक धर्माचो नासलो. मनशाक धर्मच नासलो तेन्ना हे खोशयेचे सुवाळे जल्माक आयिल्ले.

पूण आमी कर्मदळिद्रयांनी सण, परंपरा, कर्मकांडां, विधी, संस्कार, संस्कृताय ह्यो सगळ्योच गजाली धर्माचे दावणेक व्हरून बांदल्यो. आयज 'धर्माभिमानाच्या युगांत' तर भारतांत जें कितें बरें, जें कितें उमेदीचें, जें कितें

मिरोवंक मेळटा. जें कितें झिंग हाडटा तें सगळेंच हिंदूचे अशें सांगपाचोय यत्न जाता. शिगमो होवूय तातुंतलोच एक प्रकार.

शिगम्या कडेन हांव फकत एक रंग शिंवरावपाचो आनी एकामेकांचीं तोंडां रंगोवपाचो उत्सव म्हूण पळयना. माथ्याक भगवे फेटे आनी कपलाक भगव्यो पट्ट्यो बांदून आनी धर्ममोग मिरोवपाचो हो उत्सव तर न्हयच न्हय. रंग थारावीक धर्माची मक्तेदारी न्हय. उमेद थारावीक धर्माची मक्तेदारी न्हय. खोशी थारावीक धर्माची मक्तेदारी न्हय. मागीर होळी वा शिगमो फकत हिंदूंचोच कसो कितें जावंक शकता?

शिगम्याक जातीचीं, प्रांताचीं, धर्माचीं वा भाशेचीं बंदना लागनात. पूण भगवे फेटे वा पट्ट्यो बांदून आमी ही उमेद, ही खोशी, हे रंग एकाच धर्माचे फास्केंत व्हरून बसयतात. वेगवेगळे उत्सव मनोवपाची पद्दत वेगवेगळी आसत. पूण खोशी, उमेद, अभिव्यक्ती हें तातूंत समान सूत्र.

सत्तरी सारक्या वाठारांत शिगमो म्हणल्यार लांब झाडाची होळी नेमांत घालून उबी करप. सरभोंवतणीं ती पेटोवप. ताचेर नाल्ल फोडून सैमाक नमन करून पांच दिसांचो उत्सव सुरू जाता. तातूंत रोमटां, चोर, करवल्यो, जती, सकारती, घोडेमोडणी, धुळवड अश्यो जायत्यो कार्यावळी जातात.

पणजे, वास्को सारक्या शारांनी लोक एकामेकाक रंग लावन शिगमो मनयतात. केन्ना इस्टर, ईद आनी शिगमो एकाच म्हुर्तार येतात. तिनूय गजाली जिणेच्या रंगाकडेन संबंदीत. जिणेंतली खोशी सांगपी. खोशी वाटपी. ही बरी तिनलीच चिंतेचीय गजाल मानूं येता. बरी इतले खातीर की तीन सुवाळे एकाच दिसा आयले. म्हटल्यार तीन विचारधारांची उमेद एकाच खिणाक वाटून घेवपाची संद मेळ्ळी. वायट इतले खातीर की शेजरा शेजराक रावूनय आमी एकामेकांची संस्कृताय, एकामेकांची उमेद समजून घेवपाची तकालस घेयनात. आमी आपापल्याच संस्कृतायांच्या आनी धर्माच्या कुडींनी स्वताक कोंडून दवरल्यात. आमी स्वताच तयार केल्ले ल्हानशे बांयंत आसात. कुशीक आनीक बांयो आसात.. व्हडल्यो न्हंयो आसात. ताचेर फुडें अफाट दर्यो आसा. हें आमकां खबरच नासता. ताका लागून फकत आमच्यो बांयो

म्हणल्यार गोड उदकाचें सांठे अशें मानपांत आमी धन्यताय मानतात आनी स्वताक संकुचीत करतात. कुशीकय गोड उदकाचे सांठे आसात हें आमी मानपाक तयार आसनात. कारण आमी आपापल्यो बांयो सोडून खंयच वचनात. वचप म्हणल्यर 'अधर्म'. वचपी 'दुर्जन'. आपापल्यो बांयो वेंगावन बसपी धर्मीक. हेरांच्या बांयां पसून पयस रावपी 'सज्जन'

म्हज्या कोतान निदान एकामेकांचे सण-परबो समजून घेत, सण-परबांनी वांटो घेत जाल्यार धर्मा-धर्मांतलें कोडसारपण पयस जावपाक वेळ लागचो ना. पूण तें आपापल्या धर्माचे रंग, धर्माचीं प्रतिकां, धर्माच्यो घोशणां मिरोवन जावचें ना. तशें जालें जाल्यार पांचवो, धवो अनी भगवो रंग फकत तिरंग्यांतूच दिश्टी पडटलो. प्रत्यक्षांत जिणेंत हे रंग एकामेकां भितर केन्नाच भरसूचे नात.

शिगम्या सारके उत्सव आतां सरकारी पांवड्याचेर मनोवंक लागल्यात. तातुंतल्यान तरणाट्यांक आपली उमेद भागोवपाची (कला सुदरावपाची अशें म्हणचें ना) संद मेळटा. पूण अशा उत्सवांतल्यान विकृताय वाडपाक लागली जाल्यार ती हुस्क्याची गजाल. धव्याफुल्ल पड्ड्यार काळो थिबको दिसलो जाल्यार तो दाखोवप्याक दुशणां दितना 'हांकां सगळें नेगेटिव्हूच दिसता' अशें म्हणटात. पूण एखाद्रयाक धवो पड्डो पुरायपणान धवोच दिसचो. ताचेर काळो दाग आसचो न्हय अशें दिसता.

धोलार तोंडी बसले उपरांत मांडार घुमचे कटर घूम जालें काय इल्लें 'घेवपाची' संवकळ आशिल्ल्या दादल्याचे बायलेच्या, भावाचे भयणीच्या, पुताचे आवयच्या, नातवाचे आजयेच्या काळजाचे थेके चुकतात. आदल्या तेंपार भायर पराक्रम गाजोवंक गेल्ले. जैत मेळोवंक गेल्ले, विशेश गजाल करूंक गेल्ले दादले परत घरा आयले काय तांकां ओवाळपाची पद्दत आसताली. ते भायर कितें तरी बरो पराक्रम करून येतले हाची खात्री घरांतल्या मनशांक आसताली. आयज ती परिस्थिती उरूंक ना. आयज संस्कृतायेचे आड, धर्माभिमानाचे आड, उत्सवांच्या नांवान भायर केल्ले पराक्रम पळयत जाल्यार ओवाळपाचें सोडात, अशांक ओवाळून उडोवचें शें दिसता! आवारार भाणांत पयलें धारेचो फेस सळसळटा तशें शिगम्याच्या नांवान चांगभलं म्हणून बेबद्याचें

उदक जाल्लें रगतूय सळसळटा. संगतीन कांय तरणाटे नव्यानूच बाटल्यो तोंडाक लायतात. पयशां खातीर जबरदस्ती जाता. रंग लायतनाय जबरदस्तेन लायतात. कोण हॉस्पिटलांत वता. कोण इंटरव्युवाक वता. कोण आनीक खंयच्या म्हत्वाच्या कामाक वता. ताका बळजबरेन रंगोवप खंयची संस्कृताय? खोशी म्हूण कोण जबरदस्तेन दिता वा मेळयता व्हय? ना. पूण उमेदीच्या नेटार आमी दुसऱ्याचेर बळजबरीच करतात.

बायलांचे मानसिकतायेंतल्यान चिंतपाचें जालें जाल्यार आपलो बेबदो घोव सांजे येतना कोणा कडल्यान मार तर खावन येवंचो ना मूं? खंयचे खळयेंत पडला तें सोदपाक वचपाची पाळी तर येवंची ना मूं? असो हुस्को जसो बायलांक दिसना तसो आमचे 'नरवीर' धर्ममोगाच्या नांवान, संस्कृतायेच्या नांवान हेर धर्मियां बराबर केस्तांवां करून तर येवंक नांत मूं? हेर धर्मियांचीं मनां दुखोवन तर येवंक नांत मूं? असोय वेगळो भंय निर्माण जाता. बदलत्या काळा प्रमाण संकश्टाचीं परिमाणां आनी परिणामूय बदल्ल्यात! निमाणें उत्सवां खातीर मनीस वा उत्सवां खातीर समाज वा देश न्हय. तर हें सगळें 'मनशा खातीर' ही मध्यवर्ती, मुळावी संकल्पना विसरूंक फावची ना.

धुळवड म्हणल्यार गुलाल उत्सव. गुलाल म्हणल्यार गुलाबी रंग. मोगाचो रंग. प्रेमाचें प्रतीक. प्रेमांत मतभेद विसरून एकामेकां बराबर समजिकायेन रावपाचें आसता. धर्माचें दादागिरीचें वा उन्मादाचें प्रदर्शन करप म्हणल्यार उत्सव मनोवप न्हय. समाजाचें भान दवरप. पर्यावरणाचें भान दवरप गरजेचें. उमेद आनी उन्मादाच्या वेळार हें भान दवरिनांत. होळये दिसा बळी दितात त्या झाडाक तितलें लांब वाडून मळबाक हात लावपाक १५-२० वर्सांची तपश्चर्या करची पडटा. पावसांत, वादळ-वाऱ्यांत तें घट उबें रावता आनी आमी एका खिणांत ताचे हात, ताचे पांय, ताच्यो संवेदना आमी बेणून उडयतात.

भक्त प्रल्हादाक लासपाक लागून होळी नांवाची राक्षसी ताका मांडयेर घेवन उज्यांत बसली. पूण ज्या अनमोल वस्त्राक लागून होळयेक उजो लागनासलो तें वस्त्र काडून विष्णून प्रल्हादाच्या आंगार उडयलें आनी प्रल्हाद वांचलो. राक्षसी 'होळयेंत' मेली. वायट विचार मेले. बऱ्याचें जैत जालें अशी

ही कथा. होळयेच्या निमतान आमीय वायटाचेर बऱ्यान जैत मेळोवया. कुडीची, मनाची आनी सैमाची सुंदरताय घेवन सुंदर जीण जगपाची मोख दवरून जिणेचे रंग उधळावया. सैम मनशाचो आदर्श. सैम बदलता. मनशानय बदलप गरजेचें. संदर्भ बदल्ल्यात तश्यो खोशी मनोवपाच्यो संकल्पनाय बदलुया. सण-उत्सवांक धर्म, संस्कृतायेच्या रंगांच्या डब्यांनी बुडोवन दवरुया नाका. रंगांचे हे डबे उमथावया. उमेदीचे, खोशयेचे रंग व्हावुंदी. जमीन रंगीत जावंदी. सैम रंगीत जावंदी. पुराय जीण रंगीत जावंदी.

❖❖❖

एकदां उलयतां उलयतां एकल्याक म्हणलें, 'हुंडो कित्याक घेतात?' ताची जाप-'कारण आमी जल्मभर बायलेक पोसतात!'

सुणीं, माजरां, बोकडां 'पोसतात' तें आयकल्लें, पूण मनीस मनशाक पोसता हें पयलेंच फावट आयकलें. देखून बायल ही मनीसूच आसा हें मानून घेतना दादल्यांक उम्तुऱ्यां वता. बायल हें एक जनावरशें तांकां दिसता. अशें जनावर जाका मन ना, भावना नांत, निर्णय घेवपाची तांक ना, बुद्द ना फकत

9. आमी तिका पोसतात!

आसा ती कूड. आमकां जाय तेन्ना जाय तशें सूख दिवपाचें आनी रांदून वाडपाचें देखून खुबशे लोक बायलेक बायल म्हणीनासतना 'बायलमनीस' म्हणटात. दादल्यांक केन्ना 'दादलोमर्नीस' म्हणनांत. दादलो म्हणटात तो मनिसूच आसता. पूण बायल म्हणटा तेन्ना म्हणप्यांचें मन दुबावी जाता, जाका लागून तें 'बायलमनीस' म्हणटात. बायलेक 'बायलूच' म्हणात आनी ती मनीसूच आसा हें परत एकदां आपले बुद्दीचेर ठसयात.

देडशें वर्सां पयलींची बायलेची जीण ही दारांतल्या सुण्या परस वायट आसली. बालविवाह, अशिक्षीतपण, तातूंत जावपी विधवेची विटंबणा. आंगार सारके कपडे लेगीत घालपाक मनाय आशिल्ली विधवा ऐन जुवानपणांत आपली अब्रू धांपीत तिका भौशीक मालमत्ता समजुपी समाजांतल्या कोल्या-कोलसुण्याचे नदरेंतल्यान स्वताक वाटायत जगताली.

बरें जावं त्या फुले जोडप्याचें, आंबेडकर-आगराचें आनी हेर

समाजसुधारकांचें, जाका लागून आयज आमी ह्या पांवड्यार येवन उबीं आसात. शारिरीक, मानसीक, बौद्धीक, राजकी सगळ्या पांवड्यांचेर आयज बायलेन आपणाक सिद्ध केल्या. तरी लेगीत आयज आमी बायलेक पोसतात म्हणपी पुरुशी अहंकाराची मानसीकताय मरूंक ना.

आयज एकविसाव्या शेंकड्याचे वाटेर चलयेच्या जल्माक कातर लावपी आनी चल्याच्या जल्माक माराण मारपी, पेडे वाटपी महाभागांक बायलेची अपरिहार्यता खबर ना. बायल ही ह्या संवसाराचीं चक्रां आसात. हवा, उदक, सूर्य, झाडां जितलो हो संवसार चलपाक गरजेचो आसा तितलीच गरज ही बायलेचीय आसा. बायल थांबली जाल्यार संवसार थांबतलो.

जीवशास्त्र सांगता, बायल ही दादल्यां परस जिणेक टक्कर दिवपाक चड सक्षम आसा म्हूण. पूण जल्मताच अस्तुरी ही कृश, रडपी, भिवपी, असमर्थ अशें मनाचेर बिंबयतात. दादले मात समजूतदार, मर्दानी, निर्णय क्षमता बाळगुपी!

अशे समज पातळावपांत आमच्या धर्मग्रंथांचो आनी धर्मगुरूंचो व्हडलो वांटो आसा. सती सावित्रीप्रमाण दरेक स्वास दरेक खीण 'पतिदेवा' खातीर वेंचपी, सांबाळपी सीतेचेर दुबाव घेवन निमणें रामान अन्यायूच केलो न्हय? आनी रामायण बरोवपी हो एक दादलोच आशिल्ल्यान सीतेच्यो भावना मांडचे परस मर्यादा पुरुषोत्तम आशिल्ल्या रामाचीच बाजू घेतली. 'रामायण' बरोवपी बायल आशिल्ली जाल्यार तें 'सीतायण' जावपाचें. तातूंत लक्ष्मणान विटंबणा केल्ले शुर्पणखेचें दुख्ख वेवस्थीत मुखार येवपाचें. 'महाभारतकार'. बायल आशिल्ली जाल्यार कुंती, द्रौपदी, रुक्मिणी, सत्यभामा हांच्या सूख-दुख्खाचे उमाळे दिश्टी पडपाचे. बायलेन दादल्याची फकत सेवाच करपाची आसता.

दादल्यान भायर कितलेंय शेण खालें तरीय घरा येतकच ताचे आंग नितळ करून ताची पुजा करपाचें व्रत बायलांनी पाळचेंच पडटा. घोवान थुकिल्लें अन्न जेवन आपलें सतीपण सिद्ध करपी अनुसुयेचें, आनी यमा कडल्यान आपल्या घोवाचे प्राण परत हाडपी सावित्रीचें चरित्र आनीक दुसरें कितें सांगता?

अशे तरेच्या समाज मान्यताय मेळिल्ल्या जायत्या गजालींचो बायलांचे जिणेचेर प्रभाव पडत आसता. खंयचेय गांवगिऱ्या वाठारांतले बायलेक, पुलीस

दळांतले बायलेक जितली ताकद, स्टॅमिना आसता तितलो ऑफिसांत कंप्युटरा म्हऱ्यांत बसपी तरणाट्याक आसना. म्हणल्यार बायल ही शारिरीक नदरेन सक्षम, ताकदवान आसता.

सवंय करत तशी बायलेची लवचीक कूड बदलता. म्हणल्यार जल्मा सावनच बायल ही कृश, कसल्याय गजालींनी उणी पडपी, भियेवपी, रडपी आसता हें चूक.

चलयेच्या जल्मा सावनच तिचेर संस्कारांच्या नांवा खाला बंदनां लादप सुरू जाता. हातूंतलीं चडशीं बंदनां हीं 'फाल्यां घोवा घरा गेलें काय अशेंच करतलें?' ह्या पालूपदान सुरू जाता. अशेंच हांसतलें? अशेंच करतलें? तशेंच बसतलें? अशेंच हेडटलें? अशें सारकें चालू आसता. आयची सवंय ती फाल्यांची सवंय अशें म्हणून रांदपाक, कपडे धुवपाक, कोण आयलो गेलो जाल्यार च्या-कॉफी करपाक, सान्न मारपाक, शेण काडपाक अशा सगळ्या 'संस्कारक्षम' गजालींची 'ट्रेनींग' २०-२५ वर्सां पिराये मेरेन चलयेक चालू आसता. देखून फाल्यां घोवा घरा वतकच तिका आनी सासरच्या लोकांक कितेंच त्रास जावंचो न्हय हाची जतनाय दर एके चलयेच्या घरांतलीं घेतात. सासरच्या लोकांक, न्हवऱ्याक अशी सुसंस्कारीत, सर्वगुणसंपन्न व्हंकल मेळची हाची जतनाय व्हंकलेची आवय घेता.

अशी easymade, all in one machine बायल मेळ्ळे उपरांतूय घोव तिचे लागीं हुंडो मागता! आपणाक जाय तशी सर्वगुणसंपन्न बायल आपल्याक दिली म्हणून खरें तर एका न्हवऱ्यान आपले बायलेच्या घरच्याचे ऋणी आसपाक जाय. तिका शिकयली, मनान, शरिरान पोक्त केली. आपलो संवसाराचो गाडो ओडपाक तिका सक्षम केली म्हणून तिच्या घरच्यांच्या उपकारांत रावूंक जाय. पूण ना. इतलें सगळें आसुनूय ताची आस सोंपना. तो हुंडो मागताच.

एकाद्री बायल जेन्ना नोकरी करता, जोडपाक लागता तेन्ना ती २०-२५ वर्सां तिका शिकयिल्ल्या आवयबापायक व्हरून पगार दिना. तो ती आपल्या घरा खातिरूच मोडटा. चल्याचीं २०-२२ वर्सां खावपांत मजा करपांत वतात. तो जोडिना. चलयेचीं हींच वर्सां आवयच्या घरा वतात आनी जेन्ना २५-६०

वर्सां ती पुरायपणान घोवागेर सारता. तरीकूय आयज तिका आमी पोसतात म्हणपी मेळटात.

एकाद्री बेबद्या घोवाची बायल गांवगिऱ्या वाठारांत, झोपडपट्टेंत, दिसावड्याच्या कामार वचून संवसाराचो गाडो धुकलता. भुरग्यांक शिकयता आनी घोव पियेवन येवन तिका मारून मारून म्हणटा, 'हांव तुका पोसतां' हाका कितें म्हणपाचें?

पगारांतले हजार देड हजार हाडून बायले कडेन दितात आनी हांव तिका पोसतां म्हणटात. त्या देड हजारांत ती बायल बाजार-भाजी, दूद, नुस्तें, तांदूळ, साबू, साकर, पालो, भुरग्यांचे कपडे, चप्पल, खावप-पियेवप कशी निभावन व्हरता हें दादल्यांक खबर नासता. तरी सकाळीं उठ्ठकच च्या, चपाती आनी कामा वयल्यान घरा येतकच घोवाक कडकडीत च्या कॉफी मेळटा. च्याचो कप हातांत घेवन टीव्ही पळयत पांय हालयत तो म्हणटा 'हांव तिका पोसतां!'

मॅनॅजमॅंटाचो कसलोच धडो घेवंक नाशिल्ली ही 'घरकान्न' हातांत पडटा तातूंतल्यान आपलो संवसार सांबाळटा, सारता. सगळ्यांक सुखी दवरपा खातीर धडपडटा. एक वेळ फाटल्यान तिचे खातीर ताटांत फकत गोटेच उरतात. सगळ्यां खातीर केल्लें हुमण, तोंडाक सोंपिल्लें आसता. कुटुंबांतलो दरेकलो पोटभर जेवलो हाचे कडेन ती लक्ष दिता. कोणाक कितें उणें पडलें जाल्यार बेगोबेग रांदून वाडटा. पूण सगळ्यांनी ताव मारतकच आयदनां रितीं जाल्लीं आसतात. तिचे खातीर खुबूच उणें उरता वा केन्ना केन्ना उरच ना. आपले खातीर ती पर्थून रांदिना. आसा तातूंत भागयता. हें बायलेचें खाशेलेंपण न्हय? हें बायलेचें व्हडपण न्हय? तें कितल्या घोवांक कळटा? कितले जाण तें समजून घेतात? तिचीं झरिल्लीं जोतीं, पिंजिल्लो पदर आनी सदांच दुखपी कंबर-पांय आनी वेदनांची घोवाक वा हेरांक चुकूनच जाणीव जाता.

खरें तर जायते खेपे आपल्या भावना-बुद्दीच्या धाग्यांनी पिंजिल्लो संवसारूच ती शिंवत आसता. हे धागे इतले कुशळटायेन विणटा की तिच्या घोवाक लेगीत कळना तिणें संवसाराची गोजडी शिंवल्या म्हूण. जायते खेपे तो हे

गोजडेची फकत उब घेता. तिणें कितले कुशळटायेन धागे गुंतल्यात तें तोवूय जाणून घेना. फांतोडेर सावन रात मेरेन मर मर काम करपी तिचें मोल कोणाकच कळना.

घरांतल्या दरेकल्याच्या सूख-दुख्खा कडेन एकरूप जावपी हे बायलेच्या जल्माकूच आयज कातर लागपाक लागल्या. सॅन्सस सांगता १००० दादल्यां फाटल्यान ८५० बायलो आसात. आतां लग्नां करपाचें थारायलें जाल्यार देडशें दादले लग्ना बगर उरतले. आतां सांगात, हुंडो कोणें कोणाक दिवपाचो?

चलयेच्या जल्माक कातर लावपी दर एका जोडप्यान आपल्या चल्याक फाल्यां लग्न जावपाक चली मेळटली काय ना हाचेर जरूर विचार करचो. बायलांचो आंकडो असोच सकल वचपाक लागलो जाल्यार तो दीस पयस ना जेन्ना 'सून जाय जाल्यार चली दियात' असो आमकां कायदोच करचो पडटलो!

हें वास्तव आसा आयचे अस्तुरेचें. तें संवसारीक वा राश्ट्रीय बायलां दिसा निमतान एका दिसान बदलूंक जावचें ना. सरकार वा समाजीक संघटना अस्तुरेची समाजीक, राजकी आनी अर्थीक स्थिती सुदारल्या अशें कितलेंय सांगू, तिचो पांवडो तीच जाणा. तिच्या मनांतल्यान विचार करतले जाल्यार सरकारांक, त्या संघटनांक तिचें दुख्ख कळपाचें. संवसारीक बायलां दिसाच्या निमतान बायलांकय मन आसता, तांचीय स्वाताचीं सुख-दुख्खां आसतात, तांचेय कांय स्वतंत्र्य विचार आसतात, तांचेय स्वतंत्र अस्तित्व, स्वतंत्र जीण आसता, तांचेय कांय निर्णय आसतात, तांचीय निर्णय क्षमता आसता इतलें जरी समजून घेतलें तरी खूब जालें.

❖❖❖

कांय वर्सां फाटीं मराठी भाशेंत ‘झोंबी’ ही डॉ. आनंद यादव हांची आपजीण वाचिल्ली. पुस्तक हातांत घेवन कांय पानां वाचतां वाचतां हांवें अक्षरशा पिसाविल्ले वरीं तें पुस्तक वाचून सोंपयलें. मोजकीच पुस्तकां म्हाका याद उरतात. तातुंतलें हें सगळ्यांत वयर. ताचे उपरांत डॉ. आनंद यादव हांचें कितेंय साहित्य वाचपाक मेळ्ळ्यार सोडिना.

तांची ‘संतसूर्य तुकाराम’ ही कादंबरी अजून हातांत पडूंक ना. पूण ती

10. पुर्वग्रही जावन नव्या विचारांचे कोंब आमी खुडत रावतले?

वाचकां मेरेन पावचे पयलींच बरीच प्रसिद्धीक आयल्या. अशे तशे स म्हयने जाल्यात आसतले ती प्रकाशीत जावन. पूण महाराश्ट्राच्या वारकरी सांप्रदायान खर आक्षेप घेत ती कादंबरी आनी डॉ. यादवांचें ८२ व्या अखिल भारतोय मराठी साहित्य संमेलनाचें अध्यक्षपद दोनूय काडून घेतलीं.

कादंबरी फाटीं घेवन देहू हांगा वचून तांणीं संत तुकारामाचे समाधीचेर माथें दवरून जाहीर माफी मागली. तरीय सहिश्णुतायेची परंपरा सांगपी, अभंग गावपी आनी शांती समतेचे टाळ वाजोवपी वारकऱ्यांक तें मानवलें ना आनी तांणीं ‘अ’ च्या जाग्यार ‘ब’ आसचो, ना जाल्यार साहित्य संमेलनाचे सुवातेर अखंडित भजन करतले अशी धमकी दिली.

‘निंदकाचे घर असावे शेजारी’ अशें आयुश्यभर सांगपी तुकोबाची फकत पुजा करतात, पूण तांच्या विचारांचें कांय पडिल्लेंच ना. ते जगपाचेच नात. तो देव. तो कितेंय करूंक शकता म्हूण आपले वयलें कर्तव्य फाफडून

उडोवपाची आमची वृत्ती. सामान्यांतल्या सामान्य मनशाक तो मनीस आसुनूय देवपण दिवपाचो. ताचे शिकवणी पसून पयस वचपाचो हो यत्न. एकदां ताका देवत्व दिलें काय मनीस म्हूण केल्लीं ताचीं सामान्य कर्तुबांय वलयांकीत करप आनी ताचेर कोणें भाश्य केलें काय बोवाळ घालप हें सध्या सगळे कडेन चल्लां.

विसाव्या शेंकड्यांत आयज सगळेंच बदल्लां, पूण मनशांची नवे विचार आपणावपाची तयारी ना. आधुनीक तितलें आमी घेतात. विधायक तेंय आपणायतात. पूण हजारांनी वर्सां सावन मानीत आयिल्ले गजालींच्या संदर्भांत वेगळें कितेंय मुखार येता जाल्यार तें आमी स्विकारिनात, कित्याक? गांधीजीन म्हणलां, 'काल हांवें एक सांगलां आनी जर हांव आयज दुसरें सांगतां जाल्यार हांवें मागीर सांगलां तें बरोबर. कित्याक तर अणभवान हांवें मत बदलून सांगलां.' ताची देख तांणीं 'सत्याचे प्रयोग' हातूंत दिल्या. पयलीं आपूण 'ईश्वर सत्य है।' अशें मानतालो. पूण अणभवान म्हाका कळ्ळें की तें चूक. खरें म्हणल्यार 'सत्य ही ईश्वर है।'. कितलो विरोधी हो विचार. केदो हो विचारप्रणालींतलो बदल. कोणय प्रथमदर्शनी म्हणीत हें मनांतल्या गोंदळाचें लक्षण. न्हय, हो मनाचो गोंदळ न्हय. अज्ञानांतल्यान ज्ञाना कडेन अपूर्णतायेंतल्यान पूर्णताये कडेन केल्लो जाणीवपुर्वक प्रवास. आपली चूक मान्य करपाचें दाखयिल्लें व्हडपण.

आमकां परंपरेन दिल्ले पोरणे विचार फाफुडून उडयन दिसनात. घडये आमचे हितसंबंद त्या विचारांनी गुंतिल्ले आसतात. वारकरी सांप्रदायाक घडये भंय दिसलो आसतलो की संत तुकारामाचें महात्म्य उणें जातलें म्हूण. तांचे अभंग देवळांनी बसून गावप, पूण तातुंतलो अर्थ घेवप ना. तो घेतलो जाल्यार तांचें देवत्व उणें जातलें.

भारतीय संविधानान दर एका मनशाक व्यक्ती स्वातंत्र्याचो हक्क दिला. डॉ. आनंद यादवाकय तो आसा. हांगा हो हक्क पांयांतळा माडिला. एका साहित्यिकाचे विचार, सर्जनशील चिंतकाची अस्मिताय न्हयकारपाची ही गजाल. हें म्हाका जाय तशें बरय, म्हाका जाय तशें मांड अशें म्हणिल्ले वरीं

जालें. ही वारकरी परंपरेंतली हुकुमशाय. जन सामान्याच्या तुकारामाचेर स्वताची मक्तेदारी सिद्ध करपाचो आडदांड यत्न. डॉ. यादव देहू हांगासर माफी मागपाक गेले तेन्ना संतपरंपरेचो वारसो सांगपी 'सज्जनां'नी तांकां धक्काबुक्की केली. डॉ. यादव हांच्या वांगड्यांनी कशे तरी रिक्षेंत बसोवन तांकां थंयच्यान धाडले. तांचे पिरायेचो, तांचे विद्वत्तेचो, तांच्या प्रामाणीकपणाचो असो अपमान करप हें वारकरी सांप्रदायाक सोबलें ना. हे वारकरी काय खंयची प्रक्षोभक विचारसरणी आशिल्ले कट्टर पंथी? असो प्रस्न पडटा. ८२ वर्सांच्या साहित्य संमेलनाचे आनी शे-पांचशे वर्सांचे संत परंपरेच्या वारकरी सांप्रदायाच्या इतिहासांत हें अशें पयलेच फावट घडलें.

महाराश्ट्रांतले एक पुरोगामी विचारवंत आनी अभ्यासक डॉ. आ. ह. साळुंखे हांचे 'विद्रोही तुकाराम', गोंयांतले आमचे प्रतिभावंत लेखक, विचारवंत आनी नाटककार विष्णू वाघ हांचें 'तुका अभंग अभंग' सारक्या साहित्यकृतींनी तुकारामाची खरी जीण लोकां मुखार हाडल्या.

कितलीशीच वर्सां आमी बाबाजी राणेचोच 'शांत तुकाराम' पळयलो आनी अणभवलो. पूण राणेचो 'तुकाराम' आनी विष्णू वाघान मांडिल्ल्या तुकारामांत जमीन आसमानाचो फरक आसा. आमी समजतात तसो तुकाराम शांत, सगळे अत्याचार सोंसपी, कोणेंय मारल्यार वग्गी रावपी, समाजांतल्या उच्च वर्णियांचे अन्याय-अत्याचार सोंसपी, प्रतिकार करनासतना वग्गी रावपी नासलो. तुकारामाचीं मूतखडो जाल्लीं भुरगीं विठ्ठलाचें तीर्थ पियेले उपरांत रोखडींच सारकी जातात. विठ्ठलाच्या देवळांत बसून भजन करतना शिवाजीक धरपाक मुसलमान सैनीक येतात पूण तांकां सगळेच कडेन शिवाजीच शिवाजी दिसतात. तुकारामाचे अभंग इंद्रायणींत बुडयले उपरांत देवाची आराधना करतकच कांय दिसांनी ते अभंग स्वता इंद्रायणी वयर घेवन येता आनी तुकारामाक भेटयता. तुकाराम पुष्पक विमानांतल्यान सदेह वैकुंठाक वता अशी मांडणी ह्या नाटकांत आसा.

जाल्यार विद्रोही तुकाराम कादंबरींत आनी 'तुका अभंग अभंग' नाटकांत तुकाराम वैकुंठाक वचूंक नात, ताचो खून जालो. तांचे अभंग हे इंद्रायणींत

तरले नात. तर लोकांच्या तोंडांत म्हणल्यार लोकगंगेंत तरले अशी मांडणी केल्या. तो काळ, त्या वेळावयल्यो साधनसुविधा, वातावरण, वृत्ती, धर्मसंस्थेचो शेक पळयलो जाल्यार राणे परस वाघाचो तुकाराम मनाक पट्टा. हेर लेखकां परस साळुंखेचो विद्रोही तुकाराम मनाक भावता. राणे वा हेर नाटककारांच्या नाटकांतलो वा हेर साहित्यकांचो तुकाराम परकी कसो दिसता. हांगा मात तो तुमचो आमचो कसो दिसता. खरें तर वाघ वा साळुंखे हांणीं नव्यान मांडिल्ल्यो ह्यो गजाली. अश्यो कितल्योश्योच गजाली अप्रकाशीत आसतल्यो. काळखांत आसतल्यो.

संत म्हणल्यार एकदम सज्जन, सगळें कितें सोंसपी, संघर्श करपी न्हय, झगडीं-झुजां करपी न्हय अशी प्रतिमा आमचे भितर करून घेतल्या. ताका लागून तांचे विशीं कोणें वास्तव मांडपाचो यत्न जालो काय आमकां तें सोंसना. आमचें पित्त खवळटा. पोरण्या गजालींचो पगडो आमचेर इतलो आसा की आयजूय तुका अभंग अभंग परस संत तुकारामूच आमकां चड भावता. तुकाराम सदेह वैकुंठाक गेलो ताचें आमकां अप्रूप आनी कवतूक दिसता. ताका त्या काळच्या ब्राह्मणांनी मारलो आनी खंय तरी न्हंयंत उडयल्लो आसूं येता असो विचार करून आमचें रगत तापना. तुकारामाक त्रास दिवपी, ताचें स्वातंत्र्य झोंपून घेवपी, ताचो आवाज बंद करपी, ताचे भितरले प्रतिभेच्या विठ्ठलाक बंदखणींत दवरपी समाजवेवस्थेची आमकां आयजूय तिडक मारिना. देखून अजुनूय पुष्पक विमानान सदेह वैकुंठाक वचपी तुकारामाचें चित्र पळोवन आमी पांयां पडटात. त्या वेळार जो विष्णू तुकारामाक सदेह वैकुंठाक व्हरपाक शकलो तो ताच्या बायल-भुरग्यांक दुकळांत मरपा पसून कित्याक वाटावंक शकलो ना. हाचो विचार आमी कित्याक करिनात.

संशोधनात्मक लेखनाक सदांच उर्बा दिवपाक जाय. संशोधना बगर सत्य भायर येना. सत्य भायर आयले बगर आमकां आमच्यो चुकी कळनात. ताका विरोध करचो न्हय. अशें लेखन मुजरत समाजा मुखार येवचें. त्या लेखनाचेर उक्ती भासाभास जावंची. तें पडताळून पळोवंचें. तांचे संदर्भ सोदचे आनी उक्ती सर्वसमावेशक चर्चा, मंथन जावंचें. सत्य आपणावपांतच मनीसपण आसता.

खरें कितें बरयलां ताचेर विचार करिनासतना, तेविशींचीं तज्ञां कडल्यान मतां जाणून घेनासतना, तांचेर चर्चा-मंथन करिनासतना 'अ' च्या जाग्यार 'ब' म्हणप म्हणचे हें अध्यक्षपदाचे वेंचणुकेंतलें राजकारण काय कितें हाचो वास येता.

डॉ. यादवांनी ह्या सगळ्यांची शिकार जाल्ले सारकी आनी गर्भगळीत जाल्ले सारकी माफी मागून कादंबरी फाटीं घेवन राजिनामोय दिवप हें तांचे आडदांडशाये मुखार शरणागती घेतिल्ले वरीं जालें. असले तरेचे साहित्य कृतीक पयलेच फावट असो विरोध जाला अशें ना. 'लज्जा' सारके कादंबरीक लागून तस्लिमाक देश सोडचो पडलो. अशीं जायतीं उदाहरणां आसात. पूण आपणें आपल्या लेखना कडेन प्रामाणीक रावप, आपलीं मतां सारकीं आसलीं जाल्यार तांचे कडेन ठाम रावप हीय लेखकाची जापसालदारकी. प्रतिभावंतान, अभ्यासकान, चिंतकान, खास करून नवें दिवपाचो, कितें तरी सोदपाचे यत्न करप्यान अशे तरेन हार स्विकारप हो आयजवेरचे सत्या खातीर मरण स्विकारपी परंपरेचो पराभव म्हणचो पडटलो.

डॉ. आनंद यादव. अक्षरशा माती खावन जगिल्लो भुरगो. मातयेन जगयलो. मातयेंत जगलो. पूण तकलेंत माती जावंक दिलीना. जगपा खातीर शिकपा खातीर तळमळिल्लो भुरगो आयज सक्षम, प्रसिद्ध लेखक जाला. ताचे पांय मातयेंत आसात. ताची नाळ मातये कडेन जोडिल्ली आसा. ताचे विचार मातये कडेन नातें सांगतात. आमची माती विचारांच्या नाजूक कोंबांक येवकार दिवपी. आवयचे मायेन नाजुकसाणेन आंकरेची राखण करपी. आमी मात आमचे तकलेंत पुर्वग्रहाची 'माती' भरून हे आंकूर वयर सरचे आदींच खुडपाक सोदतात. हें समा व्हय?

❖❖❖

सादी गजाल. जो कोण वायट वागता. जाच्या करण्यांक लागून दुसऱ्यांक दुख भोगता. जांकां लागून वायट गजाली घडटात. जे मनशां मदीं, समाजांत चुकिच्यो गजाली पातळायतात. जे समाजाचें शोशण करतात, लुबाडटात ते 'दुर्जन' ('सनातनवाल्यां'ची व्याख्या मातशी वेगळी. तांच्या मनांत देव देव आनी कर्मकांडां करतात ते सज्जन आनी बुद्दीवाद सांगतात ते दुर्जन) आनी जे बऱ्यो गजाली करतात ते सज्जन अशें आमी मानतात. पूण आयज

11. लोहियांचें स्मरण करून आमीय सक्रीय सज्जन जावंया!

दुर्जनपणाच्यो व्याख्या जश्यो बदल्ल्यात तश्यो सज्जनतायेच्योय बदल्ल्यात अशें म्हाका दिसता. ह्यातूंतलें कांयच करिनात (वा खऱ्यांनीच कांयच करिनात) ते सज्जन अशी नवी व्याख्या करिनशी दिसता. (सक्रीय सज्जनांची माफी मागून).

गोंयच्या सामाजीक क्षेत्रांतले चडशे लोक हे डॉ. लोहियांच्या विचारांचे, संविधानाचो आदर करपी, समानताय मानपी मानवतेचे पुजारी. देखून सगळे 'सज्जन' अशें म्हाका दिसता. पूण ते निश्क्रीय जाल्यात अशेंय म्हाका म्हणपाचें आसा.

आदीं सामाजीक सुदारणा? काय राजकी क्रांती? अशी भासाभास स्वातंत्र्याच्या आदल्या काळा सावन चलत आयल्या. भायल्या बराबर आदीं झुजूंया, मागीर आमचे भितरले प्रस्न सोडोवया म्हूण चडश्या फुडाऱ्यांनी राजकी क्रांतीचो आग्रो धरलो. पूण 'मागीर पळोवंया' म्हूण सोडिल्लो सामाजीक

सुदारणेचो विचार तसोच दुर्लक्षीत उरलो. मनुस्मृती लासल्यार ५० वर्सां जावन गेलीं. तरीय संविधान हो आमचो धर्मग्रंथ मानुया, भीमस्मृती स्विकारुया, मनुस्मृती झिडकारुया असो उलो आयजूय मारचो पडटा हें आमचें दुर्दैव.

डॉ. लोहिया म्हणटाले 'राजकारण हो अल्पकालीन धर्म तर धर्म ही दीर्घकालीन राजनिती'. सगळे मनीसकुळयेचेर अधिकार गाजोवपी धर्म ही एकूच कल्पना हजारांनी वर्सां तिगून आसा. पूण सगळ्या धर्मांनी आशिल्ले मुलभूत अपुर्णतायेची जाणविकाय त्या त्या धर्मवाद्यांक आसपाकच जाय. ताचे बराबर सगळ्या धर्मां कडल्यान शिकयिल्ली नैतीकताय, सदाचार, करुणा, साधना हांचे प्रेरणेचो विचारूय करचोच पडटलो.

धर्म हो कर्म, कर्तव्य, सगळे मनीसकुळयेच्या कल्याणा खातीरचो विचार, अश्या अर्थान आसूंक फावो. उदका सारको, सर्वसमावेशक आनी लवचीक. धर्म हो आसचोच, तो नासत जाल्यार 'पोकळी' तयार जाता. हे पोकळेक लागून स्वैराचार, अनाचारांक ओतो येवंक शकता. ताका लागून एखादें कर्मकांड जेन्ना बुद्दीचे साणीर फिकें पडटा तेन्ना ताका सबुद्दीन तयार जाल्लो पर्याय दिवपाक जाय. जसो म. ज्योतिराव फुलेन एके फास्केंत अडकल्ली वैदीक लग्नपद्दत न्हयकारून तिका पर्याय म्हण लवचीक अशी सत्यशोधक लग्न पद्‌दत दिली. आतां गोंयांत तीच पद्‌दत 'प्रागतीक लग्न' पद्‌दत म्हूण फुडें आयल्या. प्रागतीक लग्न पद्दतीत रुढीगत कर्मकांडां न्हायकारल्यांत. लवचीकताय दवरल्या. पोकळी भरपाचो यत्न केला. हातूंत देवभक्तीक देशभक्तीचो पर्याय दिला. मनीसपणाचीं कर्तव्यां सादे-सोपे भाशेंत सांगल्यांत. हातूंत धर्मान नेमिल्लोच पुरयत जाय अशें ना. तातूंत कोणेंय पुरयतपण करूं येता. सामकें मुसलमान वा क्रिस्तांव भावान लेगीत. फकत तो सक्रीय सज्जन आसपाक जाय इतली अपेक्षा. अशे पर्याय आसचे. जशी हळदीकुकमाची सुवात कांय कडेन आतां तिळगूळ कार्यावळींनी घेतल्या. ल्हवू ल्हवू घोव अंतरिल्ल्या बायलांकय तातूंत आसपावन घेतात. ही बरी गजाल. नाका जाल्लीं (अर्थ नाशिल्लीं, अर्थीक शोशण करपी) कर्मकांडां भायरावचीं आनी ताका लवचीक पर्याय दिवंचो. पर्याय दिवपाक आळस करचो हें चलचें ना. सक्रीय सज्जन पर्याय दिवपाक

शकतात. गरज आसा थंय तांणीं ते जरूर दिवंचें.

डॉ. लोहियान सप्तक्रांतींत आपले विचार मांडल्यात तांतुंतलो एक- अज्ञाना विशीं राग आनी विद्रोह. हो तर लोहियांच्या व्यक्तीमत्वाचो वेगळावं नज असो घटक. फाटलो फुडलो कसलोच विचार करिनासतना अन्यायाचो रोखडोच प्रतिकार करपा खातीर ते सज्ज जाताले. बेकायदेशीर अटके आड न्यायालयांत दिल्लो तांचो लढो. वंशीक भेदाभेद आडचो अमेरिकेंतलो तांचो सत्याग्रह. उर्वसियम (नेफा) आनी गोंयांत प्रवेशबंदी हुकुमाचो केल्लो भंग. असल्या प्रत्यक्ष कृतींनीं तांचो सभावविशेश दिश्टी पडटा.

आयज समाजांत कितलेशेच अन्याय जायत आसात. ज्या वर्सा पेडण्या समता आंदोलनाची सामाजीक परिशद जाल्ली, त्याच वर्सा काळे कुटुंबाक दलिताचें लग्न लायलें म्हूण बहिश्कृत केल्लें. अजुनूय आमी ताका ताचें मुळावें घर मेळोवन दिवंक शकले नात हो आमचे निश्क्रीयतायेचो पुरावो. आतां आमी ताका दुसरे कडेन खंय तरी घर बांदून दितलीं. पूण फाटल्या सात वर्सांनी ताची फरफट, निर्शेवन आनी गळसणून ताचे बायलेन केल्ली आत्महत्या, हे प्रस्न अनुत्तरीच उरतात. घरकान्नी बगर नवें घर ताका आतां सूख दितलें?

हो खरें तर आमी हाताळपाचो प्रस्न. ते खातीर आमी रस्त्यार देवूंक जाय आसले. पूण आमी प्रस्नांच्या मुळा मेरेन वचपाक भियेतात. आमकां संघर्श करपाचो ना. कारण आमी प्रतिश्ठीत पूण निश्क्रय सज्जन! दादू मांद्रेकार, अ.ज.परब, रमेश गांवस, मिलन वांयगणकार, यज्ञेश्वर निगळे, राजन नारायण हांचेर एक एक कोटीचो अब्रुलुकसाणेचो दावो घालपी आमच्या मतान 'दुर्जन'! ते कशे? 'सक्रीय दुर्जन'.

विचारस्वातंत्र्याचें म्हत्व बुद्दीवाद्यांक पटलां. पूण राज्यकर्त्यांक हे विशीं अनास्था आसा. डॉ. सुबोध केरकाराच्या चित्रांच्या संदर्भांत मुर्खपणाच्यो प्रतिक्रिया दितल्या आमदारांचे बुद्दीची कुवत पळयल्यार संविधानांतल्या तत्त्वां विशीं सगळ्या लोकप्रतिनिधींचे प्रबोधन करप गरजेचें आसा अशें दिसता.

कसलोय 'इश्यू' जालो वा मुद्दाम केलो काय कांय धर्मीक, राजकी फुडारी बेजापसालदार वक्तव्यां करतात. आनी तांकां 'फोलो' करपी जनसमुदाय तें

मानून कृती करतात. त्या त्या विशयांतले ते तज्ञ नासतात. आमी ओग्गी रावतात, कारण केन्ना तरी हे सज्जन आमदार वा मंत्री आमचीं कामां करतले. कित्याक बेश्टींच वायटपणां घेवया! अशें चित्तात कारण आमी सज्जन!

भाशणबंदी वा विचारबंदी ही लोहिया गोंयांत आयले तेन्नाच नासली, ती आयजूय आसा. पेडण्यां एका कार्यकर्त्यांचे बसकेंत हाचो अणभव थंय गेल्ल्यांनी घेतलो. राश्ट्र सेवा दल, प्रियदर्शनी परिवार, अंधश्रध्दा निर्मूलन समिती, आंबेडकरी विचारांच्या कार्यकर्त्यांनी थंय वचून अन्याया आड आवाज उठयलो. आयज डॉ. लोहिया आशिल्ले जाल्यार नक्कीच ते खंयच्या सभागृहांत न्हय, तर पेडण्या काळेच्या फाटल्यान खंबीरपणान उबे रावतले आसले.

'जाता जाता जात नाही ती जात' म्हणटात. पूण सैमांत फकत दोनूच जाती आसात बायल आनी दादलो. ब्राह्मण, क्षत्रीय, वैश्य, शुद्र हे वर्णभेद जशे लोहियांक अमान्य आशिल्ले तशे बायल, दादलो होवूय भेद तांकां मान्य नासलो. जाहीर सभेंत ते बायल- दादल्यांक दोगांकय 'श्री' म्हणात म्हूण आवाहन करताले. 'तुमकां जगा वयलें दादल्यांचे राज्य कायम दवरपाचें आसा. देखून तुमी 'श्रीमती' म्हणटात' अशें ते म्हणटाले.

आयजूय बायलेचें मोल हें किरवंटीचे सुपारे इतलेंच. नाजाल्यार पळयात, कितल्या देवस्थान समित्यांचेर, गणेशोत्सव मंडळांचेर वा हेर भौशीक समित्यांचे वळेरेंत बायलांचीं नांवां दिसतात? कितले दादले भौशीक कार्यावळींनी, सभा- बसकांनी आपल्या बायलांक व्हरतात? अर्थार्जन दोगांय करतात. पूण घर जशें दोगांचेंय आसता तशें घरकामूय दोगांचेंय आसता हें कितल्या जाणांनी मान्य केलां?

शनी शिंगणापूराक 'येथे स्त्रियांना येण्यास मनाई आहे' अशें बरयिल्लो तक्टो बांयचे कुशीक चौथऱ्या भायर लायला. थंय बायलांक वचूंक मेळचें म्हूण फाटलीं सात वर्सां डॉ. नरेंद्र दाभोळकार संघर्श करतात. जांचे खातीर करतात तांचेच कडल्यान गाळी घेतात. अशे तरेच्या जायत्या संविधानात्मक हक्कां खातीर दाभोळकार झगडटात आनी गोंयांत तांकां व्याख्यान दिवपाक सनातनी वृत्तीचे लोक आडायतात. तांचे फाटल्यान गोंयचे कितले 'सज्जन' उबे रावले? अश्या वेळार सनातनी वृत्ती बराबर आमी संघर्श करपाक तयार नात जाल्यार

लोहियांचें नांव घेवपाचो आमकां अधिकार आसा? उपद्रवी सनातन्यांक संविधानाचो, कायद्याचो तेंको ना. तांचो आदार धर्मा विशींच्यो संवेदनशील भावना. आमचे फाटल्यान येदें व्हडलें संविधान आसून लेगीत ताचो आदार घेवंक, तें सांगपा खातीर लोकां कडेन वचपाक लेगीत आमी अनमनतात. संघर्शाची आमची तयारी ना. कारण आमी 'सज्जन'!

डॉ. लोहिया हे पयले पुरूश जे लोकसभेंत बायलांच्या प्रस्नांचेर उलयले. अत्याचार, उपासमार, उदका खातीरचे हाल, धुंवरान जावपी दोळ्यांचीं आनी फुस्फुसांचीं दुयेंसां, संडासाच्या सोयींचो उणाव आनी हेर प्रस्न घेवन ते उलयताले.

आयज बायल ही कुंती इतलीच अगतीक आनी असहाय्य. निमाणें भाव भावांच्या जिवार उठले तरिकूय ती सांगूंक पावली ना. कृशणाक सगळें खबर आसलें. पूण तोवूय ओग्गी रावलो. आमीय आयज आपापली प्रतिशठा सांबाळपी कृश्ण जाल्यात काय कितें? सत्य सांगप ना हो गुन्यांव. तो आमी करतांत. कारण आमी 'प्रतिश्ठीत सज्जन'!

द्रौपदीचें जेन्ना वस्त्रहरण जाल्लें तेन्ना राज्यसत्ता आसली. आतां धर्मसत्ता आसा. धर्माचेर आदारिल्ले जातीचे प्रस्न थंयच आसात. पूण तांच्या विरोधांत आवाज काडपी आयज खुबूच उणे. यशवंतराव चव्हाण हांणीं डॉ. लोहियांचे शोकसभेंत म्हणिल्लें. 'लोहियांचे पयलीं लोकसभा एक 'संस्था' आसली. तांचो प्रवेश जालो आनी ती 'मनीस' जाली. लोकसभे सारके संस्थेक मनीस करपाची शक्त डॉ. लोहियांची आसली. दुसऱ्यांचें मदली सोडाच, स्वता मदलेंय मनीसपण जागें करपाची कापाझदाद आमचे मदीं ना? आनी वेल्यान डॉ. लोहियांचे वैचारीक वारसदार म्हणोवन घेतात?'

'निश्क्रीय' सज्जनां पसून आमी 'सक्रीय' सज्जन केन्ना जातले? डॉ. लोहिया आपले विचार प्रत्यक्ष जगले. तांच्या जन्मशताब्दी वर्सा निमतान तांचे विचार सांगतना अशी एकाद्री कृती करपाची इत्सा आमकांय जायत?

❖❖❖

ईदा निमतान मडगांवां दवर्ली वाठारांतल्या मुस्लिम भावांनी दुर्गामातेचो आशिर्वाद घेतलो ही खबर पेपरांत वाचली आनी खोस जाली. ह्या वेळार दुसऱ्या देशाचो कोणूय म्हऱ्यांत आशिल्लो जाल्यार अभिमानान ताका ती खबर दाखयतलें आसलें. त्याच दिसा वाघा शिमे वयल्या सुरक्षा मुखेल्यांनी एकामेकांक ईदाचीं परबीं दिल्ल्यांची खबर पेपरांनी छापल्या. ह्यो खबरो वाचल्यो आनी भोशीक सुटी घेवन लेगीत इश्टांक ईदाचीं परबीं दिवपाक

12. मन आनी कूड पवित्र करपी
रमजान

विसरिल्ल्या म्हज्या मनाक हांवें शिटकायलें.

ईद म्हणलो काय शिरखुर्मा आनी शिरखुर्मा म्हणलो काय ईद अशें समीकरण ल्हानपणा सावन आमच्या मनांत बसलां. खऱ्यांनीच, केन्ना एकदां ईद येता आनी आमकां शिरखुर्मा खावपाक मेळटा अशें जाता. रमजान ईदाच्या वेळार एका म्हयन्याचो उपास खरें तर कित्या खातीर पाळटात तें खूब उसरां कळ्ळें. कारण त्या वेळार आमचें लक्ष गोड गोड जिनसांचेरूच आसतालें. धर्मांतलीं खरीं आनी बरीं तत्त्वां आमी खंय जणून घेतालीं. आनी दुसऱ्या धर्माचो अभ्यास आमी कित्याक करचो हो फास्केंतलो पारंपारीक दिश्टीकोणूय बी मजतीक आसलोच. उपास म्हणल्यार फकत शीत जेवप ना, हेर सगळें खावप अशें हांव समजतालें. पूण रमजानाचो उपास हो तसलो उपास न्हय हें आतां होलमता.

धा वर्सां सावन वयले पिरायेचे सगळे लोक रमजानाच्या काळांत उपास

धरतात. फकत रातींचें खावप. फांतोडेर उठून रांदून जेवप आनी दिसभर उदका घोंट लेगीत घेवप ना. इतलेंच न्हय, तर थुकी लेगीत गिळपाक मनाय. हो उपास फकत पोटाचो उपास न्हय, तर दोळ्यांचो, तोंडाचो, कानाचो असो पुराय कुडीचो उपास. ज्या म्हयन्यांत पवित्र कुराण हे धर्तरेर प्रगटलें त्या सत्तावीस दिसांनी, सत्तावीस रोजांनी ही बंदनां बंदनकारक आसात. 'रोजा' म्हणचे 'सौम' आनी सौम म्हणचे 'संयम'. आपलीं सगळीं इंद्रियां संयमांत दवरपाचें प्रशिक्षण ह्या दिसांनी दितात. जेवणाचो, खाणाचो, बाह्य सुंदर वस्तूंचो, वायट कितें करपाचो, वायट उलोवपाचो, वायट आयकुपाचो मोह जावचो न्हय आनी तशें जालें जाल्यार रोजा तुट्टा आनी ईश्वरा पसून तो मनीस तुट्टा अशी भावना ताचे फाटल्यान आसा. देखून मुस्लीम रमजान हो खूब पवित्र म्हयनो मानतात.

पोटाचो उपास भोव कठीण. 'पापी पेट का सवाल है' म्हूण पोटा फाटल्यान धांवतात. दोन वेळांच्या जेवणाक लागून कितले कश्ट आमी घेतात आनी जेन्ना हे दोन घांस पोटांत पडनात तेन्ना भितर कितें उजो पेटता तो कळचो, समजुचो, ताची जाणविकाय जावची देखून हो पोटाचो उपास. हातार पोट घेवन भोंवपी लोकांचें दुख्ख समजुपाक आपल्याचेर तशीच पाळी हाडप ही खऱ्यांनीच अफलातून आनी खूब अप्रुपाची गजाल.

'चांद दिखा तो ईद, नही तो शेंदरी घालून न्हीद' अशें म्हजो एक इश्ट फकांडांनी केन्नाय म्हणटा. पूण रोजा आसा, दिसभर उपास म्हूण घरा न्हिदून रावूंक मेळना. आपलीं दिसपट्टीं सगळीं कामां करचींच पडटात. फकत नमाज पांच फावटी करचो पडटा आनी रोजा सुरू जातना आनी रातचो सोडटना पुराय संवसारांत तो एकाच वेळार धरतात आनी सोडटात. म्हणजे एका उल्या सरशी समेस्त मुस्लीम भाव एक शिस्तीचें काम करतात. एकचाराचें व्हड अशें हें उदाहरण दुसरे कडेन क्वचीतच दिश्टी पडटलें. प्रेशीत मुहम्मद पैगंबर हांच्या व्यक्तीमत्वांत आनी विचारांत शांतवृत्ती, न्यायप्रियताय, नम्रताय, सादेपण, अमन ह्यो गजाली आसल्यो. हो भोव मोलाचो संदेश तांणीं आपल्या आचरणांतल्यान दिलो. तेन्नाच्या अरबस्थानांत मातिल्लो अनाचार पयस

करपाक ते झुजताले. रमजानाच्या ह्या म्हयन्यांत तांच्याच विचारांचें आचारांचें मनन चिंतन जाता आनी रमजान म्हयन्यांत ते पाळटात.

दर एका धर्मांत बऱ्यो गजाली आसात ताची वळख आनी त्या प्रमाण आचरण कोणेंय करपाक जाता. एकामेकांच्या धर्मांतल्यो बऱ्यो गजाली समजून घेवन तांकां आधुनिकतायेचो कस लावन पारखून त्यो दरेकान आपणावप गरजेचें.

सुरवेकच हांवें म्हणलें, मुस्लीम भावांनी दुर्गामातेचो आशिर्वाद घेतलो म्हूण बरें दिसलें. पूण बेश्टेच हिंदू भावांनी रमजानाचो उपास धरलो आनी मुसलमान वा क्रिस्तांव भावांनी गणपती पुजलो म्हूण जायना. तशें केल्ल्यान कर्मकांडांच वाडत वतलीं. कसलो फायदो जावपाचो ना. धर्मीक लोकांक कितें, नवीं नवीं कर्मकांडां, नवे नवे उत्सव, नव्यो नव्यो पुजा पद्दती करपाक मेळ्ळ्यो जाल्यार ते खोशीच. पूण ह्योच गजाली करून शांती मेळटा, पुण्य मेळटा, पापक्षालन जाता अशें कांय ना. वयल्यान बोल्साक खार पडटा. म्हणून तर तुकारामा सयत भोवतेक संतांनी ‘रीण काडून सण मनोव नाकात’ असोच उपदेश केला. पूण धर्मीक मनशान जरी आपपाल्या धर्मांतले सण वा उत्सव वा नेम पाळपाचें थारायलें तरी तशें करतना एकामेकाक समजून घेवप, धर्माधर्मा मदलें वायटपण मिटोवप गरजेचें. कांय जाणांक परधर्म म्हणलोच काय शींक येता. आनी इस्लाम म्हणलो काय ती चड नेटान येता. पूण भारता विशीं मुहम्मद पैगंबरांक इतलो मोग आशिल्लो की तांणीं आपले बापोलभयणीचें नांव ‘हिंदू’ अशें दवरिल्लें. अश्यो गजाली, अश्यो देखी हेर धर्मियांनी घेतल्यो जाल्यार धर्माभिमान वाडपाक, देशाभिमान वाडपाक, मनीसपणाची भावना, एकचाराची भावना वाडपाक मजत जावची ना?

आमच्या संत महंतांनी, प्रेषितांनी धर्माच्या पवित्र ग्रंथांतल्यान जें जें कितें सुंदर, सत्य, मंगल अशें सांगलां, पुराय मनीसकुळयेच्या हिताचें सांगलां तें सगळें काडून ताचो अर्क करून सगळ्यांनी पियेवपाक जाय. धर्मरक्षणाची जापसालदारकी स्विकारिल्ल्यांनी जाल्यार ताचें पारायण करपाक जाय. नाजाल्यार आपल्याक जाय तितलेंच काडून (थारावीक समाजाक फायद्याचें पडटलें, तांचें

पोट भरतलें, तांची फुडाराची तरतूद जातली, तांचीं सत्तास्थानां शाबूत उरतलीं हाची जतनाय घेवपी) संकुचीत वृत्तीचे लोक ताचो प्रसार करतात आनी त्या त्या धर्माची वाट लावन उडयतात. हातार मेजपा इतले धर्मरक्षक मुखार सरून पुराय संवसारान त्या त्या धर्माची विटंबणा करतात. त्या त्या धर्माच्या पापभिरू, साद्या, भोळ्या, प्रामाणीक लोकांक जगपाक लेगीत कुस्तार करून उडयतात. हातूंतल्यान शाहरूख खान, डॉ. ए. पी. जे. अब्दूल कलाम हांचे सारकिल्लीं व्हड व्यक्तीमत्वां लेगीत सुटनात. आम आदमीचें कितें विचारपाचेंच ना. खंयूय पर्यटन थळार वतना, देवळांनी वतना भुंवयो वयर जाता. दोळे मोटे करतात. मुस्लीम भावांनी जगचें तरी कशें? मुस्लिमांनी राष्ट्रीय प्रवाहांत येवचें असो उपदेश परतून परतून करचो (जशें कितें सगळें हिंदू राष्ट्रीय प्रवाहांत रातदीस पेंवत आसतात) आनी ते येवंक सोदतात जाल्यार तांचें कडेन परकीपणाचे नदरेंतल्यान पळोवंचें. ताणींच परत परत राष्ट्रभक्तीची हमी दिवंची कशी आनी कित्याक?

हीच गत हेर धर्मीय लोकांची जावपाची आसा. आतां 'ते तीग जाण पळय आमचेर कशे धांवून येतले. आमी फकत णव जाण कांयच करूंक शकले नात' अशी गत सद्या त्या त्या धर्मांतल्या भोवसंख्य लोकांची जाल्या. ह्या णव जाणांची शांती ही तीग जाणांच्या बोवाळा मुखार शरणागत जाल्या. खरेपणी तीग जाण धुमशेणां कांडटात, पूण दोश मात सगळ्या बाराय जाणांचेर येता. तेन्ना णव जाणांनी आतां शांती तोडून आपल्या आपल्यांतल्या 'त्या' तीग उपद्रवींचो आवाज कमी करपाक जाय.

रमजानाच्या म्हयन्याचें म्हत्व म्हाका पटलां. जेन्ना हांवें बारकायेन समजून घेतलें तेन्ना तें पटलें. भोवतेकांचें हेंच जाता आसतलें. जेन्ना आमी एकामेकांचो धर्म वेवस्थीत जाणून घेनात तेन्नाच एकामेकांच्या धर्मा विशीं दुस्वास करतात. आपलो धर्म वाडोवपा खातीर दुसऱ्या धर्माचो दुस्वास करात अशें खंयच्याच धर्मांत सांगिल्लें ना. इस्लामी लोक संवसारांत आकांतवादा खातीर बदनाम. आयज खंयचेय खबरापत्र उगडात, टीव्ही चॅनला वेल्यो बातम्यो आयकात, आकांतवाद्याच्या बातम्यांनी मुसलमानांचीं नांवां आसतातूच.

आतां हिंदूंचीय नांवां वाचपाक मेळटात. पूण आमकां ती खटकनात. खटकतात तीं मुस्लिमांचींच नांवां. दुसरी गजाल, तरणाटे आकांतवादी कित्याक जातात हें सोदपाचो आमी यत्न केला? कोणाचे सांगणेन ते रक्तखेव, दुस्वास पातळायतात? आयज मेरेन देवा धर्माच्या नांवान जितलीं झुजां आनी रक्तपात जाल्यात तितले शिमेवाद वा भाशावादाच्या नांवान जाल्ले आसचे नात. खंयच्या धर्मान रक्तखेव करपाक शिकयला? शिकोवंक ना मूं? मागीर हे कोणाचो आदेश पाळटात? ह्या फुडाऱ्यांक आमी सोदून काडपाक जाय. धर्माची राखण करपा खातीर खंयच्याच पांवड्यार वचपी तालिबानी पाकिस्तानांतूच वा अफगाणिस्तानांतूच नात. ते भगवे कपडे घालून महाराष्ट्रातय भोंवतात, गुजरातांत भोंवतात, आतां ते गोंयांतय पावल्यात. आमी एका दिसाचो सण मनयतात आनी पवित्र जातात. होमखणांतल्यान धांवतात आनी एका दिसा खातीर कूड आनी मन पवित्र करतात. रक्षा बंदन, भावबीज मनयतात आनी एक दीस भाव भयणीक मान, मोग दिता. मागीर तिचे बराबर झगडपाक मेकळो. बैलाची एकदीस पुजा करून मागीर वर्सभर ताचे मानेर जूं दवरपाक. नागपंचमीक पुजा करून हरशीं नागांक मारपाक मेकळीं. आयुश्यभर आवय-बापायक पिडप आनी मेले उपरांत लोकांक दाखोवपाक म्हूण ताचें श्राद्ध घालप. ताका केंस, मिशयो, खाड वा प्रिय वस्तू दान करप ते परस तांचे जितेपणी ताका मोग दिल्यार खरें पुण्य लागचें ना?

तीच गजाल रमजानाची. महम्मद पैगंबरान लाख मोलाचो उपदेश केला. रमजानाचो म्हयनो सगळ्याच अर्थान पवित्र. ह्या म्हयन्यांत जर वायट गजाली करपाचें टाळटात. मन पवित्र करतात. शुद्ध जातात जाल्यार रमजान 'समाजीक व्रत' म्हूण वर्सूयभर कित्याक पाळचो न्हय? आनी मुस्लीम भावांनीच कित्याक, हिंदूंनी, क्रिस्तांवांनी, बौद्धांनीय तो कित्याक पाळचो न्हय?

निमणे कडेन कुडी परस मनाची शिस्त आनी शुद्धी म्हत्वाची. ती करपाक धर्माचीं बंदनां कित्याक आड येवचीं? आनी एकामेकांच्या धर्माच्या लागीं येवपी व्रतां आसलींत जाल्यार तीं कित्याक करचीं न्हय?

❖❖❖

म्हान समाजसेवक 'बाबा आमटे' गेले म्हण दोन दुकां गाळटां म्हणसर 'भाई तेंडुलकार' गेले. ताचे पयलीं ताची धूव शांती तेंडूलकर गेल्लें. सत्तरींतले कोंकणी साहित्य पोरकें जाता म्हणसर अचकीत 'शाबा कुडतरकार' गेलो. कोंकणीच्या साहित्य नाट्य-कला मळा वयलो एक बरो लवलवतो रूख अचकीत बावलो. दोनूच दिसां पयलीं शेजाऱ्यालो वीस बावीस वर्सांचो तरणाटो पळयतां पळयतां नाच जालो. ताची कूड हाडपाक गोमॅकॉंत गेल्ले

13. मरण: एक निश्चीत सैमीक सत

कडेन पोम्ट मॉर्टेमा खातीर आयिल्ल्या स वर्सांच्या चल्याचें तकलीच नाशिल्लें धूड पळोवन आंगार कांटो उबो जालो. हो संवसार म्हणजे खरेंच एक उदका बोमाडो सो दिसता. खिणांत 'आसा' चो 'ना' जाता.

गाडी घोडो आयिल्ल्याक 'मरणां' आनीक सवाय जाल्यांत. खंयच्याय वगतार, खंयच्याय तिठ्यार, नाक्यार, कोणाकय कशेंय मरण मेळटा. हॉस्पिटलांत दिसाच्या दिसा कितलींशींच मडीं भायर सरतात.

एकलो भायर पडटा तेन्ना आख्खें कुटुंब, इश्ट, सोयरीं-धायरीं सगळीं दुख्खाचे खणींत पडटात. खंयचेय पिरायेचीं भुरगीं, तरणाटीं, जाणटीं कोणूय मरतात. अचकीत.

जाण्टीं दुयेंत आशिल्लीं भायर पडलीं म्हूण व्हडलेशें दिसना. पूण शाबा सारको तरणाटो अवघ्या पस्तीस वर्सांचे पिरायेचेर अचकीत वता... ताचे फाटल्यान तरणाटी विधवा बायल, आतांच फुलूंक सोदपी दोन कळयो कशीं

भुरगीं, हांतरूणार पडिल्लो बापूय आनी मखख दोळ्यांनी भेरेल्ल्या काळजान मळबा कडेन नदर लावन गळसणल्ली आवय... कुडतरकार कुटूंब सावरतलें. सावरपाकूच जाय. निरुपाय आसा पूण ताची पोकळी भरून येवंची ना. अशीच. मोबायलाचेर नांवां स्क्रोल करतना हीं नांवां मेळटात. डिलीट करनूच दिसनांत. मनीसूच संवसारांतल्यान डिलीट जावपाचीं हीं अचकीत मरणां!

हालींच वळखिच्च्या एका कुटुंबांतली तरणाटी बायल, दोन माणकुल्या भुरग्यांची आवय लासली आनी भायर पडली. धाकलें वर्साचें आनी व्हडलो पांच वर्सांचो. तांकां हांसत खेळत दवरपाक लागून व्हडांनी दुख्ख गिळ्ळें. पूण रातीचें अचकीत चली उठून 'मम्मा, दूदू दी, मम्मा दूदू दी' म्हण रडपाक लागता तेन्ना व्हडल्यांनी दिसभर आवर घाल्लो दुख्खाचो बांद फुट्टा. कोणें तरी तोंडांत घाल्लो म्हामेर काडून उडोवन रडून रडून न्हिदेचे आधीन जाता. आनी न्हिदसुऱ्या मम्माचें दूद पियेल्लेवरीं ओंठाचो आवाज करीत मम्माचे कुशींत सपनांत न्हिदता. हें सगळें पळोवन नियती इतली क्रूर कशी जाता हेंच कळना.

णव म्हयने पोटांत जपिल्लो कोंब, ताका लागून घेतिल्ली जतनाय, हें खावं नाका गो. तें करी नाका गो. उडक्यो मारूं नाका गो. हें खा. बरें लागना तरी दूद पी. मेथया लाडू, भाजी खा, भुरगें बरें पोसतलें. आयन, कॅल्शियम, फोलीक ॲसिड, सगळें घे आनी हो कोंब धर्तरेक पांय लावपाक तळमळटा आनी ह्या संवसारांत दोळे उगडच्या पयलींच अचकीत वता तेन्ना... आवय बापायन पळयिल्लीं सगळीं सपनां खिणांत मातयेभरवण जातात. करपतात. शारिरीक आनी मानसीक वेदनांक लागून एकाद्री अस्तुरी पिशी जाता. मरणाच्या ह्या दारार सगळीं सारकींच. कितलेय पयशे, कितलींय व्हड व्हड हॉस्पिटलां, वखदां, दोतोर, कोणूच मरणाक परतून धाडूंक शकनात.

जें कितें जाता तें बऱ्या खातीरच जाता अशें म्हणून आमी आमची समजूत घालतात. पूण अशा ह्या अचकीत मरणांनी कितें बरें जावपाचें आसता? कितें बरें जाता?

वडाच्या रुखा सारके सावळेचो शाबा वचून ताच्या कुटुंबाचें, समाजाचें, साहित्य, नाट्य हांचें कितें बरें जातलें? वर्सा पयलीं 'शांती तेंडुलकार' अशेंच

अचकीत गेल्लें? कितें बरें जाल्लें?

एका वर्साचे ते चलयेचें, पांच वर्साच्या त्या चल्याचें आवय बगर कितें बरें जातलें? आवयचो मोग हो पुस्तकांनी, पिक्चरांनी आनी असो सपनांनूच पळोवपाचो तांणीं? स वर्साच्या भुरग्याचें तोंड लेगीत आवयक पळोवंक मेळ्ळें ना. आनीक कितें बरें जातलें? २०-२२ वर्साचो भुरगो गेलो तो आवयचे जिणेंत आतां जाण्टेपणांत कितें बरें जातलें? ताका जल्म दिलो. ताचें बरें वायट काडलें. न्हाणयलो, भरयलो, तापयलो, मोगान लागीं ओडलो. तिका आतां कसली आस्त?

काळ हो सगळ्यांचेर उत्तम उपाय म्हणटात. घडये तशेंच जावं दी. ह्यो आनी समाजांतल्यो अश्योच गजाली, जखमो काळाचे खंवळेन लिपून वचच्यो. ताचेर नवो लेप चडचो. पूण हें सगळें खरें जाल्यार आनीकय एक सत आसा आनी तें म्हणल्या 'कितलें' जगप हें जर आपल्या हातांत ना जाल्यार 'कशें' जगप हें निश्चितूंच आपल्या हातांत आसा.

गौतम बुद्धाकय ह्याच प्रस्नान अंतर्मूख केल्लो. सिद्धार्थ सुखांत वाडिल्लो राजकुंवर. ताका लोकांचीं सुखदुख्खां सोदपाक वणवण भोंवपाची गरज नाशिल्ली. पूण ताका तशी बुद्ध जाली. ताणेंय पळयिल्लें एक मडें. ताकाय आयिल्लें त्या वेळार रडें. पूण फकत रडून तो खीण तो विसरलो ना. ताचें फाटलें कारण सोदपाक लागलो. अंतर्मूख जालो. ताणें संवसार निय्याळो. मनन केलें. चिंतन केलें. कांय निश्कर्श काडले. तातूंतल्यान जें होलमले तें ताणें विचारांच्या रुपान संवसाराक दिलें. तातूंतल्यान जायत्या जाणांचें दूख उणे जालें!

आमच्या धर्मान एक बरी सोय करून दवरल्या. आमची न्हय. पुरयतांची. उच्चवर्णियांची. जल्मा सावन ते मरणा मेरेनच्यो सगळ्यो घडणूको खंय देवान बरोवन दवरिल्ल्या हिशोबा प्रमाण जातात. केन्ना केन्ना देवाचोय हिशोब चुकता. मागीर फुडें येता दैव. दैव देवा परस मातशें श्रेश्ठ. कित्याक तर ताका एक मात्रा चड! दैवांत बरयला तें देवाकय चुकना. दैवांत बरयिल्लें म्हूण आयुश्यभर पांडवांचीं राखण करपी, ती करतना प्रसंगा वेळार अधर्माचोय

सांगात करपी, कपटां करपी कृष्णाक निमाणे कडेन एका पारध्या कडल्यान मरण येवंचें! देवाचो अवतार आशिल्ल्या रामाक वनवासाचे त्रास भोगचे पडचे! म्हणल्यार देव न्हय, दैव श्रेश्ठ. आनी देवाकय जें शक्य ना तें जाग्यार घालतात हे देवान नेमिल्ले पुरयत! जल्मा पासून ते मरणा मेरेन मनशाचें कितें करप हें धर्मान नेमिल्लो पुरयतच थारायतलो. पुरयत सांगता, 'सगळो भार देवाचेर दवरात. तरिकूय जायना तेन्ना तोच सांगता आतां भार दैवाचेर दवरात.'

मरण हें एक सैमीक सत. तें केन्ना तरी येतलेंच हें मतींत दवरपाक जाय. ताका तोंड दिवपाची मनाची तयारी दवरपाक जाय. मरण हें एक अनिवार्य सत. हें मतींत दवरल्यार आपलो कोणूय लागींचो मरता तेन्ना ताचे विशींचें दूख हलकें जाता. केदें व्हडलें तत्त्वज्ञान सांगला गौतम बुद्धान. हेर तत्वज्ञानांनी हें होलमल्लें सत लोकांक सांगलें ना. सांगिल्ले जाल्यार ताचें पोट भरपाचो मार्ग कसो उक्तो जावपाचो? तांणीं आपल्या पोटापाण्याची वेवस्था केली. कर्मकांडां सांगलीं. मरणाचेय विधी सांगले. तेच मानसिकतायेंतल्यान वाडिल्ले मनीस आयज कोणेय मेलो काय ताच्या घरा वचून ताका थातारपाचे बदला कर्मकांडांचें चाबूक मारून ताका आनीक घायाळ करतात. गौतम बुद्धान सत सांगलें. मनशाच्या मनांतलो दुख्खाचो भार हलको केलो. बुद्धाचें तत्वज्ञान पियेल्ले विवेकवादी लोकांच्या दुख्खाचेर फूंक मारपाचो प्रयत्न करतात. हो प्रयत्न खूब गरजेचो.

प्रेम, माया, ममता, वात्सल्य, ओड ह्यो सगळ्यो मनशा मदल्यो सैमीक भावना. भावना आनी बुद्धीचें संतुलन मनशाचें व्यक्तीमत्व घडयता. आपल्या भावनांक कसो आवर घालचो हें ताची विचारबुद्ध थारायता. तिका आमी सारासार विवेकबुद्ध म्हणटात. संवसारांत फकत म्हजीच आवय आसा, फकत म्हजोच बापूय आसा. फकत म्हजेंच भुरगें आसा. फकत म्हजीच बायल आसा. फकत म्हजीच भयण आसा अशें मानून रावल्यार दूख्ख आवरपाक जांवचेंना. संवसारांत हेर मनीसूय आसात. तांचे कडेन म्हजे वैश्वीक संबंद आसात. लागणूको आसात. म्हजें बरें चिंतपी आनीकूय ह्या संवसारांत आसात. हांव जाचेर मोग करपाक शकतलें. हांव जाका वात्सल्य दिवपाक शकतलें

अशे आनीकय मनीस ह्या संवसारांत आसात अशें मानून घेतल्यार एकाद्रे वेळ हें दुख्ख उणें जांव येता.

दर एका मनशान सद्सद्विवेकबुद्धीन वागून, समाजा खातीर, देशा खातीर, समेस्त मनीस कुळये खातीर कितें तरी करचें. आपूण एक बरो मनीस जायत जाल्यार ह्या जगांतल्या वायट मनशांची संख्या एकान उणी जातली हें सत. आनी आमीय मरणाच्या दारांत भितर सरतलीं तेन्ना फाटल्यान दोन दुकां गळटलीं ही आस्त!

❖❖❖

आयज बायलां सगळ्या मळांचेर मुखार सरपाक लागल्यांत. घडये ही टक्केवारी दिल्ली वा मुंबयच्यान पणजे आनी पणजे वा मडगांव सावन काणकोण, पेडणे वा सत्तरी बदलतली. पूण थोड्या भोव प्रमाणांत आयज बायल भौशीक मळार वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी आपली तांक दाखोवपाक लागल्या हें खरें. हाचें फकत एकूच कारण म्हळ्यार शिक्षणाचो प्रसार.

देडशे वर्सां पयलीं बायलांनी शिक्षण घेवप हें महापाप मानताले. शुद्र

14. धर्म-राजकारणांतले अपप्रवृत्तीचे गुंडे वेंचचेच पडटले

आनी बायलांक शिक्षणाचे अधिकार धर्मान न्हयकारिल्ले, पूण सावित्रीबाई फुले, पंडिता रमाबाई, डॉ. आनंदीबाई जोशी सारकिल्ल्या अस्तुऱ्यांनी फुडें वचून फाटल्यांक रस्तो बेणून दिलो. स्वता कांटे तोपून घेतले. आंगार शेण-चिखलाचे शिंवर झेलले. पूण आमकां मखमली वाट तयार करून दिली. परिणामी, आयज धर्ममार्तंडांच्यो चलयो लेगीत शाळा, कॉलेजींनी वा आखातात तशेंच युरोप-अमेरिकेक वचून उच्च शिक्षण घेवंक लागल्यांत. नोकऱ्यो करपाक लागल्यांत. दादल्यां मदीं वावुरपाक लागल्यांत.

सावित्रीबाईन घाल्ले शिक्षणाचे बुन्यादीचेर आयज चलयांचे अस्मितायेची सात माळयांची इमारत उबी आसा. बदललेल्या परिस्थितीचो स्वीकार थोड्या भोव प्रमाणांत समाजान केला. हे बदलते परिस्थितीन, शिक्षणान आमकां विचारांची ताकद दिली. उक्तेपणान ते उक्तावपाची भाशा दिली. आत्मविश्वास दिलो. प्रतिशठा, पयसो, पदां-पदकां, सत्ता सगळें आमकां मेळ्ळें आनी

मेळटा. आयज आपखोशयेन बायल सगळ्या क्षेत्रांनी वावुरता. कोण नोकरी करता. कोण वेवसाय, कोण टेलरींग, तर कोण आपमजत गटांतल्यान अर्थार्जन करता. कोण दोतोर जाता. तर कोण टिचर. कोण राजकारणांत वता तर कोण समाजकारणांत. हीं वेगवेगळीं क्षेत्रां धरून सुटनाशिल्लीं सगळ्या बायलां खातीरचीं समान क्षेत्रां म्हणल्यार घरकान्नीचीं कामां आनी धर्मीक कर्मकांडां.

धर्मीक कर्मकांडां म्हणल्यार सण-परबो आनी त्या वांगडा येवपी कृती म्हणल्यार घोवाच्या उजव्या हाताक हात लावन मम म्हणपा पासून ते उपास-तपास धरून सगळे संस्कार.

तशें पळोवंक गेल्यार धर्मान बायलेक केन्नाच मानाचें स्थान दिवंक ना. हाचो बेस बरो पुरावो म्हणल्यार आमचे संस्कृतीक संचीत. म्हणल्यार आमचीं पुराणां. सगळ्यो श्रृती-स्मृती. महाकाव्यां हीं दादल्यांनीच बरयल्यांत. हाचोच अर्थ त्या वेळावयली संस्कृती पुरूशप्रधान आशिल्ल्याचें लक्षांत येता. धर्मान वा संस्कृतीन बायलांक स्थान दिलां आसत तर तें किरवटीक लावपाचे सुपारे इतलेंच. दर एके धार्मीक गजालींत तिचेर अन्याय केला. भेदभाव केला. गीतेंत लेगीत स्त्री, वैश्य, शुद्र, हांकां हीन लेखल्यात. ब्रह्मपुराणांतय विधवा बायलेचें दर्शन लेगीत पाप मानलां. धर्माच्या नांवान सगळ्यो अघोरी प्रथा, बोमलेक तिकली लावन बालविवाह करप. घोव मेल्या उपरांत बायलेचें मुंडण करप. बायल मेली जाल्यार दादल्यान कितलेंय खेपे लग्न जावप. पूण घोव मेल्यार बायलेन आनीक लग्न करप ना.

अश्यो कितल्योश्योच 'धर्माच्यो आज्ञा' पोथयां- पुराणांनी वाचूंक मेळटात. 'न स्त्री स्वातंत्र्यम् अर्हति' ह्या मनुवचनाचो पूर्ण आदर राखत धर्मान बायलेक हीन लेखल्या. भुरगें जावंक ना जाल्यार ताका बायलूच कारणीभूत. चली जावप म्हणल्यार उणाकपणाचें. हे सगळें धर्ममतांतल्यान धर्मसंस्कारांतल्यान आयलां.

पूण दुसरेंय एक चित्र पळयात. भट सवायशीण जेवले बगर घर शुद्ध जायना! शंबर सवायशिणींच्या अभिशेका बगर खंयच्याच देवळाची प्रतिश्ठापना जायना! पांच सवायशिणींक रावोवन जेवण दिले बगर पितरांचें पोट भरना!

धर्मीक सभा संमेलनांनी बायलांचे गर्दी बगर 'सोबा' येना. हाचें कारण बायलांची तांक दादल्यांक खबर आसा. तांकां बदल जाय हेंवूय तांकां खबर आसा. म्हूण ते तांचो उपेग तितलो करून घेतात. झंझावता सारकी बायलांची जावपी उदरगत, वैचारीक क्रांती, सामाजीक बदल आडावप शक्य ना. हेंवूय तांकां खबर आसा. तांकांय तांच्या कथीत संस्कार संस्कृतीच्या पोकळ वांश्यां विशीं कल्पना आसा.

शिक्षण घेतिल्ल्या बायलांच्या सहयोगा बगर तांचें कसलेंच कार्य पुराय जावंक शकना. हेंवूय तांकां खबर आसा. ताका लागून ते धर्म आनी राजकारणांत बायलांक वापरून घेवंक लागल्यात.

मनीस, कुटुंब, समाज बांदपी ही बायल आपले बुद्दीन वागपाक लागली जाल्यार पुरूशप्रधान संस्कृतीक वेर वतली. देखून धर्मीकतायेचो गिलावो चडोवन देवाधर्माचो भंय घालून गांवांतले वा शारांतले सुशिक्षीत वा अशिक्षीत बायलेक आयज नाका थंय गुंतोवन दवरतात. बायलांकय नव्या गजालींची, नव्या विचारांची, आधुनीकतायेची, सर्जनशीलतायेची आस आसता. ही आस भागोवंक बायलो सभा-मेळाव्यांनी वतात. पूण थंय त्यो सभा राजकारण्यांच्यो आशिल्ल्यान तांणीं केल्ल्या आनी करूंक नाशिल्ल्या पराक्रमांच्यो काणयो आयकून आनी बाटल्यांतले उदक पियेवन आनी बटाटवडे खावन घरा येवंचे पडटा.

मेंदवाक वैचारीक गजालींचो खुराक मेळना. मेंदू उपाशीच उरता.

एक देवदासी घराण्यांतली फामाद गायिका आसली. तिका बारा वर्सांचे पिरायेर देवदासी करपाक म्हूण आवयन देवळांत व्हेली तेन्ना तिणें विचारलें. 'हो देवळांतलो देव तुजो घोव. ताचे वांगडा तुजें लग्न जालां. हांव तुजें चली. म्हणजे हो म्हजो बापूय, आनी ह्या म्हज्याच बापाय वांगडा तूं म्हजें लग्न लावन दिता?'

शंबर वर्सां पयलीं बारा वर्सांचे सान चलयेक पडिल्लो हो प्रस्न आयज आमकां कित्याक पडना?

विज्ञानाचो इतलो आदार आसुनूय, प्रबोधनाच्या मळार इतल्या संस्थांचो

वावर आसुनूय. संविधानांत विज्ञानाचो पुरस्कार करुनय आमी बाद-बुवा, देव-देवतांच्या मुखार लोटांगणां कित्याक घालतात? म्हामन्यो कित्याक करतात? सोळा शुक्रार कित्याक पाळटात? गिराणां कित्याक पाळटात? घोवाक आयुश्य मागपाक वडा भोंवतणीं कित्याक प्रदक्षणा घालतात? पुजे वेळार घोवाच्या हाताक हात लावन फकत मम कित्याक म्हणटात? देवळांच्या प्रांगणाचे भायर कित्याक बसतात? घोव मेले उपरांत बायलांचें कपल पुसपाक, कांकणां वाडोवपाक, फांतयो माळपाक आनी तिचो घोव मेला हाची तिका ठसठशीतपणान जाणविकाय करून दिवपाक गांवांगांवांनी बायलांचो पंगड भोंवता. दुख्खाच्या वेळार बळजबरेन जावपी अशा कर्मकांडांक कोण विरोध करिना.

१५ ऑगस्ट, २६ जानेवारी आनी १९ डिसेंबराक भारतांतल्या भोवतेक फुडाऱ्यांचो इतिहास सांगपी राजकी फुडारी अशा वेळार तोंड धांपून ओग्गी बसतात कारण प्रश्न म्हान परंपरेचो न्हय!

शनीशिंगणापुराक शनीच्या चौथऱ्यार प्रवेश करपाक मनाय आसा. थंयचे बांयचें उदक बायलांनी पियेंवचें न्हय अशी सुचोवणी दिवपी तकटे अजुनूय मानान मिरयतात. हें सगळें पळोवन बायलांक तिडक कित्याक येना?

कारण हें सगळें चुकिचें हाची तांकां कशेच तरेन जाणविकाय जावचिना हाची जतनाय राजकारण्यांनी घेतल्या. कारण बायलो सुदारल्यो, समाज सुदारलो जाल्यार लोकांक 'वापरून' घेवंक मेळचें ना, कळसुत्री बावले भाशेन तांकां नाचोवंक मेळचें ना हें ते बेस बरें जाणांत.

आयच्या राजकारण्यांचो आनी समाज सुदारणेचो कसलोच संबंद ना. ताका लागून बायलांचो राजकारणा खातीर वापर जाता.

तशी पुरातन काळांत मातृसत्ताक पद्दत आसली. पूण ती उपरांत ना जाली. पयलींच जायत्यो अस्तुऱ्यो आपली छाप दाखोवन गेल्यो. देखीक - मैत्रेयी, गार्गी, ऋषिका, राणी लक्ष्मीबाई, रझिया. भारताच्या इतिहासांतय कितल्योश्योच देखी मेळटात. पूण तांचे पराक्रम अक्षररुपान येवंक नात. रामायण घडये कोणें बायलेन बरयिल्ले जाल्यार तें 'सीतायण' जावपाचें. तातूंत बायलांचो पराक्रमी इतिहास आसपाचो. हनुमान सीतेक उखलून हाडपाक

शकतालो. पूण रामाक आपलें शौर्य दाखोवपाचें आसलें. रामायण बायलेन बरयिल्लें जाल्यार तातूंत सीतेचेर रामान कितले अन्याय केल्ले ताचेंय चित्रण येवपाचें. इतलों तेंप रावणाच्या अशोकवनांत आसुनूय सीतेक हात लेगीत लावपाचें धाडस रावणान करूंक ना. पूण थंय सावन आयले उपरांत दुबाव घेतिल्ल्यान सीतेक अग्नीदिव्य कित्याक करचें पडलें ताच्यो जापोय तातूंत मेळपाच्यो. पूण सीतेचें दूख दादलो आशिल्ले वाल्मिकी कशे बरयत? आयजूय दादल्यांची ही मानसीकताय कांय आडवाद सोडले जाल्यार बदलूंक ना.

बायलांक आयज समाजवादी चळवळींतले, विवेकवादी चळवळींतले लोक तेंको दितात. तांच्या स्वातंत्र्याचो पुरस्कार करतात. पूण आनीक एक बरी गजाल जाल्या ती म्हणल्यार काळान, परिस्थितीन, शिक्षणान बायलांक सांगात दिला. काल मेरेन चलयेक वा सुनेक कामाक धाडपाक मनाय करपी लोक आयज तिका मायेमोगान कामाक धाडटात. कारण काम करपी ती बायल घराची अर्थवेवस्था सुदरायता. परिस्थिती बदलता. देखून 'चलयांनी भायर दादल्यां बराबर कामाक वयचें न्हय' हो विचार फाफडून तो चलयांक भायर वचपाची परवानगी दिवंक लागला. कारण जो तो बदलते परिस्थिती कडेन जुळोवन घेवपाक लागला. जाका हें होलमलां तो शाणो.

राजकारणांत बऱ्यो-वायट प्रवृत्ती आसतातच. पूण बरें कितें आनी वायट कितें हें वळखुपाची समज आमकां जाय. तांदूळ वेंचतना जशे तातुंतले फातर-गुंडे आनी भातकुटे तितले वेंचून भायर उडयतात तशें फुड्यांत येवपी गजालीं मदलें कितें वायट तें वेंचून उडोवपाची जबाबदारीय बायलांचीच. राजकारणांतले, धर्मकारणांतले गुलामी प्रवृत्तीचे खडे वेंचून कुशीक उडोवंचेच पडटलें. तेन्नाच राजकारण आनी धर्मकारणांतलो बायलांचो वापर बंद जातलो. नाजाल्यार जेवतां जेवतां गुंडो सांपडिल्ल्यान दाडयो जश्यो व्हगडावंच्यो पडटात तशी जगतां जगतां बायलांक आपली अस्मिताय व्हगडावची पडत म्हूण भंय दिसता.

❖❖❖

व्हडलीं व्हडलीं तत्वज्ञानाचीं पुस्तकां वाचून पदव्यो घेतिल्ले लोक लेगीत केन्ना केन्ना चुकी करतात. कारण तांणी एक पुस्तक वाचपाचें सोडिल्लें आसता-जिणेचें पुस्तक. हो ग्रंथ कितल्याश्याच लोकांच्या घामान, रगतान बरयिल्लो आसा. आमी उक्त्या दोळ्यांनी हें वास्तव वाचपाक-पळोवपाक जाय. शेतकार, कामगार मशिनां वांगडा खेळपी लोक. भट्ट्यांचेर, इंजिनाचेर,

15. मनीसपणाच्या मळबा पोंदा भरता देवेंद्र सरांची सागरशाळा

उज्या कडेन, लायटी कडेन, उदका कडेन खेळपी लोक. रातच्या काळखांत, दनपारच्या भर वतांत, फांतोडेर तळमळपी जीव. दर्याचे उफाट वेंगेंत नाचपी, मिनांच्या, कोळशांच्या खणिंनी घुम्मटपी, इमारतीचे मजले बांदतना स्वताची जिणूच मरणाच्या झोंपाळ्यार दवरपी कामगार. गरिबीक लागून पोटाक पीळ काडून झोपडपट्टेच्या फुटपाथार उक्ते न्हिदपी आनी कितल्याश्याच अन्नाची नासाडी करून खावन खावन अपचन जावन हांतरूणार पडिल्ले लोक. कितलेशेच ह्या जिणग्रंथांत उक्त्या दोळ्यांनी दिसता. पूण तें सगळें घरा रावून न्हय, थारावीक नोकरेक बांदून घेवनय न्हय.

असल्या वास्तवान भरिल्ल्या जिणे पुस्तकाची कल्पना करूं येता. पूण कल्पना आनी वास्तव हातूंत कितलोसोच फरक आसता. कल्पना चान्नें जाल्यार वास्तव दनपारचें खरखरीत वत. कल्पना थंड उदक तर वास्तव धांवतो हुवार. कल्पना झुळूक तर वास्तव चक्रीवादळ. कल्पना फांतोडेचो दंव

तर वास्तव घोग्यांनी पडपी पावस. अश्या ह्या वास्तवाचे चटके सोंसपाक, जिणेग्रंथ वाचपाक सरभोंवतणचो संवसार वाचपाक भायर सरलो राष्ट्रसेवा दलाचो एक कार्यकर्तो.

अठरा वर्सां बंदिस्त शाळेंत शिकोवपी हो शिक्षक बिनवण्टीचे शाळेंत स्वता शिकपा खातीर भायर सरलो. देवेंद्र कांदोळकार! पांच आकडी पगाराची नोकरी सोडून स्वेच्छा निवृत्ती घेवन पांय व्हरतीत ते दिकेन चलत रावलो. वांगडा बोटव्यांत आसली कामधेनूची देशभक्ती, सामाजीक जाणीव, कितेंतरी करपाचो हावेस. सरभोंवतणचो संवसार सुखी आनी समृद्ध करपाचें साने गुरूजींचें सपन आनी खादीचे बंडेपोंदा आशिल्लें अती संवेदनशील काळीज.

२६ जानेवारी २००१ दिसा गुजरातांत भिरांकूळ भुंयकांप जाल्लो. कच्छ जिल्लो पुराय उध्वस्त जाल्लो. मुंद्रा तालुक्यांत भद्रेश्वर हांगा युसूफ मेहर अली सँटर ही समाज सेवी संस्था काम करता. राश्ट्रसेवा दलान गोंयांतल्यान मदत एकठांय करून हे संस्थे कडेन धाडिल्ली. ताचें काम पळोवंचें म्हूण देवेंद्र सर ह्या वाठारांत गेले. पंदरा दीस रावून, तशेंच अयोध्या एकता यात्रेंत वांटेकार जावन मागीर अशाच समाजसेवी संस्थेचें काम लागींच्यान पळोवंचें ही तांची इत्सा. युसूफ मेहर अलीच्या जल्मगांव भद्रेश्वर पासून सात - आठ किलो मिटर पयस. दर्यादेगेर मुस्लिम नुस्तेकार रावतात. वर्सांतले आठ णव म्हयने ते ह्या कच्छच्या १०४ कि.मी. अंतरार चोंब्या चोंब्यांनी रावतात. हे वस्तेक उदक, वीज, शिक्षण, रस्ते, भलायकी अश्यो कसल्योच सोयी नात. तांच्या कितल्याश्याच पिळग्यांनी गमभनचो वास लेगीत घेवंक ना. वस्तेंतले तरणाटे दर्यांत नुस्तें मारूंक वतात. ल्हान भुरगीं, बायलां, जाण्टे दर्यादेगेर नुस्तें सुकयतात आनी जाळां विणटात. सँटराचे भलायकी सेवेच्या कामांत मदत करपाक म्हूण सर हे दर्यादेगेर आयले आनी कितलीशींच भुरगीं हे वटेन ते वटेन नाचतात तीं पळोवन अजापीत जाले. सकाळच्या वेळार कोण भुरगीं सहसा घरा खेळटना मेळनात. तीं शाळेंत आसतात. पूण चवकशी केल्या उपरांत कळ्ळें की हांगा शिक्षणाच्या सुर्याची फांतोड जावंकच ना!

दुसऱ्या सप्तकांत मुद्दाम सरान ह्या बावडी बंदरार येवन सगळ्या खोंपींनी

वचून तीन ते चवदा वर्सांच्या भुरग्यांची वळेरी केली. वळेरी खूब लांब आसली. भारतीय संविधान कलम ४५ सांगता, ६-१४ वर्सांच्या भुरग्यांक शिक्षण उपलब्ध करून दिवंक जाय. पूण कितलीशींच निवेदनां जिल्लो कचेरेक, शिक्षणमंत्र्यांक, मुख्यमंत्र्यांक, मुद्रा तालुको शिक्षणाधिकाऱ्यांक दिवन लेगीत कोणेंच त्या भुरग्यांच्या शिक्षणाचेर निर्णय घेतलो ना.

राष्ट्रसेवा दलान मुळावी मदत केली. गुजरात विद्यापिठाच्या सेमिनाराक गेल्ले तेन्ना विनवणी करून जाण्ट्यांच्या शिक्षणा खातीर तयार केल्ले शंबर किटस् घेवन बावडी बंदरार पयली सागरशाळा तयार जाली. फुडें खूब खटपट करून एक फंडींग एजन्सी मेळ्ळी. तेरे देस होम्स, हेर बंदरांनी जशी लुणी, वीराबंदर, रंधबंदर, गरुडिया, जुनाबंदर हांगाय सागरशाळा सुरू जाल्यो.

शिक्षणाचें म्हत्व खबर आशिल्ले पालक आपल्या भुरग्यांक रोखडेच शाळेंत घालतात. पूण पिळग्यांच्यो पिळग्यो शिक्षणाचो गंध नाशिल्ले पालक भुरग्यांक शाळेंत धाडपाक तयार कशे जातले? तांकां समजावन भुरगीं लागीं करप भोव कठीण काम आशिल्लें. नुस्तें मारप आनी तें व्हरून सावकाराक विकप ही तांची जीण. तांणीं दिल्ले स्लिपीचेर कितलें वजन बरयलां हें लेगीत तांकां कळनासलें. सदांच नुस्तें, चिखोल, खारें उदक, रेंव हांतूंत वावरिल्ल्यान नितळसाणे कडेन आडनदर. शिक्षणाच्या उणावाक लागून तांचो समाजीक, अर्थीक, सांस्कृतीक दर्जो खालावल्लोच उरतालो. सगळे प्रयत्न करून शाळा सुरू केली खरी, पूण शिक्षक मेळप कठीण. कारण शिकिल्ले तरणाटेच नात. शिवाय बुरशीं, म्हेळीं गावपी भुरगीं. बंदरार मुकतल्या नुस्त्याचो वास. येरादारी करपी गाडयांचो उणाव आनी बायलांक घरा पसून पयस वचपाक आशिल्ली बंदी. हांतूंत शिक्षक मेळप कुस्तार जातालें. पूण त्याच बंदराचेर कांय तरणाटे (जांतूंत थोडे अपंगूळ आशिल्ले) ते सातवी, आठवी, णववी शिकिल्ले आसले. तांकांच शिक्षक म्हूण म्हयन्याक आठशे-हजारांचेर नोकरेक दवरले.

आयज मुंद्रा, अंजार आनी मांडवी ह्या तीन तालुक्यांनी मेळून इकरा सागरशाळा चलतात. हें सगळें करतना आशा निराशेचे, वत-सावळेचे, खेळ चालू आशिल्लेच. कांय कडेन खूब बरे अणभव, तर कांय कडेन जीवघेणे

वायट अणभव. कांय कडेन हजार हेलपाटे, तर कांय कडेन चलत आयिल्लें येस.

हे सगळे अणभव देवेंद्र सरांच्या हालींच गोमंतक मराठी अकादमीन उजवाडाक हाडिल्ल्या 'सागरशाळा' ह्या पुस्तकांत वाचपाक मेळटात. एकदां हातांत घेतिल्ल्या मनशान हें पुस्तक पुराय वाचमेरेन सकयल दवरूंक ना, हो म्हजे सयत दर एकल्याचो अणभव. आयच्या झगमगटान भरिल्ले हे जिणेंत भरिल्ल्या पोटार धेंकर दिवन दावो हात पोटार भोंवडावप्यांच्या जगांत, हजार लाखांचीं डोनेशनां दिवन ॲडमिशन घेवपी पालकांच्या जगांत असो एकाद्रो 'काळखा कोनसो' आसा. जंय आयजूय मुळाव्यो गरजो लेगीत पुराय जायनात. त्या गरजांचो गंध लेगीत नाशिल्लें गांव आसात हें वाचताना एके कथा कादंबरी सारकें दिसता. तें सत्य हें मानपा इतली लेगीत तयारी मन दाखयना. कारण आमकां जीवनग्रंथाचें दर्शन जावंक ना. रखरखत्या वतांतले चटके आमकां एसीवाल्यांक खंय जाणवतले? ते जाणपाक आमकां जाय एक संवेदनशील-समाजीक मन. हें संवेदनशील-समाजीक मन देवेंद्र सरां कडेन आसा म्हूण गोबरांतल्यान फिनिक्स पक्षी उडपाक शकता तसो रखरखत्या वतांतल्यान, गूप्प काळखांतल्यान शिक्षणाचे आंकूर रुजोवं येता.

हें इतलें सोंपें ना. हें करताना देवेंद्र सरान गाडगे महाराजा सारके नितळसाणेचे धडे दिले. भुरग्यांचीं नाकां निवळ करप. केंस कापून घेवप. कपडे धुवप. चलयांच्यो विणयो घालप. आंगभर कपडे घालपाक लावप. मुतलेलीं वा संडास केल्लीं हांतरुणां धुवप. मेल्लें माजर, हुंदीर व्हरून उडोवप. ओंक काडप. तांचे गुटखो खावपाचे संवंयेचेर बडी मारप. हे सारकी कामां केल्यांत. सानेगुरूजी कथामाळांतल्यान फकत सानेगुरूजींच्यो काणयो सांगत भोवले नात, तर साने गुरूजींच्या काळजांतल्यान तांकां प्रेम दिलें. तांच्यो मनीसपणाच्यो जाणविकायो समृद्ध केल्यो. विद्यार्थ्यांक तयार केलेच, सक्षम शिक्षकूय निर्माण केले. शिक्षणा वांगडा, मानवधर्म, देशभक्तीचीं बिजां रोयलीं. सागरशाळेंतल्या भुरग्यांकडल्यान एकांकी इतल्यो सुंदर करून घेतल्यात की तांच्या जिल्लो पांवड्याचेरूच न्हय, तर राज्य पांवड्यार लेगीत इनाम फावो जालां. उत्कृश्ट

आपवावुरपी संस्था म्हूण एका लाखाचें इनाम तांच्या ह्या शिक्षण प्रयोगाक फावो जालें.

पुस्तकांत आनी तांच्या व्यक्तीमत्वांत खंयच 'हांव' दिश्टी पडना. जितले तपश्चर्येन तांणीं हो प्रयोग येसस्वी केला, तितलेंच खर तप तांकां करचें पडलां. समाजीक आनी सरकारी दोनूय पांवड्या वयली उदासीनताय ही सत्कर्माक सदांच कुल्लेच्या दांग्यांनी फाटीं ओडटा. समाज सुखी करपाक आदीं समाजीक मन तयार करपाक जाय. मानवी हक्कां खातीर, झगडपाक, लढपाक वेळा-प्रसंगार मारपाक जेन्ना आमी तयार जातात.

हो प्रयोग येसस्वी जावन सर म्हणटात, 'केन्नाच शाळेचें तोंड लेगीत पळोवंक नाशिल्ल्या सागरशाळेच्या भुरग्यांची वाट रणरणते रेवेंतल्यान, बोरींच्या कांट्यांतल्यान वचून राश्ट्रीय महामार्गाक मेळटली तोच खरो म्हजे खातीर परमोच्च दीस आसतलो.'

हो प्रयोग सक्षम जालो काय ते कुशीक सरपाचे तयारेक लागतले. आतांच तांणीं आवराआवर सुरू केल्या. हांगा तांचीच एक कविता याद जाता- सान्नीची. सान्नीन घरांतलो सगळो कोयर काडून, घर निवळ करून वचून बसपाचें आसता कोनशाक. वेळ जालो काय मागीर तो कोनशाचोय जागो दुसरे सान्नीक मेकळो करून दिवपाचो आसता आनी स्वता उज्याचें भक्ष्य जावन लासून वचपाचें आसता...!

❖❖❖

ज्या दिसा जगांतली सगळ्यांत व्हड लोकशाय आशिल्ल्या भारत देशाचे लोकसभेच्या सभाघरांत मंत्री, आमदार कोटींच्या नोटींचो पावस घालताले, त्या दिसा अती गरिबीक लागून, पोटाक मिरयो पडूंक लागिल्ल्यो म्हूण एक आवय आपल्या भुरग्याकं विकूंक भायर सरिल्ली.

मालडा पं. बंगालांतल्या बुधिया ह्या गांवांतली 'महेला बिबी' ही कॅन्सर सारक्या खर रोगाचें वजें घेवन जगपी आनी तिचो घोव टिबी ह्या दुसऱ्या

16. मनांतलें सांगूं येत अशी खात्रेची, 'हॅल्पलायन' जाय

दुयेंसाचें वजें घेवन संवसाराचो रथ रखडत रखडत ओडपी. ह्या जोडप्याचें तिसरें वजें तांच्याच काळजाचे चार कुडके. तांचीं चार भुरगीं. व्हड दुयेंसांचीं वजीं वाटेर काडून उडोंव येनांत. तीं मरणा मेरेन साथ सोडिनाशिल्लीं सांगाती. म्हूण सगलींच मरत मरत जगचे परस ह्या काडून उडोवं येता अशा काळजाच्या कुडक्यांकूच परिस्थितीन तांकां हात घालपाक लायलो.

'चिमणी पाखरे' हें दोन वर्सां पयलीं पळयिल्लें मराठी पिक्चर दोळ्यां मुखार येवन गेलें. आवयक अशेंच बरें जायनाशिल्लें दुयेंस. आनी जगपाची सगली आस्त पालवले उपरांत एका एका भुरग्याचें पयसावप सुरू जाता. तांचे आवय पासून पयसावप अनी एकामेकां पसून पयसावप मन हालोवन उडयता. निमणें पांयांनी अपंगूळ आशिल्लो चलो तर फातरा काळजाक लेगीत पाझर फोडटा. सिनेमांत सगलीं भुरगीं बऱ्या बऱ्या घरांनी पावतात. भुरगीं नाशिल्ल्या घरांत वचून तांच्या मायेच्या मोगाचीं धनी जातात. पूण जें सिनेमांनी घडटा तें

खरेपणी थोडेंच जाता?

महेला बिबीचीं हीं चार भुरगीं. दोन व्हडल्यो चलयो आनी दोन ल्हान चले. हांकां कोण व्हरतलो? व्हेली जाल्यारूय आपलीं भुरगीं म्हूण कोण वाडयतलो? आपलीं नाशिल्ल्या ह्या विकत हाडिल्ल्या भुरग्यांक, भुरग्यां खातीरूच माया कोण दिवंक शकतलो? त्या भुरग्यांक कोण व्हरचो ना अशें ना, व्हरतले. पूण आयज प्रगत जगांत घोव बायल दोगांय कामाक वतात. उदरगतीच्या वाऱ्यान तांकां एकठांय कुटुंबांतल्यान उबोवन पयस एकोड्या कुटुंबांत पावयल्यात. तांकां कामावेल्यान येवन घरचें, भुरग्यांचें करपाक फावना आनी सद्या घरकामाक 'बाई' मेळना. ह्या दोन चलयांक दोन वर्सां पोसल्यार आयदनां घांसपाक, कपडे उंबळपाक, हेर घरकामां करपाक उपेगाक पडटलीं म्हूण कोणूय हजार दोन हजार दिवन व्हरतलेय, पूण प्रस्न इतल्यार सुटना.

अब्दूल कलाम राष्ट्रपती आसतना तांणीं भुरग्यांक एक प्रस्न विचारिल्लो. 'भारताचो सगल्यांत व्हड दुस्मान कोण?' खूब जापो ह्या प्रस्नाक आयल्यो, पूण एका विद्यार्थ्यान सांगलें 'भारताचो सगल्यांत व्हड दुस्मान गरिबी.' फुडें कलामांनी त्या भुरग्याक आनी ह्या प्रस्नाक आपल्या पुस्तकांतल्यान उजवाडाक हाडलें.

ही गरिबी मनशाक कितेंय करूंक लायता. वेंतभर पोटाची खळी भरपाक कितलेशेच लोक ह्या देशांत मर मर मरतात. राब राब राबतात. आनी हातार मेजपा इतले लोक गिरेस्तांचे संवसारीक वळेरेंत वचून बसतात. कांय लोक उदका घोंट घेवन फाटीक तेंकिल्लें पोट जमनीक तेंकोवन न्हिदतात. तर कांय लोक सकयल वतात तीं पोटां सांबाळीत मूठभर खावन सूपभर उडोवन एसींत मोव कुलच्याांवाचेर न्हिदतात.

व्हड रिणांची कोंयडी गळ्यांत घालून कितलेशेच शेतकार आत्महत्या करतात. तर कांय लोक इनकम टॅक्स वांचोवंक पॉलिसी, बिझनेस, जमीन वेव्हार करतात. ह्या एकाच देशांत कांय कुबेराचे पूत तर कांय फकिरांची प्रजा रावता.

गरिबीक लागून कोणूय कितेंय करता. काम करता, चोरी करता, गुलाम जाता, उपाशी रावता, कुपोशणान हांतरुणार पडटा, खून करता, वाटमारी करता, भिकारी जाता; वणवण भोंवता. पूण कोण आपल्या भुरग्यांक विकिना. परिस्थिती मनशाक पशू करता म्हणटात तें फट न्हय.

आवयची व्हडविकाय गावपी आमची संस्कृती, रस्त्या कुशीक, कोयराचे राशींत काम करपी बायल वा सुशेगाद ऑफिसांत बसपी बायल. गरीब, गिरेस्त कोणूय आवय आपल्या पोटांतल्या लेगीत भुरग्याची तितलीच जतनाय घेता. भुरगें बरें नासत जाल्यार रात रात उशा कडेन बसून घडयो घालपी आवय. वखदां घेतना कितलेंय रडलें तरीय तें बरें जावंक जाय म्हणून मन घट्ट करून वखदां घालपी आवय. केन्ना केन्ना रागान मारून मागीर स्वताच रडपी आवय.

आनी बापूय? बापायची व्हडविकाय खंयचे संस्कृतीन गावंक नासली तरी मॅटर्निटी वॉर्डा भायल्यो बापायच्यो पासयो, आवयच्यो वेदना प्रत्यक्षांत घेवंक शकनाशिल्ल्या पूण तिका तळमळटा ते पळोवं नज जाल्ल्यान तीळ तीळ तुटपी बापूय. भुरगीं व्हड जालीं काय तांचे नोकरे धंद्याक लागून कितें करता तें सांगपाची गरज ना. आवय आपल्या भुरग्याक आळवा वयल्या दवबिंदू सारकी जपता. तर बापूय ह्या दवबिंदू सयत त्या आळवाक जपता. आपल्या भुरग्याचे बाबतींत खंयचीच जोखीम आवय बापूय घेनात. आपलो भुरगो वायट मार्गार वता. आपल्या हातांतल्यान निसटून घरंगळटा तें पळोवन खासावीस जावपी आवय बापूय आपल्या भुरग्यांक विकूंक कशीं शकतलीं? इतलेंच न्हय तर तांकां तशें करपाक प्रवृत्त करपी ही परिस्थिती आनी ही परिस्थिती निर्माण जावपा फाटल्यान आसा तें समाजवास्तव. हें समाजवास्तव मख्खपणान स्विकारपी आमी षंढ आनी ही परिस्थिती आपल्याचेरूय, आपल्यांतल्या कोणाचेरूय येवंक शकता ह्या सत्या पसून अनभिज्ञ आमी. जेवता-खातात, मस्त न्हीद काडटात आनी सकाळीं सुशेगाद उठ्ठात. अशीच एके सकाळीं अशेंच उठून एक खबर वाचली. तिवरें गांवांत एके आवयन आपल्या आतांच जल्मल्ले चलयेक मारून झिलींनी उडयली. खडबडून जागें

जालें आनी मनार आयिल्लें झापड खंयचे खंय उबून गेलें.

एक आवय आपल्या भुरग्याक विकूंक कशी शकता? म्हणसर एक आवय आपल्या भुरग्याक मारूंक कशी शकता? न्हय. मारलेंच! मन सुन्न जालें. आवयच्या आवयपणाचेर हो दाग म्हणपाचो? काय आनीक कितें? ती नाळ तोडटना, ताका मारतना दूद पाजपी ते हात, णव म्हयने सपनां रंगयताना मायेन पोटाक सांसपिताले ते हात थरथरूंक नांत कशे? गरिबी आनी मानसीक संतुलन इबाडिल्लो घोव हीं कारणां तिणें सांगली तरी तिका आदार दिवपी तिका आनी कोणूच कसो मेळ्ळो ना? इल्ल्याश्या ह्या गोंयांत एकूय मजतीचो हात ना? तिचो मांव, घरांतलीं हेर मनशां? शेजार, कोण आपवावुरपी मनीस, संस्था कोणूच कसो तिका मेळ्ळो ना? मळबा इतलें हें व्हड क्रौर्य करपाक तिका बळ कशें आयलें?

आत्महत्त्या करपी मनीस बेठोच आत्महत्त्या करिना. ताचेर तशेंच मळब कोसळटा. परिस्थिती ताका तशें करपाक भाग पाडटा. आपल्या मनांतलें सांगपाक कोण मेळना. फ्रस्ट्रेशनांतल्यान आत्महत्त्या करपाक तो प्रवृत्त जाता. तशीच ही बापायक बापुयपण आनी आवयक आवयपण सोडूंक लावपी परिस्थिती निर्माण जाता.

परिस्थितीच्या भोंवऱ्यांत सांपडिल्ल्यांक वयर काडपाक, तांचे मेरेन पावपाक अशी एकाद्री हॅल्पलायन वा मजत करपी स्वयंसेवक जाय, जे निसुवार्थीपणान सगल्या दिकांतल्यान हारिल्ल्या मनशांक नवी उबारी दितले. मानसीक, अर्थीक बळगें दितले. मानसीक बळगें दितना एकादो चलो-चली, बायल-दादलो आपल वैयक्तीक अशी म्हायती हॅल्पलायनीक दितले. तेन्ना ते 'खासगी' 'वैयक्तीक' म्हायतीचें खंयचेच परिस्थितींत सार्वत्रिकीकरण जावंक जायना वा तांतुतल्यान कोणें ब्लॅकमेलिंग वा भावनीक ब्लॅकमेलिंग करूंक फावना. नाजाल्यार आनीक घुस्पट वाडून आत्महत्त्या, खून उणे जावचे परस वाडटले. आनी मागीर असल्यो घडणुको दर दोन दिसांनी वर्तमानपत्रांनी वाचच्यो पडटल्यो.

तेन्ना सादूर, पूण निसुवार्थीपणान काम करपी सगल्यां मेरेन पावपी

हॅल्पलायन जायच. तातूंत तसो धोको आसाच. हालीं तेंपार कांय धर्मवादी-अध्यात्मवादी संस्था, संघटना संवसारांतल्यो, कुटुंबांतल्यो चिंता, ताण-तणाव पयस करतात अशें सांगून कांय गजाली धर्म-अध्यात्माच्या नांवार खपयतात. जायते कडेन अर्थीक, मानसीक आनी शारिरिकूय शोशण जाता. हातुंतल्यो जायत्यो गजाली अब्रूच्या भंयान भायर सरनात. पूण मनशाचे परिस्थितीचो गैरफायदो घेवपी लोक उणे नांत. ताका लागून विवेकवादी संघटनां कडल्यान अशे तरेच्या हॅल्पलायनींची अपेक्षा दवरूं येता.

राश्ट्र सेवा दल, अंधश्रद्धा निर्मुलन समिती, सायन्स फोरम, बायलांचो साद, युगनायक, समता आंदोलन, साने गुरूजी कथामाला, नवनिर्माण अभियान, फोरम फॉर कम्युनल हार्मनी अश्यो कांय विवेकवादी संघटना गोंयांत कार्यरत आसात. तांच्या कार्यकर्त्यांनी हें मनार घेतलें जाल्यार खिणांत हजारांनी खात्रेचे, मजतीचे हात फुडें सरपाक शकतात.

❖❖❖

आमी ल्हान आसतान शिरगांवचे जात्रेक वयतालीं. तेन्ना खूब गर्दी आसताली. अस्नोडेच्यान शिरगांवां चलत वतना तांबडेच मातयेंत पांचवींच शेतां रस्त्याच्या दोनूय वटांनी हांसतालीं. फुडें गांवांत वतकूच होमखणाच्या लाकडांची व्हड रास पळोवन आनी ती दाळपाची विशिश्ट पद्दत पळोवन अप्रूप दिसतालें. धुल्ल हुबयत हजारांनी धोंड लोक चलताले तेन्ना कुशीक लेगीत गवपाक जागो मेळनाशिल्लो. गर्देचो फायदो घेवन खंयचेय चलयेचीं वा

17. शिरगांवचे लईराईक गरज देवराईची

बायलेचीं कोणूय फकांडां मारतालो जाल्यार धोंडाचें बेत ताचे तकलेर पडटालें. एकल्यान मारलें काय कितें खरें कितें फट हाचो विचार करिनासतना कितलीशींच बेतां उबारतालीं. खूबशे धोंड गवपाकच येताले. तेन्ना घरा घरांनी जेवण फराळ मेळटालो.

आनीक मातशें व्हड जालें आनी जात्रा पळयली तेन्ना चित्र बदलिल्लें पळयलें. अस्नोडेच्यान शिरगांवां वतना वाटेवेलीं शेतां उणीं जाल्लीं. रोवपाचीं बंद जालीं नात. तरी तांतुतली रया गेल्ली. पीक उणें जाल्लें दिसलें. तळयेचें उदक पयलीं परस चड खद्ळ दिसलें. पयलीं सकाळची चड गर्दी नासताली. सांजवेळचीं पांच स जालीं काय गर्दी वाडटाली. आतां सकाळ सावन लोक – धोंड गर्दी करतात. येतात आनी वतात. चडशे रावनात.

गर्देचो फायदो घेवन मस्ती करप्यांचेर बेतां उबारपी धोंडूच मस्ती करपाक लागिल्ले दिसले. तरूण पिरायेचे धोंड सहज चलयांचीं फकांडां करतात. धोंड

हे पवित्र, देवी लागींचे अशें सामान्य लोक मानतात. धोंडांचो पांच दीस उपास आसता. कितेंय खालें पिलें काय न्हावपाचें. पांच दीस घरा पासून पयस. चिकन, मटण, नुस्तें, सोरो, बायल, घोव हाचे पसून पयस तळ्यार वा न्हंयचे देगेर तांचो राबितो आसता. पूण पान, तंबाकू, सिगरेट चलता. मधू, जोश सारके गुटका चलतात. गांवांतल्या हेर दादल्यां वांगडा बसून पयशे लावन टायमपासाक रमीचो पट वा रमी चलता. आपल्या घरा पासून पयस राविल्ले धोंड बाजारांत मात परत परत भोंवतना दिश्टी पडटात. देवी लईराईच्या धोंडाक खर उपास करचो पडटा. तशें केलें ना जाल्यार उज्यांतल्यान धांवतना इंगळे लागतले आनी पांय लासतले अशी भिरांत धोंडांच्या मनांत आसता. चडशे धोंड तें पाळटात. पांच दीस जाले आनी होमखणांतल्यान गेले काय मागीर आपसुकूच तांचे पांय तांकां जाय जाय त्या जाग्यार वचपाक लागतात.

गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटकांतल्यान हजारांनी धोंड शिरगांवां पांय लायतात. पयलीं सारके रावनात तरी येवन वतात. एका जाण्ट्या धोंडाक विचारलें तेन्ना ताणें म्हणलें 'थंय धुल्लांत आनी रेब्यांत रावूं नजो जाता देखून सकाळींच वचून येतां' एक दीस थंय वचून आमच्यांनी रावूं नजो जाल्यार थंयचे लोक कशे रावतात आसतले?

आयज शिरगांवची परिस्थिती ही खंयच्याच मिनाच्या गांवां पसून वेगळी ना. चारूय वटांनी ह्या गांवांक आख्खो पोखरला. भोवतेक गांवांची परिस्थिती इतली वायट की फुडारांत गोंयकारांक खावपाक ताटांत गोटे मेळप कुस्तार जातले. कालवणें पयशांच्या नोटींचे. तोंडाक वा भाजी नाण्यांची करून घडये मातीच आमकां जेवची पडटली. सद्याकूच कसलेंच पीक काडप शक्य जायना. शिरगांव पळोवपाक तांबडोगूंज दिसता. दोनूय वांटांनी तांबडे दोंगर धुल्ल उडयत रखरखत्या वतांत येवकार दितात. पियेवपाच्या उदकाक म्हारग आशिल्लो हो गांव झाड खंय दाखयतालो? मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान हाचे पयलींच मान्य केलां की उदकाचे बाबतींत गांव पूर्ण उध्वस्त जाला. विकतें म्हूण उदक गांव कितलो तेंप वापरतलो? जात्रे निमतान सरकारान परत परत टँकर धाडले तरी ते पावनात आनी पुराय गीम कसो काडपाचो?

पावसांतूय इतलो पावस पडलो तरी थेंबभर उदक वापरपाक मेळना. सगळें तांबडें. एक गजाल खरी. लईराईच्या सैमाचे आवडी कडेन आयज तिच्याच भक्तांनी आड नदर केल्या. तिच्या आंगा वयले साडयेचो रंग पांचवो. हो पांचवो रंग शिरगांवच्या आख्ख्या वाठारांत दिसपाक कठीण. तिका फकत मोगरेचे कळे आवडटात. ह्याच दिसांनी फुलपी मोगरे कळे तिच्या कळसार, धोंडांच्या आंगार, पालखेर, सगळ्यांत दिसतात. एका म्हयन्या पयलीं रामनमीक मोगरेक उदक ओतपाक सुरू करीत जाल्यार जात्रेक सगळो कळो मेळटा. ह्याच हिशोबान मोगऱ्यो फुलोवन लागींच्या सगळ्या गांवांतल्यो मोगऱ्यो फुलयतात आनी जात्रेक घे म्हूण कळो येता. तितलोय खपता.

धोंडां कडेन बेताच्यो सजयिल्ल्यो बडयो आसतात. बेताच्या झाडाचें म्हत्व भौसाचेर ठसोवपाकच तें आसा. लईराई ही कळसांत आसता म्हणचे उदका रुपान. उदकाची पुजा हेंय तिची सैमा कडेन आशिल्ली लागणूक दाखयता. पूण गांवांत फकत देवीचें देवूळ आसा. शुद्ध उदकाची चणचण, बेता सारक्या बांबू सारक्या झाडांचो तर माग मुसय ना. मोगऱ्यो चार पांच आसल्यो म्हूण पावतात? एक व्हड झाड दिसपाक कुस्तार आशिल्लो हो गांव ट्रकांचे ट्रक भरून व्हड होमखणाक लाकूड कशें जळयता? खंयच्यान येतात इतलीं लाकडां? विकतींच न्हय? दर वर्सा इतलीं लाकडां जळोवप, इतले मोगरे कळे वापरप, उदकाची पुजा करप आनी ताचें उत्पादन करप ना? हें कितलीं वर्सां चलतलें? तेन्ना जितले इंगळे धोंडांक धांवून वचपाक जाय तितलेंच होमखण करीत जाल्यार?

परिस्थिती बदलता तशें सगळें बदलता. मनशानय बदलपाक जाय. सदसद विवेकबुद्दीन विचार करून आतांचे परिस्थितीक जशें जाय तशें करपाक जाय. सगळ्यांचे जिणे खातीर.

धोंडांनी, जात्रेक येतना एक एक झाड घेवन शिरगांवां येवचें. हजारांनी धोंड येतात. पांच हजार धोंड जात्रेक आयले जाल्यार पांच हजार झाडां शिरगांवां पावतलीं. धोंडांनीच तीं लावचीं. खंयूय शिरगांव वाठारांत. देवळा मुखार फाटल्यान, रस्त्या कुशीक, मळार, मिनाचे मातयेच्या दोंगरार, खळ्याच्या

पेळ्यां कुशीक. सगळ्याक हीं झाडां लावचीं.

ही जात्रा सदांच मे म्हयन्यांत येता तेन्ना तीं वाडोवपाक देवस्थान कमिटीक वा शिरगांवकारांक चड त्रास घेवचे पडचे नांत. रोखडोच पावस पडटलो आनी चार म्हयने म्हणल्यार झाडां बरींच पाळांनी घट्ट जातलीं.

झाडां हाडटना आकेशिया आनी निलगिरी सोडून कसलींय गांवठी, रानटी झाडां हाडपाचीं, आंबे, पणस, काजू, भिरण, माड, पिंपळ, वड, कुमयो, आंजीण, माट्टी, पगारो, पळस, चींच, पेर, चिकू कसलींय हाडचीं. वेली, फुलझाडां, फळझाडां, बागेंतलीं झाडां, रानांतलीं झाडां कसलींय हाडचीं. जागो मेळटा थंय लावचीं. दुसऱ्या वर्सा पयल्या झाडाक पळोवंक विसरचें न्हय. पांच हजारांतलीं शंबर लेगीत वांचलीं जाल्यार मेळयलें म्हणपाचें. दुसऱ्या वर्सां उरिल्लो जागो भरपाचो.

'सामाजीक वनीकरण' हें सद्या भोव गरजेचें आनी शिरगांव सारक्या वाठारांत तर चडूच. सरकार करतले, मिनवाले करतले म्हूण आपणें आपली जापसालदारकी झटकूंक फावना. सरकार हें असमर्थच. मीनवाले फकत पयशे काडूंकूच. हेंच मतींत दवरून आमी आमकां लागून, आमचेच जमनींत, आमच्याच फुडल्या पिळग्यांक लागून जीण उबारूया.

धोंडांनी हे देवीचेंच काम, तिचो सैमा कडेन आशिल्लो कल वळखून केल्लें सांस्कृतीक काम, देखून प्रामाणीकपणान आनी भक्तीन करचें. आनीक एक, ज्या रस्त्या वयल्यान जावं वाटेंतल्यान कळस आनी पालखी भोंवता त्या रस्त्याचे कुशीक दोनूय वाटांनी फकत मोगरेचे वा जाईचे, जुईचे, कुऱ्हांचे अशे धवे सुगंधी कळ्यांचे बेल लावचे. त्या बेलाचो बरो उंच माटोव करपाचो रस्त्याचेरूच वयर. दाट, लांबचे लांब सोबीत असो माटवा पोंदच्यान देवीक भोंवडायतान वा हेरशीं गांवांत भोंवतना तीं झाडां सगळ्यांक सूख दितलीं. धुल्ल खावन आमकां प्राणवायू दितलीं. देवीक जाय तितले कळे आनी सुगंध दितलीं.

दर वर्सा धोंडांनी हें केलें जाल्यार आनीक पांच वर्सांनी शिरगांव गांवची रया बदलतली. देवस्थान कमिटीन हे बाबतींत धोंडांक आवाहन करीत जाल्यार

दुदांत साकर. पांच वर्सां उपरांत शिरगांवचे जात्रेक एक वेगळेंच म्हत्व प्राप्त जातलें. 'शामची आई' पिक्चरांत एक पद आसा.

'घनदाट रानी वाहे झुळू झुळू पाणी / पाखरे ही गोड गाती देवाजीची गाणी...

राहो सदा देवा माझ्या शामच्या जिवनी / घनदाट रानी वाहे झुळू झुळू पाणी.

अशें घनदाट रान शिरगांवां तयार जावन गोड निर्मळ उदक व्हांवलें जाल्यार देवी लईराईचे लागीं गेल्ल्याचें पुण्य सगळ्यांक मेळटलें. जीण आसता थंयच जैवविवीधताय आसता. शिरगांवां आदीं जीण हाडुया झाडांच्या रुपान. मागीर देवराई वसोवंक वेळ लागचो ना. देवराईतलो जैवविवीधताय धोंडा वांगडा लोकां बांगडा मागीर जात्रेक दिसतलो आनी श्यामची आई म्हणटा तसो देव आमचे जिणेंत वास करतलो.

शिरगांवचे लईराईची साडीच फकत पांचवी आसा.

शिरगांवची साडी पांचवी करपाची जापसालदारकी धोंड घेत व्हय?

❖❖❖

18. देशामुखावयलो सेझ संग्राम

देशांतल्या भोवतेक सगळ्याच राज्यांनी सद्या सेझाचें महाभारत चालू आसा. केंद्र सरकारान अशा ३६० प्रकल्पाक मान्यताय दिल्या. तातूंतले ४१ सेझ महाराष्ट्रांत आनी १५ सेझ गोंयांत आसात. सेझ विरोधी किटी सद्या कोनशा कोनशांनी पडल्यात. ह्या झुजान आतां 'जगात वा मरात' असो मध्य गाठला. हय झुजच हें. सामान्य मनशाचे जिणेच्या हक्काचेर घाव घालपाआड तांकां तांच्या मुळापासून हुमटावन उडोवंक सोदप्यां आड हें झूज. ह्या झुजांत एके वटेन आसात जगभरांतले मुठभर भांडवलदार आनी दुसरे वटेन आसात कोट्यांनी सामान्य शेतकार, मजूर, आम आदमी.

सेझ हें नांव आयकलें उपरांत म्हज्या साद्या मनाक पडिल्लो सादो प्रस्न –ह्या देशांत, राज्यांत 'सेझ' हाडप म्हणचे ह्या वाठारा भायलो समाज हो 'इकॉनॉमिकली प्रॉडक्टिव्ह' ना ? हर एक मनीस पोटाची वेंतभर खळगी भरपा खातीर कसो तरी हातपांय हालयता. शिर्विसूच न्हय तर मजुरी, ल्हानसो धंदो, मेस्तपण, गवंडी काम, कुमारपण वा बचत गट स्थापून आप आपले पुरते बारीक सारीक धंदे करता. कोण कपडे शिंवता. कोण ते विकता. कोण गिरण चलयता तर कोण हातगाडे बैलगाडयो चलयता. कोण भाजीपालो रोयता. कोण रोंपे तयार करून विकता. शेत, काजू, नाल्ल, बेडे, केळीं, अशे कितले तरी धंदे करता. तशें पळयल्यार समाजांतलो दर एक कमावपी घटक हो 'इकॉनॉमीकली प्रॉडक्टिव्ह' आसतना सरकाराक खासा अर्थीक विभाग काडपाची गरजूच

कितें? आयात निर्यात वाडोवपाची आसा जाल्यार हांकांच वा सरकारानूच तयार केल्ल्या निर्यात प्रवण क्षेत्रांक अदीक सवलती दिवच्यो. तशें जायना. शेतकाराक आज नाल्ल बेडयांचें फावोशा प्रमाणांत आदारभूत मोल मेळोवपा खातीर लेगीत झगडचें पडटा.

सेझ समर्थकां कडेन हाका कितल्योय जापो आसल्यो तरी जें मुखार मांडटात आनी जें सत्य, वास्तव आसा हातूंत खूब फरक आसा.

सेझाचो परिणाम हो फकत जमनी वयल्या शेतकारांचेर जातलो अशें न्हय तर ताचो परिणाम हो सगल्या लघू उद्देजकांचेरूय जातलो. सेझाक कामगार सुरक्षा कायदो लागना. तेन्ना ३०-४० वरां कामगारांक राबोवन घेवन सवाय म्हाल तयार करतले. तो बाजारांत आयलो काय बाकीच्या म्हालाक सुटी. मागीर लघू उद्देजकूय आपूणय सेझांत या म्हणटले. आनी अशे तरेन अर्थीक केंद्रीकरण जातलें. सरकारची सगळीं भांडवली गुंतवणूक सेझा कडेन धांवतली, आनी बाकीचीं क्षेत्रां वंचीत उरतलीं. देशांतली आर्थीक विशमतायेची दरी वाडटली आनी मुठभर, चावला, बेदी, मोदी, रहेजा, पिरामल, रामानुजम, शाबारिया, विप्रो, मिप्ला हजारां लाखांनी सामान्य लोकांचे जिणेंत मुलभूत हक्काचेर शेक चलयतले.

मुठभर उद्देगपतींक कितलो फायदो जाता हाचेर देशाचो विकास आदारिल्लो नासता. 'अंत्योदय' आनी 'सर्वोदय' हीं भारत देशाची विकासाची वाटचाल. मनशाचो विकास हो जावपाकूच जाय. अर्थार्जना खातीर नवे नवे प्रकल्प येवपाक जाय. पूण संतुलीत विकासाचे कांय कस आसात. कायदे आसात. संतुलीत विकास जावपा खातीर एक 'इक्विलेटरल ट्रायंगल' थारायिल्लो आसा. हाचे तीन कोनशे हे अर्थीक विकास, समाजीक विकास आनी पर्यावरणीय विकास आनी मदीं संतुलीत विकासाचो केंद्रबिंदू. हो केंद्रबिंदू मदीं आसप म्हणजे तिनूय घटकांची सारकीच उदरगत जाता. (६०°) एकाद दुसरो घटक जेन्ना आपले वटेन व्हड 'अँगल' करपाक सोदता तेन्ना बाकीचे दोनूय घटक भड्डतात. (ऑब्टुस अँगल ट्रायंगल).

फकत अर्थीक विकास म्हणल्यार दुपेटीन पयसो (१२०) करपा खातीर

WORLD KONKANI CENTRE ... विश्व कोंकणी ...

विकासाचो बिंदू आपले वटेन हाडटा. हें कोणा उदेशी? तर पर्यावरण (३०°) आनी समाजाचो (३०°) ऱ्हास करून. अशा एकाच कोनशाचे भलायके खातीर आयिल्ल्या दरेका प्रकल्पाक विरोध हो जावपाकूच जाय. मागीर तो सेझ आसूं, कंपन्यो आसूं वा मायनींग आसूं.

सेझ प्रकल्पांत सरकारान दिल्ल्या सवलतींचें घबाड पळोवन सगल्या भांडवलदारां मदीं सेझ उबारपाचो हावेस तयार जाला. सामान्य ऑपरेटरांची 'ओटी' (ओव्हर टायम) लेगीत आयकर चुकोवंक शकना. सगल्या नगांचेर व्हॅट टॅक्स आमी भरतात. पूण सेझाक कसलोच टॅक्स लागना. जमनीन वेव्हाराक स्टॅम्प रजिस्ट्रेशन लागना. उदक, वीज सगलें भरपूर सवलतींच्या दरान मेळटलें. आयात निर्यात करपा खातीर जकात कर तांकां लागचो ना. निर्यातीच्या फायद्याचेरूय तांकां कर लागचो ना. तांची ही कर सुटी केंद्र सरकाराचे तिजोरेंत ९०,००० कोटी रुपयांचें लुकसाण करतलीं जें लुकसाण आमकां भरून दिवचें पडटलें. ह्या सगल्या सवलतीच्या बदल्यांत हे भांडवलदार लोक देशाक, हांगासरले गरीब जनतेक कितें दितले तर उदका टंचाय, वीज टंचाय, जमीन टंचाय, प्राणवायू टंचाय, रस्तो टंचाय, आनी भरपूर कोयराच्यो राशी. सेझ प्रकल्पांत नोकरी मेळ्ळी जाल्यार ४० वरां रेड्या सारकें असुरक्षीतपणान राबप. हां, नेत्रसूख मात खूब मेळटलें. मळबाक हात तेंकोवपी इमारती, गाड्यो, लॉनां, घरांत रावन दुबय, कुवेट दिसतलें.

पात्रांव लोकांचें घांसपपुसप करतना आपूण रोंपो लायताले, वारयो लायतालो, भाजी, मुळो, वांयगीं फुलयतलो त्या जाग्यार स्विमिंग पुलान चलिल्ली मजा, गोल्फ, क्लब, शॉपींग मॉल्स, पार्ट्यो आनी चकचकीत नवे टायल्स हांणीं भरिल्ली एका गिरेस्त जगाची संस्कृती झुलतना दिसतली. सेझ कायद्यांतूच म्हटलां की फकत २०% जाग्यार प्रकल्प येतलो आनी ८०% जाग्यार रीयल इस्टेट येतली. ह्या सेझ वाठारांत पंचायतीचे, पालिकेचे, राज्याचे, देशाचे कायदे चलचे नात. तातूंत तांच्यो स्वताच्यो बँको आसतल्यो. ही वित्त केंद्रां वा 'ऑफिसर बँकींग' हांकां भारताचो बँकींग अॅक्ट लागचो ना. म्हणचे हातूंत येवपी पयसो हो काळो पयसो आसूं येता. जाचो हिशोब सरकार, गव्हर्नर,

रिझर्व बँक मागूंक शकचे नात आनी ताचेर ताबोय दवरूंक शकचे नात. अशी ही स्वतंत्र कोर्ट वेवस्था आशिल्ली परदेशी वसाहत आमच्या वाठारांत जल्माक येतली. हें आमच्या देशाच्या संविधानांत बसता काय ना हें सामान्य मनशान चिंतपाचें ना. तितलो वेळ सॅझ दिना.

'इस्ट इंडिया कंपनी' स्थापन करून तातुंतल्यानूच इंग्लिशांनी फुडें १५० वर्सां राज्य करपाची बुन्याद घाल्ली तीच बुन्याद आयज सेझ घालता. 'ते प्रचंड तीन लोक आमचेर धांवन आयले आनी आमी फकत णव जाण कांयच करूंक शकले नात' अशें म्हणत भविश्यांत येवपी अर्थीक, समाजीक आनी पर्यावरणीय अन्याय अत्याचाराक फुडो करपाक आम आदमीन सज्ज रावचें.

❖❖❖

जामनगर अहमदाबाद हांगा गुरू गोविंद सिंह सरकारी हॉस्पिटलांत घडिल्ली खबर. १७ जूनाक एक २० वर्सां पिरायेची गुरवार बायल तपासपाक आयली. खाजगी हॉस्पिटलांनी एचआयव्ही चांचणी सक्तीची आसताच अशें ना. पूण सरकारी हॉस्पिटलांनी ती आसता. तिका तपासून रगताचो नियाळ आयले उपरांत दोतोराक ती एचआयव्ही पॉझिटिव्ह म्हूण कळ्ळें. तिका गर्भपात करपाचो सल्लो दिलो. तिणें करून घेतलो. २० जुनाक जेन्ना ती परती

19. समाजांतय कांय 'रित्यो बाजू' आसात!

हॉस्पिटलांत येवन बायलां दुयेंसां विभागाच्या मुखेल दोतोराक मेळ्ळी तेन्ना तिचे सगळे पेपर पळोवन दोतोराक कळ्ळें ती एचआयव्ही पॉझिटिव्ह. ती बायल दोतोर आशिल्ली. तिणें नर्सीक सांगलें हिका सगळ्या पेशंटां पासून पयस दवर. नर्सीन एक चिकटपट्टी घेवन तिचेर एचआयव्ही पोझिटिव्ह अशीं उतरां बरोवन तीं तिच्या कपलार मारलीं. इतलेंच उणें म्हूण काय कितें, तिणें हॉस्पिटलांतल्या सगळ्या वॉर्डांनी तिका भोंवडायली आनी सगळ्यांक तिचे पसून पयस रावपाचो सल्लो दिलो. वळख परेडूच आशिल्ली ती!

जित्या मनशाच्या कपलार चिकटपट्टी लायनात. वायटकार सामको बारीक आसा, घुंवळेंत आसा, वा खुबूच जाण्टो आसा जाल्यार नांवाची चिकटपट्टी ताच्या हातार लायतात. चिकटपट्टी ही मड्याच्या कपलार लायतात. ते व्यक्तीच्या नांवा सयत. जिवेपणी अशी अश्वत्थाम्या सारकी कपलार जखम घेवन आपलें मरण गोंदून भोंवपी ते बायलेची काकुळत दिसता. तशी निर्लज्जपणान

दिंड काडून जिवेपणी मारपी कत्तलखान्यांतल्या त्या कर्मचाऱ्यांचीय काकळूट करीन दिसता.

एक कावळो लेगीत मरत जाल्यार हेर कावळे कांव कांव करून हेरांक जमयतात. कांव कांव करून ताका आर्गां ओंपतात आनी मागीर आपले आपले दिकेन वतात.

कळपांतलें एक जनावर जखमी जायत जाल्यार कळपांतलीं हेर ताची जतनाय घेतात. भायर मारिल्ली शिकार ताका हाडून दितात. आनी आमी हात-पांय, बुद्द, ज्ञान, विज्ञान, संस्कार, संस्कृती, धर्म आशिल्ले मनीस आमचे भितर मनीसपण न्हय, तर सादें जनावरपण लेगीत ना. मनशांचें, जनावरांचें बरें तें व्हगडावन वायट तेंच आपणावपाची आमची वृत्ती. पूण वायटपण करपांत आमी जनावरांक लेगीत फाटीं घाल्यांत. हय! आमी तांचे परस हुशार न्हय? दोतोर, नर्सी, सामान्य मनशां खातीर देव आसतात. तांचें एक एक उतर दुयेंतीक वखदां परस चड उपायकारक आनी पुश्टीक आसता.

दोतोर, नर्सी जेन्ना आपल्या क्षेत्रांत पांय दवरतात तेन्ना तांच्या कांय जबाबदाऱ्यांची तांकां जाणविकाय करून दितात. तांच्यो प्रार्थना, सोपूत हे दुयेंतीच्या बऱ्या खातीरूच आसतात. आपले हात, कान, दोळे, तकली सगळ्यांचो दुयेंतीचें दुख्ख, पिडा पळोवपाक, त्यो पयस करपाक उपेग जावचो अशें तीं मागतात. एका दुयेंतीक खाटीच्या नंबरान लेगीत उलो मारप ना ही शिश्टाय तांचे भितर आसता. दुयेंतीक नांवान उलो केलो जाल्यार दोगांय मदीं एक प्रेमाचें, आपुलकायेचें नातें निर्माण जाता. ह्या विस्वासाचेरूच दुयेंसाचें फुडें निदान करून ताचेर उपाय करप शक्य जाता. निदान गोंयांत तरी हें चित्र बरें आसा.

एक दुयेंती कितलोसोच तेंप वॉर्डांत आसलो. खूब लोक ताका पळोवपाक येताले. अचकीत एक दीस खबर कळ्ळी की तो एचआयव्ही पिडेस्त. रोखडेच सोयरे, इश्ट येवपाचे बंद जाले. घरच्यांनीय ल्हवू ल्हवू फाट केली. एकली बायल वांगडा.

धा वर्सांमदीं गोंयांत ९८०२ दुयेंती एचआयव्ही पिडेस्त मेळ्ळयात.

फाटल्या स वर्सांमदीं ५१६ मेल्यात. १९९९ ते २००८ मेरेन ५०६ भुरग्यांक तांच्या आवय बापाय कडल्यान हें दुयेंस मेळ्ळां. दर दिसा तीन नव्या दुयेंतीची भर पडटा. ९२% वायटाकार हे अनिर्बंध संबंदांतल्यान पिडेस्त जाल्ले. तरी २२ वायटकार हे सुयेचे चुकीक लागून बळी पडले. आनीक १८ वायटकार हे वायट रगत घालून दुयेंस जाले. एड्स कंट्रोल सोसायटी ऑफ इंडिया गोवा हांणीं दिल्लो हो आंकडो अजापीत करपा सारको. दिसाक तीन नवे वायटकार म्हणचे आमची प्रगती (?) बरीच नेटान चालू आसा म्हणपाची, मरणा मेरेन वचपाची. नैतीकतायेचे बांद फोडपाची.

खुबश्यो आपवावुरपी संस्था हे बाबतींत जागृती करपाचो यत्न करतात. तरिकूय जाय त्या प्रमाणांत लोक जागृत जायनात. ऑक्टोपसा सारकीं सगळे कडेन एचआयव्हीचीं पाळांमुळां पावल्यांत. दिसाक स लोकांक तरी जागृत करपाचें. तांकां ज्ञान दिवपाचें. इतले बेगीन आनी सतत हे जागृतायेचें काम करपाची गरज आसा.

दोतोर, नर्सी, भलायकी अधिकाऱ्यां सारके भलायकी खात्यांतलेच लोक ही जनजागृताय बरे तरेन करूंक शकतात. कित्याक तांचें उतर हें वायटाकारांक, वांगड्यांक, घरच्यांक, शेजाऱ्यांक, सोयऱ्यांक निमाणें आनी सत्य आसता. डॉ. प्रदीप पडवळ हांची देख दिवं येता. स्लायड शो वरवीं कितल्याश्याच गांवां-गांवांनी वचून ते जागृतायेचें काम करतात. सामान्य मनशाक कळटा ते कोंकणी वा मराठी भाशेंत.

पयरूच 'एक रिकामी बाजू' हें स्तनाच्या कांक्रा विशींचें नाटक पळोवपाक मेळ्ळें. विशयूच तसो आसलो म्हणटकच कांय अपरिहार्य गजाली तातूंत येतल्योच. शारिरीक गजाली भायर ह्या वायटकारांच्यो मानसीक आनी सामाजीक बाजूय नाटकांत बरे तरेन दाखयल्यात. एके वाडटे पिरायेचे चलयेचीं हळुवार स्पंदनां, छातयेंत गांठ आसा म्हूण कळटकच कुडके कुडके जाल्लीं तिचीं मोगाचीं सपनां. लोकांच्यो बदलिल्ल्यो नदरो. आशीकुशीच्या मनशांचें बदलिल्लें वागणें. सगळेंच तिका तोंपपाक लागता. सत्य स्विकारपा बगर तिचे कडेन-कांय पर्याय उरना आनी मागीर एक रिकामी (रिती) बाजू घेवनूच ती धैर्यान

फुडें जिणेक तोंड दिता.

खरें तर वायटकारांक आपुलकायेची गरज आसता. वखदां वांगडा ताका मायेचो खांद जाय आसता. सगळ्या वायटकारांक घरांतल्या मनशां कडल्यान, सोयऱ्यां धायऱ्यां कडल्यान तो मेळटाय बी. पूण एड्स, कुश्ठरोग, सोरायसीस, स्तनाचो कांक्र हे सारकीं खर दुयेंसां जाल्ल्या मनशांच्या मात हें कांय वांट्याक येना. हीं सगळीं दुयेंसां मनशाक खातातच. पूण ते भायर ह्या समाजाची वागणूक तांच्या वेळा पयलींच तांकां मारून उडयतात. तांचो दुस्वास करतात. तांकां घरा भायर घालतात. कितलीशींच घरां, कितलेशेच संवसार उध्वस्त जातात.

तुमची आमची मेंदवाची बाजू रिकामीच आसा वा 'जंक मेमरी'न ती चिप्प भरिल्ली आसा. वांजुड्ड्या ज्ञानाचें फलीत कांय ना. गरजे भायल्यो गजाली मेंदवांत चेंपून चेंपून भरल्यात. तशीच दुसरी रिकामी बाजू आसा काळजाची. काळीज हें संवेदनाचें, भावनांचें कुळार. पूण दुसऱ्यांचें दुख्ख पळोवन तें आयज रडना. तें पयस करपाक अस्वस्थताय जाय ती आयज दिसना. ह्यो दोन म्हत्वाच्यो आमच्यो बाजू रिकाम्योच आसात. इतलेंच न्हय तर ते पोकळेचो जागो हो दुस्वास, मत्सर, तिरस्कार, स्वार्थ हांणीं उपाट भरला. म्हणूनच कितलेय वायटकार रस्त्यार वा हॉस्पिटलांनी पळोवन आमचें काळीज मात लेगीत हालना. उरफाटें तांचे पसून पयस पळटात. म्हाका कितें ताचें? ही आमची वृत्ती. समाजाच्यो अश्यो कितल्योश्योच बाजू रित्यो आसात. उरतल्यो. त्यो सगळ्यो घेवन एकेच गिते बाजूक बोटां दाखोवप समा जातलें व्हय?

बाबा आमटे म्हणटाले. 'आपल्याक आनंदवन ना करपाक जाय.' कित्याक तर आनंदवनान समाजांत भायर मारिल्ल्या कुश्ठरोग्यांक आपणायल्यात. आनंदवनाची भरभराट ही भायल्या समाजाची पिछेहाट. जितलो समाज निडर, भेड्डो, संवेदन हीण जावन सकयल्या पांवड्यार वता तितलेंच आनंदवन वयर वयर वता. ज्या दिसा समाज ह्या रोग्यांक आपणायतलो त्या दिसा आनंदवनाचें म्हत्व उणें जातलें आनी तशेंच तें नानपयत जावं.

दुयेंसां हीं केन्ना लिपून रावनात, पूण फाल्यां मरपी मनशाक असो

पयलींच मारून उडोवप समा व्हय? समाजाचे मानसीकतायेंत बदल घडोवप कठीण काम. पूण ही मानसीकताय बदलपाची गरज आसा. अशी परिस्थिती निर्माण जावंक जाय, जी ह्या सगळ्या दुयेंसां सयत वायटकाराक आपणावपाची शक्त दितली.

❖❖❖

हालींच गांवांतलो एक मनीस बंगळुर बायपास सर्जरी करपाक गेल्ले कडेन भायर पडलो. लागींचो असो कोण नासलो. बायल मनोरूग्ण. शेजारचोच एकलो वांगडा राविल्लो. सुमार साडेतीन लाख रुपया भरिल्ले. बिरेस्तारा राती कडेन पेशंट भायर पडिल्लो. पूण कूड भायर काडिनात. उरिल्ले पयशे भरात आनी मडें व्हरात. शुक्रारा दिसभर गांवांतल्या कांय लोकांनी ऑफिसांनी भोंवन फोर्मेलिटीज पुराय केल्यो. पूण डायरेक्टराची सय जावंक ना. दुसऱ्या दिसा

20. काळजाचीं दारां उगडपाक कोण तरी दारांत मरपाकूच जाय ?

दुसरो शेनवार. मागीर आयतार म्हणजे कूड हाडपाचें सोमारा मंगळारा पडटलें. परतें बील वाडटलें. मागीर गांवांतल्याच लोकांनी भलायकी मंत्र्याचे मजतीन कूड हाडपाची तजवीज केली. इतलें करूनय जालेंना. ॲम्बुलन्सीक दिवपाक तेरा हजार जाय आसले. वांगडा आशिल्ल्या मनशान तीन हजार भरले आनी गांवांत फोन करून उरिल्ल्या पयशांची वेवस्था करात म्हण सांगलें. गांवांत धा हजार कोणा कडेन नासले अशें न्हय, पूण ते परते मेळपाची शक्यताय नासली. तेन्ना कितें करपाचें कोणाक सुचना जालें.

रातचीं धा वरां जाल्लीं. सकाळीं पांच वरांचेर ॲब्युलन्स पावपाची. धा हजार जाय. २०-२५ पिरायेचे धा एक भुरगे रस्त्यार जमले. कितें करचें? कशें करचें? चर्चेक ओतो आयलो. फाटल्या दिसांनी एक गरीब भुरगो खतखतीत उदकांत पडून लाशिल्लो. पयशां खातीर दोतोरा कडेन व्हरूंक नासलो. तेन्ना गांवांतल्या कांय भुरग्यांनी घरां घरांनी भोंवून धा, वीस, पन्नास अशे रूपया

लागीं करून ताका दिल्ले. तीच पद्दत आतां आपणावपाचें एकल्यान सुचयलें. पूण रक्कम मोटी आशिल्ल्यान दुबाव. पूण आनीक कितें उपाय नासलो. ना, हय करीत भुरगे भायर सरले आनी आख्ख्या गांवांतल्या घरां घरांनी भोंवून रातच्या इकरा मेरेन वट्ट चौदा हजार लागीं जाले. कोणें ५०, १००, २००, ५०० करीत गरजे परस चड पयशे एकठांय जाले.

ते पयशे घेवन भुरगे सगळे देवळाच्या सभाघरांत न्हिदले. फांतोडेर ॲब्युलन्स आयली. तिका पयशे दिले. मडें देंवयलें. उरिल्ले पयशे ताचे घरकान्नी कडेन दिले. भुरगे आपापल्या घरा कडेन गेले आनी जाण्टे येवन फुडली क्रिया कर्म करपाचे तयारेक लागले.

म्हयन्याभरा पयलीं हेच भुरगे क्लबाचे वेंचणुके वेळार एकामेकां कडेन तूं तूं मै मै करताले. लोकसभेचे, विधानसभेचे वेंचणुकेकूय तशेंच जाल्लें. पूण आतां गांवांतल्या एका गरीब गरजेवंत कुटुंबाचें दुख्ख पळोवन हेच भुरगे एक जाल्ले. सगळ्यांनी मेळून विचार करून निर्णय घेवन कृती केल्ली. गांवाच्या हिताची, माणुसकेचे जपणुकेची. तांची तुस्त, तोखणाय करीत तितली थोडी.

हें वातावरण, असल्यो मन भिजोवपी, काळीज भरून हाडपी घडणुको गांवांनीच पळोवंक अणभवूंक मेळटात. गांवां कडेन वचात. खरो भारत गांवांनीच मेळटलो अशें गांधीजी म्हणटाले ताचे फाटलें हेंवूय एक कारण आसूं येता. शारांतल्या फ्लॅटांनी रावपी लोकांक अशें मनीसपण दाखयतना चुकुनूच कोणें पळयिल्लें आसतलें. गांवांतलें हें हळवेपण. हळुवारपण. गांवगिरेपणाची ही ऊब. हें पांचवेचारपण शारांनी पातळत व्हय? शनिशिंगणापूरा खंय एका तेंपार घराचीं दारां उक्तीच दवरताले. कारण चोर चोरून व्हरत हाचो भंय आसनासलो. आतां दारां धांपतात काय कितें खबर ना. पूण गांवांनी अजून तरी काळजाचीं दारां उक्तीच दवरून न्हिदपाची परंपरा चालू आसा. आनी आमी कितलोय सुधारणावादाचो पुरस्कार केलो, परंपरावादाचेर बडयो मरल्यो तरी अश्यो 'बऱ्यो' परंपरा चालू उरपाक जाय. कारण त्यो मनीसपणाची जपणूक करतात.

मनशान वेळा प्रसंगार मनशाक पावप ही सारासार विवेकबुद्द ही सदसद्विवेक

बुद्द खंयचेय वेंचणुके वेळार कोणाकच सुचना. खंयच्याय वाठारांतले चित्र वेचणुके वेळार तापिल्लें आसता. हाडाचो कार्यकर्तो आपल्या पक्षाक लागून लोकप्रतिनिधीक लागून कोणाय कडेन कशीय हुज्जत घालता. ताच्या वागपांत, उलोवपांत पक्षनिश्ठा पर्जळटा. विरूध्द पक्षाचे कार्यकर्ते हे तांचेच गांवभाव, बापोलभाव आसतात. कितलीशींच नातीं, इश्टागती ह्या वेळार मोडटात.

हें फकत एकाच गांवांत जाता अशें ना. साबार गांवांनी हेंच चित्र आसता. कांय गांवांनी दोन गटां मदीं मारामारी जाता. तकल्यो फुट्टात. खून जातात. रगत व्हांवता, झुजां जातात. ह्या वेळार तर प्रांत दुस्वास, धर्म दुवास, जात दुस्वास सगळे दोळे जागे जातात. तांचे जातीचो फुडारी जल्माक येता. राजकारण हें साबार गजालींच्या खांद्यार बंदूक दवरून खेळटात. पयसो, जात, धर्म, भाशा, सूड, हांयसां आनी हेर हातूंत आम आदमीचो जाय तसो जाय तितलो वापर करून घेतात. काम जालें काय ताका फूक मारून उडोवपाकूय ते प्रतिनिधी फाटीं गत्रनांत. पूण Election fever आयिल्ल्यान बऱ्या वायटाची चव, रूच आमकां कळना.

त्या त्या पक्षाचे आम आदमी, हाडाचे कार्यकर्ते प्रामाणीकपणान आनी निश्ठेन काम करतात. पूण ह्या संघर्शाचो त्या त्या लोक फुडाऱ्यांक चुकुनूच गंध आसना. वेंचून आयले उपरांत सरकार स्थापने वेळार कोटींच्यो पिशव्यो भरून घेतात.

एकामेकांचेर प्रचारा वेळार नाळ जोखपी ते फुडारी एकामेकांच्या गळ्यांत ‘तुझ्या गळा माझ्या गळा गुंफू मोत्यांच्या माळा’ म्हणत तेंको जाहीर करतात. मागीर हांच्या नांवान भावांचे, इश्टांचे गळे कापपाची भाशा करपी शेळेतात. पूण आपणें केल्ल्या गजालींचें प्रायश्चीत जायना. परतें तेवूय आपल्या फुडाऱ्यांच्या निर्णयांचें समर्थन करतात. परत वेंचणूक जाहीर जाता तेन्ना परतें सगळें तेंच चक्र घुंवता. तरीय आमी शाणे जायनात.

ह्या वेळार आमी गांवाचो विकास, लोक कल्याण, लोक फुडाऱ्यांचें शील, तांची फाटभूंय, तांची बौद्दीक, मानसीक, समाजीक बसका, देशहीत, समाजहीत, संविधाना कडेन आशिल्ली तांची बांदिलकी हें सगळें आमी

पळयनात. आमी पळयतात ताणें प्रचाराक कितल्यो साडयो वाटल्यो. कितले गंव, तांदूळ, मूग, दाळ, रवो वाटलो? आमी पळयतात ताणें प्रचाराक कितले पयशे वाटले? आनी ह्या नेटार आमी आमचे सरभोंवतणच्या लोकां सामकार उबे रावतात. काळ जावन.

वेंचणुकेचो जोर देंवलो आनी आमी परते आमच्या जाग्यार आयले तरीय अमक्यान वेंचणुके वेळार अशें केल्लें, तशें कल्लें. हें मतींत दवरून रावतात. पूण जेन्ना सैमीक आपत्तीक आमकां सामुहीक जाप दिवंची पडटा तेन्ना आमची तकली न्हिविल्ली आसता. अचकीत हुंवार आयलो, वादळ जालें, पाखें हुबून गेलें, शेतांत खारें उदक भरलें, शेत व्हांवलें, घर बुडलें, कोण भायर पडलो, कोणागेर सण, परब आसा जाल्यार आमी एक जातात.

पिळग्या पिळग्यांनी चलत आयिल्ले सुखदुख्खाचे बंध आमकां ह्या सैमीक आपत्तीक तोंड दिवपाची शक्त दितात. पूण हे वेंचणुकेचो जोर मात मनशाक मनीसपणांतल्यान उठयता, गांवां पसून ते दिल्ली मेरेन हेंच चित्र स्पश्ट दिसता. सगळें कितें मतां खातीर, कदेला खातीर, पयशां खातीर.

जें गल्लीक लागू जाता तेंच दिल्लीक. जेन्ना कारगील झूज जालें तेन्ना आनी तशेंच हेर वेळार जेन्ना जेन्ना भारताचेर परदेशी आक्रमण जातात तेन्ना सगळें मतभेद विसरून आमी एक जातात. अचकीत नराचे नारायण जातात. देशभक्त जातात. देशभक्तीचें ल्हार त्सुनामी कशें देशभर पातळटा. सगळ्या खांची कोनशांतल्यान झुजाक तेंको जाहीर जाता. शहीद जाल्ल्या सैनीकांक आर्गां ओंपून आमी मजत करपाक फुडें सरतात. सगळे तरेचो दुस्वास, मत्सर, मतभेद आमी कुशीक दवरतात. बरी गजाल. देश संघटीत आसप हें प्रगतीचे, अस्मितायेचे दृश्टीन भोव गरजेचें. पूण ही देशभक्तीची भावना तत्कालीक आसता. जरी तिचो उपेग झुजां जिखपाक जालो तरी ती कायमस्वरुपी भावना म्हूण समाजांत रुजिल्ली ना. देशभक्ती, देशहीत, भावचार ह्यो गजाली जेन्ना आमी जिणेंत शाश्वत मुल्यां म्हूण स्विकारतले तेन्ना आमकां सगळ्यांक एक करपाक अशा परदेशी आक्रमणाची गरज उरची ना.

पाठ्यपुस्तकांतली प्रतिज्ञा मुखार दवरून आमी वागचे नात, संविधान

आमी दृश्टीआड करतले, अशेच झगडटले, रगत व्हांवयतले जाल्यार आमकां एक करपाक, आमचें मदलें मनीसपण जगोवंक अशीं झुजां जावंकच जाय? दुकळ येवंकच जाय? हुंवार येवंकच जाय? कोणा खातीर तरी काळजाचीं दारां उक्तीं करतले जाल्यार कोण तरी दारांत मरपाकच जाय? कोणाची तरी तकली फुटपाकच जाय?

❖❖❖

शाळेंत आसतना १५ ऑगस्ट हो एका सुवाळ्या सारको दिसतालो. परिक्षेची धामधूम चालू आसतना लेगीत १५ दीस पयलींच देशभक्तीच्या गितांनी वर्गान वर्ग घुमताले. आदल्या दिसा पावस आसुनय बूट, युनिफॉर्म करकरीत करून दवरतालीं. सकाळचे मशाल मिरवणुकेक लागून रातभर झेम लेगीत पडनासली. देशगीत, स्फुर्ती गितांनी आख्खो गांव दणाणून सोडटकीच झेंडावंदनाक येतालीं. काळजा सावन झेंड्याक वंदन करून राष्ट्रगीत म्हटले

21. 'गर्व से' कहो 'भारत हम बचायेंगे' !

उपरांत तरेकवार कार्यावळी, सर्ती जाताल्यो.

आयुश्यभर जो राष्ट्रभक्तीचो खुराक जाय तो आमकां ह्या स्वातंत्र्य सुवाळ्यांनी दिलो. देश, देश-भाव, देशभक्ती, राष्ट्रनिश्ठा, राष्ट्रवाद, राष्ट्रगीत, समाजवाद, झेंडो, देशाभिमान बांदिलकी, त्याग, बलीदान, रक्तरंजीत स्वातंत्र्यसंग्राम सगळें ह्या सुवाळ्यांनी शिकयलें. हजेरी पट केन्ना घेतलो ना. पूण शंबर टक्के हाजीरी शाळेंत आसतालीच. पूण फुडें हायर सेंकडरींत, कॉलेजींत वेगळेंच चित्र दिश्टी पडलें. १० ते १२ लोकांचे उपस्थितींत झेंडो वयर सरतालो. कांय कांय शिक्षक लेगीत 'पब्लीक हॉलीडे' म्हूण गैरहाजीर रावताले. सांस्कृतीक कार्यावळ कितेंय आसताली आनी तांतूंत वांटो घेवपीच भुरगे झेंड्या भोंवतणी दिश्टी पडटाले.

राष्ट्रगीत म्हणटना सावधान रावप. मान तायट दवरप. राष्ट्रगीत कानार पडलें जाल्यार उबे रावप. आपल्या देशाक, राष्ट्रगिताक मान दिवप. पूण

आयज स्कुलाच्या मैदानार राष्ट्रगीत चालू आसतना फुडें फाटीं बाजारांत कितलेशेच लोक हेवटेन तेवटेन हेडटात. तांच्या राज्याक खबरूच नासता काय तांकां उबे रावपाकूच लज दिसता हें कळपाक मार्ग ना. पूण आमकां कवळे पिरायेर सिगरेट ओडपाक, बाटली तोंडाक लावपाक, चोरी करपाक, फटींग उलोवपाक लज दिसना. बरें काम करपाक लज दिसता. आमचें राष्ट्रगीत म्हणपाक येना, पाठ ना हाची आमकां लज दिसना.

विधानसभेंतलें झेंडावंदन जावन भाशण आटोपून पत्रादेवीच्या यादस्तिका कडेन गोंयचे मुख्यमंत्री वतात. ते थंय पावता म्हणसर बारा जातात. बारांक झेंडो चडोवप हो त्या झेंड्याचो अपमान. कितले मुख्यमंत्री जावन गेले, पूण सुर्योदया वांगडा केन्ना पत्रादेवीचेर झेंडावंदन जायना.

आयज पर्यावरणाचो ऱ्हास चल्ला म्हूण ताचें म्हत्व ताचें संवर्धन करपाक लागून आशिल्ली गरज उक्तावपाक पर्यावरण शिक्षण म्हूण एक विशय स्कुलांनी सुरू केला आनी तो गरजेचोय. मनशाची नैतीक वागणूक देंवत चल्ल्या. म्हूण मुल्य शिक्षण कांय स्कुलांनी आसा.

एक गजाल एकदां शिकोवन सगळ्यांकूच कळना. म्हूण कांय स्कुलांनी आरटी रेमेडियल टिचिंग सुरू आसा. तशेंच आयज राष्ट्रनिशठा, देशभक्ती कितें हें सांगपाची गरज आयल्या. हो राष्ट्रवाद सद्या धोक्यांत येयला. तो पुराय ना जावंचे पयलीं ताची जतनाय घेवंक जाय. देखून दर एका स्कुलात, कॉलेजीत लेगीत देशभक्ती असो नवो विशय सुरू करपाची गरज आसा.

एकदां पिंजिल्लो देशाचो नकासो तीन शिकिल्ले तरणाटे जोडपाचो यत्न करताले. पूण खूब प्रयत्न करूनय तांकां तें शक्य जायनासलें तेन्ना वाटेन वचपी एका शेतकार भावान तांकां तो एका मिनटांत जोडून दिलो. कसो? तर नकाशाचे फाटल्यान एका मनशाचें चित्र आसलें. तो मनीस ताणें जोडलो आनी ते बरोबर देश आपसुकूच जोडलो. राष्ट्रवादाचो हो मनीस जोडपाचो मूळ गाबोच सद्या शेणत चल्ला. आमी शिकून शिकून त्या तीन तरणाट्यांवरी सांसपीत उरतले. हो मूळ गाबो सद्याचे पिळगेक समजायतलो जाल्यार देशभक्तीचेर एक विशय शाळांनी शिकोवप खूब गरजेचो.

आमच्या देशान साठी गांठली. साठी गांठपी कोणूय पिरायेन, विचारान, कर्तुबान परिपक्व जाता. जाण्टो जाता. सगळ्या मळार तरबेज जाता. तो धादोशी आसता. भुरगीं बाळां कामाधंद्याक लागून स्थीर स्थावर जाल्लीं आसतात. आपणे घेतिल्ले त्रास, केल्लो संघर्श हाचें चीज जाल्लें ताका दिसता. ते सुखाचे रूख पळयत तो आरामात नातरां, पणटुरां वांगडा वोल्तेरार धोलता. जाय थंय जाय तेन्ना आपले अणभव तो सांगता, उपेगाक हाडटा. ताच्या भुरग्या बाळांक काम मेळूंक नाशिल्ल्यान ताणीं केल्ल्यो आत्महत्याय ताका उकत्या दोळ्यांनी पळोवंच्यो पडटात.

म्हजो भारत देश आयज साठी पुराय करून ६१ वो स्वातंत्र सुवाळो मनयता. पूण तो तसो समाधानी धादोशी दिसना. तो टी. बी. च्या पेशंटावरी बारीक हाडकुळो जाला. दिसान दीस आनीक आनीक हाडकुळो जायत चल्ला. सगळ्या दिकांतल्यान पोखरला. पांचवीचार ताची काया आयज तांबडीगूंज जाल्या.

ताच्या शिरंतरांनी व्हांवपी उदक आटून ताका १० वॅट बीपी आनी ॲनेमिया जाला जाका लागून तो भेरेलो. ताचे वॉटर सर्क्युलेशन सारकें जायना. ताची पांयांची कात सुकल्या. पांयांक लागिल्ले कांटे, ताच्यो वेदना, ताचें व्हांवपी रगत हाची कसलीच संवेदना ताचे तकलेक पावना. पांय आनीक आनीक खोल खोल दुखखाचे दोंडीत वता आनी तकली नवी क्षेत्रां पादाक्रांत करता. हातूंत तो चड हाडकुळो जाला. एक हात दुसऱ्या हाताक मारीत आसा. कापीत आसा. मिनांचें तांबडे रगत पाझरत आसा. व्हांवत आसा. पांचवीचार पांचूची शाल पिंजल्या आनी शिमीट कॉंक्रिटाच्यो कपट्यो दसोवन दसोवन ताचें पांचवेंपण शेणलां. आतां पळयत जाल्यार सगळ्यांक ह्यो शिमीट कॉंक्रिटाच्यो वेड्यो वाकड्यो कपट्योच दिसतात आनी पांचवी शाल नांवा पुरतीच उरल्या.

ताचें काळीज आशिल्ले लोकशायेक घरघर लागल्या. हे लोकशायेच्या काळजाक नोटींचे, कोटींचे व्हाल्व बसयल्यात. जाय थंय जाय तेन्ना हे व्हाल्व बंद चालू करूं येतात. देशाचो अमूक एक घटक कोटी नोटींचो व्हाल्व उगडून

परजळावन वडोंव येता. तो मागीर राजकारणी आसूं, फिल्माचो हिरो आसूं वा अंडरवल्डाचो डॉन आसूं.

ताच्या फुस्फुसांनी व्हडा व्हडा फॅक्टरींनी सोडिल्लो धुंवर भरला. झाडांपेडां कापून वडोवन नाकांतल्यान सोडिल्लो कार्बन डायऑक्सायड बसला. तातूंत तेका दम्याचोय त्रास जाता. एप्रील मे म्हयन्यांत तो त्रास चाळवता. आनी म्हत्वाचें म्हणल्यार ताच्या हाडान हाडाक, आख्ख्या सांगाड्याक भ्रश्टाचाराच्या रोगान जर्जर करून दवरला.

आमी 'हरीनाम सप्ताह' मनयतात. पूण देश भक्तीची भावना जागोवपाच्या हेतान 'राष्ट्रीय एकात्मता सप्ताह' मनोवप काळाची गरज. सरकारी आस्थापनांनी, पुलीस स्टेशनांनी, खासगी आस्थापनांनी सत्यनारायणाच्यो पुजा घालून वेळ आनी पयसो इबाडचे परस राष्ट्रीय सप्ता मनोवपाक सुरवात केली जाल्यार ताचो योग्य प्रभाव दिसून येतलो.

आमच्या भारताचे देवाच्या, धर्मांच्या, जातींच्या, भाशांच्या प्रातांच्या नांवान कुडके करपाचे यत्न चल्ल्यात.

कांय जाण जाल्यार 'हिंदुत्व' म्हणल्यारच राश्ट्रीयत्व अशीं समीकरणां जुळोवन लोकांमदी धर्मदुस्वास पातळावपाचीं कारस्थानां करपाक लागल्यात. ताका लागून कांय जाण 'मंदीर बचाव' म्हणटात. कांय जाण 'गोवा बचाव' म्हणटात, कोण 'धर्म बचावा' ची हाळी दितात, तर कोण 'देव बचावा' ची चळवळ चलयता. 'भारत बचावा'चें कोणाकच पडिल्लें ना. ही अधोगती थांबोवया! आमच्या देशाक मरणयातनांतल्यान वांचोवया. ताका संजिवनी दिवंया. १५ ऑगस्टाच्या निमतान ताच्या जिवाक मातशी थाकाय दिवपाचो यत्न करपाचो संकल्प करुंया.

आयज तिरंग्याक नमन करून हड्डें फुडें काडून 'गर्वसे' म्हणुया. भारत हम बचायेंगे.....!

❖❖❖

पयलीं पांच सप्टेंबर म्हणल्यार आमकां भुरग्यांक मज्जा दिसताली. धावेचीं भुरगीं आमचे शिक्षक जातालीं. वर्गांत शिकयताना बोवाळ घालप, हरशीं शिक्षकान प्रस्न विचारात म्हूण कितलेंय सांगलें तरी तेन्ना आळीमिळी गुपचिळी करपी आमी ह्या नव्या शिक्षकांक मात प्रस्न विचारून नाकापुरो करतालीं. थोडे शिक्षक भियेताले, पूण थोडे तितलेच कडक मेळटाले. फुडें जेन्ना आमी धावेंत पावलीं तेन्ना भुरग्या म्हऱ्यांत वचून शिकोवप, तांच्या

22. 'लढ' म्हणपी शिक्षक जाय

प्रस्नांक जापो दिवप, आनी प्रशिक्षण करपाक आयिल्ल्या आपल्या शिक्षकां म्हऱ्यांत भुरग्यांक नियंत्रीत करप कितलें कठीण तें कळ्ळें. फुडें अणभव कथनाचे कार्यावळींत मात हांसून हांसून पोटांत दुखतालें आनी आमचे सदांचे शिक्षक दिल्ली सावन आयिल्ल्या मंत्र्या सारके आमचेर टिका टिप्पणी करीत त्या दिसा ओर्राद भोंवताले.

पयलींचे 'शिक्षक दीस' आतां उरूंक नात. आतां ४ सप्टेंबराक बाजारांतले गुलाब सगळे सोंपतात. दुसरे दिसा आपल्या शिक्षकाक भेट दिवपाक हे गुलाब सगळ्या शाळा कॉलेजींची वाट धरतात. पयलीं आमी केन्ना गुलाब दिवन शिक्षकाक परबीं भेटयिल्ल्याची म्हाका याद जायना. केन्ना केन्ना मात पोरसांतलीं फुलां व्हरून शिक्षकाक दितालीं. बायल शिक्षकाक चडशे फावटी जाये-जुयेचे वा मोगरेचे गजरे दितालीं आनी हेरांक पोरसांतले गावठी गुलाब. पूण फुलां दिवपा खातीर म्हूण टिचर्स डेची वाट कोण पळय नासलो. शिक्षकांक केन्नाय

आमी फुलां दितालीं. आतां सगळेंच म्हारग. शिक्षक विद्यार्थ्यांचो मोग म्हारग, आदर म्हारग, गुलाब म्हारग, आनी शिक्षकूय म्हारग.

तेन्ना फकत वर्गांत येवन शिकोवप, भुरग्यांक नियंत्रणांत दवरप, वर्गांत पिन ड्रॉप सायलेन्स बाळगप हाका लागून शिक्षकाचें काम कठीण दिसतालें. पूण आतां शिक्षकांच्यो जापसालदारक्यो लक्षांत येतात आनी शिक्षक जावप इतलें सोंपें न्हय हें कळटा. ड्रायव्हरान तर्रर जावन गाडी चलयल्यार जाता. पूण शिक्षकान तशें करूंक फावोना अशें म्हणटात. वकिलाची चूक खंय फांसार वता. डॉक्टराची लासून ना जाल्यार पुरून वता. इंजिनीयराची चूक शिमीटान घट्ट जाता. पूण शिक्षकाची चूक समाजाचेर परिवर्तीत जाता. कारण शिक्षक एक एक पिळगी घडयता. तो जसो वर्गांत वागता, उलयता, वर्गा भायर जसो भोंवता, हेर कार्यावळींनी वांटो घेता तें सगळें एक पिळगी स्पंजा सारकें शोशून घेत आसता. जर शिक्षक निर्शेला, समाज वेवस्थेन ताचेर नकारात्मक प्रभाव घाला जाल्यार तो शिक्षक एक पराभूत पिळगी घडोवपाचें पाप करतलो. तेन्ना समाजा कडल्यान टिचरा वरवीं कांय जापसालदारक्यांक पाळो दिवप अपेक्षीत आसा.

म्हायर्नी तंत्रज्ञानाच्या ह्या युगांत विद्यार्थ्यान आनी शिक्षकान दोगांनीय 'अपडेट' रावपाची गरज आसा. पयलीं शिक्षक हो आख्ख्या गांवचो गुरूजी आसतालो. ताचें दरेक उतर गांव मानतालो. आतां हे बंध उरूंक नात. आतां विद्यार्थीच शिक्षकाचें उतर मानता काय ना हो प्रस्न आसा. शिक्षकाच्या खांदार उबो रावून विद्यार्थी फुडलें पळयत आसता. जें शिक्षकांक दिश्टी पडना तें ताका दिश्टी पडटा. ताचीं पावलां काळा फुडें चलतात. पूण शिक्षकाचीं पावलांच ताच्या दिश्टीकोणाची दिका थारायतात. तेन्ना जरी विद्यार्थी फुडलें पळयता तरी ताका दिश्टीकोण हो शिक्षकानूच दिवंचो पडटा.

स्वावलंबन, प्रामाणीकपण, आज्ञाधारकपण, ज्ञानाची तान, देशभक्ती, विज्ञाननिश्ठा आनी संविधान ह्यो मुळाव्यो गजाली शिक्षकान विद्यार्थ्यांच्या मनार बिंबोवप अपेक्षीत आसता. तातूंतल्यान विद्यार्थ्यांचें व्यक्तीमत्व घडोवन तांकां आत्मविश्वास दिवप जाता. पूण जर शिक्षक स्वताच ह्या गजालीं कडेन

अप्रामाणीक आसत जाल्यार विद्यार्थीय तशेच घडटले. तेन्ना वर्गांत भितर सरताना शिक्षकान स्वताचीं मतां भायर दवरून संविधानधिशठीत राष्ट्रभक्त तयार करपाचोच विचार घेवन भितर वचपाक जाय.

पूण शिक्षकाची नोकरी धरतलो जाल्यार लाख चार लाख कोणाचें तरी व्होंटयेंत घालुंकूच जाय अशी सद्याची परिस्थिती.

पुलीस, आरटीओ, इंजिनीयर सारके हुद्दे नोकरेक लागून दिल्ले पयशे वसूल करपाक वापरतात. देखून ह्या हुद्याचें मोल चड. पूण शिक्षकाक असली संद मेळना. मागीर तो कितें करतलो? स्वताच्या पगारांतलो कुडको चॅरमनाचे व्हंटयेंत घालतलो काय पोटाचे खळगेंत घालतलो? ताचो परिणाम निश्चितूच ताचे शिकोवणेर, ताच्या विद्यार्थ्यांचेर जायत आसता.

आतां कांय शिक्षकांचे बाबतींत संविधानांतलीं मुल्यां, देशभक्ती, विज्ञाननिशठा उरता कुशीक आनी आपले आपले छुपे अजेंडा घेवन ते वर्गांत भितर सरतात. जोतें घेवन भितर वताना जोत्याक लागिल्ली हळशिकूय वर्गांत भितर वता आनी वर्गभर पातळटा, तशेंच ह्या छुप्या अजेंडाचें जाता. सकाळीं फुडें मोटो तांबडो तिबो कपलाक लावन घरा कडेन अर्दवर पुजा करून आयिल्लो विज्ञान शिकोवपी शिक्षक वर्गांत भितर सरता आनी संवसारांतले दर एके कृती फाटल्यान कार्यकारण भाव आसता अशें सांगता. कारण कळ्ळे बगर कसलीच गजाल करची न्हय अशें विज्ञानाचेर आदारिल्लें तत्वज्ञान सांगता. पूण आपूण विज्ञानाचो शिक्षक आसुनय तिबो लावन, पुजेचें कर्मकांड करून शिकोवंक वर्गांत सरलां हें तो विसरता. ही विसंगती सगळेच कडेन पळोवंक मेळटा. आपलो दीस बरो वचूं अशें देवाकडेन मागून तो वर्गांत आयिल्लो आसता. तीच देख घेवन भुरगो अभ्यास करीनासताना सद्दां देवाची पुजा करून, तकलेक तिबो लावन, स्तोत्रां म्हणीत देवाचेर भरवंसो दवरून रावलो जाल्यार हे अगतीक, विज्ञानविसंगत मानसिकतायेचो दोश कोणाक दिवपाचो?

टिका कोणाक आवडना? फकत ती दुसऱ्याचेर केल्ली आसूंक जाय. मागीर हाचेर टिका, ताचेर टिका करीत नकारात्मक वातावरण तयार जातकच आपूण वांगडा हाडिल्लो कॅक्टसाचो पांचवोच बावटो मुखार करप. पयसुल्ल्यान

ताचे सोबीतकायेक, पांचव्याचार रंगाक भुलप्यांक लागीं वतकच तोंपपी कांट्यांची कल्पना नासता. हे विद्यार्थी अशे चुकीच्या मतप्रवाहांत व्हांवून वतात आनी आपसुकच लोकशाय विरोधांत तांचें मन तयार जायत रावता.

ही पिळगी जशी आसा ताका थोड्या चड प्रमाणांत जापसालदार तांचे तांचे टिचर आसात म्हणल्यार चूक जावचें ना. हातूंत बरें वायट दोनूय आसातच.

ज्ञान मंदिराच्या भायर आयज खूब गुरूमंदिरां उबीं जाल्लीं दिश्टी पडटात. येसाचो 'शॉर्टकट मार्ग' सांगपी गुरूंचो आयज सुकाळ जाला. अध्यात्मीक क्षेत्रांत तर परलोकाचें दीस-रात गुणगान आनी परलोकाक वचपाचे मार्ग हातूंतच घुंवडावप्याचें भुलभुलैय्या जळींमळीं दिश्टी पडटात. कसल्याच यसाक शॉर्टकट ना हें शाळेच्या गुरूजीनी सांगिल्लें. पूण ते विचार आतां पोरणें जाल्यात. नव्या तंत्रज्ञानाक लागून सगळें पोरणें लासून गेलां तशीं कांय शाश्वत मुल्यांय आमी लासून उडयल्यांत. झटपट पयशे कमोवपाचे, शॅर्स, रेस, घडघडो, कॅसिनो, मटको हें आमचे शाळेच्या गुरूजींक खंय खबर आसलें? म्हणत आतां शॉर्टकट मार्ग सोदप सुरू जालां. शांती, समाधान, सूख, पयशे हें सगळें परलोकांत आसा म्हूण इह लोकाचें नरक विश्व सोडून आतां जो तो गुरूचो शिश्य जावन परलोकांची बांदाबांद करपांत गुल्ल आसा.

पयलीं केन्नाय जिवाक बरें दिसनासलें तेन्ना आमी भुरगीं जर स्कुलांत वचूंक नांत जाल्यार आमचे टिचर घरा येताले. आपलो आवडटो टिचर आपले खबरीक आयलो म्हणटकच आमी अर्दीं बरीं जातालीं. कांय म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो करून सर आमचो अर्दो जोर घेवन वतालो. पूण कर्म केले बगर फळ ना. अभ्यास केले बगर सूख ना हें आमकां सरांनी पक्कें शिकयल्लें. हांगा मुजरत याद जाता एके कवितेची. भोवतेक कुसुमाग्रजांची. शब्द याद जायनांत. पूण सार असो - एका तरण्याट्याचो पुराय सगळो संवसार व्हांवून वता. आशिल्लें नाशिल्लें सगळें मातये भरवण जाता. तो आपलें दूख सांगपाक आपल्या शिक्षका म्हऱ्यांत येता. शिक्षकाचो हात बोल्सा कडेन वता. तेन्ना तो म्हणटा,

NORTH ... कोंकणी

‘पैसे नकोत सर, जरा एकटं वाटलं म्हणून आलो.

मोडून पडला संसार पण मोडला नाही कणा

पाठीवरती हात ठेवून नुसतं लढ म्हणा.’

हो इतलो आत्मविश्वास, इतली उर्जा एक शिक्षक आपल्या विद्यार्थ्यांक दिवंक शकता असो म्हजो विस्वास. ह्या शिक्षक दिसा निमतान हीच उर्बा दर एकल्याक मेळूंक जाय. आयज हांव चार वण्टींचे शाळेंत ना. आयज हांव घोकमपट्टी जातल्या वर्गांत ना. आयज हांव समाजाचे मुक्त शाळेंत आसां. हांगाय जगपा खातीर खूब अभ्यास करचो पडटा. पास जावपा खातीर संघर्श करचो पडटा. जायते खेपे दुसरे वटेन भोवसंख्य आशिल्ल्यान आनी आमचे वटेन अल्पसंख्य आशिल्ल्यान निर्शेणीय येता. पूण अशाच वेळार कोणा तरी शिक्षकान फाटीर हात मारून ‘लढ गो बाय लढ. संवसाराचो लढो लढ’ अशें म्हणनशें दिसता. लढ, अशें म्हणपी मनीस आयजूय संवसारांत आसात, आसतले केन्ना तरी मेळटले आनी फाटीर हात मारतले हो आत्मविश्वास सगळ्यांक मेळचो अशें मागतां.

❖❖❖

गणपती बाप्पा पांच दीस येवन रावन गेलो. म्हयन्याभराची तयारी सोंपून सोंपनासली आनी चवथ येवन केन्नाच सोंपली.

चवथ, दिवाळी, पाडवो, दसरो आयलो काय म्हाका म्हज्या ल्हानपणाची याद जाता. तशें म्हजें बालपण कितें साप्प वायट गेलें असो कांय भाग ना, पूण बेश्टेंच गलबलून येता. आमी पांच भावंडां. बाबान जितलें जोडलें तितलेंय आमच्या शिक्षणाक खर्च जालें आनी आवयन आपल्या संवसाराची गोजडी

23. बुद्धीवाद आपणावपाची बुद्ध दी रे बुद्दीच्या देवा!

वेवस्थीत काटकसरीन विणून आमकां व्हड केलीं. सुसंस्कारीत केलीं.

चवथीक फोग म्हणटात तें कितें हें आमकां खबर ना. कोणें मामांनी वा सोयऱ्यांनी पिस्तोल व्हडल्या भावाक हाडलें जाल्यार भियेत भियेत दोळे गच्च धांपून एक गुळी मारतालीं. तितलोच आमचो फोग. गणपती पावयताना हेर लोक फोग मारतात तो आमी पळयत रावतालीं. आमचे कडेन ना म्हूण खंत भोगताली, पूण केन्ना फोगाक लागून रडूंक नात. आतां पयसो आसा पूण तो गर्नेलांचो आवाज, माराणांच्यो किटी, सुरसुरीं, गिरगिऱ्यांचो वास लेगीत सोंसूंक जायना.

ल्हान आसतनाचे चवथीची याद करीत जाल्यार म्हर्जी पिशेंपणाच चड याद जातात. एकदां शिंवाचेर बशिल्लो गणपती हाडिल्लो. तो एकदांच पळोवन हांवें जी धांव मारली तें परत म्हूण आयलें ना. येवपाचें जालेंच जाल्यार आवयच्या आडोसाक रावून येतालें, पूण परत म्हूण त्या रगत ओंकपी

शिंवाचेर नदर मारली ना.

गणपती बुडयताना तुळशी फुड्यांत हाडून दवरिल्ल्या गणपती कडेन आमी भुरगीं कितें ना कितें मागतालीं. एकदां सगळ्यां भुरग्यांनी आपल्याक जाय जाय तें मागलें. पांयांतलीं, कानांतलीं, हातांतलीं, कपडे अशें भुरग्यांच्या मनांतले सगलें. हांव खंय ओगीच आसलें. सगल्यांचें मागून जाल्या उपरांत बाबान म्हाका कितें जाय तें माग म्हणलें, तेन्ना हांवें म्हणलें, 'म्हाका कांय मागपाचें ना. म्हाका सगळें मागनासतना मेळटा!' आयज मेरेन खऱ्यांनीच अशेंच जालां. हांवें केन्ना कितेंच देवा कडेन मागूंक ना. मागनासतनाच म्हाका सगळें मेळ्ळां – थोडें म्हज्या कश्टान मेळयलां. आयज म्हजे कडेन आसा तेंच म्हाका जाय आसलें आनी जें म्हजे कडेन ना, ताची म्हाका गरजूच ना ही म्हज्या सुखाची गुरूकिल्ली.

पयलीं ल्हान ल्हान गजालींक लागून रडूंक येतालें. हांव धा–बारा वर्सांचें आसतना एकदां चवथी दिसा म्हाका आवयन, भावान कित्याक तरी लागून तापयलें. ऐन चवथीच्या दिसा सगळें सगळें म्हज्या मना आड जातालें. सगळें झाडपूस, नितळ करून, नेवऱ्यो, मोदक, लाडू करून संबंद आंग दुखतालें, पूण ताचे परस म्हज्या मनाक खूब दुखतालें. आवयन, भावान तापयलें म्हूण. गणपती पुजता त्याच हॉलांतल्यान माळयेर वचपाक मुखार सोंपणां आसात. सगल्यो लायटी सोंपणां बदला गणपतीचेर उजवाड घालताल्यो. देखून सोंपणांचेर सदांच काळोख. हांव रडत रडत त्या सोंपणांचेर येवन बसलें. आनी मनांतल्या मनांत मुखा वयल्या गणपतीक प्रस्न विचारूंक लागलें. व्हडल्यान कितेंय केलें जाल्यार तें बरोबर. धाकल्यान कितेंय केलें जाल्यार तांची अपुरबाय आनी मदल्यांचे मात सदांच चूक. कितेंय केलें जाल्यार चुकिचें... देखून म्हाका सदांच अशें दिसतालें की आवय म्हाका बरी करीना. हांव आवयक सदांच मदत करतालें. तिणें म्हजी अपुरबाय करूंक जाय म्हूण. पूण जातालें उरफाटेंच. हें सगलें त्या सुपा सारकें कान आनी उक्ते दोळे आशिल्ल्या गणपती म्हऱ्यांत जातालें. म्हणून 'हेची फळ काय मग कश्टाला' म्हणीत असले हजार प्रस्न विचारीत ताच्या तोंडाक पळयत दुकां गळयत रावतालें. येद्या व्हडल्या पोटांत

म्हजें दुख्ख तो घालतलो अशें म्हज्या बालमनाक दिसतालें. दोन दिसांनी ताका पावोवपाक तुळशी म्हऱ्यांत हाडलो तेन्ना फाटल्यान हात धरपाक मेळना देखून बाबान फाटींतल्यान ताच्या पोटांत हात घालून खूब कागदाचे कुडके भायर काडले. 'आरे! हाच्या पोटांत तर म्हजें दुख्ख आसलें. उक्त्या मनान सांगिल्लें आनी रडिल्लें तीं दुकां आसलीं, जाल्यार ही रद्दी कशी भायर सरली? तेन्ना म्हाका कळ्ळें ताचें पोट फकत कागदा बोळे घालून मोटें करतात. मनशांचीं दुख्खां ताच्या पोटांत रावनात. ताका आमीच निर्माण करतात आनी आमीच विसर्जीत करतात. आमचीं दुख्खां आमीच पयसावपाक जाय. तो कांयच करचो ना. सुशेगाद बसल्यार परिस्थिती बदलची ना.

ल्हानपणाची चवथ आतां उरूंक ना. फुगडी, झीम, दसणींचें फूल, निसर फुगडी, फस्काची काडी ह्यो सगल्यो गजाली ल्हानपणा वांगडाच सोंपल्यो. आतां आयलो फोग, आयलो पयसो, फुगडी घालून गणपतीचे कान भरपाचे नात. आतां टेप, सिडी, टीव्ही, कंम्प्युटर, मोबायल लावन ताचेर आरती, फुगड्यो, भजनां आयकुपांचीं. लाकडाचीं मखरां वचून थर्माकोलाचीं मखरां आयलीं. पंचारत, लामणदिवो, नंदादीप, दिवली नांवां पुरती उरून पिकपिक्यो लायटी आयल्यो, डॅकोरेशन फकत माटोळेचें उरलें ना. देखावे आयले, फोली आयल्यो आनी खूब कितें. घुमटां आरती, भजन करपाक वेळ मेळना. चवथी दिसांनी सुटयो काडून घरा गविल्ले दादले इस्पिको काडून रमी खेळपाक लागतात. रात रात भर पयशे उधळूंक लागतात. जायते जाण सोर्ती काडपांत पयशे व्हगडायतात.

आतां परिस्थिती बदल्ल्या. मनीस चडांत चड जागरूक जायत आसा. चवथी निमतान कोण मातयेची पुजा करता. कोण उदकाची पुजा करता. कोण देवाची पुजा करता. कोण बुद्दीची पुजा करता. कोण सिद्धीची पुजा करता. तर कोण श्रद्धा-अंधश्रद्धेची वजाबकी करता. कोण संस्कृती रक्षणाच्या नांवान हुयेली मारतात तर कोण पर्यावरण ऱ्हासा खातीर बोमलेच्या देंठांतल्यान आड्डता. विवेक स्वातंत्र्यान, व्यक्तीस्वातंत्र्यान आमी आमकां जाय जाय तें करतात. शेजारच्या गणपती परस म्हजो गणेश मोटो आसपाक जाय. पोरूंचे

परस अंदू मातसो वेगळो गणेश हाडपाक जाय. अश्यो जायत्यो इत्सा आमी पुराय करतात. पूण मात लेगीत गणपतीचे मातयेचीं, पेंटाचीं मुळां आमी जाणून घेनात.

गणपती करतात ती चिकण माती फकत शेतांत मेळटा. आतां शेतां उरलीं नात. तांचेर मातयेचे थराचे थर घालून रोलर भोंवडावन 'नापीक जमीन' म्हूण दाखले घेवन बिल्डिंगो फुलयल्यो. वर्सांच्या वर्सां कोट्यांनी गणपती करतात. तितलेच विसर्जीत करतात. चिकण माती दर्याक, उदकाक मेळ्ळी तरी ती शेताक मेळना. दुकरांनी शेतांत नासधूस करून दोबरे मारून माती उडयली जाल्यार आमी त्या जनावरांक गाळी घालतात. रोखडेच कासाक बसून त्या जनावरांक मारून उडयतात नाजाल्यार धांवार फासके लायतात. पूण एकदांचो बंदोबस्त करून शेत राखतात. जाल्यार दुसरे कडेन दुसरें चित्र–गणपतीच्या मुर्तींच्या निमतान हजार–लाखांनी टनांनी ही सुपीक माती अशी शेतांतल्यान ना जाता ताची खंत आमकां ना. भविश्यांतल्या कितल्या रोंपांचें खाण घेवन ती माती गेली? भविश्यांतल्या कितल्या पोटांतलो घांस घेवन ती माती गेली हाचो आमी विचार करिनात. वर्सान वर्सा वेगवेगळे पद्दतीचे, आकाराचे गणपती हाडपाची उमेद आमी अशी मातयेचो इबाड करून पुराय करतात.

महाराष्ट्रांत अंधश्रद्धा निर्मुलन समिती सारक्या आपवावुरपी संस्थांचे कार्यकर्ते, विसर्जना वेळार उदक लायिल्लो गणपती विनवणी करून घेतात आनी एकठांय करतात. प्लास्टीकांनी भरिल्लें निर्माल्य काडून एकठांय करतात. कुसनाशिल्लो कोयर दोशीं करतात. हो कुसपी कोयर सारें करपाक वापरतात. प्लास्टीक वा हेर कुसनाशिल्लो नगरपालिकेंत वता आनी गणपतीची रास करून दवरिल्ली माती परत गणपतीच करपाक वापरतात. हातूंत उदक प्रदुशण जायना. लोकांनी लागींच विसर्जन केल्ले गणपती चिड्डीत माड्डीत आपलो गणपती विसर्जीत करपाक फुडें वच्चें पडटा ते वांचता, शेतांचो इबाड थांबता आनी गणपती करपाक मातयेच्या सोदांत चलिल्लें वणवण भोंवप, भटकप थांबता.

सोलापूराक 'एक गांव एक गणपती' ही आगळी प्रथा सुरू जाल्या. मुळेगांव हांगसर भौशीक गणपती तीन चार आसताले. ताका लागून गांवांत

पार्तिला जाल्ली. आतां एक गणपती केले उपरांत सगले एकाच माटवा सकयल येतात आनी वेगळ्या धर्माचे, वेगळ्या जातींचे सगळेच उमेदीन वांटेकार जातात. बरी गजाल सदांच आपणावची. आतां आमच्या इकरा तालुक्यांनी उणेंच एका गांवांत पांच भौशीक गणपती आसतले. म्हणजे शेंकड्या परस चड गणपती भौशीक आसात. पावला पावलाचेर नवे नवे गणपती जल्माक आयल्यात आनी एकामेकां परस बरो देखाव करपाच्या हावेसान आमी एकामेकां पसून पयसावत चल्ल्यात. पूण एक गांव एक गणपती जालो जाल्यार गांवांत एकवट निर्माण जावपाक मजत जातली.

पूण इतलेंच करून भागचें ना. भौशीक गणपतीची संकल्पना आयज बदल्ल्या. आयज एक तर ह्या गणेशोत्सवांतल्या कार्यावळींनी बदल करपाक जाय आनी जायनात जाल्यार निदान तांचो प्रबोधना खातीर, धर्मा धर्मा मदलो एकचार वाडोवपा खातीर, तो जर बुद्दीचो देव जाल्यार बुद्दीक पुश्टीक खाण मेळचें हे खातीर विज्ञानाचो पुरस्कार करपी, बुद्दीवादाचो प्रचार करपी, संविधानाच्या मुल्यांची राखण करपी प्रबोधन जावंक जाय. बेशटीच बुद्दीदेवता अशें म्हणून आत्मवंचना करप समा न्हय. ती खऱ्यांनीच बुद्दीची देवता हें सिद्ध करून दाखोवंक जाय. कमग सकयले विनोद आशिल्लीं अचकट -विचकट नाटकां, अतिरेकी विचारांचें समर्थन करपी किर्तनां, भगवंताचो दास जावन आयुश्यभर भजनात दंग रावल्यारच मोक्ष मेळटा अशें सांगपी भजनां, बेसूर गावप्याचे ऑर्केस्ट्रा केले म्हण समाज सुदारपाचो ना. देश सुदारपाचो ना. पर्यावरणाचेर जागृताय करपी, अंधश्रद्धा निर्मुलनाचो वावर करपी, विज्ञानाचो पुरस्कार करपी, वार, सण, उत्सवांच्या नांवान बायलांक पिडपी प्रथा परंपरा मदल्यो विसंगती दाखोवपी कार्यावळी करपी संस्थांक आपोवंक जाय. धर्माच्या अध्यात्माच्या नांवान बुवाबाजी, धोंगबाजी चल्ल्या ताचेर गणेश मंडळांच्या माचयां वयल्यान बडी ओडपाक जाय. कितल्या संस्थांक हें करपाची 'बुद्द' जाता?

निमाणे कडेन संवसारांतलीं सुखा हीं मनशा खातीर, देव मनशा खातीर, धर्म मनशा खातीर, अध्यात्म मनशा खातीर...हो विवेकाधिश्ठीत बुद्दीवादच

मनशाक लागीं हाडटलो. हो बुद्दीवादच जात-धर्म भेद पयस करतलो. हो बुद्दीवादच आमकां सत्य सोदपाचो मार्ग दाखयतलो. खरें तें खरें आनी चुकिचें तें चूक हें सांगपाचें धाडस दितलो, बायलांचेर कोट्यांनी वर्सां चलत आयिल्ले अत्याचार पयसावपाक मजत करतलो. हो बुद्दीवादच बुद्दीवाद्यांचो भोवमान करतलो...

असली बुद्द अपणावपाची बुद्द आमकां दी रे बुद्दिच्या देवा गणराया. आनी वतां वतां भरपूर पयसो खर्च करून खूब फोग मारतना कोनशाक उबे रावून पळोवपी गरीब भुरग्यांच्या हातांत एकादें बुद्दीचें नारींग, मनीसपणाचें सुरसुरें दिवन ताचो चेरो पर्जळून उडोवपाचीय बुद्धी आमकां जावंदी रे गणराया.

❖❖❖

शाळा सुरू जावन निकतेच 3-4 म्हयने जाल्यात. धावी पास जाल्ल्या भुरग्यांक विचारीत– 'फुडें कितें करता रे?' जाल्यार जाप येता–'कॉलेजींत वतां'. इकरावी बारावी ही कॉलेज न्हय. हायरसेकंडरी. तर तो म्हणटा न्हय. ती ज्युनियर कॉलेज. हें 'कॉलेज' ह्या उतरां विशीं खूब आकर्शण ह्या भुरग्यां मदीं दिसता. हांव कॉलेजींत वतां, कॉलेजीक गेल्लो, आमचे कॉलेजींत अशें आनी आमचे कॉलेजींत तशें. अशें भोव खोशयेन ते मिरयतात.

24. मोबायल : गरज, चैन काय जिवावयलो खेळ!

कॉलेज म्हणजे मळबाक हात तेंकोवपाची धांव. भायले सुंदरतायेक भुलपाचे संस्कृतीची सद्या चलती आसा. तेन्ना कॉलेजीन वचपी भुरग्याक गाडी, रेबन, मोटव्या हातांचो फंकी शर्ट, शेंपड्यांची पॅण्ट आनी मोबायल विथ ब्ल्यू टूथ, एफ. एम., एमपीथ्री आनी कॅमेरो ह्यो कॉलेज जिणेच्यो 'गरजेच्यो' गजाली जाल्यात. इतल्यो गजाली भुरग्यांक मेळनात जाल्यार तो 'हांव कॉलेजीक वचचोंच ना' म्हणपाक लेगीत फाटीं ना. आवय बापूय दोगांय नोकरी करतात. घरांत पयशांक उणाव ना. पूण भुरग्यांक जाय जाय तें दिवपाक आवय बापूय मातशे फाटीं फुडें जातात. पूण मागीर हेर भुरग्यां कडेन आसा अशें म्हणून आपुणूय घेवन दितात. मोबायल सादो आसप म्हणल्यार लजेची गजाल!

कॉलेजीच्या प्रिन्सिपलांनी, हेर प्राध्यापकांनी कितलेंय सांगलें, 'Mobiles are not allowed in campus' जाल्यार आयकता कोण? हालींच एका उच्च माध्यमीक विद्यालयाच्या प्रिन्सिपलान कबूल केलें की साठ टक्क्यांच्या वयर

भुरगे मोबायल वापरतात. कॉलेजींत हो आंकडो नव्वदांचेर आसतलो.

मोबायल हो सद्या 'गरजेची वस्तू' जालो खरो. पूण कॉलेजींत ताची खऱ्यांनीच गरज आसा? ही जण एकल्यान विचार करपा सारकी गजाल.

कॉलेजीच्या वेळार वचप. सोंपतकच घरा येवप. अभ्यास करप. सर्तींनी वांटो घेवप. हें जर जण एकल्या भुरग्याचें वेळापत्रक आसत, जाल्यार हातूंत मोबायल खंय येता? फोन कॉल्स येवपी चडशे इश्ट आसतात. पूण कॉलेजींत तर सगलेच इश्ट वांगडाच आसतात. मागीर मोबायलाची कितें गरज?

एका बापायन सांगलें, 'म्हजो चलो घरा उसरां पावता. तेन्ना कॉलेज सुट्टकच तो खंय आसता हें कळपाक मोबायल मजत करता'!

हांसचें काय रडचें कळना. एक तर फोनार तो चलो खरेंच सांगतलो हाची खात्री ना. आनी दुसरें, आपलो चलो वेळार घरा येवपाक जाय हाचे कडेन बापायन आडनदर केल्या.

मोबायलाची गरज त्या भुरग्याक आसा. जो आठ दीस घरा पसून पयस रावता. घरांतली खुशालकाय ताका कळटा आनी ताची घरा कडल्या मनशांक. पूण 'ब्लू टूथ, कॅमेरा' हाचीं तेमां कित्याक? ताका कितें तो खंय गेल्लो ताचे पुरावे सादर करपाचे आसतात? साऽऽदो मोबायल घेवपाक २-३ हजार रुपया पडटात. तातूंत १-२ हजार घाल्यार ब्लू टूथ, इंटरनॅट कनॅक्शन, कॅमेरो असो चकचकीत स्टायलीश मोबायल येता. आवय बापायच्या बोल्साक व्हडलीशी कातर लागना. पूण त्या एक-दोन हजारांनी कितले संभावीत धोके आपूण आपल्या भुरग्याक विकत घेतां हें कळना. आपलो भुरगो ताचो वापर, बरो-वायट, कितलो, केन्ना, कसो करतलो? हें कळपाक जाय.

ब्लू टुथाचो कसो कितें वापर जाता हे वापरप्यांकूय अर्द्यांक खबर नासता. मजेक म्हूण आपल्या मोगींचे फोटे, रेकॉर्डिंग, शुटिंग कांय जाण करतात. आपल्याच दोगां खातीर म्हूण आपलेच नाका नाका ते अवस्थेंतले फोटे काडटात. पूण खूब उण्या लोकांक खबर आशिल्ली गजाल म्हणल्यार तुवें मोबायलांचेर एक्सॅप्ट लेगीत करपाची गरज ना. बागेंत क्लासींत, हॉटेलांत, वेळेर खंय धा मिटरांच्या अंतराचेर रावून तुजो अख्खो मोबायल स्क्रीन करूं

येता. कितेंय 'खासगी' (पर्सनल) घेवं येता. कितेंय दीवं येता. ॲड करूं येता. कितेंय डिलीट करूं येता.

आपणाकच, दोगांकच पळोवपाक लागून केल्लें शुटिंग एका मिण्टान जगभर जावं येता. केन्ना केन्ना शुटिंग करपीच तें करूंक शकतात, आनी हें जगाक उक्तें जाले उपरांत, व्हड पातक होलमले उपरांत सगल्यांक चोरून केल्लीं कर्तुबां फुड्यांत थूय थूय नाचपाक लागतात. लग्ना पयलींच्या जोडयांक कॉलेजीच्या तरणाट्यांक, चलयांक, आवयक बापायक सगल्यांक ही निर्शेवणी जिवेशी उठयता.

हालींच एक खबर वाचली. पणजे भौशीक बागेंत एक मनीस मोगी जोडप्यांचे वेगवेगळ्या मुडांतले चोरून फोटो काडटा. भौशीक सुवातेर मोगींनी अशें नाका ते अवस्थेंत आसप ही पयली चूक. तांचे फोटे वा रॅकार्डिंग करप ही दुसरी चूक आनी कोण ताचो वापर बऱ्याक लागून करचोच ना. ते फोटे वा व्हिडियो टेप इंटरनेट ब्लू वल्डाक उक्तो करून दिवप ही तिसरी चूक. म्हणचे आतां आमी फकत चुकोच न्हय, तर चुकांचे वेगवेगळे पावंडे गांठपाक लागल्यात.

अर्थीक नदरेन जशें आमी सबळ जायत चल्ल्यात तस तशी नैतीक नदरेन खालावत चल्ल्यात. मोजपट्टे वयलो न्हयकारी प्रवास सुरू केला तोवूय न सोंपपी.

सद्या ब्लू वल्डांची बजबजपुरी ग्बूब वाडल्या. इंटरनेट सर्फींग करतना एक गुगल सायट उक्ती करीत जाल्यार बरेचशे असंबंदीत विंडो उक्ते जायत रावतात. नेमके कितें म्हायती जाय ती सोदून वाचता म्हणल्यार अर्दो वेळ हे नाका जाल्ले विंडो बंद करपाकूच वता. वांगडच्याचो मोबायल मातसो हातांत घेवन चाळपाक लेगीत भिरांत दिसता. कितें ताचेर आसत हाचो नेम नासता. ब्लू वल्डान सद्या mobile with blue tooth हो साऱ्याचें काम करता. खासा रेकॉर्डींग कसलें करचेंच पडना. सगलें मेळटा रेडिमेड आनी पौगंडावस्थेंतलीं कॉलेज भुरगीं हाचे भकीक पडटात. स्वताच्या बदलत्या शरिराविशींची उमळशीक, नवीन गिन्यान घेवपाची उमळशीक, जिज्ञासा आनी हातांतलो मोबायल तांकां सामको घुस्पटावन उडयता.

‘छोटेसे बहीण भाऊ, उद्याला मोठाले होऊ, उद्याच्या जगाला, उद्याच्या युगाला नवीन आकार देऊ’ म्हण अभिमानान शाळेंत सपनां पळोवपी तरणाटे आयज ह्या मायाजालान ‘हिप्नोटायज’ जाल्यात.

एका भुरग्याक विचारलें, ‘कॉलेजींत कित्याक वता? ताची जाप. ’हांव कॉलेज लायफ एन्जॉय करपाक कॉलेजींत वतां’. हें कॉलेज लायफ एन्जॉय करप म्हणल्यार कितें हें म्हाका खबर नासुंये घडये ताका खबर आसतली. टॅस्ट, सरप्रायज टॅस्ट, प्रॅक्टीकल्स, असायनमेंट, प्रॉजेक्ट, एक्झाम ह्या सगल्या रगड्या पसून आमी आमकां केन्ना अलिप्त केले नात. कॉलेज मेळ्या खातीर तीन दीस दिवप, परते अभ्यासाक लागप. पूण कॉलेजीनी जाल्ली इश्टागत, इश्टावळ ही व्हड येणावळ.

शाळा, कॉलेजी, युनिव्हर्सिटी ही इश्टागतीची सोबीत फुलां फुलोवपी कुरणां. विद्येच्या, गिन्यानाच्या रूखा वांगडा हांगा फुलता, फळटा ती मैत्री. मुखार आयुश्यभर सांगात दिता. पूण मैत्रीच्या ह्या पवित्र फुलांक, कुरणांक आयज कीड लागल्या विकृतायेची, असंस्कृतपणाची. जगांत वायटपण कोणाचेंच घेवंचें न्हय. आनी आपल्या वर्ग मित्रांचें, तर केन्नाच न्हय. आपल्या बांका वयले फाल्यां कोण जायत सांगू नज. आपलो ताका, वा ताचो आपल्याक मुखार केन्ना उपेग जायत सांगूं नज. आतां फाटीं वळून पळयतना इश्टावळ दिसता, ती फकत कॉलेजीची. निखळ मैत्रीची मजा. तीं स्पंदनां. ते रेशीम धागे दुसऱ्या खंयच्याच नात्याची बरोबरी करूंक शकनांत. आमी पयशे कितले जोडले हाचेर आयुश्य मेजचे नात तर मनशां कितलीं जोडली हाचेर आयुश्य मेजतलीं.

हालींच मडगांवां एके चलयेन दुसरे चलयेक क्लासींत आपोवन विद्यार्थ्यां मुखार मारलें. थंय बशिल्ल्या कोणें तरी ताचे विडिओ शुटींग काडलें. ब्लू टुथा वयल्यान सगल्यांक इंटरनेटार धाडलें. जगाचे स्क्रीनीचेर ते चलयेची लज काडली. दुसरे दिसा फोन, एसएमएस हांणीं चली हैराण जालें. इतलें की उलोवप लेगीत विसरलें. काचाबूल जालें. आपूण आतां कॉलेजींतूच वचना, आपल्याक लज दिसता म्हण निर्शेवणेक बळी पडलें.

उच्च माध्यमीक विद्यालयांतल्या ह्या प्रकराची खोलाय दिसता तितली उणी ना. हातूंत कॉलेजीची, आवयबापायची, पयशांची, संस्कारांची, नव्या विज्ञानीक क्रांतीची, मैत्रीची सगल्यांचीच 'हार' जाल्या. आनी जैत जालां विकृतायेचें. समाजान भरिल्ल्या क्रोर्याचें. असंस्कृतपणाचें आनी निर्लज्जपणाचें. हेडून हेडून शेण खावपाचे आमचें वृत्तीचे जैत जालां. आमकां पळोवन पळयात कशी विकृत हास्य कारता ती 'खुन्नस'. अशी खुन्नस, तयार जाता तीय बी आतांच धावी जाल्ल्या चलयां मदीं हो आमचे षंढ समाजवेवस्थेचो हारसोच म्हणपाचो.

धावी आपल्या थळाव्या वाठारांत करून इकरावेक ही चली व्हड कॉलेजींत आयलें जावंये. नवीन पावलार लागिल्ली ही ठेंच आयुश्यभर फाट सोडची ना.

हांगा दोन गजालींची याद जाता. पं. हरिवंशराय बच्चन हांची 'माँ क्या मुझको उडना आया' हे कवितेची आनी 'पाखरू' ह्या धावेच्या मराठी धड्याची.

वयर वचून झाडाची तेंगशी पळयली. सकयल वचून मूळ पळयलें. खांद्याचेर वचून पानां, फुलां, फळां पळयलीं. आतां म्हाका उडपाक आयलें? म्हण पावला पावलार आवयक विचारता. पूण आवय 'नही चुरूंगून तू भरमाया' म्हणटा. उकतें मळब म्हाका आपयता. म्हज्या पांखांत बळ भरलां, आंगांत आत्मविस्वास आसा अशें म्हणटकच आवय 'उड जा उड जा' म्हण पाखराक धाडटा. पयली उडी झाडां भायर घातिल्ल्या त्या पिलाक सगलें मळब गोपांत घेयन दिसता. तें उडटा, मळबांतल्या हेर पिलांक मेळटा, हांसता, नाचता, वाकुळटा, शिकता, खोशी जाता आनी अचकीत तागेले वांगडी आपणालें रूप बदलतात. ताचेर धांवून वतात. तें काचाबूल जाता. ताका कांयच कळना. ताच्या आंगार चोंचींचे घाव बसतात, पांखाचेर वार जातात. समाजाच्या नसान भिनिल्लें क्रौर्य उचंबळून वयर येता. पील रक्तबंबाळ जाता.

आतां रक्तबंबाळ अवस्थेंत, तुटूंक पाविल्ल्या पांखांनी, आनी काचाबूल हे मानसीक अवस्थेंपसून ताका वयर येवपाची संजीवनी मेळूं.

❖❖❖

दिवाळी म्हणली काय म्हाका मुजरत याद जाता ती देवेंद्र कांदोळकार सरांच्या ‘पणती जपून ठेवा’ ह्या पुस्तकाची आनी फाटोफाट ‘पणती जपून ठेवा’ हे कवितेची. सरभोंवतणीं काळखाचें साम्राज्य पातळिल्लें आसतना, हरणाचे बोमलेंतले कस्तुरीचे शिकारेक टपिल्ले शिकारी आसतना हीं नातीं कशीं जपून दवरपाचीं? कस्तुरी कशी जपून दवरपाची आनी प्रकाशाची पणटी कशी जपून दवरपाची ह्या वावटळांत घुस्मट्टना नाका तोंडांत सरभोंवतणच्या

25. काळखा वांगडा झगडूंक पणट्यो दवरुंया सांबाळून!

नरकासुरांनी धुमशेणां घालून तयार केल्ल्या वादळाचो धुल्ल माखिल्लो आसतना सद्विचारांची, आचारांची ही पण्टी. ‘पणती जपून ठेवा’ ह्या पुस्तकाच्या रुपान एक संजिवनी रामबाण उपाय हातांत आयिल्ले वरी दिसता. एक एक प्रकरण वाचतां वाचतां सगळें वादळ न्हिविल्ले वरी दिसता. सगळो धुल्ल सकयल बशिल्ले वरी दिसता आनी आदर्श, संविधानीक सगळ्या सुखांचे आगर अशी नवी समाजरचना दोळ्यां मुखार घोळपाक लागता. विज्ञाननिश्ठताय, तत्वां, आचारविचार हांचो पालव धरून निमाणे कडेन ‘नामदेवाक’ ‘पणती जपून ठेवा’ म्हूण मारिल्लो कळवळ्याचो उलो काळीज पिळून उडयता.

दिवाळी हो सण उजवाडाचो, काळखांतल्यान उजवाडा कडेन वचपाचो. अज्ञाना कडल्यान ज्ञाना कडेन वचपाचो. विकृती कडल्यान संस्कृताये कडेन वचपाचो. संकुचीत वृत्ती कडल्यान वैश्वीक भावचारा कडेन वचपाचो. सत्याचो विजय, बऱ्यान वायटार केल्लें जैत आमी मनयतात. विकृतायेचें

प्रतीक 'नरकासूर'. ताका आमी लासतात. पूण कशे? स्वता नरकासूर जावन!

नरकासूर तयार करपा खातीर लागीं केल्ली वर्गणी म्होवाळ्यांत आनी पोटांत घालतात त्या फोगाक खर्च जाता. हे विकृतायेचो आमी उदो उदो करतात. तिचें भव्य दिव्यतायेचें प्रदर्शन घडयतात. अचकट विचकट धुमशेणां कांडीत आमच्यांतलेय नरकासूर डबे बडोवन नाचपाक लागतात. मांडा-मांडार चिली चिकनाच्यो, बियर-सोऱ्याच्यो पाट्यो जातात. नरकासूराच्या निमतान रातभर घरांतल्यान भायर रावपाक आवय बापाय कडल्यान लायसनूच मेळिल्लें आसता. ताच्या नांवार सगळें खपता. रातभर बेधुंद नशेंत नाचप आनी फांतोडेर नरकासूराक लासून घरा येवप ही आमची नवी संस्कृतीक अस्मिताय जावंक लागल्या. नवी संस्कृतीक वळख जावंक लागल्या.

काळ बदल्ला तशे नरकासूर बदल्ल्यात. फरक इतलोच की तांचो नाश करपी कृष्ण अजून जल्माक येवंचो आसा. आधुनीक नरकासूर हे वेगवेगळीं म्होंवाळीं घालून समाजांत तुमच्या आमच्या वांगडा वावरत आसात. आतांच्या नरकासुरांचीं म्होंवाळीं ल्हान भुरगीं पळयतकीच रडटलीं, भियेतलीं तसलीं नात. तांचीं म्होंवाळीं मवाळ, साद्या भोळ्या आम आदमीच्या तोंडावरीं. आनी तोंडांतल्यान तर टप टप म्होंव गाळपी हे 'म्होंवाळखोर' नरकासूर वळखुपाक भोव कठीण. तें केन्ना कशे आपलीं शिंगां काडून तुका फाटल्यान तोंपीत तें सांगू नज. तांकां संरक्षण आसता सत्तेचें धुंदीचें. हजार फावटीं विकून विकून सवाय जाल्ल्या आनी शंबर फावटीं दबावा खाला वचून वचून चेपट्या, गुळगुळीत जाल्ल्या कायद्याचें. काळ्या पयशांचें, सत्तेचें चिलखत घालून म्होंवासाणींन ते समाजांत मिरयतात आनी तांच्या पांयां फाटल्यान आमी तें सगळें म्होंव लागीं करीत सुण्यां सारकें शेंपडी हालयत वफादारी दाखयत भोंवतात. निश्ठावन कार्यकर्ते आनी जापसालदार मनीस म्हूण मिरयतात.

गोंयभर ह्या नरकासुरांचो नागडो नाच चालू आसा. कोण तकली वयर काडटा काय म्हूण तांच्यो टिंगरी टपिल्ल्यो आसात. तांचे सुळे भायर सरपाक लागल्यात. तांचीं शिंगां लांब जावपाक लागल्यात. कोणाचे हात कातरतात. कोणाची जिबली कातरून उडयतात. कोणाचीं बोटां कापतात तर कोणाचीं

पेनां झोंबून घेतात. कोणाकूच बदनात. अशा मनशां खातीर तांणीं खास पोशिल्लें सुणें फाट सोडिनात. सगळे वटेन तांचें जैत जायत आसा. 'अंधेरा कायम रहे' हें शक्तीमानांतल्या किल्मिशाचें सपन ते पुराय करतात. पूण ह्यो वृत्ती पण्ट्यो पालोवन उडयतात. सुविचाराची कोमरी कातरून उडयतात.

दिवाळेच्या निमतान नरकासुररुपी प्रतिकात्मक विकृती लासतना आमच्यांत आशिल्लो निदान एक तरी दुर्गूण लासून उडोवंया आनी सद्विचारांचे रोंपे मना मनांत रुजोवंया.

रविंद्रनाथ टागोर हांचे प्रसिद्ध अशें वाक्य आसा– सूर्य जेन्ना अस्तमतेक वचपाक लागता तेन्ना ताणें विचारलें, 'म्हजे फाटल्यान ह्या संवसाराक उजवाड दिवपाचें काम कोण करतलो? चंद्र–नखेत्रांनी सगळ्यांची लजेन मान सकयल घाली तेन्ना एक मिणमिणटी पण्टी मुखार आयली आनी म्हणपाक लागली. 'म्हजे परीन जितलें जाता तितलें हांव करतलीं. ह्या जगाक उजवाड दिवपाचें काम हांव करतलीं!' केदो व्हड आत्मविश्वास ते पण्टेचो! इल्लिशी पणटी काय जग पर्जळावंक शकना. पूण जेन्ना दिवाळी येता तेन्ना सुर्याच्या प्रखर तेजाचो आसपाव नाशिल्ल्यो पूण मंद मंद उजवाड दिवन रातभर हो संवसार पर्जळान उडयतात दारांतल्यो हजारांनी लाखांनी पण्ट्यो.

पण्टी हें सदविचारांचें प्रतीक. उन्मत्त जाल्ल्या ह्या आधुनीक नरकासुरांचो वध करपाक विचारांचेंच शस्त्र चलोवचें पडटलें. नेपोलयिन म्हणटालो, 'एक हजार तरसादी परस आपल्या आड बरोवपी एक दिसाळें चड भंयकर आसा!' आयज आमी पळयतात, सगळ्या सत्ताधाऱ्यांक हुकुमशाहांक आपले परस वेगळो विचार खपना. तांकां शस्त्राचो न्हय, विचारांचो भंय दिसता. विचारवंतांचो भंय दिसता.

नाइलाजान आयज हेंवूय मान्य करचें पडटा की मनशान आपले बुद्दीचो वापर थांबयला: ताका विचार करपाची जी सैमीक देणगी लाबल्या तिचो पुरायेन गैरउपेग तो आपली बुद्द वापरिनासतना करता आनी हेंच आयज देशाक मारक थारलां. सत्ताधाऱ्यांक आपल्या कदेलार विस्वास आसा. शिपायांक आपले तरसादीचेर विस्वास आसा. मनशाक आपले बुद्दीचेर विस्वास उरूंक

ना. कितली ही अधोगती!

आपली सद्सद्विवेक बुद्द वापरून सत्यनिश्ठा विचार आचरप ही काळाची गरज. आपणें एक सुविचार आचरप म्हणल्यार एक पण्टी पेटोवप. हो मुळावो विचार करून तांचो आंकडो वाडोवपाची जापसालदारकी जण एकल्याचेर आसा अश्योच लक्ष लक्ष कोटी कोटी सद्विचार-अविचारांच्यो पण्ट्यो पेटोवन ह्या संवसारांतल्यान असत्याचें विकृतीचें, अमानुशतायेचें, अविचारांचें, अखिल मनीस जातीक लुकसाण करपी अशें सगळ्यांचें अस्तित्वच जेन्ना ना करून उडोवन हो संवसार नव्या तेजान भरतलो तोच खरो दसरो आनी तीच खरी दिवाळी आसतली.

❖❖❖

वाडटे पिरायेचे दर एके चलयेक एक सपन आसता. सपनांत तिच्या काळजांतलो राजकुंवर आसता. त्या राजकुंवरा वांगडा आपले सुखी जिणेचे, संवसाराचे मनोरे ती बांदता. फुडें आपलीं सपनां साकार करपाक हें मोगी जोडपें लग्न जाता.

मोग हो जरी वैयक्तीक प्रस्न आसलो तरी लग्न करप हो समाजा कडेन संबंदीत संस्कार. मोगाचें रुपांतर लग्नात जाता. तें सोंपेपणी जाताच अशें ना.

26. हिंदू जनजागृती समिती काट्यांतलीं फुलां फुलयत?

केन्ना केन्ना थंय हजारांनी कांटे, आडमेळीं उबीं रावतात. हे कांटे आसतात पयशांचे, धर्माचे, जातीचे, पोटजातींचे आनी तरातरांचे. हीं सगळीं आडमेळीं पयस करून चली लग्न जाता खरें. पूण तरिकूय कांट्यांची ही वाट सोंपून सोंपना.

अशाच एका कांट्यांतल्या फुलाची गजाल. धा वर्सां पयलींची. गोंयांतल्याच एका गांवांतले एके चलयेन अशींच सोबीत सपनां पळयल्लीं. ताणेंय मोग करपाचें पाप केल्लें. हय पापूच तें. कारण चलो सवर्ण आनी चली दलीत. दोगांय लग्न जालीं. पूण घोवागेर वतना वाटेर 'जाती' चो कांटो लागलो. 'दलीत' म्हूण चल्याच्या सोयऱ्यांनी तिका सून म्हूण स्विकारपाक खर विरोध केलो. चल्याच्या घरा तसो कोण नासलो. बापूय एकलोच. बापायक सुनेची गरज आसली. पूण सोयरीं तयार नासलीं. मोगाक खंय जात -धर्म लागता?

चलो लग्न जालोच, पूण घरा येवपाक धजलो ना. दुसऱ्या गांवांत बिराड करून रावपाक लागलो. बेकार आशिल्ल्यान वाऱ्यार दीस काडपाक लागलो.

अनिसच्या एका कार्यकर्त्यान दलीत समाजांतल्याच ताच्या इश्टान ही खबर सांगली आनी 'तुमच्याच गांवांत अशें घडून तूं ओगी कसो?' असो प्रस्न केलो. अनिसच्या कार्यकर्त्यांनी रोखडय़ोच हालचाली सुरू केल्यो. चलयेच्या आनी चल्याच्या बापाय कडेन उलोवणीं केलीं. चलयेच्या घरचीं खोशेन रड्डूकूच लागलीं. हेवाटेन चल्याच्या बापायकूय खूब बरें दिसलें. जाण्टेपणांत सुनेचो आदार जायच आशिल्लो. ताणें म्हणलें, 'सून न्हय, म्हजी चलीच येता अशें समजन. सुनेक तुमी घरा हाडटात जाल्यार खूब खोशेची गजाल. पूण आमची फामील तें सोंसून घेवंची ना. तुमकां गाळी घेवंच्यो पडटल्यो.' 'तुमका सून जाय मूं? तुमची तयारी आसा मूं सुनेक घरांत घेवपाची? जालें तर. फुडलें आमचेर सोंपयात' अशा उतरांनी कार्यकर्त्यांनी धीर दिलो आनी घरच्या कडेन उलोवणी केली. अर्थात विरोध जालोच. कार्यकर्त्यांनी आपले परीन समजावपाचो यत्न केलो आनी सुनेक मानान घरा हाडपाचें थारायलें.

अनिसान तांच्या सत्काराची जाहीर कार्यावळ दवरली. गोंयभरचे अनिस कार्यकर्ते, समासेवक, विचारवंत, पत्रकार, हाजीर रावले. जाती वेवस्थेचेर प्रबोधन जालें. माचयेर नव्या जोडप्या बराबर तांच्या घरच्यांचोय भोवमान केलो. हो सुवाळो चालू आसतना कांय धर्ममार्तंड फाटले वटेन बसून भगल्यो मारताले. तांणीं कसलो तरी प्लान आंखिल्लो. कसलो तो उपरांत कळ्ळो.

सुवाळ्या उपरांत सगळे मानेस्त नवे सुनेच्या हातचें जेवपाक गेले. हक्काच्या घरांत आयिल्ले व्हंकलेन व्हडा खोशेन पत्रावळींचेर धंयफोव करून वाडिल्ले. सुदाम्याचे फोव खावचे तशे मायेमोगान केल्ले फोव सगल्यांनी खाले आनी जेन्ना हे सगळे लोक भायर सरले तेन्ना हिंदू धर्माचे राखणे गांवांतल्या लोकांक घेवन फुडें आयले आनी धक्काबुक्की करपाक लागले. तांणीं गांवांतल्या लोकांच्यो तकल्यो भडकायल्ल्यो. जाती वेवस्था विरूद्ध मानवतावादी असो विचारांचो संघर्श सुरू जाल्लो. अनिसच्या कार्यकर्त्यांनी

समजावपाचो खूब प्रयत्न केलो, पूण ते आयकले नात. हेंxxलें चेडूं फाल्यां आमचे बांयचेर उदक भरपाक येतलें. आमच्या देवळांत येतलें. आमच्या बायलां वांगडा भोंवतलें. आमकां कितें धर्म ना? हांगां दवरश्यात जाल्यार ताका आमी वीख घालून मारतले.' अश्यो धमक्यो मेळ्ळयो. चलयेच्या जिवाक भंय उप्राशिल्ल्यान त्या दोगांकय परतून गांव सोडचो पडलो! सुनेची वाट पळयत कांय वर्सांनी बापायन संवसाराचो निरोप घेतलो. मरतना निमणें घडयेक लेगीत सून मांवा म्हऱ्यात पावली ना. चली सणा परबेक येवन वता, पूण सुनेक अजून तें घर ना. तो गांव ना.

...अजून कितलींशीच सपनां अपूर्ण उरल्यांत. चल्याचें आपले बायलेक घरा हाडपाचें सपन. नव्यान लग्न जाल्ले हेर इश्ट आपापल्या बायलांक स्कुटरीचेर घेवन भोंवतात तशें सोयऱ्यांचीं घरां, देवळां भोंवपाचें सपन. मांवाचें सुनेच्या हातचें सुरबूस जेवण जेवपाचें सपन. सुनेचें आपल्या हक्काच्या सोबीत घरांत रावपाचें. मांवाची सेवा करपाचें. सुखा समाधानान नंदपाचें सपन...!

हीं सपनां कोण पुराय करपाक शकतलो काय असो प्रस्न म्हाका पडिल्लो. इतल्यान उगडास जालो हिंदू धर्माची राखण करपी हिंदू जनजागृती समितीचो. ही समिती हिंदूं खातीर खूब कितें करता अशें तांच्या पत्रकांतल्यान वाचपाक मेळटा. ही समिती आंदोलनांय करतात. हिंदूंच्यो भावना दुखोवप्यांच्यो सभाय उधळून लायता. हांवें उल्लेख केला त्या प्रकरणांतलीं चलो-चली दोगांय हिंदूच. म्हणटकच तांचो प्रस्न ही समितीच बेस बरी हाताळपाक शकता.

म्हज्या मनांत प्रस्नांचें म्होवाळें उठलां. म्होंवामूस घूंव घूंव करतात. विचारतात - हिंदू सगळे एक जाल्यार ताचें एक आंग इतलें पर्जळीत आनी दुसरें इतलें काळखांत कशे? आयज लेगीत दलित बायलांक भौशीक नळांचेर उदक भरपाक दिनात. गळ्यांतलें थुंकयेचें मुंडकुलें गेलें. पूण धोल आजून गळ्यांत. कमराचे फाटल्यान पांयांचे ठशे पुसपी पानां गेलीं. पूण फाटीक लागिल्ली 'आफडीची साडेसाती' गेली ना. देव हो सर्वशक्तीमान आनी सगळीं

मनशां तार्चीच भुरगीं हें हिंदू तत्वज्ञान जाल्यार एक लेकरू देवळांत वता आनी दुसरे सोंपणांचेर आडखता हें कशें? एका लेकराक शेनाय चौघुडे वाजोवन मिरयत घरांत हाडटात जाल्यार दुसऱ्या लेकरांक ताच्या स्वताच्या घरांतल्यान धांवडावन घालतात हें कशें? आदीं गांवांतली घाण हरिजन साफ करताले. ते हळशीक कामां करतात म्हण तांकां गांवां भायर दवरताले. सकाळीं उठून आमी दाव्या हातान कितें करतात? घाण साफ करतात म्हूण कोण दावो हात कापून उडयता?

हिंदू धर्माक दशिल्लो हो दाग समिती पयस करपाचें काम करीत? हिंदू जनजागृतीचें काम करून ते सुनेक तिचें हक्काचें घर मेळोवन दीत? बरो संवसार करप हो भारतीय संस्कृतींत वाडिल्ले दर एकले चलयेचो 'धर्म'. एके चलयेचो, एके सुनेचो धर्म संकश्टांत आयला. 'संवसारधर्म'! धर्माची राखण करपी हिंदू जनजागृती समिती तिच्या या धर्माची राखण करीत?

मनीस म्हण मानान जगपाचो हक्क, भियेनासतना आपले विचार मांडपाचो हक्क दरेका मनशाक आसा. देवा-धर्माचेर, जाती वेवस्थेचेर उलोवप हें पाप न्हय. ते विशींचें प्रबोधन गरजेचें. आयज धर्माचो बाजार चल्ला ते फाटभुंयेर तर सामकेंच गरजेचें. धर्माची चिकित्सा जावप गरजेचें. ती चार्वाक, बुद्धा पासून ते सावकार विवेकानंदा मेरेन सगळ्यांनी केल्या.

विज्ञान आयज आमचे जिणेचो वेगळावं नज असो घटक. मनशान चंद्रार पावल दवरल्यार चाळीस वर्सां जालीं. तेन्ना अशें घडूंकूच ना म्हणपी लोक आशिल्ले. आयजूय आसात. पूण विज्ञानाच्या सगळ्या सोदांचो उपभोग मात ते घेतात. सगळ्यो भौशीक वस्तू विज्ञानाचीच फलोत्पती. मॅडिकल सायन्सीच्या आदारान आपली पिराय वाडोवन, एसीचो वारो खावन आलिशान गाडयांनी भोंवून लॅपटॉप वापरून, दोळ्यांक वक्ल लावन हातांत पेन घेवन कांय लोक सांगतात, 'विज्ञानाचेर विस्वास दवरूं नाकात. आध्यात्मीक उन्नती करात. वक्ल हांव वापरतां तुमी वापरू नाकात. विज्ञानान दिल्ल्या वस्तूंतल्यान हांव जग पळयतां, तुमी कुडडे जायात. हांव सांगतां तें फकत आयकात. तुमच्या

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY ★ विश्व कोंकणी केंद्र ग्रंथालय ★

नाकार वक्ल चडलें जाल्यार वेगवेगळ्या दोळ्यांक वेगवेगळें दिसतलें. तें पळोवं नाकात. म्हज्याच वक्लांतल्यान पळयात आनी फकत हांव सांगतां तें तुमी आयकात.'

हिंदू जनजागृती समितीकूय अशेंच म्हणपाचें आसा अशें दिसता. हिंदू जनजागृती समिती मुखार हांवें एक हिंदू जोडप्याची देख दवरल्या. तांणीं तें प्रकरण सोडोवन समेस्त हिंदूंक बरी देख दिवंची आनी सगळ्यांचो विस्वास मेळोवचो.

❖❖❖

तुळशीचें लग्न हो भारतीय संस्कृतींतलो एक व्हड विधी. इतलो की नरकासूर वध ही धाकली दिवाळी तर तुळशीचें लग्न ही व्हडली दिवाळी म्हूण आमी मनयतात. इतलेंच न्हय, तर तुळशीचें लग्न जाले बगर मनशांच्या लग्नाचे म्हुर्त काडिनात.

ह्या विधीचें स्वरूप मांगतना भारतीय संस्कृती कोशांत म्हणलां. 'विष्णूचें तुळशी वांगडा लग्न लावप.' ज्या संस्कृत ग्रंथांतल्यान हें घेतलां तो मूळ

27. तुळशीचें लग्न कोणा बराबर ?

'व्रतराज' नांवाचो ग्रंथ भट्ट विश्वनाथ दैवज्ञ संगमेश्वर जोशी ह्या लेखकान बरयला. ज्या पुराणांतल्या कथांचेर हो विधी आदारिल्लो आसा तांचो समिक्षा आनी सांस्कृतीक दिश्टीन तांचें मुल्यमापन डॉ. आ. ह. साळुंखे हांच्या 'तुळशीचें लग्न: एक समिक्षा' ह्या मराठी पुस्तकांत केल्या. तें वाचून खंयचेंच संवेदनशील मन अस्वस्थ जाले बगर रावचें ना.

शिवपुराणांत जालंधर आनी वृंदा हांची कथा सनतकुमार व्यासांक सांगता ती अशी -

एकदां इंद्र आनी ब्रहस्पती शंकराक मेळपाक वतात. ते येतात तें पळोवन शंकर तांची परिक्षा घेवपाचें थारायता, पूण आपले सत्तेन दुर्मद जाल्लो इंद्र ताका वळखना आनी ताचो अपमान करता. शंकर तिडकता. इतलो तांबडो जाता आनी तेजान पेट्टा आनी इंद्र हुलपता. ब्रहस्पतीक ताची वळख पट्टा आनी तो माफी मागता. इंद्रय माफी मागता पूण सोरपान एकदां उडयिल्ली कात

तो परतो आंगार चडयना तसोच आपलोय एकदां दोळ्यांवाटयां काडिल्लो राग परतो गिळीना. इंद्र आनी ब्रहस्पती खूब काकुळटेक येतात तेन्ना शंकर तें तेज इंद्रापसून पयस, दर्यांत उडयता. थंय त्या तेजाचें रूप एक ल्हान भुरगें घेता आनी समुद्राचो पूत शर-वीर, धर्म जाणट्यां मदीं श्रेश्ठ असो 'जालंधर' जल्माक येता. फुडें ताचें लग्न 'कालनेमी' ह्या श्रेश्ठ असुराचे वृंदा हे चलये वांगडा जाता. धर्मान राज्य करपी, शूर-वीर शंकराचो अंश दैत्यराज जालंधर आनी शीलवान, पवित्र, पतिव्रता अशी वृंदा तिनूय लोकांनी नांवारूपाक येता.

दैत्तगुरू शुक्राचार्या कडल्यान जालंधराक तांचो पयलींचो इतिहास कळटा. बळी नांवाचो अती शक्तीशाली वीर, जाणें सगळ्या देवांचो पराभव जाले उपरांत ते सगळे विष्णूक शरण गेले आनी आपलो सुवार्थ बेस बरो वळखुपी विष्णून असुरां वांगडा एक तह केलो. 'समुद्र मंथनाचो'. समुद्रमंथनांतल्यान आयिल्लीं सगळीं अस्त्रां, रत्नां, अमृत सुरांनी कपटान घेतलें आनी उन्मत्त जाल्ल्या असुरांनी सुरांचो पराभव केलो. विष्णून भर देवसभेंत अमृत पियेवपी राहूचो शिरच्छेद केलो. शीर नासलेले राहूचें धड पळोवन दैत्यराज जालंधर....तांबडो जालो. आपल्या 'घुस्पर' नांवाच्या दुताक ताणें विष्णूचो पक्षपाती इंद्रा कडेन धाडलो आनी ताका विचारलें, 'तुवें समुद्रमंथन कित्याक केलें? म्हज्या बापायर्ची अमुल्य अशीं रत्नां तुवें कित्याक व्हेलीं? हें तुवें बरोबर करूंक ना. तेन्ना तीं सगळीं रत्नां म्हाका परत दी, सगळ्या देवासकट म्हाका शरण यो. ना जाल्यार परिणाम वायट जातले.' हें आयकून इंद्राक राग आयलो. आपणें कोणा कोणाचो पराभव कसो कसो केला, आपल्या रागाचे कोण कोण कशे कशे शिकारी जाल्यात तें सांगून इंद्रान दुताक परत धाडलो आनी दोनूय वटांनी झुजाची तयारी सुरू जाली.

झुजांत शंकराचो अंश आशिल्लो जालंधर कसोच वधना. झुजांत मरण आयिल्ल्या असुरांक संजीवनीचे मजतीन शुक्राचार्य जिवे करतालो तर मेल्ल्या देवांक द्रोणाद्री पर्वता वयल्यान दिव्य वनस्पतीन बृहस्पती जिते करतालो. जालंधर इतलो हुशार आनी शूर की ताणें आख्खो द्रोणाद्री पर्वत हाडून दर्यांत दवरलो तेन्ना देव काचाबूल जाले. बृहस्पतीन सांगलें 'शंकराचो अंश हो जालंधर महाप्रतापी. तेन्ना पळात आतां तुमची धडगत ना.' सगळो स्वर्ग ताणें

काबीज केलो. विष्णू रणांगणार देंवलो. खर झूज जालें. पूण विष्णूक लेगीत जालंधरान बंदी करून जालंधर नगरींत व्हेलो.

जालंधर नगरींत सगळी प्रजा सुखा समाधानान आसली, पूण देव मात मत्सरान जळटाले. तांणीं जालंधराक मारपाक लागून शंकराक सांगणें घालें. आपलें जालंधरा कडेन वैर कांय ना पूण आपूण तुमकां लागून ताका मारतलों अशें शंकरान देवांक सांगलें. तांचे मदीं खर झूज जालें. देवी काली लेगीत जालंधराक हारोवपाक शकना जाली.

हे वटेन...

जालंधर नगरींत वृंदेचेर विष्णूची वायट नदर गेली. जे मेरेन हिचें पातिव्रत्य नश्ट जायना ते मेरेन जालंधर मरचो ना. तेन्ना ताची ताकद आशिल्लें हिचें पावित्र्य भंग जाल्यार तो मरतलो. कपट, कारस्थानां, वेगळीं वेगळीं रुपां घेवपांत वस्ताद आशिल्ल्या विष्णून, तिका भयंकर सपनां दाखयलीं. एक तपस्वी जावन तिचो विस्वास संपादन केलो. वायट सपनांनी काचाबूल जाल्ले वृंदेन आपल्या घोवाचे खुशालकाये विशीं विचारलें तेन्ना, तुजो प्रिय जालंधर तुका सोडून गेलो, शंकरान ताचो वध केलो अशें ताणें सांगलें. तें आयकून ती रडूंक लागली. तिची शुद्ध गेली. सादुर जातकच ती परती रडूंक लागली तेन्ना तपस्वीन तिका तुज्या जालंधराक आपूण जितो करतां म्हणलें आनी जितो जिवो जालंधर तिचे मुखार आयलो. ताका पळोवन तिका भोव खोस जाली आनी ती ताच्या गोपांत गेली. जालंधराचें रूप घेतिल्ल्या त्या विष्णून तिचो उपभोग घेतलो. जेन्ना तिका कळ्ळें तेन्ना ती रागान तांबडीगूंज जाली.

धिक्‌त देव हरे - शील परदाराभिगामीन

ज्ञातोऽ सी त्वं मया सम्यग्मायी प्रत्यक्ष तापस:।।

'परस्त्री कडेन गमन करपी तुज्या शिलाचो धिक्कार आसूं, तूं तापस जावन कपट केलां' अशें म्हणून पतिव्रत्यान युक्त अशें तिणें ताका शाप दिलो आनी ती उज्याचे सुवादीन जाली.

हे वटेन पत्नीचें शील भ्रश्ट जालें तेन्ना जालंधराची शक्त गेली आनी तो मेलो. तिचें पावित्र्य, पतिव्रत ही ताची ताकद आसूं वा नासूं पूण झुजाच्या प्रसंगांत जेन्ना एका खिणाचें लेगीत बेजबाबदारपण खपना, आणिबाणिचो अटीतटीचो

संघर्श चालू आसतना जेन्ना एका झुजाऱ्याक कळटा की आपली प्रिय अशी पत्नी ह्या संवसारक अंतरल्या. आपल्याक सोडून गेल्या. आनी तीय बी तिच्या आयुश्यभर जपिल्ल्या शिलाक कोणें तरी अधमान भ्रश्ट केल्ल्यान ती उज्याचे सुवादीन जाल्या. तेन्ना खंयच्याच झुजाऱ्याचें मन झुजान पयलीं आशिल्ल्या प्रमाण एकाग्र जावंकूच शकना. ताची चलबिचल जाली आसतली. आंगांतले त्राण गेले आसतले. आनी हेंच ताच्या मरणाचें कारण जावं येता.

जालंधराचें मरण हें शक्तीन न्हय तर कपटान जालें. ताची ताकद जर इतली चड आशिल्ली, आपले बायलेचें पतिव्रत्य हीच जर ताची ताकद आशिल्ली जाल्यार तीच तितलीच ताकद देवां कडेन कित्याक नासली? तांच्यो बायलो वृंदे इतल्यो पतिव्रता नासल्यो?

विष्णू बराबर आयिल्लो वृंदेचो संबंद हो तिची विटंबणा करपी खीण. ती जालंधराची बायल, म्हणजे विष्णूचे दिश्टीन ती परस्त्री म्हणून तर परस्त्री कडेन गमन करपी तुजो धिक्कार आसूं अशें ती म्हणटा. विष्णूच्या तोंडार ती ताका महा अधम हें विशेशण वापरता. म्हणचे, ताणें केल्ल्या कर्माक बलात्कार अशेंच म्हणचें पडटलें. तिणें उज्यान उडी घेवप ही तिची वेदना. तिची जीवननिश्ठा आनी आयुश्यभर जपिल्लीं तत्त्वां हांचो परिपाक म्हणपाचो. आपली अशी विटंबणा तिका सहन जावंक ना आसतली. ती सत्व आनी स्वत्व सांडिल्ली व्याकूळ अशी जावन तिका आपलो एक एक स्वास जड लागलो आसतलो. जीणभराचें आपलें निर्मळपण गेलें. हातूंत ती आरपार उद्ध्वस्त जाली आसतली. आपल्या जगपांत आतां कांय उरूंक ना ही असहाय्यता तिका उज्या कडेन घेवन गेली आसतली. ही तिची आत्महत्याच.

विष्णूचें हें कर्तूब हो बलात्कार. 'शिवपुराणान' आनी फुडें 'देवी भागवत' ह्या ग्रंथांनी केल्लो त्या कृत्याचो उदो उदो, तुळशीचो केल्लो जयजयकार, आयिल्ल्या दिसा कार्तीक एकादशीक लायिल्लें विष्णूचें तुळशीवांगडा लग्न. हें सगळें बलात्कार मनोवपाचीं लक्षणां हें सत. खंयचेय दिश्टीन कोणेंय कोणाचेरूय केल्लो बलात्कार. हो समर्थनीय जावंक शकना आनी व्हडा दबाज्यान मनोवपाचो खीण तर निश्चितूच न्हय.

हांगा मुजरत छ. शिवाजी महाराजांची याद जाता. परस्त्रीक ते आवय

समान मानताले. इतलेंच न्हय तर दुस्मानाचे बायलेक लेगीत आवय भाशेन मानताले आनी आपल्या सैनिकांनीय तशेंच करपाक जाय हें बारकायेन पळयताले. तांचे मुखार विष्णूचें हें कृत्य आनी विष्णू कुसुकटासमान दिसता.

तुळस ही जालंधराची बायल तर विष्णू हो देवी लक्ष्मीचो घोव. तेन्ना त्या दोगांयचें लग्न खंयचेय दिश्टीन समर्थनीय दिसना. दुसरें म्हणचे लक्ष्मी ही समुद्रमंथनांतल्यान आयिल्ली म्हणचे ती जालंधराची भयण. म्हणचे आपल्याच मेवण्याचे बायलेचेर केल्लो हो अतीप्रसंग. दुसरें शंकराच्या तेजा पसून जाल्लो जालंधर हो शंकराचो पूत म्हणपाचो. कित्याक तर कार्तिकेयाच्या जल्माची कथा अशीच आसा. ताका शंकराचो पूत म्हूण वळखतात. तेन्ना विष्णून केल्लो हो अतीप्रसंग दुसऱ्या तिसऱ्या कोणाचेर नासून तो शिवशंकराचे सुनेचेर केल्लो आसा.

चार लेखणी बहाद्दरांनी आर्य विष्णून केल्लीं कुकर्मां धापपाक लागून शिवपुराण, देवी भागवत ह्या ग्रंथांनी कथे फाटल्यान केल्ली लावालावी ही तेन्नाच्या हजारा लाखांनी होय सायबा म्हूण आपली बुद्द घाण दवरिल्ल्या लोकांक सांगपाक लागून केल्ली. ती आयजूय जशाचे तशी मान्य करून घेवप आनी दर वर्सा तुळशीचें लग्न तुळशी खातीर महाअधम, कपटी आशिल्ल्या विष्णू वांगडा लावन दिवप म्हणजे तेन्ना तिणें केल्ल्या धिक्काराक मुद्दाम दिश्टी आड करप. हें कितलें समा?

जी गजाल तिका जिवेशी उठयना. तिच्या घोवाक मरणाक धाडटा. तिचो बशिल्लो, फुलिल्लो, फळिल्लो संवसार उद्ध्वस्त करता तो खीण आमी कित्याक मनोवप? वर्सभर जे तुळशीची आमी मनोभावान पुजा करतात आनी घराघरांतली दर एक बायल तिका आदर्श पतिव्रता म्हूण पळयता तिका लग्नाच्या ह्या निमतान आमी तिचेर जाल्ल्या बलात्काराचो उदो उदो कित्याक करपाचो? तिचें लग्नूच लावपाचें आसा जाल्यार तें जालंधरा कडेन तिच्या घोवा कडेन लावया आनी आयुश्यभर तिणें जपिल्ल्या तिच्या शिलाक, पावित्र्याक, तिच्या पतिव्रत्याक नमन करुया.

❖❖❖

वेंचणुके निमतान आचार संहीता लागू जाता. code of conduct. हे आचार संहिते प्रमाण राजकी मळावेल्या फुडाऱ्यांनी कशें वागप? कितें करप? कितें करप ना? हाचे कांय नेम थारायिल्ले आसात. हे आचार संहितेचो भंग केल्यार वेंचणूक आयोगा कडेन कागाळ करूं येता. ताका लागून कांय प्रमाणांत तरी काळीं कर्तुबां करपी वा स्वैर फुडाऱ्यांचे हात बांदिल्लें उरतात. आचार संहिता लागू करपा फाटल्यान कोणाच्या व्यक्ती स्वातंत्र्याचेर घुरी

28. 'आचार संहिता' सगळ्यांखातीर कित्याक आसची न्हय?

घालपाचो यत्न नासून समाजस्वास्थ्याक जें जें कितें हानीकारक आसा ताचेर बंदनां येतात. निदान हे आचार संहितेक लागून वेंचणुकांच्या दिसांनी जिवाक मातशें सूं जाता.

अशीच आचार संहिता पूण वेगळ्या नेमांची, मनीसपणाच्या आचरणाची, सुसंस्कृतपणाच्या आचरणाची सगळ्यांकच कित्याक लागू करची न्हय? असो एक विचार म्हज्या मनांत आयलो. हेत इतलोच की स्वातंत्र्याच्या नांवान, व्यक्तीस्वातंत्र्याच्या नांवान केल्ल्या स्वैराचारा, व्यभिचाराक, उधळपट्टेक आळाबंद बसचो. खंयचे खंय व्हांवून वचपी आमकां सरळ मनीसपणाचो मार्ग मेळचो.

भौशीक जिणेंत वेगळे नेम थारायिल्ली ही आचार संहिता सगळ्यांकच सदां खातीर लागू करची. चल्यांक, चलयांक, दादल्यांक, बायलांक, विद्यार्थ्यांक, शिक्षकांक, सरकारी कर्मचाऱ्यांक, उद्देजकांक, ड्रायव्हरांक, कंडक्टरांक,

क्लिनरांक, बशींतल्या लोकांक, रस्त्यार फुटपाथार भोंवपी, बसपी लोकांक, बागेंत बसप्यांक, थेटरांत बसप्यांक, दर्या वेळांचेर भोंवप्यांक, बाजारांत भोंवपी लोकांक, नोकरांक, भौशीक सुवातां वयल्यांक सगळ्यांकच ही वेगवेगळ्या नेमांची आचार संहिता लागू करची. हे आचार संहितेची कडक अंमलबजावणी गोंयकारांनी करची. आचार संहितेचो भंग केल्यार लागींच हाता कडेन वा काना कडेन कागाळ करपाक सुविधा आसची आनी झटपट ताचो निकाल लावन ख्यास्त दिवची.

गोंयकारा बराबर देशी विदेशी पर्यटकांकूय आचार संहिता लागू करची. आयज खंयचेय दर्यावेळेर वचत जाल्यार शाण्या सुसंस्कारीत निश्पाप मनशाक वचपाक, भोंवपाक लज दिसतली. पूण वायट इतलेंच दिसता. हेरांक तें वायट दिसना. आमचे दोळे, कान, मन, सगळें संवेदनशुन्य जालां. ह्या सगळ्या स्वैराचाराची आमकां संवय जाल्या.

पयलेंच फावट कोण वायट करता, मनाक पटनाशिल्लें पळोवंचें पडटा तेन्ना आमी अजापीत जानात. दुसरे खेपे आमकां कांय फरक पडना आनी मागीर संवेदना शून्य जातात.

एकदां पणजी–वास्को कदंबांतल्यान प्रवास करतनाची एक गजाल याद जाता. एक टुरिस्ट जोडपें बशींत लांब लांब बॅगो फाटीर मारून चडिल्लें. बस फाटल्या दाराची. ताका ड्रायव्हरा फाटलें पयलेंच सीट मेळिल्लें. बसभर नासूं, पूण सीटभर लोक बसींत आशिल्लो. तांच्या कपड्यांक धंगण नासलें. चली बशींतल्यान वचपाचें आशिल्लें आनी चलो घडये ताका पावोवपाक आयिल्लो. पूण बशिंतल्यान दोशी जातना तांणीं एकामेकांचो उमो घेतलो. उबीं रावून lip to lip kissing. बशी सारक्या भौशीक जाग्यार हें कितलें योग्य? सगळी बसभर लोक. पूण कोणाक पडिल्लें ना. आमी गोंयकार गोंयकार उरूंक नात आमी westernised जाल्यात. असल्यो सगळ्यो गजाली पयलीं आमचे ‘नदरवळणी’ आनी मागीर ‘आंगवळणी’ पडटात. चार दीस मजा मारपाक आयिल्ल्या पर्यटकांक पळोवन आमकां सदचे जिणेंत मजाच मारीन दिसता. ते वचून आपल्या देशांत काम करतात तें आमकां दिसना. तांचें ‘खाओ पिओ

ऐश करो' हेंच आमकां सुशेगादपण आंगांत भरिल्ल्यांक दिसता. तांचे सारकें बियर हातांत घेवन अंडवेअरीचेर हेडप, सिगार, ड्रग्स घेवप, चलयांक नाचोवप हें आमकां आकर्शक दिसता.

पाश्चिमात्य संस्कृती ही, भुरगी १२-१४ वर्सांचीं जालीं आनी व्हड जालीं काय आवय बापायची जापसालदारकी सोंपता. मागीर भुरगीं आपले जिणेचो आपल्याक जाय तसो फुडार घडयतात. तांची संस्कृती ही रातभर पार्टी, पब्स, क्लब्स आनी फांतोडेर न्हिदप, भारतीय संस्कृती ही 'सातांचे पयलीं घरांत' आनी फांतोडेर उठप. Your children and my children are playing with our children is western culture. आमकां भारतीयांक हें पचपाचें ना. लग्नबंदना सारकें सोबीत बंधन आमी आमकां लावन घेतलां. अशीच आचार संहिता. कांय सकारात्मक बंदनां आमी आमकां लावन घेवपाक जाय. पाश्चिमात्य संस्कृती म्हणल्यार तांची ज्ञानार्जनाची पद्दत. तांची अभ्यास करपाची पद्दत हांगा अभिप्रेत ना. पाश्चात्याचें वैचारीक प्रगल्भतायेक तोड ना. पूण थंयचें वातावरण, थंयचे संस्कार, थंयचे विचार आनी भारतांतलें वातावरण, हांगाचे विचार, हांगाचीं मुल्यां वेगळीं आसात. हो फरक जाणून घेवपूय खूब गरजेचें. हांगाच्या सामाजीक मुल्यांक छेद दिवपी पाश्चात्य संस्कृतीक विरोध आसचो.

गोंय हें पर्यटक थळ आशिल्ल्यान पाश्चिमात्य स्वैर संस्कृती हांगा सामकी भिनल्या. गोंयची संस्कृती आनी पश्चिम संस्कृतीची जेन्ना टक्कर जाता तेन्नाच स्कार्लेट किलिंग्ज आनी जर्मन चलये वयलो बलात्कार अश्यो किटी उसळटात. अशे कितलेशेच sparks काळखे राती गोंयची अस्मितायेक जळीं मळीं उजो लायत आसता. गोंयचीं बायलां, चलयो भारताच्या हेर राज्यांनी गेलीं काय तांचे कडेन पळोवपाच्यो हेर भारतीयांच्यो नदरो वेगळ्यो आसतात. हाचें कारण गोंयकारांनी उखलिल्ली पाश्चिमात्य संस्कृती, राहणीमान, विचार, आमचें सगळेंच westernised जालां.

हांगा आयिल्लो जण एकलो विदेशी पर्यटक हांगासावन कसलीच संस्कृती व्हरना. चडांत चड दोन हात जोडून नमस्ते पुरती ताची गोंयचे संस्कृती कडेन

वळख. ते भायर कांय ना. पूण हांगा सावन वतना आपली सगळी संस्कृती तो हांगा दवरून वता आनी सदांच कॉपी करपाक हुशार आशिल्ले आमी नकलाकार जातात. आमकांय नाका त्या गजालिंची कॉपी करपाची सवंय. बऱ्याची कॉपी आमी करनात. नाका तें, सोबना तें, सोंसना तें आमी रोखडेंच उखलतात.

इतलेंच न्हय तर देशी पर्यटक लेगीत आपलें राज्य सोडून गोंयांत आयले काय पयल्यांत पयलीं आंगावयले कपडे उणे करतात. हातांत फेणी घेतात. कितें चल्लां हें? ही गोंयची वळख? ही गोंयची अस्मिताय? महाराष्ट्राचे लोक लेगीत हांगा येवन आमचे कडेन इंग्लीश उलयतात. तांकां खबरूच नासता गोंयकारांक कोंकणी, मराठी, कळटा म्हूण.

हांव म्हणन, गोंयांत भौशीक सुवातेर उलोवपाकय संहिता लावंक जाय. बाजारांत, बशींत कोंकणी आयकुपाक कुस्तार जाल्या. गोंयकार पसरकार. गोंयकार गिरायका कडेन इंग्लीश/हिंदी उलयतना दिसतात. स्कुलांनी, कॉलेजींनी, भुरगीं gramatically correct English उलयनात. सगळें 'शॉर्टकर्ट' आनी 'या, ओह' असो western ascent. पांचवेचो भुरगो आयज शें दोनशें pocket money घेवन स्कूलांत येता. कितें गरज आसा ह्या पॉकेट मनीची? घरांतल्यान टिफीन हाडटात. गाडयेन हाडून स्कुलांत पावयतात. परतीं व्हरपाक येतात. कित्याक हे पॉकेट मनी? कित्याक जाय विद्यार्थ्यां कडेन मोबायल? टिचरांक मदीं घालून (खांदार हात घालून) हालीं भुरगीं भोंवतात. कांय कॉलेजींनी सिगार तोंडांत घेवन फू करून धुंवराचो झिरो टिचराच्या तोंडार सोडटात. आपल्या आवय बापायक, टिचराक आमी मान दिनात. कित्याक? तांकां कंम्प्युटर, मोबायल, इंटरनँट ऑपरेट करूंक येना. तांकां इंग्लीश कळना. अशीं जायतीं कारणां आसतात. They are old fashioned you know? लॅक्चर बंक करप ही कवतुकाची गजाल जाल्या.

बशींतली खबर. Ladies Only म्हूण तांबड्या अक्षरान बरयिल्ल्या सिटार बायल चुकूनच मेळटली. फुडयांत ल्हान भुरग्याक लेगीत घेवन आवय उबी आसा जाल्यार कोण तरी चलीच उठून तिका सीट दिता. हाका आडवाद आसतात. ना अशें ना. पूण दोळे गच्च धांपून कानांत गुड्ड्यो घालून रॉक

म्युझिक आयकतल्या तरणाट्यांक तें कशें दिसतलें? केन्ना केन्ना गर्देचो फायदो घेवन नाका नाका ते प्रकार बशींनी घडटात. कंडक्टर, क्लिनर लोकां कडेन हॅस फॅस करीत फुस्स करून आंगार येतात. तिकेट तर नशिबान प्रायवेट बशींत मेळपाची ना. दर आयतारा ह्या प्रायवेट बशींक सुटी. आनी भितर गांवांनी वच्चें पडत जाल्यार सप्तकांत चार फावट दांडी. तालुक्यांतल्यान बस सुट्टा दुसरी कांयच येरादारीची तरतूद नाशिल्ल्यान विद्यार्थी, लोक ताटकळून उरतात. ह्या सगळ्यांक बरी नेमावळ थारावन आचार संहिता लागू करची.

दरेक मनीस 'मनीस'. 'एक नागरीक' म्हूण आपली जापसालदारकी विसरला. देशहीत कोनशाक मारून कोटी कोटींचो भ्रश्टाचार करतात. गोंयचे, भारताचे, फाल्यांचे पिळगेचे, बुडटे संस्कृतायेचे, धुसर जाल्ले अस्मितायेचें आमकां कित्याचेंच पडिल्लें ना. वजना बगर एक फायल टेबला मुखार सरना. आमच्या शिरंतरांनी भ्रश्टाचार आनी पाश्चिमात्य संस्कृतीचें उदात्तीकरण भिनलां. मनाची लज आमी केन्नाच विकून खाल्या. तेन्ना 'विचार संहिता' काय आमच्या आंगवळणी पडची ना. निदान आतां जनाचे लजेक लागून तरी ही 'आचार संहिता' लागूं करून घेवंया.

आतां कोणाकय दिसत, हांव म्हणटां तशी आचार संहिता आदींच सगळे कडेन आसा–कायद्यांच्या रुपांत आसा. ना म्हणना. पूण आमी हे कायदे पाळटात काय ना हें जांणीं पळोवपाचें ते आपली जबाबदारी सांबाळी नात. वेंचणुका वेळार आचार संहिता लागू जाली काय प्रचार करपाचो आसना. कांय गजालींचेर बंधनां येतात आनी तरिकूय त्यो केल्यो काय विरोधी पक्ष वा कोण तरी ते विशीं वेंचणूक आयोगा कडेन कागाळ करता आनी ताका लागून आचार संहिता भंग करतल्यांक एक भंय तरी उरता. अशी कागाळ करपी नदर दवरपी वा शेक दवरपी एक संस्था वा चळवळ जाय. पूण दुर्दैवान तशी एकूय संस्था वा चळवळ गोंयांत ना.

ना म्हणलें तरी कांय वायट प्रवृत्तींक विरोध करपाक हालीं गोंयांत चर्ची सारक्यो धर्मवादी संघटना फुडें सरल्यात. निदान तांकां लागून तरी उन्मत्त आनी मदांध राजकारण्यांक भंय जाला, पूण कितलेंय जालें तरी धर्मवादी संघटनांचेर

पातयेवन रावून उपकारचें ना. कारण धर्मवादी संघटनाच्यो फास्क्यो आसतात. मर्यादा आसतात. कांय संकुचीत विचार आसतात. त्यो नव्या सुदारणावादी विचारांक येवकार दिवंक शकनात. तांकां धर्मनिरपेक्षताय आनी विज्ञानवाद मान्य आसना. ताका लागून अश्या संघटनांची, चळवळीची गरज आसा जी धर्मनिरपेक्ष आसतली, जी मनीसपणाक म्हत्व दितली, संकुचीत विचारांक पयस दवरतली, नव्या विचारांक येवकार दितली, तेच वांगडा पोरण्यांतलें बरें तें राखून दवरपा खातीर झुजतली. जाचे वांगडा, कार्यकर्ते, पर्यावरण मोगी आसतले. धर्मनिरपेक्षताय, विज्ञानवाद, समता, समाजवाद, एकचार, भावचार, मानवतावादी विचारांक येवकार दिवपी आसतले. मनीसपणाचेर विस्वास दवरपी आसतले.

निदान म्हाका तरी दिसता –अशे आचार संहितेची आनी ती पाळटात काय ना हाचेर नदर दवरपी एखाद्रे संघटनेची गरज आसा, जायत अशी एकाद्री संघटना निर्माण?

❖❖❖

चार वर्सां फाटीं सनी देवलाचो 'गदर' सिनेमा पळयिल्लो. तातूंत आपले बायलेक हाडपाक तो आपल्या चल्या बराबर पंजाबांतल्यान लाहोराक वता. थंय वैयक्तीक दुस्मानकायेक लागून ताका धरून भौशीक सुवातेर मेहर फांशी दिवपाचें थारायता. ताचे पयलीं ताका घोशणां दिवपाक लायता- 'मुसलमान जिंदाबाद, पाकिस्तान जिंदाबाद.' तो घोशणां दिता. मागीर ताका म्हणपाक लायतात - 'हिंदूस्थान मुर्दाबाद'. तेन्ना ह्या भारतीयाचें काळीज खवदळटा.

29. भाविकांचे श्रद्धा कडेन खेळचें न्हय

दुसऱ्यांचो देश, दुसऱ्यांचो धर्म जिंदाबाद म्हणपाक ताका कांयच वायट दिसना. तो तसो आसचोच. दुसऱ्या देशाचो, दुसऱ्या धर्माचो उदो उदो करप हें आमकां भारतानच शिकयलां. पूण 'हिंदुस्थान मुर्दाबाद' मात हांव म्हणचों ना. तुमकां जसो तुमचो देश प्रिय आसा, तसो म्हाका म्हजो भारत प्रिय आसा अशें म्हणून तो 'हिंदुस्थान जिंदाबाद.' 'हिंदुस्तान जिंदाबाद' अश्यो घोशणां दिवंक लागता. थेटरांतले लोक ताळयो वाजयतात. भारतीयांच्या भारतीयत्वा बराबराची नाळ घट्ट आशिल्ल्याचें परतून एकदां मनाचेर बिंबता.

वेगळ्यावेगळ्या संस्कृतायांनी भरिल्लो हो देश. वेगळ्या वेगळ्या धर्माचो, लोकांचो, वेगवेगळ्या भाशीकांचो हो देश. धर्माच्या नांवान जाल्ली फाळणी हो जर एक दुर्दैवान प्रकार सोडलो जाल्यार पुराय संवसारान देख घेवंची असो विविधतायेन भरिल्लो हो सुखी देश जंय एक दलीत समाजांतलो मनीस अल्पसंख्याक समाजांतलो मनीस एक बायल राष्ट्रपती जावंक शकता. जंय

एका मुसलमानान बरयिल्लें, मुसलमानान संगीत दिल्लें देशभक्तीचें गीत भारतीयांचे स्फुर्ती गीत जावंक शकता. जंय हिंदूंचो मानदंड आशिल्ल्या महाभारतांतली अर्जुनाची व्यक्तीरेखा एक मुसलमान साकार करता आनी ती भुमिका लोक माथ्यार घेतात. हो असो प्रदेश जंय लोक एकामेकांच्या प्रार्थनास्थळांनी वचून आपापल्या भुरग्याबाळांच्या, आपापल्या संवसारांच्या सुखा खातीर मागण्यो मागतात, आंगवण्यो करतात, श्रद्धेची फुलां घालतात, भावनांच्यो माळो ओपतात. सणा परबांक एकामेकांगेर धांवून वतात. भायल्या देशांच्या आक्रमणा वेळार, क्रिकेट, फुटबॉल, हॉकी, टेनीस अश्या अंतराश्ट्रीय खेळांच्या वेळार आमी एक जातात. ऑलंपिकांत अभिनव बिंद्रान भांगरा पदक घेतले उपरांत टिव्ही म्हऱ्यांत बसून आमी ताळयो वाजयतात. सानीयाच्या जैताचेर खोशी जातात. तेंच कित्याक, गांवांतल्या एका भुरग्यान खेळांत वा हेर खंयच्याय मळार नांव कमयलें जाल्यार 'म्हज्या गांवचो तो, आमचेंच चली तें' अशें म्हणून अभिमान मिरयतात. दिलीप कुमार, शाहरूख खान, अमीर खान, नसीर, शबानाक तांच्या अभिनया सयत नकलेर घेतात. झाकीर हुसेनाच्या तबल्याच्या ठेक्याचेर मानो धोलयतात. रेमो फेर्नांडीस, आलीशा चिनॉय तरणाट्यांच्या काळजांतलो तावीज जाल्यात. हिंदुंच्या लग्ना कार्यांनी तर बिसमिल्लाह खानाचे शेनायेचे सूर घुमले बगर मांगल्यच निर्माण जायना. अश्या वेळा वयली आमची तल्लीनताय, मग्नताय, आनंद जात-धर्म-पंथ-भाशा प्रदेश निरपेक्ष आसता. आमकां अजुनूय मुंबय-दिल्ली-कलकत्ता-गुजरात भौशीक एकचार म्हणटात तो पळोवंक मेळटा. दंगली जाल्यो, बॉम स्फोट जाले काय एकामेका कडेन कसलें नातें नासपी लोक जखमींक वाटावपाक, तांकां हॉस्पिटलांत व्हरपाक स्वयंप्रेरणेन आपवावुरपी जावन घरच्यांकच मजत केल्लेवरी धांवतात. पूण...

पूण ही भावना, ही तल्लीनताय, ही मग्नताय, निरपेक्षता, हो आनंद हालीं पांचव्या, भगव्या रंगांनी म्हेळो जावंक लागला. विकारांनी घुस्मटपाक लागला. आपल्या संकुचीत विचारांच्या समर्थना खातीर संस्कृताय -देव-धर्माची धाल करून वापरपाक लागला. देव-धर्म-उपासना ह्यो खाजगी जिणेंत आचरपाच्यो गजाली अशें मार्गदर्शक तत्व संविधानान सांगून लेगीत ह्यो गजाली तो रस्त्यार

हाडपाक लागला. तांकां लागून रस्त्यार देंवपाक लागला. हें योग्य काय अयोग्य हाचेर उक्ती भासाभास करपाचो वेळ आयला.

धर्माची व्याख्या कोण कशीय करीत. पूण धर्म मनशाच्या सूख-शांती खातीर ही व्याख्या सगळ्यांकूच मान्य जातली. दरेका धर्मांत शांती, दया, करूणा, भावचार, सहिश्णुताय सांगल्या. तरी लेगीत दरेका धर्माचे लोक अशा वेळार हिंसेचो मार्ग आपणायतना दिश्टी पडटात. एकामेकांच्या धर्मस्थळांचेर हल्लो करतना दिश्टी पडटात. हरशीं मनीसपणाक धक्को दिवपी गजालींच्या विरोधांत पेटून उठनाशिल्लो आपापलीं धर्मीक प्रतीकां मोडलीं काय पेटून उठ्ठा. रस्त्यार येता. थयथयाट करता. दुसऱ्या धर्मांतल्या लोकांचेर दुबाव घेता. तसो दुबाव निर्माण करपी भाशणां करतात. लोकांक खुबळावन घालतात. वडाची साल पिंपळाक आनी पिंपळाची वडाक लावपाचे प्रकारूय असल्या जाहीर सभांतल्यान घडटात. हालीं तर असल्या घडणुकांचो फायदो घेवपी छुप्यो राजकी पितृसंघटनाय वावुरपाक लागल्यात. नव्या बाटल्यांनी पोरणो सोरो घालपाक लागल्यात. ह्या सभांनी खरे भोळे-भावीकय हजर आसतात. तांच्यो भावना चाळवल्ल्यो आसनात. ते शांत आसतात. कारण देवत्वाची खरी व्याख्या ते जियेतात. पूण तांच्यो भावना चाळोवन घालपाचें काम कांय जाण पध्दतशीरपणान करतात. मागीर सुरू जाता हिंसा. रोखडच्योच समित्यो काडटात. बंद घडोवन हाडटात. कोणाक हॉस्पिटलांत व्हरपाचें आसता. कोणाक मुलाखतींक वचपाचें आसता. कोणाक नोकरेक, कोणाची परिक्षा आसता, कोणाची म्हत्वाची मिटींग आसता. त्या सगळ्यांचेर उदक पडटा. मोडतोड-जाळपोळींतल्यान तर समाज पयसावतात. मनां दुभंगतात. समाजकंटकांक हेंच जाय आसता.

धा-पंदरा वर्सां आदींय अश्यो घडणुको गोंयांत घडटाल्यो. पूण कोणें गोंय बंदाचो वा गांव बंदाचो उलो दिल्ल्याचें आयकूंक नासलें. कितेंय जालें जाल्यार 'बंद'ची, निशेधाची, दुसऱ्या धर्मियांचेर दुबाव घेवपाची, तांचो उद्धार करपाची परंपरा हालींच कोणें तरी जल्माक घाल्या. ताचो सोद घेवप म्हत्वाचें. जायते खेपे अशा वेळार घेतिल्ल्या सभांचेर संयमाचो, सारासार विचारबुद्दीचो

ताबो उरना. आपलो धर्म कितलो उदार, कितलो उंच, कितलो संस्कृतीनिश्ठ हें सांगतना दुसऱ्या धर्माचीं कुतां काडपाचे प्रकार घडटात. लोक एकामेकां कडेन दुबावान पळोवंक लागतात. मागीर केन्ना तरी कळटा. तो आपल्याच धर्मांतलो मानसीक संतुलन इबाडिल्लो मनीस वा कोणतरी चोर आशिल्लो म्हूण मागीर हांचीं तोंडां बंद पडटात.

ते खातीर कांय वर्सां पयलींचें पणजेचें उदाहरण बरें पडटलें. डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर उद्यानांतल्यान पुतळो चोरयेक गेलो. बाबासाहेब दलितांचें, दीन-दुबळ्यांचें दैवत. त्या वेळार थंय निशेध सभाय जाली. पूण कोणेंच गोंय बंदाचो उलो वा जाळपोळ करूंक ना. रस्ते आडावंक नात. प्रक्षोभक भाशणां ठोकूंक नात. दुसऱ्या धर्मियांचेर दुबाव घेवंक ना. उपरांत कळ्ळें पुतळो भंगारवाल्यांनी चोरिल्लो म्हूण! दलीत भावांनी सोंशीकतायेचें दर्शन घडयिल्ले बद्दल तांचें अभिनंदन करपाक जाय. तांची देख हेरंनीय घेवपाची गरज आसा. कांय तेंपान मुर्ती भंजक सांपडटात. तांकां ख्यास्त्तूय करूं येता. पूण त्या निमतान तकली गरम करून हेर धर्मियांचेर आरोप करून, दुबाव घेवन, जाळपोळ करून, रस्ते आडावन, गाडयो लासून, दुकानां फोडून, बंद आयोजीत करून जाल्लें लुकसाण भरून येता व्हय?

हय, हाची दुसरीय बाजू आसा. हातूंतल्यान राजकी फायदो करून घेवपी आसतात. कारण अश्यो घडणुको घडल्यो काय मिरवणुको काडूंक मेळटात. आमीच ते धर्माभिमानी, आमीच ते लोकांचे संस्कृतीक-धर्मीक फुडारी अशें दाखोवंक मेळटा. जमलें जाल्यार वेंचणुकांच्या वेळार लोकांच्या धर्मीक भावनांक आवाहन करून मतां मेळोवंक मेळटात.

धर्मीक स्थळांचो विध्वंस आनी ते उपरांतच्यो खर प्रतिक्रिया हो खऱ्यांनीच हेर प्रस्नां परस व्हड आनी खर प्रस्न काय कितें हेंवूय तपासून पळोवंचें पडटलें. अशी एकाद्री घडणूक घडली काय थंय धांवून येवपी कथीत संस्कृतीक आनी धर्मीक संघटना ह्यो खऱ्यांनीच प्रामाणीक आसतात काय कितें? धर्म-संस्कृतायेची भाशणां करपी खंयच्या राजकी पक्षांक मजत करतात काय कितें? खंयच्या राजकी संघटनांचे पितृसंघटनेचे वावुरपी तर न्हय हेंवूय तपासून पळोवचें

पडटलें. पुलिसांनी मुर्ती मोडप्यांचो सोद घेतना ह्याय गजालींचो सोद घेवप गरजेचें.

हालीं रस्त्या कुशीक अशा धर्मीक प्रतिकांची वाड जायत चल्ल्या. जायत्या वेळार मुखेल रस्त्यार तीं अतीक्रमण करतात. म्हणल्यारूच तीं बेकायदेशीर. कायदेशीर बेकायदेशीर बांदकामांचो इश्यू करप्यांनी हाचीय दखल घेवंक जाय. आर्दी धर्मीक स्थळां गांवां पसून पयस दोंगरार बी आसतालीं. गांवांत एकूच देवूळ आसतालें. आतां पावला पावलार घुमटी वा देवूळ दिश्टी पडटा. तीं कशीं जल्माक येतात तें पळोवंक जाय. तांची दखल घेवंक जाय. पूल बांदतना थंय मारुतीची घुमटी बांदतात. मागीर ती तशीच दवरून वतात. फुडें ताचें देवूळ जाता. तें हालोवप शक्य आसना. तो मागीर भावनेचो विशय जाता. आमोणेच्या पुला कडेन अशीच एक मूर्त आसा. फाल्यां थंय देवूळ जालें जाल्यार अजाप न्हय. खुरसांचो इतिहासूय तसोच. कोण तरी मेले उपरांत ताचे यादीक थंय तो उबो करतात. मागीर रस्ते आडावन प्रार्थना सुरू जातात. तींच मागीर 'जागृत' देवस्थानां जातात. येरादारीक आडमेळीं करतात. कोणूय जागृत नागरीक विचारपाक गेलो जाल्यार भावना दुखवतात! हें केन्ना मेरेन अशेंच चलपाचें? गोंयांत पेडणें सावन काणकोण आनी वाळपय सावन वास्को मेरेन सगळ्या मुखेल रस्त्यांचेर अतिक्रमण करपी खुरीस आनी घुमट्यांचो कोणें तरी सर्वे करपाक जाय. भौशीक प्रगतीक आडमेळीं हाडपी तीं प्रतिकां थंयसावन दुसरे कडेन सुरक्षीत सुवातांचेर हालोवंक मेळटात काय कितें हाचो त्या त्या गांवांतल्या विचारी आनी प्रतिश्ठीत लोकांनी विचार करपाक जाय. राजकी संघटणांक आनी राजकारण्यांक मात ह्या वेळार चार हात पयस दवरपाक जाय. तातुंतल्यान बऱ्याच प्रमाणांत हो प्रस्न सुटावो जावंक शकता.

तुमच्या धर्माचो तुमकां अभिमान आसा जाल्यार हो श्रद्धाभावनांचो बाजार तुमीच आडावंक जाय न्हय? गांवांत एक देवूळ एक देव आसतना आनीक हे वाटे वयले राखणदार, शिमे वयले राखणदार जायच कित्याक? राखण करपाक एक देव आसतना आनीक धा-पंदरा देव आसप हो गांवांतल्या देवाचे शक्तीचो अपमान न्हय? असो प्रस्न कोणाच बुद्द शाबूत आशिल्ल्याच्या

मनांत येना हो विज्ञानयुगाचो पराभव मानपाचो? भावनांचो बाजार कोणें रस्त्यार मांडपाक सांगूंक ना. खंयच्याच धर्मान तशें सांगूंक ना. साधू-संतांनीय सांगूंक ना. ह्या बांदकामांचो वेग इतलो आसा की फाल्यां मनशांक पांय दवरपाक सुवात उरली ना जाल्यार अजाप न्हय.

धर्मीक श्रद्धास्थळांची मोडतोड जाली काय लोकांनी संयम पाळपूय गरजेचें. श्रद्धा सगळ्यांचीच आसता. भाविकांचे श्रद्धेचेर कोणूच दुबाव घेवंचो ना. घेवंचोय न्हय. पूण ताचो कोणें तरी उपेग करून घेवपूय योग्य न्हय. भाविकांच्या श्रद्धां कडेन खेळप योग्य न्हय. गोंय धर्मीक एकचारा खातीर फामाद हें आदीं मतींत दवरचें. ह्या धर्मीक एकचाराचेर घाव बसतात जाल्यार ते कोण आनी कित्याक घालूंक सोदता तें पळोवंचें पडटलें.

निमणे कडेन गाडगेबाबानी ह्या विशयाचेर मांडिल्ले विचार याद जातात. ते विचारताले - 'जो देव आपलो निवेद्य हुंदरां पसून वाटावंक शकना, सुण्यांच्या मुतपा पसून आपले मुर्तेक राखूंक शकना तो देव कसलो?' कितले वास्तववादी विचार मांडिल्ले तांणीं. गाडगेबाबांचे वैचारीक पावलटीर वचून देवान आमची सुरक्षा करचे बदला मनशाकच जर देवांक सुरक्षा दिवंची पडल्यार ताका देव कित्याक म्हणप? जो देव आपलो खुरीस, कपेल, घुमटी, देवूळ वा मशीद वाटावपाक शकना जाल्यार तो देव कसलो आनी कितें कामाचो?' अशें कोणें बुद्धीवाद्यान विचारलें जाल्यार ताका कित्याक खेपपाचो?

❖❖❖

'**म**रण एक सैमीक सत' ही गजाल खरी. अचकीत मरण हें मनशाची फाट सोडपाचें ना. मनीस हो सामाजीक प्राणी आशिल्ल्यान मरपी मरून वता, पूण सरभोंवतणची दुख्खाच्या हुंवारांत कोसळटात. सगळीं नातीं गोतीं 'हें सैमीक सत' हें खबर आसूनय जाण्टो नेण्टो रडटा. दुख्खाच्या अतिरेकान कोणाची सूद वता तर कोणाचीं बोटां वांकडीं जातात.

गेल्ल्या मनशाची कूड जळून वता. पूण तांणीं केल्लीं कर्तुबां, कोणाची

30. आमी मनीस म्हूण जगचेच नांत ?

मजत, कोणाचो धीर, जोडून दवरिल्लीं मनशां हेंच बाकी उरता.

दिसाळ्यांत दिसपी बाराव्याचे, म्हयनाळ्याचे, वर्साचें फोटो बारीकसाणीन नियाळटां. हे चेरे आतां ह्या संवसारांत केन्नाच दिश्टी पडचे नांत देखून.

आदले सारको पिराय जातली आनी मनीस मरतलो अशी परिस्थिती आतां उरूंक ना. कोणूय कसोय जाण्टो नेण्टो मरणाक वेंग मारून वता. देखून मनीस जिवाक भियेता. थंडी, खोंकली, जोर आयलो जाल्यार रोखडोच दोतोरा म्हऱ्यांत धांवता. टीबी, डायबेटीस, प्रेशराचो दुयेंती आपल्यो गुळयो, इन्सुलीन केन्नाच विसरना. ताका खबर आसता त्यो घेना जाल्यार तो मरतलो. मनीस आपल्याच न्हय तर दुसऱ्यांच्या जिवाक भियेता. आपलें भुरगें, आवय, बापूय, इश्ट, कोणूय बरो नासत जाल्यार कोणूच ओग्गी रावना. बेगिनातले बेगीन दोतोरा म्हऱ्यांत धांव मारतात.

रस्त्यार कोणूय अपघात जावन पडला आसत जाल्यार धांवपी धा गाडयो रावतात. ताका बेगीन बेगीन हॉस्पिटलांत हालयतात. कोणूय बाबडो

मरणांतलो वाचचो हीच आस्त तांकां आसता.

शेजाऱ्यालो कोणूय चड दुयेंत आसत जाल्यार कोणय मजत करता. पयशांनी वा हेर तरेन. 'सोयरो खंय वड्याचो आनी शेजार खंय मड्याचो' म्हणटात तें खरेंच. जायत्या वेळार शेजारी पावतात. मरणा वेळार तर शेजारी जापसालदारकेन वागतात. ताका थातारतात. उदक, च्या, पेज पावयतात. मरणा उपरांतचीं सगळीं कामां शेजारी करतात. लाकडां, शेणी, केरोसीन, किरवड, कोंडे, धवड, बुडकुलो सगळी तजवीज शेजारी करता. झगडले लेगीत जाल्यार बऱ्या वायटाक शेजारी पावताताच. ताका कसलीच बंधनां लागनांत. जातीचीं नात, धर्माचीं नात, गरिबीचीं नात, गिरेस्तकायेचीं नात आनी आपले मदीं आशिल्ल्या मतभेदांचींय नात. अश्या बऱ्या वायटाक पावत आमी बरेपणान रावतात. दसरो, दिवाळी, ईद, इस्टर, लग्न, मूंज, बारसो, वाडदीस सगळें व्हडा दबाज्यान मनयतात.

आनी कोणूय तिसऱ्यान जातीयतेची, धर्मकोल्ल्याची कीट उडयली काय आमी पेटून उठटात. सादूर जातात. हांव कोण? खंयच्या पंथाचो? खंयच्या वंशाचो? म्हजे जातभाई कोण? अशें म्हणत आमी शेजाऱ्यांक धर्मकोल्ल्याचीं, जातीयतेचीं वक्लां लावन नियाळटात. तांबडें वक्ल तांबडेंच दाखयतलें तशें सरभोंवतणीं आमकां भेदाभेद दिसूंक लागतात. पिळग्यांच्यो पिळग्यो बऱ्या वायटाक पाविल्ल्या शेजाऱ्याक आमी धोंगशितात. ताका पयस करतात आनी व्हरून सामके सकयले वळेंत बसयतात, जी वळेरी आमकां आमच्या तांबड्या वक्लांनी 'टार्गेट' म्हूण दिल्ली आसता.

डॉ. अरुंधती रॉय हांचें भाशण 'Listening to grasshoppers' ह्या माथाळ्यांत एका नेमाळ्यांत उजवाडाक आयिल्लें तें अशें. "उबीं पिकिल्लीं शेतां हे 'तोळधाडींत' नश्ट जातात. हे 'तोळधाडींत' हजारांनी, लाखांनी तोळ मळबांतल्यान घुरी घालतना ते सूं...सूं... असो आवाज करीत करीत येतात. हो आवाज शेतकार अशूभ मानतात. तांच्या भाशणान फुडें जगभरांतल्या वंशवादी, धर्मकोल्ली, जात्यांध, संस्कृती उच्छेदक हालचालींचो मिथाव घेतला. 'वंशउच्छेद' हें कारण ताचे फाटल्यान तांणीं सांगून तें पुराय मनीसकुळयेक कितलें धोक्याचें आसा तें सांगलां. प्रगती प्रगती म्हूण एका एका वंशाक,

जातीक लक्ष्य करून सोंपोवन उडोवप. तातूंत तांणीं कट्टर संघटनांचो बरोच समाचार घेतला.

जात, धर्म, प्रांत, भास, वंश, राष्ट्र अशा फोडपाक शक्य आशिल्ल्या सगल्यां मदीं दरी निर्माण करपी कोणें तरी फाफुडिल्लीं वक्लां आमी घालतात आनी बळी पडटात.

आपल्याच आनी दुसऱ्याच्याय मरणाक भियेवपी आमी रस्त्यार अपघातान मेल्लीं सुणीं, माजरां, धोरां, सांडिल्लें रगत पळोवन चुरचुरपी आमी दुसऱ्यांक मारूंक उठ्ठात. शेजाऱ्याच्या पांयांत कांटो तोंपलो जाल्यार उलो मारले उपरांत धांव मारून तो काडपी आमी आयज ताच्या पोटांत सुरो रोमपाक सज्ज जातात. दोळ्यांर, बुद्धीर, मनार हीं भेदाभेदाचीं वक्लां चडोवन आमी उठ म्हणटा तेन्ना उठ्ठात. बस म्हण्टा तेन्ना बसतात. मार म्हणटा तेन्ना हातांतल्यो तरसादी घेवन मारपाक धांवतात. आमी खंय वतात? ही वाटचाल आमकां खंय व्हरतली? हे वाटेन फकत रगत आसा. म्हजेंय आनी तुमचेंय. मरपी आमीच आनी मरपीय आमीच.

चार दीस ह्या संवसारांत आयल्यात. बरीं हांसत, खेळत, नाचत जगुंया, दुसऱ्यांक जगोवंया. मनीस कशे, जनावरां कशीं झुजां खेळुंया नाका.

पाठ्यपुस्तकार आशिल्ली पयल्याच पानावेली 'प्रतिज्ञा' आमी विसरले. भारत म्हजो देश. सगळे भारतीय म्हजे भाव आनी भयणी. पयलें पान आमी शिकले नात. फुडलीं पानां शिकून आमी व्हड जाले. व्हड पुस्तका शिकून आमी पदव्यो घेतल्यो. कंम्प्युटर, अंतराळ ह्या नव्या मळार क्रांत्यो केल्यो. निरक्षरतायेची टक्केवारी देंवयली. सर्व शिक्षा अभियान चालीक लायलें. शिकून दोतोर, इंजिनीयर, विज्ञानीक जाले. आतां मनीस जावंया.

आमचे कुडीचेर एक तकली आसा. तातूंत बुद्द आसा म्हजी स्वताची. ते बुद्दीन चलूया, वावरूया, वावड्यांक बळी पडचें न्हय. कोणाच्या हातांतलें बावलें जावंचें न्हय. कारण कसलीय दंगल आसूं. कसलेंय झूज आसूं. बळी पडटा आनी बळी पाडटा तो आम आदमीच आसता आनी सुत्रधार मात दुसऱ्या नाटकाचे तयारेक लागिल्लो आसता. देखून सादूर....

❖❖❖

आक्रांतवाद हो विशय ना म्हणलो तरी मनापासून आनी पेना पसून पयस वचूंक शकना. आक्रांतवादाची प्रत्यक्ष झळ आमकां लागूंक ना, पूण ताच्या विळख्यांत घरादाराचे वांशे पुराय पोखरल्यात.

मुंबयत ताज, ऑबेरॉय, नरिमन ह्या हॉटेलांतल्या ओलिसांचेर कसलो जिवेघेणो काळ आयलो हांची कल्पना लेगीत करीत जाल्यार आंगार कांटो उबो रावता. हॉटेलांच्या जनेलांतल्यान एक दोन, एक दोन मनशां मारून

31. पांचव्या भगव्या आक्रांतवादाचो ऑक्टोपस ना करपाकूच जाय!

भिरकावन उडयताले तें पळोवन 'आरे पापयांनो, मनशां मरे तीं, मुसकां मारिल्ले वरी कितें मारतात? मात तरी दया-माया दाखयात!' म्हूण मन रडटालें. पूण प्रत्यक्ष सैतानाचें काळीज घेवन वावुरपी आनी आपल्या दुश्कृत्याची स्वताच्या, मनाचें समाधान करता अशी समर्थनीय जाप आशिल्ले ते मनीस दुसऱ्या मनशांच्या जिवार उठ्ठात, न्हय जळारांक हातांतल्या विजेच्या रॅकॅटान कीर्रऽऽ कीर्रऽऽ करीत मारतात तशे मनशां मारतात.

'मानवता होच खरो धर्म', 'मानव तितुका एकच आहे, उच्च न कोणी नीच न कोणी', 'खरा तो एकची धर्म, जगला प्रेम अर्पावे', ह्या सगळ्या मुल्यांचो, संस्कारांचो चक्काचूर जाता आनी उरता फकत आक्रोश. धडधडपी, तडतडपी, रक्तबंबाळ कुडी आनी हड्ड्याचीं, पोटाचीं चाळण जाल्लीं मडीं.

ह्या आक्रांतवादी हल्ल्यान सगळ्या यंत्रणांक खडबडून जाग्यो केल्यात. जो तो एकामेकांक दोश दिवपाक लागलो. तटरक्षक दळ, पुलीस यंत्रणा, राज्य

सरकार, केंद्र सरकार, इंटॅलिजन्स, आकांतवाद विरोधी पथक सगळीं नाचपाक लागलीं. फाटल्या कारगील झुजा उपरांत भारताची दर्यादिग तटरक्षकाचे देखरेखी बगर आसा हें वास्तव टास्क फोर्सान मांडिल्लें. तेन्ना राज्य सरकाराचे मजतीन केंद्रान दर्यादिगेचेर पुलीस नियंत्रणां उबीं करचीं हें थारायिल्लें. गोंयचे तेन्नाचे मुख्यमंत्री प्रतापसिंग राणेनूय अशा कोस्टल पुलीस स्टेशनांची घोशणा केल्ली. पूण ताची प्रत्यक्ष कृती कांय जाल्ली दिश्टी पडना.

ह्या आकांतवादी हल्ल्या परस खर असो हल्लो वर्ल्ड ट्रेड सँटराचेर जाल्लो. त्या हल्ल्या उपरांत अमेरिका शाणी जाली. सगळ्या यंत्रणांक तांणीं कामाक लायल्यो आनी दोळ्यांत, कानांत तापिल्लें तेल घालून सगळ्यो आकांतवादी कारवायो घडचे पयलींच आडावंक लागले. 'आरंभशूर' अशी तांची यंत्रणा न्हय. सेगीत चलपी आनी चलोवपी तांची आकांतवादा आड कृती. आमीय आतां जागे जाल्यात पूण मुजरत थोडो तेंप गेलो काय आमी न्हिदतले. परत आमकां जागे करपाक अशेच तरेच्या हल्ल्याची गरज पडटली?

ह्या हल्ल्या फाटलीं खुबशीं कारणां समिक्षकांनी सोदून काडल्यांत. भारताचे अमेरिके लागीं वाडपी संबंद, देखून पासपोर्ट विचारून विचारून विदेशी नागरिकांक मारताना दिश्टी पडटा. मुंबय ही भारताची अर्थीक राजधानी. अर्थीक कण्याचेरूच हो हल्लो. जाचो धपको जगभराक पावतलो हाची केल्ली वेवस्थीत तजवीज. देखून पंचतारांकीत हॉटेलां मोख केल्लीं दिश्टी पडटात. हाचे पयलींच्या आकांतवादी हल्ल्यां फाटल्यान बाबरी मशिदीचो विध्वंस, गुजरातची दंगल हीं कारणां आसलीं. आतांय तीं कारणां आसूं येतात. पूण आतांच्या ह्या हल्ल्यांत आकांतवाद्यांक पुराय जगाचें लक्ष केंद्रीत करपाचें आसलें. भारत हो अर्थीक आनी पर्यटना दिश्टीन कसो सुरक्षीत ना हें तांकां जगाक दाखोवन दिवपाचें आसलें. पूण अशा कृत्यांनी कोणाचें नांव पिड्ड्यार जाता हें जगाक खबर आसा.

जगाचें सोडाच, महाराष्ट्रा पुरतोच ह्या प्रस्नाचो विचार करीत जाल्यार त्या चार दिसांनी दिसाळ्यांचेर, टिव्ही चॅनलांचेर जें दिश्टी पडलें तें पळोवन महाराष्ट्राच्या राज्यकर्त्यांचें नाकर्तेपण आनी टीव्हीवाल्यांचें बालीशपण दिश्टी

पडटालें. 'मुस्लिम आकांतवाद्यांनी देशभर धुमशेण घातलां' अशें म्हणपी हिंदुत्ववादी मालेगांव बॉमस्फोटांत पुरोहित, साध्वी प्रज्ञा सिंह हांकां धरले उपरांत रोखडेंच म्हणपाक लागले आकांतवाद्यांक धर्म नासता. ताचे फुडें वचून आपली शिवसेना घेवन उद्धव ठाकरे आकांतवाद्यांचे फाटल्यान उबो रावलो. हे घडणूके आदीं एक दीस शिवसेनेन मालेगांवच्या बॉमस्फोटांत धरिल्ल्या आरोप्यांक फाटबळ दिवपाक महाराष्ट्र बंदाचो उलो मारिल्लो. तांणींय आकांतवाद विरोधी पथकाचे मुखेल हेमंत करकरे हांकां वायट उतरां दिल्लीं. जाहीर रितीन तांचेर, तांच्या कामाचेर हळशिकवण्या उतरांनी तांचेर प्रहार केल्लो जेन्ना करकरेंक वीर मरण आयलें तेन्ना शेड्ड्या सारको रंग बदलून शिवसेनेनूच तांच्या हौतात्म्याक आर्गां ओपलीं. अशे रंग बदलपी कथीत राष्ट्रभक्त शेड्डे आमचे भितरूय आसात.

जे लायकीची प्रजा तसोच राजा आमकां लोकशायेंत मेळटा हें खरेंच. ते वटेन मुंबयंत आदींच इतलो ताण आसा आनी तातूंत भर घालपाक आपल्या कमांडोंच्या लवाजम्या सयत गुजरातचे मुख्यमंत्री थंय हाजीर रावले. हेमंत करकरेंच्या कुटुंबान तांणीं दिल्ली मदत न्हयकारून गुजरातचे दंगलींत मोदींनी रकयिल्लें पेट्रॉल ते विसरूंक नात हेंच दाखोवन दिलें, हाका म्हणटात स्वाभिमान.

कांय मुंबय पुलिसांक वीरमरण आयलें उपरांत पांचशे कमांडो हाडले. तांणीं सगळीं हॉटेलां आनी लोकांची सुटका केली. अतिरेक्यांक मारून उडयले. ह्या पांचशे कमांडो भितर सगळे उत्तर भारत आनी दक्षिण भारतांतले लोक आसात. एकूय 'मराठी माणूस' ना. हेंच फाटभुंयेर एका मनशान न्यूज चॅनलाक एक एसएमएस धाडिल्लो. तातूंत तांणीं मनसेचे मुखेली राज ठाकरेक हो एसएमएस फॉरवर्ड करात म्हूण बरयिल्लें. 'तुका सुशेगाद मुंबयंत झेम पडची म्हूण उत्तर आनी दक्षिण भारतांतले पांचशे कमांडो जिवाचें रान करून आकांतवाद्यां आड झुजतात. तातूंत एकूय मराठी मनीस ना. तुजे मुंबयक वाचोवंक तुजे भिवकुरे मनसे कार्यकर्ते आनी तूं आतां कितें करता?' भायले नाकात म्हणपी ठाकरेन त्या वेळार भायल्या कमांडोंची मदत कित्याक न्हयकारली ना?

शेवटाक खंय तरी आमकां साने गुरूजींची आंतरभारतीची संकल्पना

उपेगाक हाडचीच पडटली. म्हजें तुजें करीत आमी झगडत रावतात. अशें कितेंय जाता, आमचे अस्मितायेक धोको निर्माण जाता अशें आमकां दिसता तेन्ना आमी भाव भाव म्हणपाचें आमकां याद जाता. भारतीय म्हूण जापसालदारकेची जाणीव जाता. पूण आमकां 'एक' करपाक लागून अशीं कितलीं कारगील झुजां आनी आकांतवादी हल्ले जाय पडटले? जे मेरेन दुसरे हल्लो करिनांत ते मेरेन आमी 'एक' ही जाणविकाय आमकां जावंचीच ना?

आकांतवाद हो कोणेंय केल्लो आसूं, कसलोय केल्लो आसूं ताचें समर्थन हें जावपाकूच शकना. आकांतवाद्याच्या कर्तुबाक समर्थन दिता ती तांची धर्म जाणीव. जिहाद, धर्मयुद्ध, देवाची आज्ञा, ईश्वरी राज्याचे स्थापने खातीर ह्या गोंडस नांवां खाला धर्मा धर्मांनी हिंसेचें समर्थन केलां तें हांगाच्या कथीत धर्मवाद्यांनीच अन्याया आड लढपाची, शस्त्र उबारपाची शिकवण आमकां आमची प्राणप्रीय भगवद्गीता दिता, ईश्वरी आज्ञेन आमी झूज करतात. अमेरिका क्रिस्ती धर्माचो आदार घेवन इराकाचेर हल्लो करता. गोध्रा हत्याकांडा उपरांत जाल्ली जातीय, धर्मीक दंगल ही धा जणांच्या चुकिनी हजारांनी, लाखांनी निरपराध लोकांक दिल्ली ख्यास्त. हो सगळो दहशतवादूच.

मुंबयच्या हल्ल्यां उपरांत भारतभर तशेंच गोंयांतय निशेध सभा जाल्यो. भोवतेकांनी पाकिस्तानाचेर तोंडसूख घेतलें. पाचव्या आकांतवादाचेर उलयले, पूण ताचे आदीं बाबरी मशिदीच्या विध्वंसा पसून सुरू जाल्ल्या भगव्या आकांतवाद्याचेर तांणीं ब्र काडूंक ना. कोण खंय निशेध सभा घेतात काय म्हूण भगवेपंथी वाट पळयतात. ते घुसपाक तयार. सभांनी घुसखोरी करून फकत मुसलमान धर्माच्या विरोधांत उलोवप. तांकां तीच संद. पूण हे सभागे एक व्हड विसंगती कडेन दुर्लक्ष करतात. पाकिस्तान हें धर्माच्या आदारान उबें राविल्लें राष्ट्र. धर्माच्या आदारान एकाद्रें राष्ट्र घडटा तेन्ना थंयचें स्वातंत्र्य ना जाता. मनीसपण सोंपता. थंय फकत कोडू धर्माभिमान नाचत आसता. पूण पाकिस्तानाक गाळी दिवपी भारतूय धर्मांचेंच राष्ट्र करपाची मोख दवरतात हें कशें कितें? पाकिस्तानांतले कांय आकांतवादी लोक जर अमानवीपणान वागतात तर ताचे फाटलें कारण तांचो धर्माभिमान हें हे लोक मतींत घेनात.

आकांतवादी हो धर्मपिसो आसता. आपले सोयी खातीर आपल्याक जाय तेन्ना, जाय थंय तो धर्म लागू करता. वैश्वीक भावपणाचो धडो सगळेच धर्म दितात. पूण जाणून बुजून ताचे कडेन आडनदर करून सोयी पुरतो धर्माचो वापर आयज जायत आसा. नथुराम गोडसे, साध्वी प्रज्ञा सिंह वा मुंबयच्या आतांच्या हल्ल्यांत धरिल्ले मुसलमान हे आकांतवादी सगळे एकेच माळेचे मणी. मनशाचे शांतीचे, मनीसपणाचे दुस्मान, स्वामी विवेकानंदांची धर्म जाणविकाय ही आयच्या एकाय धर्माभिमान्याक ना. खंयच्याय धर्मांत ना. आनी ज्या हिंदू धर्मांत ते जल्मले त्याय हिंदू धर्माभिमान्यांक तांचो दिश्टीकोण कळ्ळो ना. आकांतवादा आड लडप म्हणचे हिंदू -मुस्लिम, भारत-पाक हे शिमे भायर सरून ह्या प्रस्ना कडेन पळोवंक जाय. आपलो धर्म श्रेश्ठ म्हूण दाखोवपाक दुसऱ्या धर्माचो दुस्वास उफाळून वयर येता. एका तेंपार ओसामा बिन लादेनाक अमेरिकेच्या तेन्नाच्या अध्यक्षान 'डार्लिंग ऑफ यूएस' म्हणून भोवमान केल्लो. मागीर तेच हात धुवून ताचे फाटीक लागले. तशेंच गोंयांत आनी भारतांतय आकांतवाद्याच्या पांचव्या आनी भगव्या समर्थकांक चक्क राज्य सरकार, केंद्र सरकारान व्हड पुरस्कार भेटयल्यात! देशभक्तीचे लेबल मिरोवपी आनी आदर्श राश्ट्रपुरूश म्हूण मिरोवपी हे थोर मनीस आयज शिक्षणक्षेत्रांत, राजकारणांत घुसून धर्माधर्मांमदलो दुस्वास वाडयतात. राज्यांत दंगली घडोवन हाडटात. बंद घडोवन हाडटात. मेळत थंय तकल्यो भडकावपी भाशणां करतात. हातांत एके ४७ घेवन गुळयो मारतात ते आकांतवादी म्हूण रोखडेंच कळटा. पूण हे असले 'भितरले बुद्दी'चे संघटीत आनी दक्ष आकांतवादी सरळ तकलेर, मेंदवार गुळयो मारतात, देशाच्या संविधानाच्या मुल्यांचेर फारपेट करतात. भारताच्या एकचाराक सुरूंग लावपी, तोडा, फोडा, मारा, झोडाचो धुंवर सोडपीय आकांतवादीच. फकत तांकां मोडपाक आतां आकांत विरोधी पथकांक नवीं राष्ट्रीयत्वाचीं वकलां लावचीं पडटलीं.

असले धर्मपिशे आकांतवादी सगळे कडेन आसात. कर्नाटकाच्या पाकिस्तानाच्या, अफगाणिस्थानाच्या रानारानांनी आशिल्ले आकांतवादी तळ, प्रशिक्षण केंद्रा ह्यो असल्याच धर्मपिशांच्यो शाळा. हांगा मनशांचें मनीसपण

काडून तांकां रोबोट करतात. तांच्या हातांत पयशांचो पावस घालतात. तांच्या कुटुंबाची, भलायकेची जापसालदारकी घेतात. खिळो मारून मारून वण्टींत घालतात तशें ल्हानपणा सावन तांच्या मनांत, काळजांत हो आकांतवाद घालतात. अश्यो ह्यो मोबायल शाळा खुद्द त्या त्या राष्ट्राक लेगीत सोदूनय मेळनात. कश्यो मेळटल्यो? राजकारण्यांचे ह्या संघटन मुखेल्यां कडेन हितसंबंद आसले जाल्यार खंय सांपडटल्यो ह्यो संघटना? जांकां संविधान विरोधी, दुसऱ्या धर्मां विशीं दुस्वास पातळायतात म्हण अटक करून बंदखणींत धाडूंक जाय तांकां राज्य आनी राष्ट्रीय पुरस्कार दिवंक लागले. तांच्या हातांत शिक्षणसंस्था दिवंक लागले. मंत्र्याच्योय बायलो ह्या आकांतवादी अध्यात्मिक सघटनांचीं सुत्रां सांबाळूंक लागल्यो आनी राज्यकर्ते तोंडां उक्तीं घालून पळोवंक लागले जाल्यार कितें उरलां?

पूण एक गजाल खरी, हो आकांतवादाचो ऑक्टोपस फकत विध्वंस करता आपल्याय देशाचो आनी दुसऱ्याय देशाचो. आपल्या धर्माचो आनी दुसऱ्यांच्याय. हो आकांतवादाचो पांचवो-भगवो ऑक्टोपस ना जावपाकूच जाय. नाजाल्यार मनीस जातीचें निर्मुलन अटळ आसा.

❖❖❖

स्कुलांत आसतना केन्ना केन्ना म्हाका खंत भोगताली. हांव ह्या विसाव्या शेंकड्यांत बेश्टेंच जल्माक आयलें म्हूण. साठ-सत्तर वर्सां पयलीं जल्माक आयिल्लें जाल्यार म. गांधी, टिळक, नेहरू, पटेल, भगतसिंग, सुखदेव, राजगुरू, अश्फाक उल्ला, सावरकार, बोस हांच्या फुडारपणा खाला स्वातंत्र्य संग्रामांत वांटो घेवपाक मेळपाचो. ह्या व्हड राष्ट्रभक्तां वांगडा असंख्य लोक, आख्खो जनसमुदाय स्वातंत्र्य संग्रामांत देंविल्लो. कितलेशेच लोक हड्ड्यार गुळयो

32. गांवस सर: अहिंसा आनी क्रांतीचो दुर्मीळ सुमेळ

झेलून अमर जाल्ले. तरणाटे, बायलां, भुरगीं, म्हातारे, गरीब, गिरेस्त, थोंटे, मोडके, कुड्डे, अपंगूळ सगळ्यांनी त्या मंतरिल्ल्या दिसांनी आंगांत भार आयिल्लेवरी त्या इंग्रज-फिरंग्यांक नाका पुरो केल्ले.

हांव तेन्ना जल्माक आयिल्लें जाल्यार एकाद्री चीट हेवटेन तेवटेन पावयतलें आसलें. खंयच्याय भुमिगताक पालव दितलें आसलें. सत्याग्रहाच्या सेगीत चलपी हजारांनी पांयांमदीं म्हजेच दोन पांय हालतले आसले. ल्हान आशिल्लें जाल्यार शिरीषकुमार, बाबू गेनू, लालदास, हरिदास हांचे वांगडा मिरवणूक काडून ट्रक आडायतलें आसलें. आनी अशे स्वातंत्र्य संग्रामाचे दिवे म्हज्याय रगतान पेटयतलें आसलें. अशे कितलेशेच विचार म्हज्या मनांत येताले.

शाळेंत आमकां तिसरे-चवथेक इतिहासाचें एक बरें पुस्तक अभ्यासक्रमांत आशिल्लें. एका एका फुडाऱ्या विशीं म्हायती दिवपी एक एक धडो आशिल्लो.

वाचपाक, लक्षांत दवरपाक, उमळशीक वाडोवपाक आनी राष्ट्रभक्ती जागोवपाक हें पुस्तक मजत करतालें. ताचे उपरांत शेंकड्यांनी पुस्तकां फुड्यांतल्या डॅस्कार येवन गेलीं. पूण तें पुस्तक अजुनूय दोळ्यां मुखार आसा.

अभ्यासक्रमांतल्या त्या पुस्तका सारकोच चलतो-बोलतो, देशभक्त, मनीसपणाचो धर्म मानपी आनी समाजहिताचोच सेगीत ध्यास घेतिल्लो एक शिक्षक म्हाका शाळेंत मेळ्ळो. तो म्हणजे म्हजे सर रमेश गांवस. म्हज्या आयच्या विचारांचेर म्हज्या सराचो बरोचसो पगडो आसा. म्हज्या रोखठोक विचारांक तेन्ना पिशेपणां थारावपी म्हजे वांगडी आनी त्याच विचारांक 'शाणेपणां' करपी सरांची बिनवटींची सेवादलाची शाळा. म्हाका खूब कितें शिकोवन गेली. सरकारी वा खासगी शाळांतल्यान मळब दिसना. चार वण्टी आड बसून शिकचें पडटा. सेवा दलाची शाळा उक्तीच आशिल्ल्यान पुराय मळबूच वाचपाची, मळबाच्या आवाक्यांत येतलें अशें ज्ञान मेळोवपाची संद मेळ्ळी.

१५ ऑगस्ट, २६ जानेवारीचीं सरांचीं तळमळीन केल्लीं भाशणां आनी फुडें सेवादलाचीं शिबिरां हातूंत सरान आमकां ह्या समाजाक, ह्या देशाक प्रामाणीक राष्ट्रभक्ताची आयज लेगीत कितली गरज आसा हें दाखोवन दिलें. स्वातंत्र्य दिसाची फांतोडेची मिरवणूक. भारत जोडो यात्रा. पश्चिम घांट बचाव मोहीम. हें सगळें सरांचे तळमळीन, सरांचे तालमींत जातालें. स्वातंत्र्य सैनिकांच्या आवेशा इतलोच आवेश आमचे मदीं संचारतालो. आड्डून आड्डून घोशणा दिवन, स्फुर्ती गितां गावन ताळो पडटालो. पूण कोण घोशणा दिवप बंद करिनासलो. एक सळसळटें, नाचतें चैतन्य जें आमच्या वांगडा वावुरतालें- आमचे गांवस सर!

गॅदरिंगाक आनी स्पोर्टाक तर सरांची भलतींच कामां. माचयेर क्वचितूच ते दिश्टी पडटाले. स्पोर्टाक ते हमखास फर्स्ट एडच्या टॅन्टांत स्वता हजर आसताले आनी गॅदरिंगाक फाटले विंगेंत बसून भुरग्यांचे मेकपमन जाताले. प्रोफेशनल मेकअपमन थपाथपा करून तोंड दुखोवन दोळ्यांत-तोंडांत रंग घालून मेकअप करतालो पूण गांवससर हे एका कुशळ मेकअपमना सारकेच वेवस्थीत आपल्याच भुरग्यांक सवकासायेन मायेन मेकअप करताले. तेन्ना

सरांच्या फुड्यांत सदांच गर्दी आसताली. एकदां तर भुरग्यांचो चोंबो नाच माचयेर आसलो आनी पड्डो बांदून दवरिल्लो कोंडो मोडलो. कोणाचें लक्ष वचचे पयलीं सरांचें लक्ष थंय गेलें आनी सर तो नाच सोंपसर पड्ड्याची दोरी आपल्या हातांनी पूर्ण ताकदीन ओढून धरून नाच सोंप मेरेन तशेच कोंडो बांदिल्ल्या वाशाचेर बसून रावले.

सराची केन्ना लज दिसली वा की तांचो केन्ना भंय दिसलो ना. सर पेन ना. सर डिक्शनरी ना. सर आयज काणी सांगात. आयज खेळपाक सोडात. सर बिरबलाच्यो काणयो सांगात...सर सगळ्यो फर्मायशी वाजेनासताना पुराय करताले. दुसऱ्या सरां कडेन आमचीं भुरगेंपणा चलनासलीं. पूण गांवस सरां कडेन चलतालीं. कारण सर आमकां आवय सारके दिसताले! दुसऱ्या खंयच्याय सरान तापयले, मारले जाल्यार गांवस सराक वचून सांगप. सर थातारतालो.

आमी आमच्यो कसल्योय अडचणी मागीर त्यो सार्वत्रीक आसूं वा खासगी, सगक उक्तेपणान सांगतालीं. इतलेंच हय, तर सरांचीं धिराचीं उतरां आमकां आमच्या बापायचींच कशीं दिसतालीं. ताका लागून घरांतल्यो अडचणीय आमी सरां कडेनच मांडटालीं.

सरांनी शाळांनी, शाखांचेर, कॅम्पांनी सगळ्या देशभक्तांच्यो, विज्ञानिकांच्यो, सुधारकांच्यो, बंडखोरांच्यो, क्रांतीविरांच्यो काणयो सांगल्यो. प्रभावीपणान सांगल्यो. जितल्या प्रखरपणान आंबेडकार सांगलो तितल्याच मवाळपणान साने गुरूजी वा गांधीय सांगलो, विज्ञानिकांचो वा बुद्दीप्रामाण्यवाद्यांचो संघर्श सांगलो तितलोच मुखार आशिल्ल्या भाविका कडेन, धर्मभोळ्या मनशा कडेन ताच्या विचारांक तितलोच मान दिवन उलोवपाक शिकयलें. पूण मजा म्हणल्यार सरांचेर कोणा एकाच विचारवंताचो वा फुडाऱ्याचो प्रभाव जाणवना वा कोणा एकाच फुडाऱ्याक वा विचारवंताक वा विचारधारेक वेंगावन बसूंक नात. कारण सर म्हणल्यार एक बॅलन्सड् व्यक्तीमत्व. जाय तेन्ना शांतीवादी गांधी जातले जाय तेन्ना बंडखोर आंबडेकार! केन्ना केन्ना तर दिसतालें पुस्तकां कित्याक वाचपाचीं? सरांचे आचार आनी विचार पळयत-आयकत रावपाचे.

खुबशे लोक कथाकथन सर्तींनी बऱ्यो बऱ्यो काणयो सांगतात. पूण घरा

गेले काय त्या काणयांतलीं मुल्यां घेवन जगनात. सरांचें तशें ना. साने गुरूजींच्यो काणयो सांगतना तशी तांची कृतीय आसताली. दुसऱ्यांची सेवा करप होच खरो धर्म अशें सांगून सर केन्ना त्रयस्थ रावूंक नात. जोराच्या आंगार आयिल्ल्या वा दुयेंत आसा अशें कळिल्ल्या कितल्याशांच भुरग्यांक सरांनी स्वताच्या खर्चान दोतोरा कडेन व्हरून उपचार केल्यात. पूण ताचो केन्नाच बडेजाव मिरोवंक ना वा प्रचार करूंक ना. इतलेंच न्हय, तांच्या घराकडेनय केन्ना कळूंक दिवंक ना.

सरांचें शिकवप, वागप सगळेंच आमचे खातीर प्रिय आनी आदर्श. आमकां सर गांधी, आंबेडकर, फुले, आगरकर, टिळक, भगतसिंग, अश्फाक उल्ला हांच्यो काणयो सांगताले खरे, पूण आमकां सरांच्याच भितर सगळे दिश्टी पडिल्ल्यान आमकां पळोवंक नाशिल्ले गांधी –आंबेडकार वा अश्फाक उल्ला जावंचे परस गांवस सर जायनशें दिसतालें. धावेच्या सँडॉफा वेळार सगळींच भुरगीं गांवस सर पयसावतले म्हूण रडटालीं. सरान केन्नाच भेदाभेद केलो ना. वर्गांतलो कथीत 'ढ' भुरगो लेगीत सराक प्रिय.

एकदां सर बरे ना जाले. स्कुलांत चार दीस येवंक नात म्हूण आमी सगळीं सराचे खबरीक गेलीं. आमी सरांच्या घरा वचत जाल्यार खादीची लुंगी आनी खादीचोच पिंजको शर्ट घालून हाडकुळी ती पोटली मोरयेंत बसून कपडे धुताली. सरांची एक वेगळीच छाप आमचेर तेन्ना पडली. आईन कितेंय सांगलें जाल्यार हांव ना, तूंच कर म्हणपी आमकां त्या दिसा आमचीच लज दिसली! बरो आसूं वा नासूं, स्वस्थ बसप सरांच्या सभावांतूच ना.

एखादऱ्या विद्वान पंडिताक लेगीत लजोवपी सरांची अफाट बुद्दीमत्ता. पूण ग ची मात्तूय बादा ना! विनयशील वृत्ती. सेवा दलाच्या कार्यकर्त्यांचीं लग्नां सेवादलाचे विचारसरणेक सोबशीं जालीं – जातात. सादी रावप, असादारण वागप. बुद्दीचो वापर करप, पूण भावनेकय तितलेंच म्हत्व दिवप. विज्ञानाचें अधिश्ठान दवरप, पूण देव–धर्म मानतल्यांक तोडप ना. संस्कार मनीसपण फुलोवपी. संस्कृताय मनीसपण उलोवपी. सेवा दल कार्यकर्त्यांच्या लग्नांत सरूच भट! पयल्या लग्ना वेळार ह्या संविधानाधिश्ठीत भटा कडेन कितल्याशाच

जाणांनी वाद घालो, सर एकलो सगळ्यांक पुरून उरलो! पुरयतपण करपी, माचयेवेल्यान धर्माचें खरें तत्वज्ञान सांगपी पुरयत जेन्ना लग्न सुवाळो सोंपले उपरांत हॉलांतलीं जाजमां झाडून घडी मारता आनी सान्न घेवन कोयर काडटा तेन्ना आनीक कोणाक तोंड जातलें 'भटा' कडेन वाद घालपाक?

कसलेंय काम मना सावन वेवस्थीत आनी शिस्तींत करपाची सवंय तांच्या सहवासांत येवप्यांकय आपणायनशी दिसता. आयदनां घांसलीं जाल्यार चकचकीत, कपडे धुले जाल्यार चकचकीत. बँडेज केली जाल्यार वेवस्थीत. कविता केली जाल्यार काळजांतल्यान. चित्र काडलें जाल्यार सुंदर आनी हस्ताक्षर तर अप्रतीम.

लोक शांतीकाय मेळोवपाक, पवित्र जावपाक, मन निर्मळ जावपाक तीर्थयात्रेक वतात. सरांच्या सहवासांत येवप्यांक सरांच्या वांगडा, मागीर तो कँप आसूं, स्कुटरीवेलो प्रवास आसूं, बाजारहाट आसूं, मन पवित्र जावपाक, निर्मळ जावपाक, शांतीकाय मेळोवपाक तितलोच वेळ पुरो! एक दंतकथा आसा, गणपती आनी कार्तिकाची परिक्षा घेवपाक शंकरान सांगलें 'तुमचे मदलो पृथ्वीची प्रदक्षिणा घालून सगळ्यांत पयलीं पावतलो तो हुशार.' अशें सांगले बरोबर कार्तिकेय मोरार बसून पृथ्वीची प्रदक्षिणा घालूंक धांवलो लेगीत, पूण गणपतीन थंयच आशिल्लें आपलें आवयक, म्हणल्यार पार्वतीकच प्रदक्षिणा घाली आनी म्हणलें 'जाली म्हजी पृथ्वी प्रदक्षिणा'. तशेंच हांव म्हणन- 'पंढरपूर, शिर्डी, गाणगापूर वचचे परस हांव गांवस सरांच्या दिवचलच्या घरा वचून येन. गांधी-आंबेडकार आनी फुलेंचीं सुकीं तत्वज्ञानां सांगचे परस सरांचे पाठ जिणेचे पाटयेर गिरयन. खंयच्या स्वामी शंकराचार्याचे पांय धुंवचे परस सरांचीं उतरां झरयन!

गांवस सराक पोरूं राज्य सरकाराचो आदर्श शिक्षक पुरस्कार फावो जाल्लो त्या वेळार तांचो पवरि तांच्या बऱ्या मागप्यांनी सत्कार केल्लो. त्या सत्काराचे निवेदक सचिन कांदोळकार हांणीं म्हणिल्लें - 'गांवस सरांक फुडल्या वर्सा राष्ट्रीय पुरस्कार मेळचो आनी (ल्हवूच) त्या सत्कार सुवाळ्यांत निवेदन करपाक म्हाकाच आपोवंचो!' तांचो प्रातिनिधीक स्वरुपांतलो आशावाद

पुराय जालो. सरा सारकिले योग्य व्यक्तीक राष्ट्रीय पुरस्कार मेळिल्ल्यान आमच्या सारकिल्ल्यांक कितली खोस जाल्या हाचें हांव वर्णन करपाक शकचें ना. पूण ही खोस वांटून घेवंची अशें मात दिसता. सचिन कांदोळकारान अशेंय म्हणिल्लें, 'आमी कमनशिबी, सरांचे विद्यार्थी जावपाचें भाग्य आमकां लाबूंक ना. जांकां लाबलां ते भाग्यवान'.

हांव स्वताक भाग्यवान समजतां–कारण म्हाका ती संद लाबली!

❖❖❖

डिसेंबर २० ते जानेवारी ५ मेरेन गोंयांत व्हड सणा-परबांचे दीस. पुराय भारतांत सण परबो मनोवपाच्यो तरा वेगळ्यो आनी गोंयांत वेगळ्यो. सण-परबो मनयतना ताची मजा कशी घेवंची हाची देख गोंय सबंद भारताक दिता. भारताच्या हेर वाठारांनी मेणवाती, लायटी, पण्टयो, ओवाळणी, मीस, नमाज, पुजा, रांगोळी, सर्ती, संगीत अश्यो कार्यावळी करून सण परबो मनोवपाच्यो वेगवेगळ्यो तरा दिसतात.

33. गोंय ना करपाक आकांतवादी घुरयेची गरज आसा?

हातुंतल्यान चडश्या तरांनी आमकां मजा येना. कारण हे सण आमकां झींग हाडिनात. आमी नाचतले, धोलतले जाल्यार आमकां संगिताच्या तालाची, सुरांची गरज ना. तातुंतलें चड किते आमकां कळय ना. आदली गुट्टीभर, आतांची बॅरलभर फेणी मारले बगर आमचे पांय ताल धरिनात. आतां हें बॅरल मारूनूय नशा येना. आतां आमकां अफू, चरस, गांजा, हॅरॉयन, कोकेन, ब्रावन शुगर अशीं घुंवळी वखदां लागतात. सिगार, मोरी, लवर, मोबायल सगळ्यो अती आवश्यक गरजो जाल्यात. हीं सगळीं घुंवळी वखदांय हांगा गोंयांत आमच्या पोरसांनी, वारयांनी, दोंगरांनी जायनात. तांचे कारखानेय हांगा नात. पूण भरपूर प्रमाणांत सगळे कडेन तीं मेळटात. उत्पन्न ना पूण प्रॉडक्ट मेळटा, करपी ना पूण वितरावपी मेळटा. चान्न्याचे राती, माडांचे सावळेंत धव्या पदार्थाचो हो काळो धंदो फुलता, फळटा. ताका सांगात आसता पॉप संगिताचो. ते नशेंत, त्या तालार हजार तरणाट्यांचे पांय नाचतात. आंगांत घुंवळे वखदांची

नशा, दोळ्यां मुखार, हातांत मांडयेक तेंकून सळसळटें तारूण्य, लावण्य आसता.

देशी चल्यांक विदेशी चलयांचे आकर्शण. विदेशी चल्यांक देशी चलयांचें आकर्शण. तशेंच देशीक विदेशी सोऱ्याची आस. विदेशींक देशी काजू फेणयेची आस. अश्या वेगवेगळ्या संस्कृतींचें कॉकटेल व्हडा दबाज्यान ह्यो राती गाजयतात. वेगवेगळ्या संस्कृतीचे संस्कार तांचेर जाल्ले आसत जाल्यार ह्या संस्कारांचो चुरो करून सिगरेटींनी भरून ताचो धुंवर एकामेकांचेर उडयता. उदेता हांगा नवी विकृताय आनी तिका पालव आसा सरकारी मान्यतायेचो. बीच पार्ट्यांक दिल्ल्या कायदेशीर परवान्याचो.

पार्टेच्या रंगाचो बेरंग जावचो न्हय हाची जापसालदारकी लागींच्या पुलीस स्टेशनान घेतिल्ली आसता. ताका लागून तांचें वेवस्थीत 'पेट्रोलींग' चालू आसता. थळाव्या घरांनी, गांवांनी ताचो आवाज कान फोडटा देखून कांय गांवकार जिल्लोधिकाऱ्या कडेन कागाळ करतात. पूण फुडें ताचें कांयच जायना. तेच बराबर ह्या उत्तेपणान चलिल्ल्या संस्कृतीक प्रदुशणाची कागाळ खंय करची? आसा एकाद्रो moral/cultural pollution control board? आसात ताचे कायदे? आसा ताची कायदे मोडप्यांक ख्यास्त दिवपाची पद्दत?

मुंबय हल्ल्या उपरांत सगळे चेकपोस्ट खडबडून जागे जाल्यात अशें पेपर दाखयतात. कितले दीस जागे उरतले हो प्रस्न विचारपाचो ना. पत्रादेवी, मोलें, दोडामार्ग, केरी, पाळोळें सारक्या सगळ्या शिमांचेर दोळे वटारल्यात, पूण त्या दोळ्यांक उदक लावन घुंवळी वखदांचो खुराक केन्नाच भितर पावला आसतलो. घुंवळी वखदांच्या सोरपांनी आपलें वीख पाझरपाचें काम चालू केलां आसतलें. चेकपोस्टार येवपी–वचपी गाडयो तपासतात, पूण कपड्यांच्या बॅगांत, पर्सनल बँगांत, सामानात मदीं वाटकुळीं निवर्णीं करून बसयिल्ले हे सोरोप कोणाक मेळटले? आतां रेल्वेंत येवपी वचप्यांची बॅगां, मदीं चडप्यांचीं बॅगां कोण सांसपितात? आनी हे सोरोप मेळ्ळेच जाल्यार १० रुपयांनी जसो ट्रक भितर सरता तशे १० हजार रुपयांनी हे सोरोप भितर सरतले. ताची टक्केवारी वयल्यान सकयल सारकीच वांटून वता. चेकपोस्टार न्हिदिल्ल्या

पुलिसांक लेगीत हालोवन मेजा पोंदा पुडी दवरपाचें काम ट्रक चालक प्रामाणीकपणान करतात, कितलें परफॅक्ट आमचें संरक्षण खासऽऽ तें पळयात.

लांच घेतिल्ल्या कांय पुलिसांक निलंबीत करता म्हूण बातमी पेपरार येता. पूण येऱ्या गबाळ्या कडेन पयशे मागपाक पुलीस कितें पिशे? 'चोराचेर मोर' आसता. घुंवळी वखदां, बेकायदेशीर सोरो, हेर धंदे मेळ्ळे काय प्रकरण आपसांत मिटोवपाक पयशे घेतात. केन्ना केन्ना एकाद्रो दुसरो सांपडून निलंबीत जाता. पूण अशे कितलेशेच बेकायदेशीर सोरोप पुलिसांच्या पावला पोंदसून वतात. तांच्या गोंयकार भावां भयणींचेर विखारी डंख मारपाक सळसळटात.

गोंय सरकारान बीच पार्ट्यांचेर बंदी घाली. निर्णय तोखेवपाचो. पूण खूब उसरां घेतिल्लो देखून ताची परिणामकारकता दिसून येवंची ना. सगळो खुराक येवन पडला. तयारी पुराय जाल्या. कोटी कोटींनी investment केला. पॅन्डोलां सजल्यांत आनी आतां पार्ट्यो ना म्हणटात? बिचार न्हय, तर मातशे देगेक पूण पार्ट्यो जातल्योच हें पळोवपाची जापसालदारकी खुबश्या सरकारी मनशांनी घेतल्या. पर्यटन क्षेत्रांत जांचे धागे घुस्पल्यात त्या सगळ्यांचेर हे बंदीचो कांयच परिणाम जावंचो ना. देखून 'बंदी' चो फकत आम आदमीच्या दोळ्यांक मातसो हरवो पड्डो दाखयला. हां! पळयतकच, पेपरार वाचतकच बरेंऽऽ दिसलें.

हे बंदीची अंमलबजावणी खरेमार्णान जातली वा ना हें कोण नकळो. जर्मन बायलेची घुंवळी वखदां खावन निर्जीव जावन पडिल्ली कूड हरमला मेळ्ळी. स्कार्लेट किलिंग्ज हेंय घुंवळी वखदांनीच मेल्लें. आतां सरकार कोणा गोंयकार तरणाट्यांच्या मरणाची वाट पळयता?

हांगा मुजरत चीनाच्या ओपीयम झुजाची याद जाता. चीनाची व्हड वणत, बळिश्ट अशी मिलिटरी, भायल्या वेपाऱ्यांक चिनान धांपिल्लीं दारां, स्वयंसंपन्न आर्थीक वेवस्था, थंय पिकपी च्या, मेळपी सिल्क, रुपें सगळ्यांचेर नदर दवरून इंग्लीशांनी 'वांकडे म्हेडीक वांकडें नेम' हे म्हणी प्रमान चीनाच्या लोकांक ओपीयम ह्या घुंवळी वखदांनी घुंवळायले. भारतांत जसो Divide & rule तसो चीनांत थंय पिकनाशिल्ल्या ओपीयमाचें पिशें लायलें. अवघ्या धा

ते पंदरा वर्सां भितर चीनाची सगळी अर्थवेवस्था कोलमडली, पारंपारीक धंदे गेले. सैनीक सगळे पोखरून गेले. जो तो ओपियमाचो पिसो जालो आनी १८४० ते १८४२ ह्या काळांत ओपीयम झूज जालें. सगळ्या जगाचे दृश्टीन कट्टेंत नाक बुडोवपाची पाळी. इतले लजेन चीन हारलें आनी नाका आशिल्ल्यो ट्रीटी पश्चिमी देशा वांगडा केल्यो.

जी गजाल मिलिटरी करूंक शकना, खंयचे आकांतवादी करूंक शकनांत, जगांतलो बळिश्ट देश करूंक शकना ती एका घुंवळ्या वखदान केली. Opium war हें काळ्या अक्षरांनी जगाच्या इतिहासांत बरयिल्लें आसा. आमी तें शिकतात, घुंवळी वखदां, तांचे दुश्परिणाम घोकतात. परिक्षेक जापो बरयतात. बरे मार्क मेळयतात. दोतोर, इंजिनीयर, टिचर जातात. वोर्राद भोंवतात, पयशे जोडटात, रातचे वचून बीच पार्ट्यांचेर नाचतात, घुंवळी वखदांची नशा आमचें मन मन व्यापता आनी आमी म्हणटात 'तरणाट्यांक कित्याक दोश दिवंचो?'

गोंय काबार करपाक आमी पयलींच सुरवात केल्या. ज्या हातांनी नवनिर्माण करपाची शक्त आसा. ज्या हातांनी देशाचो फुडार घडोवपाचो आसा. जे तरणाटे, ते हात आयज पुरायपणान पोखरल्यात. तांकां बरड लागला. गोंयचे खांबे वांशे अशे आसत जाल्यार गोंयच्या विकासाची इमारत कशी उबी रावतली?

गोंयची पावणी आराखड्या वेळार जाल्या. बोली जाल्या करोडो-कोटींचो वेव्हार जाला. ताका थातारपाक जाय. देवांक, देंवचारांक, जाग्या वयल्यांक, पिंपळा वयल्यांक, शिमे वयल्यांक, सकयल्यांक, वयल्यांक सगळ्यांक थातारल्यात. वांटे घालून दिल्यात. आतां ताव मारपाचें काम नेटान चालू आसा. कागदार सगळें कायदेशीर हां!

भोवतेक गोंय काबार जाल्लेंच आसा. सांस्कृतीक, समाजीक गोंय काबार करपाची गरज ना. ताका बरड लागल्यार खूब तेंप जालो. भायल्यान वांशे माट्टीचे कशे बरे सणसणीत दिसतात. मात भितर ते आख्ख्याचे आख्खे पोखरल्यांत! ते पडटकच आमी जागे जावया. ते मेरेन कांयच करचें न्हय.

जेवया, खावया, पेपर वाचुंया, फॅमिली टिव्ही सिरीयली पळोवंया, आयनॉक्सांत वचून पिक्चरां पळोवंया. घरा येतना चिल्ड बियरी पेटोवया. आनी तेच झिंगेंत, धूम स्टायलींत घरा येवन ओग्गी न्हिदुंया.

देवाच्या पुता, देवाच्या दुता - जेजू, आमकां माफ कर, आमी कितें करतात हें आमकांच खबर ना!

❖❖❖

२००७ वचून २००८ आयलें. सरतें वर्स आपल्या वांगडा खूब कितें घेवन गेलें. आराखडो २०११, सॅझ आनीक खूब कितें दवरूनय गेलें. खूबशे राष्ट्रीय (अणू कबलात), आंतरराष्ट्रीय (पाकिस्तान, नेपाळ आनी म्यानमारचो सत्ता संघर्श), तशेंच आमचे सरभोंवतणचे प्रस्न तशेच आसात. समाजीक, सैमीक (तापमान वाढ, प्रदुशण) आनी जायतें. १९ खणी बंद करपाचो निर्णय जालो जाल्यार १७ खणी चालू करपाचोय निर्णय जालो. तातूंत ८-९ दीस

34. २००७ वर्साक निरोप दितना...

संवसार रस्त्यार हाडून ठाण मांडून आंदोलकांच्या पदरांत कितेंच पडलें ना. उदक दिसान दीस खदूळ जायत आसा. शेतां-भाटांत पडिल्ले बारीक मातयेचे (Clay) थर वाडत आसात. उदकाचो पांवडो सकयल वचत आसा. डॉक्टराचे डिस्पेन्सरी मुखावयल्यो पेशंटाल्यो रांको आनीक लांब लांब जायत आसात. दमो, टिबी, ब्रोंकायटीस अशे धूळ प्रदुशणाचेर पोसपी राकेस जल्माक येतात. वेगान धांवपी ट्रकांच्या टायरा पोंदा दुचाकी चालक, पदचारी आपलो जीव वगडायतात. नवीं नवीं मिनां जल्माक येत आसात. ह्या सरभोंवतणच्या समाजीक आनी पर्यावरणीय समस्यांक 'टाटा, बायबाय २००७' चें कितेंच देणें-घेणें ना. काल जाल्लें तशें फाल्यांय जातलें. आमी तटस्थ!

काळ फुडें फुडें वता तशें पर्यावरणाचें संतुलन इबाडटा. रुखा रुखार, पाना पानार धुल्ल जमत आसा. तसो धुल्ल आमच्या मना मनाचेरूय साचला. ह्या धुल्लांतल्यान जल्माक येतात नैतीक नदरेन फाटीं व्हरपी विचारांचे किडे.

तांकां पोसता सरभोंवतणचें सुदारिल्लें (?) जग आनी समाजाची इबाडिल्ली संघटीत मना अवस्था.

सकाळीं उठून दिसाळें हातांत घेतलें काय बातम्यो दिसतात त्यो हुंडाबळी, बलात्कार, विनयभंग, लग्न जाल्ले बायलेचो छळ, आत्महत्या, खून, अपहरण आनी अशेच तरेच्यो. भारतीय संस्कृतायेक लागून भारत हो हेर देसां परस वेगळो. संस्कृताय पाळपी आनी पाळनाशिल्लेय भारतीय संस्कृतायेचो उदो उदो करतात. संस्कृतायेची आवय आशिल्ली अस्तुरी मात आयज ह्या देशांत सुरक्षीत ना. मागीर ती घरांतली बायल आसूं. म्हातारी आवय आसूं. भयण आसूं वा आसूं ती जल्माक येवंक नाशिल्ली पोटांतली चली. बायलेची पुजा करपाची व्हड परंपरा (एका तेंपार) आशिल्ल्या ह्या देशांत बायलेचे सुरक्षिततायेचो प्रस्न मुखेलपणान उप्रसला.

हालींच जाल्ले एके कथीत धर्मसभेंत मूलतत्ववादी विचारांची पोसवण करपी भाशणां जाल्लीं. तीं पुरायपणान संविधान विरोधी आशिल्लीं. हे सभेंत 'पाश्चात्य संस्कृताय न्हयकारात' अशें म्हणटना नेमकें कितें न्हयकारात तें खंयच्याच धर्ममार्तंडान स्पश्ट करूंक ना. जाका आपल्या सांप्रदायिकां मदीं एकचार हाडपाक जमना असो एक स्वामी हिंदूंक एकठांय हाडपाचें आवाहन करतालो! योगायोग म्हणल्यार एका दिसाळ्यांत ह्या धर्माभिमान्याचे सभेची बातमी आयिल्ली. ताचेंच कुशीक वारका एके मजूर बायलेन चोरी केली म्हणून तिका मार बडय करून तिच्या आंगावयलीं वस्त्रां पिंजून उडोवन तिका 'पुरूशप्रधान समाजीक न्याय' दिवपाचे अमानूश घडणुकेची बातमीय छापून आयिल्ली. धर्मसभेचे माचयेर जावपी सनातनी विचारांचोच हो व्यक्त आविश्कार तर नाशिल्लो! पुरूशप्रधान संस्कृतायेचेंच तर हें दर्शन नाशिल्लें! 'शुद्र आनी अस्तुरेक पांयांतले व्हाणे समान लेखपी सनातनी संस्कृतायेन दिल्ले मानसीकतायेंतल्यान अविश्कृत जाल्ल्या न्यायदाना'चीच प्रक्रिया तर नाशिल्ली ती! चव्हाठ्यार आंगार बेताच्यो बडयो मारून पिशें देंवयतनाची मजा घेवपी आनी चोरी करपाची ख्यास्त दितना बायल मनशेच्या आंगार हात घालून कपडे पिंजपी पराक्रमी दादल्यांक खंयचे संस्कृतायेचे पालखेंत बसोवपाचें? जे मेरेन

अस्तुरेक समानतायेचो समाजीक हक्क सोंपेपणान मेळना, ते मेरेन मनीसपणाची संस्कृताय वयर येवप कुस्तारच.

समाजांतलो जापसालदार, विचार करपी, प्रतिभावंत, प्रज्ञावंत घटक अश्या घडणुकां कडेन तटस्थपणानच पळयतलो काय कितें? तो आपल्या वेली जापसालदारकी सांबाळचोच ना काय कितें? एके वटेन कांय युवक-युवती येसाच्यो तेंगश्यो चडटात तर दुसरे वटेन वायट कर्तुबां करून कांय तरणाटे बंदखणीचीं सोपणां चडटना दिश्टी पडटात.

२००७ वर्साक निरोप दितना आनी नव्या वर्साक येवकार दितना जुहू बिचार हॉटेला मुखार दोन गुजराती चलयांचो जाल्लो विनयभंग. तेच राती घडिल्ली दिल्लीची घडणूक पळोवन म्होर बसली की ह्या देशांत संस्कृतायेची जननी सुरक्षीत ना. दुसरी बाजू लक्षांत घेतली जाल्यार अश्या पार्ट्यांक वचपी चलयांनीय कांय बंदनां पाळपाक जाय. स्वातंत्र्य म्हणल्यार स्वैराचार निखालस न्हय. विनयभंग करपी त्या १४ चल्यांक ख्यास्त जावपाकच जाय. तातूंत नैतीकतायेचो ऱ्हास आसा. पूण चलयोय आपली जापसालदारकी वळखल्यो नात. आपलें वागप, वावरप, कपडे हातुंतल्यान दुसऱ्यांच्यो भावना चाळवच्यो नात हाची जतनाय घेवपाक जाय आसली.

ऑफिसांत कामाक लागिल्ले चलयेन आपूण 'मॉर्डन' दिसपाक जाय, 'स्मार्ट' दिसपाक जाय, ना जाल्यार नव्या मॉडर्न युगांतलें 'मॉड गर्ल' म्हूण सोबचें ना ह्या विचारांनी चुडीदाराक चुडटी लावन जीन पॅण्ट आनी कंबर-पोट उकतें दवरपी घट्ट, मोटवें टी शर्ट घालें म्हणल्यार सुदारणा जाली. हे भ्रामक कल्पनेंतल्यान भायर सरपाक जाय. मिनी स्कर्ट घालून कॉलेजींनी वचप, ऑफिसांनी वचप, आंगाचे कांय भाग उकते दवरून चल्यांच्या भावनांक आवाहन करप आनी मागीर 'तो म्हाका वायट नदरेन पळयता' अशें म्हणून 'तूं दाखयता तें पळोवपाची चूक' करप्यांची कागाळ करप हें तरी कितलें योग्य?

सुदारणे बराबर सुविचार, सुसंस्कार हांचोय उणाव आयचे युवा पिळगेंत दिसता. खंयचेय साहित्य विशयावेले परिसंवाद, विचारवेध संमेलनां वा प्रबोधन करपी कार्यावळींनी पिकिल्ल्यो तकल्योच चड दिसतात. तरणाटे रगत सळसळटना

दिश्टी पडना. तरणें रगत नाका थंय सळसळटा! आयच्या तरनाट्यांचो तरी दोश कित्याक करपाचो बाबड्यांचो. सलमान खानान कितल्या पिच्चरांनी कपडे घाल्ले आनी कितल्या घालूंक नात. संजय दत्ताचो बर्थडे केन्ना हांचेर आयच्या एफएम चॅनलांचेर तरणाट्या आरजें भितर गंभीरपणान भासाभास चलता थंय गांधी-आंबेडकारान, फुले-सावित्रीबाईन, राजाराम मोहन रॉय वा शाहू महाराजान आमकां सुखान जगपाक मेळचें म्हणून कितें कितें भोगिल्लें हें जाणून घेवपाक बाबड्या आयच्या तरणाट्यांक खंय वेळ आसतलो? बिपाशा बासून कपडे पिंजून कसली नवी स्टायल हाडल्या वा राखी सावंतान खंयच्या आयटम साँगांत कितले उणे कपडे वापरिल्ले हे चर्चेत गुल्ल आशिल्ल्या तरणाट्यांच्या आंगाचेर बंडखोर विचारांची आवरणां, कशीं चडपाचीं?

आयचो तरणाटो असल्या 'राष्ट्रीय' कार्यावळींनी गुल्ल आशिल्ल्यान ताका बाबड्याक फालतू वैचारीक गजालीं खातीर वेळ आसना. मोबायला वेलें लव्हरां बराबरचें वरांचें वरां उलोवप, ई-मेलावेलीं चॅटिंगां, एसएमएसांतल्यान डेटींग, बुद्दी आनी नैतीकतायेक झींग हाडपी रातच्यो पार्ट्यो हेंच तांचें जग!

पंदरा वर्सां पयलीं चोरी, बलात्कार, पार्ट्यो, अपहरण, ड्रग्ज, वेसन करपी युवावर्ग हें मगळें टिव्हीचेर पळोवंक मेळटालें. धा वर्सां पयलीं ह्यो गजाली दिसाळ्यांतल्यान झळकपाक लागल्यो. तेन्ना दिसतालें 'ह्यो सगळ्यो बिहार, कर्नाटक, ओरिसा, छत्तीसगढ आनी युपीक जावपी घडणुको, म्हज्या गोंयांत मात अशें ना हां.'

पूण सादूर, ही विस्कृताय गोंयांत रिगल्या. आमकां कळचे आदींच. चोरी, खून, घुंवळीं वखदां घेवपी, वितरावपी हे सगळे लोक कर्नाटक, महाराष्ट्र, बिहारांतले दिश्टी पडटाले. आतां खबरांपत्रांतल्यान गोंयची नांवां दिश्टी पडटात.

काल पिक्चरांतलो कॉलेजकुमार घरा फट मारून पार्टेक वतालो. आयज प्रत्यक्षांतलो तरणाटो कॉलेजींत कार्यावळ आसा अशें सांगून 'न्यू इयर पार्टी सेलेब्रेट' करपाक वता. 'सोरो न्हय रे, बियर ती.' 'कितें रे, म्हामेर ओडपी दुदखुळो समजला काय कितें तूं?' अशीं मुक्ताफळां उधळटना इश्टावांगडा

आपली पत सांबाळपाक हो भुरगो वा भुरगें व्यसनांचे भकीक पडटा. देशाचो फुडार पार्ट्यांतल्या बियरींच्या फेसांत आनी ड्रग्सांचे नशेंत विरगळटा.

‘सुपांतले दात्यांत’ ह्या न्यायान काल मुंबय बिहार गुजराताक घडपी घडणुको आतां आमचे सरभोंवतणी घडपाक लागल्यात. कालचेच म्हापशेंची अपहरणाची केस आसूं वा कला अकादमींतल्यान संस्कृतीक मेळावो सोंपोवन घरा वतना जाल्लो एके परदेशी युवतीवेलो बलात्कार, हें सगळें पळोवन दिसता, भायर घोंघेवपी वादळ आयज म्हज्या घरा मुखार पवालां. म्हज्या दारार पावलां. तें आडावंक हात बळिश्ट आसात व्हय? ‘बाळकाचे पांय पाळण्यांत’ म्हणटात तसो फाल्यांचो भारत स्वैराचाराची झींग चडिल्लो आसतलो हाचो ट्रेलर तर हे तरणाटे दाखयनात?

नवनिर्माणाची जापसालदारकी दिवन बळिश्ट केल्ले तरणाटे हात आयज बियर-व्हिस्कीचें ग्लास सांबाळपाची कसरत करपाक लागल्यात, देखून हो दुबाव.

❖❖❖

Accn No:003686

पेपर वाचतां वाचतां एके बातमेन आपले वयली नदर काडपाक दिलिना. तशी बातमी न्हय ती. एक घडणूक - मंदबुद्दी भुरग्यांची.

एकदां ह्या भुरग्यां मदीं धांवपाची सर्त आसली. सगळ्यांनी धांवून तांबडे रिबिना कडेन वचपाचें आसलें. ताळी वाजयतकूच धांवपाचें आनी पयलो येवपाचें. सर्त सुरू जाली. सगळ्यांची नदर तांबडे रिबिनीचेर. सगळे धांवतात...जाच्या ताच्या मनांत आपुणूच पयलो येतलों हो विचार. पळोवप्यांकूय

35. 'ब्युटी पार्लरां' न्हय, काळीज सुंदर करपी 'हार्ट पार्लरां' जाय!

उमळशीक लागिल्ली. इतल्यांत एक भुरगो आपटलो आनी सकयल पडलो. तें पळोवन एक चली थांबलें. ताचे कडेन आयलें - 'खूब लागलें तुका?' ताणें विचारलें. ताका धरून तें उठोवपाक लागलें. फुडें धांवप्यांनी तांकां पळयलें. तिवूंय रावलीं. एकटो एकटो करीत सगळीं भुरगीं परतलीं. सगळ्यांनी मेळून ताका उठयलो. खांदार खांद मेळोवन गडी घालून हीं सगळीं भुरगीं चलपाक लागलीं आनी वांगडाच तांबडी रिबिनी कडेन पावलीं. जमिल्ले लोक पळयतूच उरले. सद्गदीत जालें. ताळयो आनी दुकांनी मळब भरून गेलें.

ही घडणूक वाचून दोन मिनटां दोळे बंद करून घेतले. दुकांक वाट करून दिली आनी मन, काळीज लजेन सकयल गेलें. म्हजी म्हाकाच लज दिसली. हात, पांय, तकली, दोळे, कान, बुद्द सगळें सगळें शाबूत आशिल्लीं आमी मनशां. प्रगतीचे तेंगशेर सुवात मेळयिल्ले आमी प्रगती वीर. पयसो, प्रतिश्ठा, मान... संवसारांत जें म्हणून कितें सर्वश्रेश्ठ आसा तें मेळोवपाचो हावेस

बाळगुपी आमी, एक गजाल मात विसरत चल्ल्यात – हय, फुडें फुडें वतना फाटीं पळोवपाक विसरल्यात...वयर वयर वतना सकयल पळोवंक विसरल्यात..!

समाजांत खूब मनीस फाटीं उरल्यात. कांय गरीब सोयीसुविधा मेळूंक नाशिल्ल्यान फाटीं उरल्यात कांय जाण हात-पांय, कान-दोळे, वाचा ना म्हूण फाटीं उरल्यात. कांय लोक ह्या शारिरीक अपंगुळपणाचेर मात करून वयर सरल्यात. हात नाशिल्लो मनीस आयज पांयान कंम्प्युटर चलयता. पांयांनीच सुंदर सोबीत चित्रां काडून इनामां मेळयता. दोळे नाशिल्लो मनीस सुंदर कलाकृती निर्माण करता. पांय नाशिल्ले कदेलार बसून, भोंवून, कुबड्यो घेवन वा लाकडाचे पांय लावन आपलीं कामां करतात. उलोवंक येनाशिल्ले कुरवांची भास शिकून आपले विचार आनी भावना दुसऱ्या मेरेन पावयतात. विज्ञानान दिल्ल्या यंत्रांनी अपंगांची जीण आनीक सोंपी केल्या. (अध्यात्मवाद विज्ञानाक विरोध करतात, पूण स्वता खातीर आंगावेले खोमीस लेगीत निर्माण करपाची तांक तांचे भितर ना). खर कश्ट, संघर्श आनी मानसीक बळग्याच्या आदारान ह्या शारिरीक अपंगुळपणाचेर मात करूं येता. मनशाची बुद्द ह्या अपंगुळपणाचेर मात करपाची शक्त दिता. वाट दाखयता. देखून बुद्द म्हत्वाची.

ह्या सैमांत दोनूय प्रकार आसात- जिते (Living) आनी मेल्ले (Non Living). जित्या मदीं दोन प्रकार आसात. झाडां आनी जनावरां. हीं जनावरां म्हणल्यार आमी, फकत बुद्द आसा म्हूण आमी मनीस हेर जनावरां परस वेगळे. आनी हेर जनावरां पसून वेगळे करपी ही बुद्दच जर मनशांत ना जाल्यार अशे मनीस जनावरांच म्हणचे पडटले. मानसीक अपंगुळपणाचेर मात करप खूब कठीण. हें महाकठीण काम फकत जाचो बुद्ध्यांक मातसो तरी आसा तोच करपाक शकता. ताणें आपलीं कामां स्वता करप होच ताचो विकास.

आयचो समाज मानसीक अपंगूळ आनी मनोरूग्ण हांचे भितर सदांच गल्लत करता. मानसीक अपंगूळ भुरगो सवकासायेन शिकपी आसता. तो पिसो आसना. ताचे कडेन खूब पासियेंस काडचें पडटा. ह्या भुरग्यांच्या आवय-बापायची जीण पळयली जाल्यार कळटलें. तांचीं आपल्या भुरग्यां विशीं आशिल्लीं सगळीं सपनां उध्वस्त जातातूच, ते भायर तांकां आनीक

खूब संकश्टांक तोंड दिवंचें पडटा. त्या भुरग्यांक समजुपाक, समजावपाक, ताचें सगळें करपाक, ताचो मूड सांबाळपाक आनी ताका राग येवनूय बी तो दामून धरून तांचे कडेन मायेमोगान वागप...खुबूच कठीण. एकूच गजाल धा फावटीं करून दाखोवप वा सांगप हें व्हडलें दिव्य. हें दिव्य करपी आवय-बापूय आपली उमेद विसरतात. मजा करप, हांसप, खेळप, सुखान रावप कांयच तांकां शक्य आसना. भौशीक सुवातांचेर, लग्ना-बारशाक, मनरिजवणेच्या जाग्यांचेर तीं भोंवूंक शकनांत. एका एका जोडप्याक, असलीं दोन दोन भुरगींय आसतात. तांचो संवसार ह्या भुरग्यां भोंवतणीच घोळटा. मानसीक अपंगूळ भुरग्यांक लोक कुत्सीत नदरेन पळयतात.

उदेत्या सुर्याक नमस्कार करपाची आमचे कडेन पद्दत आसा. हाकाच भारतीय संस्कृती म्हणप काय कितें हांव नकळों. पूण भारतांत ती आसा खरी. जीं भुरगीं नांव कमायतात तांकां 'बाल पुरस्कार' भेटोवन तांचो भोवमान करतात. कवनूक करतात. तीं भुरगीं आपलें श्रेय आपल्या आवय-बापायक दितात. आवय-बापायांकूय हाचे परस वेगळें, व्हडलें कितें नाका आसता. तांकां खूब खोशी जाता. बरी गजाल. पूण त्याच सैमान निर्माण केल्ल्या मानसीक अपंगूळ भुरग्यांक समाज आसपावन घेना. आयुश्यभर खास्ती खावपी तांचे आवय-बापूय काळखांत उरतात. तांकां सरकार पळयना, तांकां खंयची आपवावुरपी संस्था पळयना. समाजाची तर उपेक्षाच तांच्या पदरांत पडटा.

भुरगें पळयलें काय फातराचें काळीज आशिल्ल्या मनशाक लेगीत माये मोगाचो पाझर फुट्टा. नॉर्मल, गुटगुटीत भुरग्याक कोणूय बरें करीत, पूण त्याच सैमान जल्माक घाल्ल्या ह्या अपंगूळ भुरग्यांक कोण बरो करता जाल्यार ती खरी माया, ती खरी ममता.

हें मानसीक अपंगूळपण जेन्ना एके चलयेक येता तेन्ना वेगळे प्रस्न उबे रावतात. ताच्या आवय-बापायचेर मळब कोसळटा. बुद्द वाडना पूण शरीर थांबना अशी गत, सैम आपलें काम करीत रावता आनी ह्यो चलयो व्हड जाल्यो काय सुशिक्षीत समाजांतल्या नराधमांच्या हावेसाक बळी पडटात.

तांकां कांय कळना आनी नराधमांक तांच्या शरिरा बगर कितेंच दिश्टी पडना. अशा चलयांचे कांय आवय-बापूय तांचो गर्भाशय काडून उडयतात. ही अघोरी कृती, पूण तातूंत तांचीय कांय चूक ना. समाजांत मान सकयल घालची पडत म्हूण निमणो हो उपाय काडटात. ताका कारण हो शिकिल्लो समाजूच. लैंगीक बदल तांकां कळनात. चल्या भुरग्यांकूय हे प्रस्न आसतातूच. ताचो त्रास दुसऱ्यांक जावं येता. ताचें खापर परतें आवय-बापायचेरूच येता. अशा भुरग्यांक घरा भायर सोडपाक मेळना. तांकां राग खूब येता. हेंवूय तांच्या तिरस्काराचें एक कारण आसूं येता. हीं भुरगीं बाजारांत, भौशीक सुवातांचेर भोंवतना दिश्टी पडटात. संवेदना मेल्ल्या लोकांचे मनरिजवणेचें साधन जातात. धड खावपाक ना. घालपाक ना. वयलें धांपल्यार पोंदा उक्तें आनी पोंदा धांपल्यार वयलें उक्तें अशी बायलमनशेची भौशीक विटंबणा उक्त्या दोळ्यांनी पळोवन तातुंतल्यान मनरिजवण करून घेवपी हो समाज हो बोकडांचोच समाज. मानसीक अपंगूळपण सारकें हाताळूंक ना जाल्यार मनीस पिसो जावंक शकता. देखून, भुरग्यांच्या आवय-बापायची, सोयऱ्यांची व्हड जबाबदारी आसता.

बाजारांतल्यान एक दीस अशी वतना एक पिशी बायल दिसली. आंगार मोजकेच कपडे. साडी लोळयत चलताली. एका हॉटेलवाल्या कडेन खावपाक मागलें. ताणें तिका पांव दिलो. तो पांव तिणें घेतलो आनी रस्त्यार वडयलो. थूऽऽ थूऽऽ थूऽऽ करून ताचेर थुकली. ल्हान भुरगें रस्त्यावयलो फातर उडयता तसो तो पांव तिणें पांयान हेवटेन तेवटेन उडयलो. मागीर चपाती लाट्टा तशी तो पांव ती रस्त्यार लाटपाक लागली. धवोफुल्ल पांव काळो जालो. मागीर तिणें तो आवडीन खाल्लो. कुशिकूच कांय कॉलेज कुमार उबे आसले. तिचें कर्तूब पळोवन हांसताले. कांय जाण तिका पळोवन एकामेकांक ती कितें करता तें दाखयताले. कांय जाण तिचे कडेन लक्ष दिनासतना आपलेच धुंदींत चलताले. मनीस ह्या नात्यान तांचें तिचे कडेन कसलेंच नातें नासलें व्हय?

मनीसपणा बराबर मनीस संवेदना शेणयत चल्ला. अशे देखावे पळोवन तांचे भितरली संवेदना जागी जायना. तो रूक्ष जाला. शिमीट-काँक्रिटाच्यो

बिल्डिंगो बांदतना ताचें काळिजूय घट जायत चल्लां. सहज म्हजें लक्ष कुशीच्या एका शॉपावेल्या बोर्डाचेर गेलें. वयर बरयिल्लें 'ब्युटी पार्लर'. 'सुंदर जायात. सोबीत जीण जगात'. रस्त्या रस्त्यांचेर, तिस्का तिस्कांचेर आयज तोंडां रंगोवपी, चेरे सुंदर करपी ब्युटी पार्लरां दिश्टी पडटात. पूण काळीज सुंदर करपी, संवेदना खडबडून जाग्यो करपी हार्ट पार्लरां आमच्या समाजांत नांत. ह्या हार्ट पार्लरांची आयज तिठ्या तिठ्यांचेर गरज आसा.

❖❖❖

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

नमन धावस्कर सावंत

सत्तरीची देवराय जशी सैमीक रितीन चंवरता, सत्तरीच्या दोंगर-घळींतल्यान जशें पावसाचें उदक घसघसून व्हांवता, तशें बाय नमन सावंताचें लेखन. सभाविक तशेंच निजाचें.

बाय नमन मुक्त मनान विचार करता. पूण हें मन उथळ न्हय, स्वैराचारी तर न्हयच. तें खूब संयमी पूण भिजूड न्हय. सामाजिक विषमताय, वेगळेचार, शोशण हांचेविशीं बरयताना तें चार शिट्टी समाजाचेर मारता आसताना तांतुंतल्यो दोन आपणाचेरूय मारून घेता.

नमनाक एक मनीस म्हण, एक गोंयकार म्हण गोंयच्या इबाडपी फुडाराचो हुस्को जाता. कारण ताका गोंयचो, आपले भुंयेचो मनापासून मोग आसा. जाका हो मोग आसा तोच मनीस असो कळवळटलो.

– पुंडलीक ना. नायक